कुळागर

दिवाळी आंक

१९८९

दिवाळेचीं परबीं
आनी
नव्या वर्साखातीर शुभेच्छा !

सॅलिथो ओअर्स लिमिटेड

साळगांवकार चेंबर्स,
मडगांव–गोंय

"ज्या कोणांची कठोर परिश्रम करपाची तयारी आसा ताका आमी नोकरी आनी कामाची हमी दिवंक शकपाक जाय": राजीव गांधी

तुजेकडेन कुशळताय आसा
आनी आमचेकडेन पयसो
तेन्ना आयज आमी एकठांय येवया !

तुका तंत्रीक गिन्यान आसा, वा तुवें तुज्या कामांत कुशळताय दाखयल्यां (देखीक लॉंड्री, हॉटेल, उजवाडावपी, इस्टेट एजंटाचे काम) वा एक वेवसायीक, वा आप रोजगार मेळयिल्लो (देखीक डॉक्टर, दातांचो वैज, अकौंटंट, इंजिनियर, कंत्राटदार) वा व्हान उद्योजक (पुस्तक बाईंडिंग, टायपरायटींग वर्ग, घड्याळ दुरुस्ती, कपडे शिंवपी)

सदांभशेन पयशे ही तुजी सगल्यांत व्हडली गरज. आतां आनी रांव नाका भौशीकं वाठारांतल्या बँकांच्या लागींच्या आदार दिवपी फांट्यात यो. देसभर असले हजारानी फंटे आसात.

तुज्या वर्गाप्रमाण तुका २५,००० रुपया ते २,००,००० रूपया मेरेन रीण मेळूंक शकता व्याजाची दर वर्सुकी १४ १/२ % ते १५ % आनी रीण पावोवपाचो काळ ३ ते ५ वर्सां.

जैतवंत जावपाखातीर तुजी कुशळताय आनी आमचो पयसो वापर

जोड प्रचार समिती

भौशीक वाठारांतल्यो बँको

तुमच्या जिणेक स्पर्श करता, सदांच खंयय.

२८ वांगडी बँको

- अलाहाबाद बैंक
- आंध्र बैंक
- बैंक ऑफ बरोडा
- बैंक ऑफ इंडिया
- बैंक ऑफ महाराष्ट्र
- कॅनरा बैंक
- सेंट्रल बैंक ऑफ इंडिया
- कॉर्पोरेशन बैंक
- देना बैंक
- इंडियन बैंक
- इंडियन ओव्हरसीज बैंक
- न्यू बैंक ऑफ इंडिया
- ओरिएण्टल बैंक ऑफ कॉमर्स
- पंजाब नेशनल बैंक
- पंजाब ॲण्ड सिंध बैंक
- स्टेट बैंक ऑफ इंडिया
- स्टेट बैंक ऑफ बिकानेर ॲण्ड जयपूर
- स्टेट बैंक ऑफ हैदराबाद
- स्टेट बैंक ऑफ इंदोर
- स्टेट बैंक ऑफ म्हैसूर
- स्टेट बैंक ऑफ पतियाला
- स्टेट बैंक ऑफ सौराष्ट्र
- स्टेट बैंक ऑफ त्रावणकोर
- सिंडिकेट बैंक
- युको बैंक
- यूनियन बैंक ऑफ इंडिया
- युनायटेड बैंक ऑफ इंडिया
- विजया बैंक

मेरा भारत महान

JAWAHARLAL NEHRU CENTENARY 1889 1989

Sobhagya-B/89/KON

श्रेयाची नामावळी

- रवीन्द्र केळेकार ५
- डॉ. पण्डरिनाथ भुवनेन्द्र ज. ७
- शीला कोळंबकार ११
- महाबळेश्वर सैल १७
- शंकर रामाणी २१
- राम बाळकृष्ण प्रभु चोडणेकार २५
- मीना सुरेश काकोडकार २७
- दत्ता नायक ३३
- एन्. एन्. आनंदन १०३
- सौ. जयमाला दणायत १०५
- दुर्गादास गावडे १११
- माया खरंगटे ११४
- जे. एल. गोयस ११८

अंदू वर्सांचो हो दिवाळी अंक तुमचे हातांत दितना आमकां खूब खोस भोगता. अंदूच्या अंकात आमी तुमकां सगळेतरेचो फराळ दिला. कथा, लेख, निबंध वांगडाच एक आख्खी कादंबरी आमी तुमच्या हातान दिल्या. तुमकां हो फराळ मानवतलो अशी आसा बाळगित'त.

ह्या अंकाखातीर आयिल्लें सगळेंच साहित्य आमी पानांच्या अडचणीक लागून छापूंक पावले नात हाचें आमकां वायट दिसता. हें साहित्य आमी मुखावेल्या अंकांनी छापतले.

जाणी कोणे आमकां साहित्य धाडलें, जायराती दिल्यो तशेंच छापखान्याचे कामगार आनी धनी हांका आमी तांच्या पालवाखातीर देव बरें करूं म्हण्टात.

ही दिवाळी आनी नवें वर्स आमच्या सगळ्या लेखक, जायरातदार आनी बरें मागप्यांक सुख–समृद्धीचें वचूं अशें मागून——

– संपादक

कुळागर

दिवाळी आंक १९८९

(ऑक्टोबर–नोव्हेंबर)

वर्स : ११

ह्या आंकाचे मोल : ८ रुपया

वर्सुकी पटी : २५ रुपया

संपादक :

नारायण वाडोळकार

जायरात विभाग प्रमुख :

अनिल पै

छापणावळ :

एस. जे. हुंद्रे

रवि मुद्रणालय, कडोलकर गल्ली, वेळगांव. फोन : २३०७९

छापपी आनी उजवाडावपी :

चंद्रकांत केणी

कुळागर प्रकाशन, पो. बॉ. नं. ७८

मडगांव–गोंय–४९३६०१

ही दिवाळी
आनी
नवें वर्स
आमच्या सगळ्या
बरें मागतल्यांक सूख आनी
धादोसकाय हाडूं !

मे. कृष्णा नानू नायक अँण्ड सन्स

मे. इलेक्ट्रो इंजिनियरींग एण्टरप्रायजेस

मे. क्रिस्टायल सिमेंट प्रोडक्टस

मे. एन्. के. नायक अँण्ड असोसिएटस

मे. सपना सेरामिक्स प्रा. लि.

प्रेस चर्चच्या फाटल्यान, वर्दे वालावलीकार मार्ग,
मडगांव-गोंय

श्री अरविन्द... अिल्लो सो

– रवीन्द्र केळेकार

हालीं श्री अरविंद वाचतां.

कितल्या–श्या वर्सां अुपरांत तांगेलें 'द लाअिफ डिव्हाअिन' पर्थून अेक फावट घेवन बसलां.

जीव खर्शेता.

रामकृष्ण घेवन बसतां तेन्ना झुळू झुळू करून व्हांवतले अेकाद्रे झरी सरीं बसलां काय कितें, असो सदांच भास जाला. गांधी घेवन बसलां तेन्ना संथपणान व्हांवतले अेकाद्रे न्हंये मुखार येवन उबो राविल्लेवरी दिसलां. रवीन्द्रनाथ वाचपाक घेतला तेन्ना समुद्रांत अुडी घेतिल्ले वरी दिसल्या... पल्तडूच दिश्टी पडना जाल्या. श्री अरविन्द वाचतां तेन्ना घसऽ घसऽ करून व्हांवतल्या अेका घसघशा मुखार–बद्द जोगच्या घसघशा मुखार–आसां अशें दिसता.

कोणाकूय बुद्दिचो गर्व आसत जाल्यार ताणे श्री अरविन्द घेवन बसचो. न्हिवतलो.

विसाव्या शतमानांतले नांव घेवपा सारके चौगूच विचारवंत हे : रामकृष्ण, गांधी, रवीन्द्रनाथ आनी श्री अरविन्द. भारतीय विचारांत मोलादीक अशी नवी भर घालपी.

विनोबा आनीक अेक नांव घेताले : गांधी परिवारांतल्याच किशोरलालभाअी मश्रुवाल्याचें. हांव ना म्हणचों ना.

किशोरलालभाअीनींय नवें जायतें दिलां.

अेका काळार ह्या देशांत लोक खोलायेन बरो विचार करताले. धाडशीय विचार करताले. अुपनिषदां वाचल्यारूच तांगेल्या धाडसाचो अदमास येता. बुद्धाक पळेतकूच म्हाका सदांच दिसलां: अुपनिषदांचे परंपरेंतूच असलो बंडखोर विचारवंत जल्मा येवं येता.

मदीं अकस्मात्र कोणे कितें करून घालें, कोणाक खबर– लोकांनी विचार करपाचेंच बंद केलें. जें कितें पोन्ने दायजान मेळिल्लें ताचेर भाष्यां बरोवपा पेल्यान आनी ह्या भाष्यांची सोप्या अुतरांनी अर्थावणी करपा पेल्यान विचारांच्या मळार कोणेच कसलीच नवी भर घाल्ली दिश्टी पडना. नवो विचार करपाची गरजूच ना असोसो कितें सगळ्यांनी समज करून घेतिल्लेवरी दिसता. परिणाम : आचार आनी विचार सगळ्यांच मळार आमचो हो देश मदल्या हजार बाराशीं वर्सांत सामको 'अचलायतन' कसो जावन पडिल्लो.

अवचित् अेक दीस भायल्यान मुसलमान आयले आनी मुसलमानां फाटोफाट योरपीय क्रिस्तांव आयले. तांणीं हेर मळार जसो आमकां धसको दिलो तसो विचारांच्याय मळार दिलो.

अेका काळार मौलिक विचार करतल्या भारतवर्षाक अेके तरेचें हें अेक आहवान आशिल्लें. हें आहवान अुकत्या मनान घेवन विचारांच्या मळार नव्या अुजवाडान नवी रचणूक करपी जे दोग चौग विचारवंत विसाव्या शतमानांत मुखार सल्ले तांच्यांतले श्री अरविंद अेक. अुपनिषदां मुस्तींतलो पुरुषार्थ सोंपूंक ना, भारत– वर्षाचो प्राण ना जावंक ना, हे तरेचो आत्मविश्वास तांणीं आमच्यांत जागयला म्हणूं येता.

'द लाअिफ डिव्हाअिन' वाचतां तेन्ना जसो कितें हांव अुडत अुडत धनुराशींत आकाश गंगेच्या केन्द्रांत पावलां आनी थंयच्या अंत पार नाशिल्ल्या तारकां मदीं खंय तरी शेणलां असो सो कितें भास जाता.

अेक द्रष्टो विचारवंत, अेक प्रतिभावंत कवी, अेक साक्षात्कारी ऋषी – श्री अरविंदांचे प्रतिभेचीं हीं कितलीं-शीं – अेका फुडलीं अेक ओडलायणीं – तासां पळोवन मन भुल्लुसून वता.

हे तरेचो अणभव पयलेच खेप ज्ञानेश्वरी वाचल्या तेन्ना आयिल्लो.

श्री अरविंद सारको समजला म्हणपाचो म्हाका धीर जायना. पुणून ते जेन्ना म्हणटात–

'ही जी जीव आशिल्ली, प्राण आशिल्ली सचेतन सृष्टी आमी आमचे भोंवतणी पळेतात ती जीव नाशिल्ले अचेतन (म्हूण तुमी समजतात) तेच सृष्टींतल्यान वयर सल्ल्या मू ? परत ही जी चित्शक्ती आमी हेर जिवांत – आनी सगळ्यांत चड खासा आमच्यांत – पळेतात ती अचेतनांतल्यान वयर सरिल्ले सचेतन सृष्टींतल्यानूच वयर सल्ल्या मू ? तर मागीर म्हणूंक जाय : ही चित्–शक्ती जीवसृष्टींत मुदलांतूच आशिल्ली. फकत ती अुक्ताडा येवंक नाशिल्ली. तशी, जीव सृष्टी तुमी अचेतन म्हणटात तेच सृष्टींत लिपिल्ली आशिल्ली, फकत अुक्ताडा येवंक नाशिल्ली.

सृष्टींत भितर अुत्क्रांतिची अेक प्रक्रिया अेका सारकी चलत आसा. हे प्रक्रियेंतल्यान सृष्टींत भितर लिपिल्लें आशिल्लें ल्हवू ल्हवू अुक्ताडा येत रावलां...

अचेतनांतल्यान सचेतन, सचेतनांतल्यान चित्त...

'जडां' तल्यान जीव, जिवांतल्यान चित्त...

हीच जर अुत्क्रांतिची प्रक्रिया असत जाल्यार प्रस्न अुपरासता–

चित्-शक्तिचे अुक्तावणे वांगडाच अुत्क्रांतिची प्रक्रिया सोंपली काय कितें ? काय, हे प्रक्रियेंतल्यान्च चित्-शक्ती पेल्यानची आनीक अेक शक्ती अुक्ताडा येवपाची आसा ?'

श्री अरविंद हें विचारतात तेन्ना –

आमच्याच काळजांतल्यान वयर सरिल्ली अेक जाप आमकां आयकूंक येता–

'ना, अुत्क्रांतिची प्रक्रिया चित्ता कडेन पावन सोंपल्या अश म्हणूंक येना. आमच्यांत भितर चित्ता पेले कडलीय अेक शक्ती लिपिल्ली आसूंक जाय. ती केन्नाय तरी अुक्ताडा येवंकूच जाय...'

आमची ही जाप आयकून श्री अरविंद म्हणटात–

'हय म ? तशें जाल्यार मागीर हे शक्तिचे अुक्तावणेचे प्रक्रियेक तुमच्या चित्ताचो आतां हातभार लागूंक जाय. आतां मेरेन जी अुक्तावणी जाली ती अुत्क्रांतिच्या तत्वान घडोवन हाडली. मुखावयली अुक्तावणी हें अुत्क्रांतिचे तत्व आनी तुमचें चित्त दोगांयनी अेकमेकांच्या आधारान घडोवन हाडूंक जाय.

अुत्क्रांतिची मोख कितें–

धर्तरेचे फाटीर असो अेक मनीस निर्माण करप कीं जो पळोवपाक मनशा सारकोच दिसतलो. पुणून जाच्या मुखार आयचो सगळ्यांत चड सुधाल्लेलो आनी संस्कारित मनीस लेगीत अन्नाडी दिसतलो.

चित्ता परसूय अूंच पांवड्याचे अेक तत्व धर्तरेचेर अुक्ताडा येवपाचें आसा – आनी तें मनीस कुळयेंत अेक आकांताचो आनी अजापांचो बदल घडोवन हाडपाचें आसा, हे विशीं श्री अरविंदांक अिल्लोय दुबाव ना.

ह्या तत्वाक तांणीं नांव दिलां : सूपर माअिन्ड : अति मनस• आनी ताची अुक्तावणी करपी जिविताक नांव दिलां : द लाअिफ डिव्हाअिन: दिव्य जिवन.

अुत्क्रान्तिची गती लक्षांत घेवन मनशान आपणाल्या गिन्यानां सयत तिका वेग दिलो जाल्यार अति– मनस तत्वाचें अुक्तावण बेगीन जावं येता अशें तांगेलें म्हणणे

तांगेल्या विचारांचो गाभो हो.

मनीस अुत्क्रान्तिचें फळ. मनीस अुत्क्रान्तिचो कारक : अेजन्ट.

प्रकृतिच्यो दोन तरा आसात. अेक अपरा दुसरी परा. अपरा मनशाक बांदपासांनी बांदून दवरता. परा मनशाक सगळ्या बांदपासांतल्यान मेकळी कारता. हे परा प्रकृती कडेन मनशान अेकरुप जावंक जाय. म्हणटकूच ताका अेक नवो जल्म मेळटलो (ताका श्री. अरविंद दिव्य जल्म म्हणटात) आनी ताचे हस्तुकीं ह्या नव्या जल्माक सोब ऽ सारकी करणी घडटली. (तिका श्री अरविंद दिव्य करणी म्हणटात)

हो दिव्य जल्म घेवप आनी ही दिव्य करणी करप – ही श्री अरविन्दांच्या पूर्णयोगाची साधना.

मनशाची जीण काळाचे शिमेंत बांदिल्ली आसली जाल्यारूय हे जिणे पेले कडले जिणेची मनशाक खूब ओड. मनीस आपणाले कुडी भायर आनी व्यक्तिमत्वाभायर पातळूंक जाणा. अनंताचे यात्रेक भायर सरिल्लो तो अेक यात्रिक. तुर्ताक तो हे धर्तरेर भोंवता. ताका ताच्या मुखावयल्या मुक्कामाक वचपाक श्री. अरविंद कितली सादी, सोंपी – आनी तरूय, कितली कठीण वाट दाखयतात !

आमचो देश हरशींय जाल्यार आळशी.

सुशिक्षित तर निखटो आळशीच न्हय, तर म्हातारोय. समजूनूच घेना.

परिणाम : अबुद्दी आमचे आचार घडोवपाक लागल्या.

'द लाअिफ डिव्हाअिन' आकांताचें व्हडलें पुस्तक. बाराशें व्यास्तर पानांचें. अजून शंबरूच पानां वाचून जाल्यांत...

तें म्हाका खंय घेवन वतलें, खबर ना... ●

● दिसपटयेंतलें अेक पान.

पौराणिक पतिव्रतो

(विमर्शक लेखन)

(डॉ. पण्डरिनाथ भुवनेन्द्र. ज)

अहल्या द्रौपदी सीता तारा मण्डोदरी तथा
पञ्चकन्यापतिव्रता : स्मरेन्नित्यं महापातकनाशिनी :'

हो श्लोक सारस्वत घरवन्ताक वाडल्ले चेलियेंकेरान म्हणोवंचो रिवासू आतयं आसा. हो श्लोक जपिल्यारि दाम्पत्य भाग्य वेगी मेळतलें म्हण एक (अन्ध) विश्वास. जाल्यारि केन्ना पुणीयं तुमगेले मःनांत हो संशय दिसलो आस की 'अत्रिपत्नी अनसूया, वसिष्ठ पत्नी अरुंधती इत्यादी उत्कृष्ट पतिव्रतांगेलें नावां हे श्लोकान्त सांगलेना कित्याक' म्हूण. ह्या प्रश्नाचें उत्तर तुमकां विवेचन करूंक फाव आसा. आमगेले वाडल्या चेलियांकेरान प्रतिदिन उच्चारण करोवंची पांच नांवा व्यभिचारु केल्लेल्या अथवा संशयार्ह जाल्लेल्या पांच स्त्रीयांगेलीं संशयार्ह जाल्लेल्यांक प्रमाण पत्र (Certificate) आवश्यक पडत. वयरी सांगिल्लो श्लोक एक प्रमाण पत्र. अनसूया–अरुंधतींक ताजे आवश्यक पडले ना; त्यो संशयातीत जाल्लेल्यो अनर्घा नारीरत्नां.

ऊंच सांगलेल्यां पांच पतिव्रतानी संशयाहों जावंच्याक केल्लेलें कित्तें ? म्हण पळोवया. अहल्या बम्मुणा गौतमाक कळवूंनातिल्लें इद्रालागी संगमु केल्लेली म्हण तुमकां सर्वांक कळ्ळेली संगती. द्रौपदी पुरुषांक एकी पत्नी जावन आसली, त्या निमित्ती ती चारित्र्य नातिल्ली म्हूण हंसताले कौरव. सीता रावणाल्या लंकेरी सा मास आसली देकून एका मडवळान तिजेरी संशय आरोपण केल्लो देवगुरू ब्रहसपतीली धर्मपत्नी तारा, बम्मूणु लागी नातिल्या वेळार घर सोडून चन्द्रावोट्टू धावून गेल्ली म्हळेलें वास्तव तं. रावणना पाणिग्रहण करल्या फुडें मन्दोदरीक शिवान एकफन्ता भष्टायलेली आस म्हूण इतिहास सांगताती. हे विषय एकेकूच स्वल्प सूक्ष्म जावून विमर्शन करुंया !!

१. द्रौपदीक कितले घोव ?

द्रुपद पुत्री, कृष्णा म्हळ्ळेले नावां राजकुमारीक पांच पाण्डवकुमारानी एकसानी विवाह केल्लो म्हण भारतान्तू सांगिल्लें आस. किन्तु जाल्लोलो एक कृत्रिम संभव.

यन्त्रान घुवंतल्या मत्स्यलक्ष्यास (fish target) तोग्गू उदकान्तली सावळी पळोवन अस्त्रान विदारण करुका म्हण स्वयंवर निबन्धना आसली. ती निबन्धना पूर्ति करुंक फाव आसलेले फकत दोगजणां मात्र– अर्जुन आनी कर्ण– म्हण कृष्णाक कळतालें. कर्ण मुक्कार सल्ल्यारी ताका निरोध करुंक आसलें कौशल कृष्णान द्रौपदीक सांगलेलें आस. स्वयंवरा समयारी प्रतिक्षा केल्ले मण्केन कर्ण मुकार सल्लो. तत्क्षणे द्रौपदीन उठावून सांगलें 'खाल जातीच्या सूतपुत्राक आपण्यान व्हरडीक करच्या ना' म्हण. कर्णान सोडले ना 'तिका व्हरडीक करूंक म्हाका कांय खूषी ना; जल्यारी तिणे प्रस्तुत केल्लेली परीक्षा म्हाका एकू चेरडू खेळ (child's play) म्हण निरुपण केल्ले उपरान्ते, तिका मेगेलो आत्ममित्र दुर्योधन महारायाक पारितोषु जावून दिवंचो तं मेगेलो उद्देश' म्हण कर्णान सांगले. पांचालीन ताका निषेद केल्लो 'अस्त्रप्रयोग एकल्यान करचें, व्हरडीक आनी एकल्यान करची, तें म्हाका सम्मत ना,' म्हूण.

कर्णु मातें खाली घालून माक्षि सरलो. दुर्योधना तोण्ड कोपान ताम्बडें जाल्लें.

अनन्तर अर्जुनान मत्सरान्त जंय पावंचानीक, कर्णाक कस्सलें सांगून निषेद केल्लो कां, तो निषेद अर्जुनाकय लागतालो, मत्सरान्त जंय पावून कन्यारत्न ज्येष्ठ भ्रातारु धर्मपुत्राक दिवुंका म्हण अर्जुनाक आशा आसली. तश्शी तें वागतें जावून केल्यारी 'पाण्डवांलागी एक न्याय, कर्णालागीं आनी एक न्याय' म्हळ्ळोलो द्रौपदीलो पक्षपात लोकांक कळतलो आसलो. त्या निमित्ती पांचय जणानी एक बायलेक विवाह केल्लो म्हण भायर प्रसिद्ध केल्लें. ताका तेंको जावून दोनी 'ढोंकि' काणियो रचनायल्यो– (i) कुन्तीदेवीन आलोचना करुनातिल्लें दिल्लेली आज्ञा– 'अरे पुतान्दो, तुमकां मेळ्ळेली वस्त समवण्टे करून अनुभसियाती' म्हण (ii) पांच घोवांक एकसानी व्हरडीक करूंक पांचालीलें पूर्वजन्म कर्म कारण. फुडे जन्मान्त शिवालागी पांच फन्ता 'माका घोवु दी' म्हण मान्गल्ले निमित्रीं हे जन्मान्त तिका पांच घोव मेळ्ळे.

ह्यो दोनीय काणियो विश्वासयोग्यो न्हयं. द्रौपदी धर्मपुत्राली एक पत्नी आनी तो तिगेलो एक भर्तारू आसलो. चिक्यू सूक्ष्मतेन वाचिल्यारी, महाभारतांतूच आधार मेळूक आसाय. उदाहरणाक :–

a) वनवासा देळारी, अर्जुनान तपस्साक वच्चे समयारी, द्रौपदीक देकून तिगेली अनुमती आनी अनुग्रह घेतलो. हान्तु थावून ती बायले पाशी ऊंच आवसू स्थानारी आसली म्हण कळून येत्ता.

b) एक दिसा रानान्तु चम्कून शिणान खाली पडूनीक, धर्मपुत्रान तिगेलें मातें व्हण्टीन्तु दवरलें, नकुल-सहदेवान तिगेले पाय चिरडीले म्हण सांगला भांरतान्तु. पाय परसूका जल्यार बायलेचाकय उंच स्थानार आसली जावूंका. (हो विवाह त्रेतायुगाक अव्सल्लो. कलियुगान्तु बायलां पाय चिरडुमातिल्ले दादले दुर्लभ्.' आवसु बावसू पायांचे लागी कांय गेल्लेले आसुन्ना.)

c) एक देवीक दाकोवतो बहुमान भीम द्रौपदीक दाकेयतालो. संभोग कामूक जाल्लेल्या घोवान बायलेक पूजा मनस्कता दाकोवंच्याना. पूज्य जाल्लेल्या ज्येष्ठ भ्रातारु धर्मपुत्राच्याकय वयर भीमान द्रौपदीक पूजा केल्ली. कौरव सभेरी तिका केल्लोलो मानभंग देकून, ताका कारण जाल्लेल्या धर्मपुत्राले हात लासूक धावलोलो आस भीम, कोप तडसूक साध्यनातिल्लें.

d) कौरव सभेरी वस्त्रापहराणा फुडें 'तुका पांचय पाण्डवानी विवाह केल्लो म्हळ्ळेंलें सत्य कीं फट्ट'?– हे दुर्योधनाले प्रश्नाक द्रौपदीन जाप दिल्लिना. फट्ट जिब्बेरी कडूनातिल्या द्रौपदीलें तेंच एक अर्थवत मौन. वस्त्रापहरणानन्तर धृतराष्ट्रान द्रौपदीक दोन बर दिल्ले. प्रथमल्यान तिणे धर्मपुत्राक सोडवाय म्हण प्रार्थना केल्ली. दुस्सेर्या वरान तिणे मागलें 'हे चारी वीर पुरुषांक सोडवाय' म्हण. 'घोव' म्हळ्ळेंलें वाक्प्रयोग करुनातिल्लें ती प्रसूचक (Significant) जावन आस.

e) गृहपत्नी धर्म शिकून काडूक कृष्णान सत्यभामेक द्रौपदी लागी धाडली. द्रौपदी पतिव्रता न्हय आसली जल्यार सर्वज्ञ जालोलो परमात्मा आपणांले मोगा बायलेक दौपदीलो सहवास करूंक सोडीत आसलो? हान्तुथावून द्रौपदी पतिव्रता मात्र न्हयं, बायलांक सर्वांक एक नायिका आनी एक मातृका जावन आसली. तोंडार राजकला, उत्तरांर कुलीनता आनी सौम्यता, घोवालागी आनी मायेंलागीं बहुमान्यत्व, देरांक ती पूजार्हा, कोपावेळार भद्रकाळी, कृष्णाचेर संपूर्ण शरणागती – अशे तिगेले गुण चोयल्यार ती एक अमानुष स्त्री, यज्ञसंभूता अपूर्वांगना. सीतेकय – दौपदीकय तुलायल्यार पातिव्रत्यान्त आनी आत्मविश्वासांत द्रौपदी दशवण्टांनी व्होड. राम सीतेक कःसले अपमानाक कारणभूत जायने, किन्तु धर्मपुत्राले बुद्धिहीतत्वान, कळाकळी नातिल्यान, आनी अहंतेन द्रौपदीक जल्लोलो अपमान कोण स्त्रीयेन जन्म जन्मान्त अनमसूक नज्जा म्हण प्रार्थना करूंक जाय. अपमानाक कारण जाल्लेल्या घोवाक सोडून बावसू थंय वच्याक तिका पूर्ण अवकाश आसलो; जाल्यार रानान्तु वत्तास्तेन्न द्रौपदीलीं पावलां तं मुक्कार आसलीं. दौपदीलें चारित्र्यार संशयेवचे 'पुराणीक' नरकवास आहेंताती.

२. सीतेलें निर्मल चारित्र्य

केवल एक मडवळान सीतेले पातिव्रत्यार कळंग सारोवन उल्लेयलेलें रिषी मुखान्तरी (स्वन्ता कन्नान न्हयं) श्रीरामाक कळ्ळें. श्री रामान एक लघु गुणितान– सीता गरभिणी जावन कितले मास, तिणे लंकेरिथून पुनर्नीता जावन कितले मास – हें दोनीय तारतम्य करुन उपरान्ते निश्चय काडयात आसलो, संशय

दिव्याचो पर्जळ आयज फांकूं
नवें वर्स उजळ जावंक पावूं

जांबावलीकार
न्यूजपेपर एजन्सी
मडगांव–गोय.

दिवाळेचीं परबीं
आनी
नव्या वर्साखातीर शुभेच्छा !

मेसर्स
राधाकांत आर. पै काणे
जनरल मर्चंट
स्टेशन रोड,
मडगांव–गोंय

ना करयात आमलो. प्रजेक एक मातृका आमुका रायू म्हळेले खातीर रामान सीतेक रानान्त सोडलो म्हण एक अभिप्राय. मडवळ केवल एकलो व्यक्ती, एकु व्यक्ती सगळे समुड़ जायना. अनीक एक. राणिये स्थानार आसिल्या सीतेक एक केवल प्रजातुल्यत्व सरि ना वें ? रायान मडवळाक नमगुयात राणियेक नमगूक नज्जा मणु रायनीतीत्तु सांगलें आस ? जल्यार तो एक अन्याय अथवा दुरन्याय. आधुनिक गवेषकांगेलो अभिप्राय 'केवल एक किंवदन्ति आयकून एक गरभिणीक अनाथा जावून रानान्तु सोडिल्लें निष्ठूर कर्म रामाले कीर्तीक आचन्द्रतर एक कळंग', म्हण.

रामाक अवतार करून राक्षस रावण कुलाक नाश करूका म्हळेले उद्देशान, आनी इंद्राले निर्देशान, अगस्त्य, कौशिक, भरद्वाज, वसिष्ठ, वाल्मीकी इत्यादी रिषीनी केल्लेली एक निबंधना तं रामायण जावून परिणाम जाल्यां. रामाक परिपाडीचें पूर्वज्ञान आसलें. त्या लेकान लंकेर आसिल्ली माया सीता (imperson-ated sita) म्हणय निज सीता आंगदेशाचे 'अग्नि' म्हळेल्या आड्नावान प्रसिद्ध जालेल्या केवलांगिरस रिषीले आश्रमान्तु आसली म्हणय रामाक पूर्वज्ञान आसूका मूं तशी आस्तन शरणागत रक्षक करुणा सागर इति नांवं पाविल्लो श्रीराम आपण्याक पूर्णावलम्बन म्हण लेकचे गरभिणि बायले लागीं हे कठोर कृत्य करूंक कसो फाव जल्लो. ताका वेगळेंच कारण आसू जाय. अवतारपण् राकुका जल्यार अवतार पुरुषान अमित कष्ट भोगुका जावून आसजिवीत सगळेंच रिषीक घाण दवरुंका, रिषींगेले हित करुक बायलेक चेरडु-वांक भावाक, राज्य, सिंहासन, आवसुबावसूंक सर्वांक रिषिवर्गा खातीर त्याग करुंक सन्नघ् जावून राबुका.

सीतेलें निर्मलत्व निश्शेषं निरुपण करुंक सुलभ आसलें. तें सोडून तिका रानान्त बळोवंचाक प्रेरणा दिल्ली निमित्ती वसिष्ठादी रिषियानी 'एका फत्तरान दोन आम्बे तोग्गु पाडेयले' :- १) श्री रामाले संततीन रिषियां लागीं भय भक्तीन चलुका जल्यार, चेरडुंवाली बुद्धी भरच्या सान प्रायेरी शिषियांगेले शासनेरी आश्रमान्त वाडुका; २) वाल्मिकीले आश्रमांतु सीतेले गर्भाचो समकालीन रिषिबीजोत्पन्न गर्भ एक वाडून येत्तालो. ताका 'कुश' म्हळेले नावान, लवालो जवळू भ्राता म्हण रामकुलान्तु सिरकावूंक आसलो.

विवेकानुसार पळेयल्यार, ऊंच सांगले (रीतीचे) अनेक कुटिल प्रयोग आनी राजतन्त्रां रामायणांत देकूंक येतलीं. सीता संशयाही न्हय म्हण स्पष्ट जातलें. जिवा सुख त्याग केल्लेली व्होडी पतिव्रता ती. तिका दिवंचे उपद्रव सर्वय दिवन, तिजेकेरॉन आत्महत्या करोवून, अनन्तर ह्या 'प्रमाण पत्रान्तु' तिगेलें नावं सांगलेल्याचे कारण दुष्कर्म केल्लेल्या वसिष्ठादी कौटिल्यांक तांगेली मन साक्षी खोंचताली

३. मण्डोदरीलें पूर्ववृत्तान्त

महादेवाक भोजूचीं गिरिजनां उत्कल देशा लागीं Modern Orrisa) आसचे श्वेतपर्वतार वासु करतालीं. तांगेल्या मुख्यस्थाक आनी तागेले बायलेक शिव-पार्वती म्हण संकल्पून पूजा करतालीं

पार्वतीले सेवक वर्गान्त रुपवती नांवांची एक गिरिजन कन्या आसली. नावीक सज्जून, तिगेलें रुप ब्रह्माले शिल्पविद्या पाटवाची साक्ष जावन आसलें. मनां निश्चल केल्लेल्या तापसिकांक सरी तिगेली कान्तशक्ती निरोध करुंक साध्य ना जाल्लें. प्रधान शिवाले दोळे (करुणा कटाक्ष न्हय- मदनातूर कटाक्ष) तिजेर जाल्ले. सन्दर्भ केन्ना मेळता म्हण राकून राबलो भक्तप्रिय पार्वतीनाथ

एक दिसा तळचांत जलक्रीडा करतल्या पार्वतीन रुपवतीक आपोवन आंग घांसूच्या खातीर घोसाळ्या कत्रो हाडूक घराक धाडली होच संदर्भ शिवाक युक्त जाल्लो. बलात् तोण्डून तिगेलो संभोग केल्लो कैलासपतीन. तोडोव करुन परतल्या रुपवतीच्या तोंडार भंय, चोराय दृष्टी आनी आलस्य देकू पडलें. केस तिजे बिसडावून आसले. न्हेसिल्लें वस्त्र पंगित् जाल्लें- इत्यादी लक्षणां देकून पार्वतीक सर्वय मनां गेल्लें. घोवालो स्वभावु कळतल्या वायलेन भिष्टावूंक जाल्लेलें तिगेले घोवाकत्र, जाल्यार उदाक केन्नांय देवंता खाल् आसलेकडे न्हयं वे ? ताजे भायर, घोवान मीण्ड केल्यार, 'मेण्डियेले मन्त्रशक्तीन तं आपण्यालो निरपराधी घांव तिगेले बल्यन्तु पडलो' म्हण सर्व बायलानी लेकचें सहज तं. कोपामूर्ती जाल्लेल्या पार्वतीन, त्या तळचा पाडीक वास करतल्या मण्डूक-वर्गान्तुले एक बायलेक आपोवून रुपवतीक तिका दान केल्ली.

राक्षस म्हळेले आदिवासीवर्ग (Indo mongoloids) अंग आनी वंग देशांन्त वास करताले. ते राक्षस शिव-पार्वतीक देव म्हण लेकून आराधना करताले. मय म्हळोलो राक्षस पाताळान्तु (near Sunderbans) संतती अभावान दुख्ख पावून आसलो. ताणे शिव-पार्वतीक तपस करुन आपण्यालो शोकु निवेदन केल्लो. पार्वती विस्मरली जल्यारीय शिव रुपवतीक विस्मरलोना आसलो. पार्वती केरान रुपवतीक मण्डक वर्गांतुली प्रत्युद्धारण करोवून, मयाक दान केल्ली. मण्डूक संघांत आसली देकून तिका मण्डोदरी म्हण नांवं पडिल्लें. नांवं परतप प्रत्येक आधुनिक सिनिमा नक्षत्रानी-तांगेल्या कोडुबाणीचें पूर्वाश्रम व्यक्तित्व विसरूंक उपयोग पडता. वास्तवाक् आंगटीन ती मन्दोदरी (Soft thin belly) आसली. मीरि पडचें सोपूर पोट् बायलांक सौन्दर्यलक्षण म्हण काळीदासान कुमार संभवांन्तु आनी वात्स्यायनान कामशास्त्रांत सांगिल्लें आस. त्रिलोकान्तु अनेक सुन्दरस्त्रीयांक अनभसिल्या रावणाक पट्टमहिषि करुंक दिसलें मन्दोदरीक तं हेंच तिगेल्या सौन्दर्याधिक्याक एक प्रमाणपत्र

पाणीग्रहणाफुडें जाल्लेल्या लैंगिक संभवान्तु मन्दोदरीलो वाण्टो कितलो म्हण निर्देश करूंया. आधुनिक कलिकालान्तु मनां पक्व करुनातिल्ले युवजनां सांगतात : 'चेलिये भष्टायलेली आम्गेली चूक न्हय, किन्तु चेलियेचे सौंदर्य ताजे कारण.' होच न्याय विस्तार केल्यार चोर म्हणतले 'धन चोरलेलें आमगेली चूक न्हय, धनांची चूक' म्हण - हो एक 'मत्तें खाल पाय ऊंच' (topsy turny) न्याय.

रुपवती सान प्रायेची एक साधू अबल भृत्या. तिका बलात्कार केल्लेलो मनीश तिगेलो यजमान मात्र न्हय, गावांचो प्रधान, महाजनांनी देवसमान भोजूचो. ताजे इंद्राक तिणे कसलो निराकार अथवा विरोध करूंक साध्य. त्या पासावन् ती निरपराधी म्हण

सांगूक आस. जाल्यार पतिव्रता प्रमाणपत्रांत नांव येवंच्याक कांय पाकु प्रधान रिषीलें फटिबल नातिल्लें साध्य न्हय. साधु त्या गिरिजना चेडुवाक उद्धारण करूंक कोण आसलें ? नैमिषारण्यान्त कोण रिषीन तिका तेंको दिल्लो ना. रावणान तिका पाणीग्रहण केल्ले उपरान्ते, शिवाले प्रेरणेन रावणालो आजो पुलस्त्य रिषी, (वसिष्ठालो, अगस्त्यालो भ्रातारू, ब्रह्म पदवि जोडिल्लो) मुक्कारसलो, ना जाल्यार त्या साधुस्त्रीयेक प्रमाणपत्र मेळच्या नासलें (अहो ! त्या पुराण कालाकय 'शक्ति तंत्र' (Power Politics) आसलें.)

४ तारा आनींक अहल्या

आनींक आसच्यो पतिव्रतो, तारा आनीं अहल्या निरपराधीं न्हयं. ह्यो दोगांय अंगिरसकुलाक* लागल्यो नारीरत्नां. तारा आदि अंगिरसाली सून; अहल्या गोतमांगिरस कुलकर्तारु गोतमाली बायल. तानी केल्लें मनःपुर्व राण्डपण. तावळी कःसल्या कारणान तांकां पापमोचन करुन, पातिव्रत्याचे सिंहासनार चडीवूनु बेसेयल्यो ? ताणी केल्लेले चूकीचे मुख्य कारणभूत तांगेले भर्तार. म्होंव भरुनु विकसित जाल्लेल्या फुल्लाक धनियान रक्षा केलना जल्यार वाटेन वत्तल्लो भोवरो येवून म्होंव पित्तलो. तान्तु चूक कोणाली, फुल्लाची कीं धनियाली ? अतिलक्षणवन्ति धर्मपत्नीक हान्तुणार एकलीच सोडून, देवांक मातृका जाल्लोलो ब्रहस्पती जेष्ठ भ्रातारा बायल, (व्होनी) ममतेलो संगम करनालो चिरकाल जाल्यार, तारेन एक यौवनवन्ताक, सुन्दर चन्द्राक म्हायांत कळ्ळेल्यांत चूक कित्तें आस ? बायलेन पातिव्रत्य राकुका जाल्यार घोवान एकपत्नी व्रत राकुक जाय.

अहल्या बायेन भोगिल्ले कष्ट आनी एक तराचे. फुलां हान्तुणार वाडल्ली, अनेक समानवयस्क सखीं वोट्टू खेळू हांसू करून भोवंताली, दुःदा तुप्पा रुचिवन्त खाणां खावून अभ्यासु आसिल्ली– असले एक राजकुमारीक खाड् बोड् वाडोवून फळां मुळां खावून हःडां साली जाल्लेल्या एका रिषीन फटवणेन पाणिग्रहण केल्लें. रानांतूलें सुखहीन जिवितांत पातिव्रत्यान दीस काडले त्या दुर्भाग्यवतीन.

एक दिसा तिगेलो पुर्वकामुक, इंद्र आयलो आश्रमान्त. तिगेल्या घोवान ताका अतिथि जावन राबयलो आश्रमान्त. तिणे स्वर्गार वचूंक आग्रह काडलो सानप्रायेर, आजि स्वर्गपति सोद्दून तिजे पायांकडे आयलो. दारुव (gun powder) आनी उज्जो लागीं दवरून राकूक कोणाच्यान साध्य ? घोवल्या बुद्धिहीनत्वान आनी अहंकारान कामुकांगेलो कामाग्नि भग्भगलो. वायट् नांव. घेतलें अहल्येन. तांतु तिगेली चूक आस म्हण लेकचे पुराणीक फकत स्वयबुद्धी नातिल्ले. सन्दर्भवशात् जाल्लेली एक चूक, चूक न्हय. वाल्मिकी तिका 'कुलटा' म्हण सांगता, कारण, तो एक खाड् बोड् वाडेयलोलो गोतम पक्षपाति. —❁—

* आदि अंगिरस हिरण्यगर्भ ब्रह्मालो तिसऱ्या पुतालें गोत्र तिनि विभाग जाल्ले :– केवलांगिरस, गौतमांगिरस, आनी भरद्वा जांगिरस. संतान ना म्हण दुख्ख पाविल्या रतितार नांवांच्या राया बायलांर अदि अंगिरसान चेरडूवां केल्ली. हे चेरडुवानी राकिल्लें गोत्र तं केवलांगिरग गोत्र.

एक पणती... लाख पणत्यो
जिणेंत उरूं... सदां पर्जळत्यो

दिवाळी आनी
नव्या वर्साचीं परबीं !

मे. रामनाथ डी. मावजो ॲण्ड सन्स

स्टेशन रोड, मडगांव (गोंय)
तार : मावजोसन्स

फोन : २११९५ (ऑ.)
२२०९५ (दुकान)
२२०६५ (घर)

फांटो–पणजी

फोन : ३६१० (ऑ.)
७४९० (घर)

दुसरें घर

– शीला कोळंबकार

देऊळ. भायलो मंडप. दोशींवटेन लोक बसल्यात. देवाम्हऱ्यांत वचूंक मदलो जी वाट आसा, ताज्या उजवे वटेन सवो आसा. सव्यार व्हंकल न्हवरो, म्हळचार हांव आनी म्हजो बायल आसा. सप्तपदी बी कार्यक्रम जावचो आसा. आमकां निकतीच माळ घालून बसयल्यांत. हॉलांत साकर वांटप चालू आसा. बायलांच्यो गजाली रंगार आयल्या. दादले फात सांबाळीत आनी घाम पुशीत ल्हवू–ल्हवू कोटाचें अेकक बटण सोडूंक लागल्यात. थोडो लोक वाट पळेता केन्ना होम बी जातलो, आपूण आहेर दितलों आनी केन्ना कडसरतलो म्हूण !

इतल्यान...

अेक तरनाटो मोटरबायक घेवन आयलो. ताणे पयलीं थंयचे थंय दोन वोल्तां माल्लीं आनी तो ती बायक घेवन तडक मंडपात आयलो. तो बद्द सव्या म्हऱ्यांत. हो आनी पिसो कसो मोटरबायक घेवन हांगा किस्याक आयला, अशें हांव चित्तां सर म्हज्या म्हऱ्यांतली व्हंकल उठली, त्या तरनाटयाच्या मोटरबायकचेर बसली आनी तो तरनाटो ती बायक घेवन गेलो...

म्हाका दरदरून घाम सुटलो... हॉलांत अेकदम बोवाळ जालो... म्हजो ताळो सुकून आयलो...

– आनी हांव जागो जालों.

पळेल्यार लायट गेल्ली फॅन बंद पडिल्लो म्हूण म्हाका घाम आइल्लो. तान खऱ्यानीच लागिल्ली. आनी अजून जें कितें हांवे सपनांत पळेलें. तें चिंतून म्हजें काळीज धडधडटालें.

पूण भायल्या हॉलांत खरोच बोवाळ चलतालो. म्हज्यो भयणी, तांचे घोव, बापूय बी सगळीं व्हडाव्हडान उलयतालीं आनी आवय तांकां शू शू करून ओगी राव म्हूण सांगताली.

'ओगी रावात रे पापयांनो. तो थंय न्हिदला.'

'साजेची साडेपांच जालीं हो कितें न्हिदपाचो वोगोत ?

– ताजो बापूय म्हण्टालो.

'तशें न्ही हो. रातीं तागेल्या मित्रानी ताजें आतां लग्न जातलें न्ही म्हूण पार्टी दिल्ली ताका. घरा तो आयलो तेन्ना अडेज जाल्लीं. मागीर आतां ताजो मात्सो दोळो लागचो ना तर ? तसो तो हो वेळ मेरेन केन्नाच न्हीदना.' – बायन – म्हजे आवयन म्हळें.

'तूं वचून उठय पळोवया ताका. तागेल्या कानार ही गजाल घालुंकूच जाय. तरी बरें म्हूण बरें...'

'तुमी मात्शे ओगी रावात पळोवया. ताका उठून तोंड बी धूवं दो. चा बी घेवं दी. मागीर सुसेगाद सांगुया. आनी तुमी मात्शे ओगी रावात. तिडकूं नाकात. ताका हांव कितें तें आनी कशे तरेन सांगपाचें तें सांगता... कसलें तरी पाडें नशीब बाये आमचे ? ... – बाय सुस्कारलें.

...हीं म्हाका किते सांगूंक सोदतात ? अशें जालें तरी कितें म्हूण हांचेर आकांत आयला ?... कोण लागाशिल्ली खंवसलो काय कितें... तशें जाल्यार लग्न मुखार धुकळचें पडटलें. तो परथून आत्तां पडिल्ल्या सपनाविशी विचार करूंक लागलों. अशें कशें सपन पडचें म्हाका... तितलें विचित्र. दोन दिसा उपरांत म्हजें लग्न... आनी आयज हें स्वप्न ! ... पूण तें स्वप्न सपनांत कितलें खरें दिसलें ? ... हांव तर थर्त्त भिनन गेल्लों... कितलो दरदरून घाम सुटलो म्हाका ..

तो उठून भायर आयलो.

ताका पळोवन हॉलांतलीं सगळीं जाणां ओग्गी जालीं.

– 'कितें जालें ? कसलो सगळो बोवाळ चल्ला तुमचो ?'

– ताणे हांसत विचाल्लें.

'काय ना रे असोच ! तूं पयलीं तोंड धू पळोवंया आनी चा घे.'

– तो भितर गेलो. ताणे ब्रशान दांत घासले. साबू लावन तोंड धूलें. केंस वळयले. ताका आतां बरें दिसलें. बायन ताका हुनहुनीत चा हाडून दिली. ती घेवन तो हॉलांत गेलो. सोफाचेर बसून चा पिवंक लागलो. तो हॉलांत बसतकीच ल्हवू ल्हवू अेक अेकलो उठून गेलो. तो अेकलोच थंय उल्लो.

ताजी भाव्य भायर आयली. ताज्या म्हऱ्यांत बसली.

'जाणा मरेऽ ? ... तिणे सुरवात केली. आनी अेका पावलार दुसरें पावल घासूंक लागली.

बायची संवय ती. कितेंय म्हत्वाचें सांगचें आसत जाल्यार ती पयलीं 'जाणा मरेऽ' म्हण्टा मागीर पावल्यार पावल घांसता. मागीर सुस्कारता, मागीर उतरां सोदता आनी मागीर उलयता. ही किते सांगूक सोदता काय ?... ताका दिसलें.

'जाणा मरेऽ तो व्हंकलेचो मामा आयिल्लो.'

'कित्याक ? आनी म्हाका मेळचे पयलीं कसो गेलो तर गे तो?

'ताका नाक आसा तुका तोंड दाखोवपाक ?'

'अशें कितें जालें तर ?'

'ती व्हंकल .. ती व्हंकल...

'कितें जालें तिका ? दुयेंत बी जाली काय कितें ?'

'दुयेंत जाल्ली जाल्यार बरें आशिल्लें पूण हें न्ही.'

'कितें जालें तें तरी सारकें सांग गे.'

'तिचो खंय दुसऱ्या कोणाचेर मोग आसलो.'

'मागीर ?

'तें ताजे बरोबर पळून गेलें खंय.'

तागेल्या कपलाची शीर टायट जाली. ताका राग आयलो. कितें उलोवचें कळ्ळें ना. तागेल्या तोंडातल्यान उतर फुटलें ना.

'तूं पुता मनाक लावन घेवं नाका. लग्नापयलीं पळून गेलें तें बरें जालें. मागीर पळून गेल्लें जाल्यार, तोंड दाखोवंक सुवात उरची नासली. लोक म्हणपाचे मायच्या जाळांनी पळून गेलें दिसता ..'

'म्हाका ताका पळेल्याबरोबर कळिल्लें... हाजीं लक्षणां बरोबर न्ही म्हूण ! पूण तुमी सगळें थारायिल्लें. म्हाका अेका शब्दान लेगीत विचाल्लें ना. म्हूण हांवें चितलें तुकां पसंत तें आमकां पसंत... म्हळें ओगीच पयलीं शीताफुडें मीठ कित्याक खांवंया ? म्हूण हांव आपलें ओगी रावलें.'

– ही ताजी दुसरी भयण उलयताली. सोयरीक चलतना ताका सांगू नाशिल्लें. सगळें जमल्या उपरांत सांगिल्लें. ताजो ताका राग आशिल्लो. तिगेले नणंदेक तिका भावज करून हाडपाचें आशिल्लें. आनीं तिगेली नणंद बायक सून म्हूण नाका आशिल्ली.

'अेक गेली म्हूण कितें जालें ? असल्यो शंभर चलयो हांव आत्तां उब्यो करीन... तागेली पयली भयण उलयताली, जिणे ही सोयरीक केल्ली

'तरी हांव सांगतालों, दोतीचे पंचवीस हजार साखरपुड्या दीस घेवंया म्हूण. म्हजे कोण आयकता ?' बापूय पिरंगतालो.

'तुमी सगळे मात्शे ओगी रावात पळोवंया; बाबूश, आतां मुवार कितें रें करचाचें ? सगळ्यांक आंत्रणां गेल्यांत... सगळो लोक जमतलो. सोयऱ्याधायऱ्यां फाल्यां येतलीं. तांकां कितें म्हूण सांगपाचें ?'

'कांहीं अपरिहार्य कारणामुळें होणारा विवाह पुढें ढकलण्यांत आला–' अशी पेपरांत जायरात दिवंया.'

'ताजे परस दुसरी एक चली पळोवन ह्याच म्हर्तार, ह्याच दिसा बाबुशालें लग्न करुंया'

'अशो कितें चलयो रस्त्यार पडुंना, इतलें सोपें न्ही तें.'

तो सगळें हें मोन्यानी आयकतालो. सगळीं कितें उलयता, तें अर्दें ताजे तकलेंत रिगतालें आर्दें भायर वोत्तालें... अशा वेळार नेव्हेंज जावंक जायना. हांतल्यान कितें तरी मार्ग काडूंक जाय... पूण हांव जर आनी चड वगत हांगा हांचेमदीं बसत जाल्यार मात... अकस्मात तो उठलो. ताणे सांगलें, 'तुमी सगळीं आतां ओगी रावात. हाजे बद्दल अेका शब्दान कोणाकडेन कांय उलोवं नाकात. म्हाका मात्शें चितूं दी आनी हांव मुखार कितें करचें हें सांगीसर हाजे बद्दल तुमचे भितर लेगीत उलोवं नाकात...'

– अशें सांगून ताणें कपडे केले. स्कुटर काडली, आनी तो भायर सल्लो खंय वचप ? वाट मेळत थंय... वाटेर वतना ताका कोण कोण ओळखीचे लोक दिश्टी पडले ... ह्या सगळ्या लोकांक पळून गेली म्हूण कळटकीच हे किते करतले ? हांसतले...? चुरचुरतले...? बकत्छायो करतले...?

तागेल्या चितपाक दिशा नाशिल्ली आनी तागेल्या स्कुटर चलोवपाकूय दिशा नाशिल्ली. कितलोसोच वगत तो स्कुटर चलयताली. ताका केन्ना न्ही तें सिगार ओडीन दिसलें. ताणें अेका गाडयाकडेन स्कुटर थांबयली. सिगार घेतले. तें पेटोवपाक फस्का काडी ओडली. ती पालवली. अशें दोन तीन खेप जालें. 'पात्रांव, सिगार ह्या दिव्यार पेटय. वाऱ्यान फस्काकाडी धरची ना.' गाडेकार ताका सांगतालो.

...खऱ्यानीच ! वारो फोनान येतालो... म्हळ्यार तो दर्यादेगेर पाविल्लो... 'हें पळे, हांव मात्सो वेळेर वता. स्कुटर हांगा दवरतां. मात्शें लक्ष दवर आं...' ताणे गाडेकराक सांगलें

दिव्याचो पर्जळ आयज फांकूं
नवें वर्स उजळ जावंक पावूं

भारत काफे

- रुचीचे खाण, बरी च्या आनी
- मासिकां, वर्तमानपत्रां मेळपाचो जागो.

सनशायन बिल्डिंग,
मडगांव – गोंय.

प्रोप्रा. : ए. एस. शेट्टी

आनी तागल्या ह्यकाराची – न्हयकाराची वाट पळेनासतना तो चलत रावलो.

सिगाराच्या अेका अेका झुरक्या वांगडा ताजे तकलेंतलो इल्लो इल्लो गोंदळ मात्सो उणो जावंक लागलो तागेल्याच नशिबांत हे कित्याक आयलें ? तो सगळ्यांकडेन बरे तरेन वागलो म्हूण ?... हांवें कोणालो कसलो पोटलो खालो म्हूण म्हजे जिणेंत अमलें विचित्र दुख येवचें ? लग्न ! कितलीं सपनां पळेलीं हांवें ! बायलेक कितली फुलाभशेन सांबाळपाचो हांव ! म्हाका बायल जाय आशिल्ली ती सुंदर, शिकिल्ली आनी हुशार न्ही, जाल्यार म्हजेर खूब खूब म्हळ्यार खुब्ब मोग करपी... पूण हागेलो मोग आशिल्लो दुसऱ्याचेर तागेलें नांव आशिल्लें आमिता... हांवें ताका मिता म्हूण उलो करचें अशें थारायल्लें.

म्हजे भयणीन ही सोयरीक जुळयल्ली. चलयेक पळोवपाक गेल्लों तेन्ना ती उदास दिशिल्ली. तेन्नाय हांव शिटकवलों ना कसो काय म्हण्टा ? तागेले नदरेक म्हजी नदर मेळ्ळी ते नदरेन म्हाका कितें तरी सांगलें. पूण म्हाका तें कळ्ळें ना... साखरपुड्यादिसा तागेल्या हातांत मुदी घालतना तागेलो हात घामान ओलो ओलो जाल्लो. थंड थंड आशिल्लो. म्हाका दिसलें तें नेव्हेंज जालां म्हूण तागेलो हात तसो ओलो जाला जावंयेत.

तेन्ना म्हाका दिशिल्लें ताका वेंगेंत घेवचें आनी सांगचें तूं कित्याक भिता ? तुका कसलो भंय दिसता ? म्हाका सांग... पूण हांव कांयच करूंक शकलो ना.

सांजेर ताका घेवन भोंवपाक गेलों. आपली आनी फक्कत आपली आशिल्ले चलयेक जिचे बरोबर उबी जीण सारची आसा, तिचे बराबर फिरूंक वतना हांव खऱ्यानीच खोशेचे तेंगशेर पाविल्लों आनी कित्याक पावचोना ? फाटलीं पंधरा वर्सां जाचीं सपना पळेत निर्शेल्लों, तें सपन निमाणे खरें जाल्लें. ताजेवेली नजर म्हज्यान कुशीक काडूंक जाली ना. आमी अेका जार्दिनात वचून बसलीं हांव ताजेकडेन पळेतलों. म्हाका दिसलें म्हजे नजरेन ताका खेंचून म्हज्या म्हऱ्यांत घेवचें. पूण ते लजे झाड ताणे सकयल घाल्ली मान वयर लेगीत केली ना. निमाणे हांवें ताका विचाल्लें, 'तुका हांव आवडलों ?' ताणे मान आनी बागयली. म्हजेकडेन लग्न जावपाक तुजेर कोणे जबरदस्ती बी केली ना मुं ? त्या उतराक ताणे अेक, फक्कत अेकच खीणभर म्हऱ्या तोंडाक पळेलें. आनी मान सकयल घालून ना म्हळें. कितले खेप दिसलें ताजो हात हातांत घेवचो... पूण म्हाका कसलीच घाई नाशिल्ली. जी चली म्हजीच आशिल्ली... म्हजेकडेनूच उरपाची... ताजे खातिर कसली घाई ? ताका घरा पावोवन हांव घरा आयलों. कितलीशींच सपना घेवन...

पूण... पूण ताणे म्हाका अशें कित्याक फटयलें ? तें कित्याक पळून गेलें ? ताका हांवे विचारिल्लें ताजेर कोण फोर्स करीना काय म्हूण ? मागीर तेन्नाच ताणे म्हाका तशें कित्याक सांगलें ना ? हांव स्वता ताजें लग्न तागेल्या आवडीच्या चल्याकडेन करून दिवचो. आमच्या घरच्यानी बी तागेली सारखी चवकशी केली ना काय ? तशो कितल्योशोच सोयरिको आयिल्यो म्हाका. तांतली अेक चली .. कितें नांव तिगेलें ?... ती वरी आशिल्ली. सगळ्यांक मानवल्ली बी... पूण तिगेलो बापूय गरीब आशिल्लो .. हुंडो दिवंक शकनाशिल्लो. पूण सगलें घालून करून दोनूय वटेनचो खर्च करूंक तयार जाल्लो तो... पूण मदींव ही सोयारिक आयली. व्हंकलेचो भाव दुबायसान आयिल्लो. भांगर शिंगर आनी कॅश पंचवीस हजार... कित्याक सोडचे म्हूण आवय बापयन आनी भयणीन ही चली फिक्स केली... हांवूच ओगी रावलो... कित्याक ?

अेक खेप ते चलेयेलो जाण्टेलो बापूय बँकेत म्हाका मेळूंक आयिल्लो .. तो म्हण्टालो पैशांक लागून तुवें म्हजी चली न्हयकारली.. कितली बऱ्या स्वभावाची म्हजी चली... सोदून खंय मेळचीना असली .. पूण अेक कर. म्हजे चलयेकडेन तूं लग्न जायना जावं नाकां. पूण आतां तर जे चलयेकडेन लग्न जावंक सोदता ताजेकडे तूं जावं नाकां... त्रासांत पडटलो. हांवूय अेक चलयेचो बापूय. हांवें अशें कोणाबद्दल उलवप समा न्हय... पूण तूं अेक बरो रेस्पेताचो भुरगो. म्हूण तुका सांगता... तूं ते चलयेकडेन लग्न जावं नाका... ही सोडून दुसरी खंयचीय चली कर...

तो जाण्टेलो गेलो. ताणे अशें कित्याक सांगलें काय म्हाका ? हांव चिंतूंक पडलो! घडये आपले धुवे कडेन हांव लग्न जालों ना म्हूण रागान ताणे तशें सांगलें जावं येत... हांवें ती गजाल फाफडून उडयली पूण जाण्टेलो सांगतालो तांतूत तथ्य आशिल्लें.

पूण सगळ्या गजालीनी म्हळें खंय चलतालें ?

दिवाळेचीं परबीं
आनी
नव्या वर्साखातीर शुभेच्छा !

कामत-मिलन हॉटेल

दक्षिण भारतीय खाद्यवस्तू
आनी शुद्ध शिवराक जेवण
रूचे आनी दर्जो हांचेर
आमची मदार

फोन : २१२३६

स्टेशन रोड,
मडगांव, गोंय–४०३ ६०१.

ताका येवजलें. तेन्ना तो मॅट्रीकेक आशिल्लो. आसतलो सोळा सतरा वर्सांचो. सगळ्यांत व्हड दादा. मागीर नलीनी आनी शालीनी मागीर तो. मागीर मालीनी. दादा आसतलो चोवीसेक वर्सांचो निकतोच ग्रॅज्यूयेट जाल्लो. फाजेंदान सर्विस करतालो. सर्विसेक लागून अेकदोन वर्सां जाल्लीं. बापायचो पगार, दादालो पगार . सगळें व्यवस्थित चलतालें. खंय कांयच उणे नाशिल्लें. पूण दादा अेके चलयेच्या मोगांत पडलो. ताका लग्न जावपाचें आशिल्लें. ताणे तशें घरांत सांगलें मात, बाबान थयथयाट केलो. कित्याक, चली दुसरे जातीची आशिल्ली. ती चलीय बी नोकरी करताली. पूण बाबान दादाक सांगलें नली, शालीलें लग्न जावंदी मागीर जा तूं लग्न तुका जाय ताजेकडेन. पूण दादान आयकलें ना. बाबान ताका सांगलें, तूं लग्न जाता जाल्यार जा. पूण ह्या घरांत मागीर तुका सुवात ना दादाकूय तेंच जाय आशिल्लें ताणे पयलींच ब्लॉक घेवन दवरिल्लो. संवसार इल्लो, इल्ली अेकठांय केल्लो. तेन्ना ताका कांय त्रास जाले ना. अमूक इतले पैशे तो आईल्या हातार दवरी -रिल्ले पैशे तो कितें करता म्हूण कोणे ताका केन्नाच विचाल्लें ना तशी विचारपाची गरजूय कोणाक दिसली ना. व्हड पूत... जबाबदारीन वागतलो... भयणीलीं लग्नां करुन दितलो अशें सगळेंच धरून चलताले. दादा बुदवंत खरो. ताणे योग्य वेळार आपलो सवसार थाटलो. फाटल्या भयणींची पर्वा केली ना . आवय बापायची पर्वा केली ना... समाजाची पर्वा केली ना... आनी तो लग्न जावन गेलो. गेलो तो सुखी जालो. ताका सगळ्यानी चार दीस कितें कितें म्हळें.

दिवाळी शुभेच्छा !

गुरुदास एल. कामत

एल. आय. सी. एजंट,
आईस सप्लायर,
जे. डी. कलेक्टर अॅण्ड
कॅलेंडर बुकींग एजंट.

घर नं. ३०६, आर्के आल्त,
मडगांव–गोंय.

मागीर सगळे आपआपल्या वाटेन गेले. ताणें केल्लें. विसरुनूय बी गेले.

ताका दुष्ट आनी म्हाका सगळो लोग बरो भुरगो म्हूण वळखतात. पूण कितें फायदो ? त्या बरेपणाची ही हांव ख्यास्त भोगतां

दादा सुसेगाद लग्न जालो आनी गेलो. बाबालो अेकल्यालो पगार पावना जालो. तेन्ना मॅट्रीक पास जातकोच हांवें बँकेंत नोकरी धल्ली. रातवे कॉलेजींत वचून बी. कॉम. पास जालों. वयली ग्रेड मेळ्ळी. आयज बँकेंत हांव ऑफिसर आसां.

पयलीं प्यून आशिल्लों मागीर जेन्ना म्हाकां स्टाफार घेतलो, तेन्नासान म्हाका सोयरिको येवंक लागल्यो. अशीच अेक सोयरिक आयिल्ली म्हाका. ते चलयेल्या बापायक बायन सांगले, 'चलो म्हण्टा भयणीलीं लग्नां जाले बगर आपूण लग्न जावचो ना.' हांवें अशें केन्नाच कोणाक कांय सांगले ना. म्हाका कोणे काय विचारूंकूच ना. ओगीच म्हजें नांव फुडें करून बायन आपलें मन उक्तायलें.

दुसरे दिसा व्हडदीकायेन बाय शेजान्नीक सांगतालें, 'काल आमच्या बाबुशाक सोयरिक आयिल्ली.'

'मागीर ?'

'बाबुशान सरळ सांगलें भयणीलीं लग्ना जाले बगर आपूण लग्न जावचो ना म्हूण !'

'हय ? बऱ्या नशिबाची आवय तूं असले पूत आसपाक नशीब जाय बाये.'

फाटल्या जल्माची पुण्याय गे बाये तुगेली. नाजाल्यार म्हजो पूत .. इतलें जोडटा जाल्यार अेक वार कुडको लेगीत हाडून दिना आपल्यो भयणी कशो भोंवतात हे ताका दिसना. आपूण मात सदांच फेरांद ..' दुसरी अेक शेजान्न.

'नाय जाल्यार तुगेलो बाबूश म्हळ्यार गुळाची खाण बाये . इतल्या लहान वयांत हाका इतली समजूत... तुगेल्या व्हडल्या पुतान होगडायलें.. पूण ह्या धाकल्या पुतान जोडलें बाये.'

– अशीच आनी अशे तरेची तुस्त भायर भितर सगळ्याक जावंक लागली. आपली तुस्त आयकून तो खुशालभरीत जातालो. आपले विशींचें लोकांचें मत आयकून ताका भितर खंयसरी बरें ऽ दिस. तें वयूय बी तशेंच आशिल्लें. तेन्नासान तो आपूण बरो म्हूण बरेपणाच्यो फाटल्यान धांवलो... बरेपणाची ताका धुंदी चडिल्ली... हे धुंदेत तो स्वताक विसल्लो आनी फामिलीखातीर मरपाक लागलो.

ताजे भयणीलें लग्न थारलें उमेदीन ताणे बँकांतलें वीस हजार रुपया रीण काडलें लग्न जावन भयण घोवाघरा गेली. आनी ते वीस हजार पावन पावनाशिल्ले. इतल्यांत फाटल्यो दोन भयणी गळ्याक लागिल्ल्यो. बाय तांच्या लग्नाची हुस्को करतालें. कितें करचें ताका कळनाशिल्लें. बाबालो रिटायर जावन आयिल्लो पैसो आशिल्लो. पूण तांतलो पानदुडू दिवपाक बापूय तयार नाशिल्लो. कित्याक जाल्यार फाल्यां सून येतकीच पुतान पैसो दिलो ना, जाल्यार. आपल्याक पळेले ना जाल्यार कितें करतलो ?

तेन्ना हो पैसो ताणे आपल्या म्हातारपणाक दवरिल्लो. आनी बाबूश पैसो अेकठांय करून भयणीलीं लग्नां करून दिवपाक हुमलो कमो वळवळटालो

बाबूलें आनी भयणीलेंय नशिब बरें आशिल्लें.

अेक खेप तांच्या रावत्या घराक किंमत आयली. अेके बँकेन ताका ऑफर दिली. तुमी तुमचें घर आमका दिशात. आमी तें मोडून थंय बिल्डीग बांदतां. वयलो एक माळो तुमचो वेल्यान इतले लाख. खेरीज इतली वर्सां जाली काय बँकेचें इतलें हजार भाडें. कुडो मागता अेक दोळो, देव दिता दोन दोळे तशें बाबूलें जालें.

सदांवरी बापायन ह्याच कामाक आडखळ हाडली पूण हे खेप बापूय अेके वटेन आनी दुसरे वटेन तो आनी आवय, भयणी आशिल्यो. बापायलें कांय चलें ना निमाणे तांचें घर वचून ते सुवातेर बिल्डीग आयली. पूण हें सगळे जाता सर पांच स वर्सां गेली.

मेळिल्ल्या पैशान ताणे भयणीलीं लग्ना करून दिलीं व्हडले भयणीकूय थोडे पैशे दिले. आपणे स्कुटर घेतली. आवयच्या आंगार चार वस्ती करून घाल्यो. तरी लेगीत तागेल्या लग्नाची चवकशी कोणे केली ना. कोण कित्याक करतले आशिल्ले. भटो भटो आपल्या वाटो. सगळ्यांचे बरें जिस्त थारिल्लें. बापूय धुवांली लग्ना जालीं म्हूण खुश आशिल्लो. आवय भयणीलें बांयटेर काडूंक, जावयांचें कौतुक करूंक गुल्ल आशिल्ली. जेन्ना लोक विचारूंक लागले आतां बाबुशाक लाडू केन्ना दितात म्हूण तेन्ना आवय बापयक जाग आयली. मागीर तांगेल्यो हालचाली सुरू जाल्यो मागीर चलयो पळेता करता सर आनी दोन वर्सां गेलीं. निमाणी पस्तीशी उलगल्या उपरांत ताजें लग्न थारिलें. तें दोन दिसांचेर आयिल्लें. आनी मदीं ही नाकां जाल्ली भानगड उप्रामलेली.

...लग्न ! कितलीं सपना पळेल्लीं हांवें ! बायलेक कितलो फुलाभशेन सांबाळपाचो हांव... पूण ती बायलूच पळून गेली. हें पाडापडिल्लें विचित्र दुख्ख म्हज्याच वाटयांक कित्याक येवचें ? हांवें कोणालें कितें वाइट केल्लें ? दादा भशेन हांवें म्हजो स्वार्थ पळेलो ना. फामिलीखातीर, आवय भयणी खातीर मरमर मेलों. ताजें फळ हें देवान म्हाका अशें दिवचें ? ... आतां कितें करचें ? कोणाक कितें सांगचें ? ... कोणाक वचून मेळचें ? ... हांतल्यान वाट कशी काडची ? ...

दर्या देगेर तो बशिल्लो थंय मात्शें फुडें अेक धाकली चली रेंवेर घर बांदताले. ताणे बरें घर बांदिल्लें. इतल्यान अेक ल्हार आयलें आनी तें घर व्हांवून गेलें. तें चली ताका दर्याचो राग आयलो. ताणे दर्याक जीब काडून दाखयली. मागीर ताणे दर्याचेर खोंट माल्ली. पूण दुसऱ्या खिणाक तें दर्याक पायां पडूक लागलें.

तें पळोवन ताका ह्याय अवस्थेंत हांसो आयलो. तो ते चलये म्हऱ्यांत गेलो. ताणे विचाल्लें,

बाय, कितें जालें ?'

'पळे न्ही अंकल. हांवें काय बरें घर बांदिल्लें. तें ह्या दर्यान मोडलें.'

'आतां गो ?'

'मागीर म्हाका राग आयलो. हांवें ताजेर खोंट माल्ली. मागीर म्हाका याद जाली, आईन सांगिल्लें केन्ना कोणाचेर खोंट उबारूं नये म्हूण ! म्हूण मागीर हांव दर्याक पायां पडलें. म्हजें चुकलें म्हूण !'

'बरें केलें तुवें.'

'अंकल, दर्याची हांतूंत कांय चूक ना न्ही ? म्हजें घर ताका आवडलें ना दिसता. तेन्ना ताणे तें घर मोडून उडयलें. आतां आमी दुसरें घर बांदुया ? तूं म्हाका मदत करशी अंकल ?'

'बरे भशेन !' ताणे सांगलें. आनी तो ते चलयेक दुसरें घर बांदूंक मदत करूंक लागलो.

अवचित ताका येवजलें... हांवूच म्हजें घर बांदूंक तयार जाल्लों. पूण देवाक तें मान्य नाशिल्लें. म्हूण ती चली पळून गेली. आतां हांवेंय दुसरें घर बांदूं जाय. त्याच हॉलार लग्न जावंक जाय ... दुसरे चलये बराबर ...

ताका तो जाण्टेलो येवजलो. ताजे कडेन माफी मागून तागेली चली केल्यार कशी ? ...

ताका हुंडो नाका आशिल्लो. भांगरशिंगर नाका आशिल्लें. ताका साथ दिवपी बायल जाय आशिल्ली.

ताणे ते चलयेक रेंवेचें घर बांदून दिलें. आनी तो त्या जाण्टेल्याच्या घराचे वटेन चलूंक लागलो... ...

दिवाळेची परबीं
आनी नव्या वर्साखातीर
शुभेच्छा !

गोमंतक
सोप इंडस्ट्रीज

साबांवाचे उत्पादक

दिवचल – गोंय

फोन : फॅक्टरी : ६०, घर : ८८

पणतेन पणती पेटोवया ...
खुशालकायेन जीण भरुया ....

साळगांवकार मायनिंग इंडस्ट्रीज लि.

साळगांवकार चेंबर्स,
मडगांव—गोंय.

बळी

– महाबळेश्वर सैल

महेश कदमाली आनी म्हजी वळख पयलीच कशी जाली हें आदीं सांगतां. हांव निकितोच ट्रेनिंग सोपोवन एक्टीव् बटालियनात येवन जॉयन जाल्लों. बटालियनातल्या आल्फा कंपनीत तीन नंबर प्लाटूनात म्हजी नेमणूक जाल्ली. महेश कदमय त्याच प्लाटूनात आशिल्लो. पूण खरी वळख जाली ती क्वार्टर गार्ड ड्युटीर आसताना.

हांव, कदम आनी आनीक एक जवान अशा तिगांची ड्युटी लागिल्ली. आमचो कमांडर नायक फाळके म्हण आशिल्लो.

रातचे णव ते बारा हांव क्वार्टर गार्ड ड्युटीचेर उबो आशिल्लों. यूनीट कँपाच्या म्हाल गेटी भीतर क्वार्टर गार्ड आनी फाटल्यान शेकानशेक पातळिल्ल्यो युनिटाच्यो बराकी.

म्हजे हर ड्युटीवेले सांगाती भीतर एके कुडींत न्हिदिल्ले. म्हजी ड्युटी सोंपली की म्हजो जागो कदम घेवपाचो आशिल्लो. निकतेच रातचे अकरा वाजून गेल्ले.

भायर हवेंत बरोच शेळाव आशिल्लो आनी पातळ धुंवटीशी पातळिल्ली. आर्माक धरिल्लो हात पर्थोपर्थो शेळेतालो आनी तो हात आंगावेल्यो गरम खोमसाक घासून घेवचो पड्टालो. पयस शांरांतल्या कारखान्यांत कितेंतरी व्हडाव्हडान बडयिल्लोसो ल्हवल्हव आवाज येतालो. मदींच भोव पयसुल्यान आगगाडी शिळोणी घालीत गेल्ल्याचो पुसटसो आवाज येतालो. आशीकुशीक मात सगळें सामकें शांत आशिल्लें. बटालियन् हवालदार मेजरान लाईट पालोवपाची व्हीसल केन्नाच मारिल्ली आनी सगळें युनोट काळखाच्या गोपांत रिगून सुस्त न्हिदिल्ले. कुशीच्या बराकीतल्या वायरलेस् ऑपरेटरान ब्रिगेड हेड्क्वार्टरावांगडाचो निमाणो कॉल करून वायरलेस् टर्मिनल् बंद केल्लो.

रातच्या पावणेबारांक ड्युटी ऑफीसर कॅप्टन देशपांडे चेकिंगाक आयलो. आयलो आनी मुखारच उबो रावलो. हांवे फौजेच्या शिस्तीप्रमाण ताजेर हातातली आर्म चार्ज केली आनी त्या दिसाचो कोडवर्ड विचाल्लो. ताणे कोडवर्ड जुस्त सांगलो. हांवे आर्म सकयल घेयली. म्हाका अजूनय याद आसा त्या दिसाचो कोडवर्ड 'जयमाला' हो आशिल्लो.

उपरांत कॅप्टन् देशपांडेन ड्युटीवेल्या सगळ्यांक 'होशियार' करूंक फर्मायलें. हांवे नेटान तीन फावट 'होशियार' म्हण उले दिले. ते सरशीं भीतर न्हिदिल्ले सांगाती उठून आर्मां हातान घेवन आपले आपले मोर्चे धरूंक धांवक लागले. पूण कदम धांवताना ताजें आर्म हातांतल्यान निसल्लें आनी व्हडलो खडखड आवाज करीत धरतरेर पडलें.

कॅप्टन् देशपांडेक ताजो इतलो राग आयलो, ताका दोनय हातान आर्म तकलेर धरूंक लावन अर्दवर उबो केलो. कदम बावडो रडूंक पावलो.

देशपांडे वतकीर तो म्हजेसरीं आयलो आनी ताणे म्हळें, 'खरें तर हांव न्हिदेंतच आशिल्लों. न्हिदेंतच आर्म घेवन धांवतालों. आर्म पडून ताजो आवाज येतकीरच म्हाका जाग आयली.'

म्हाका एकेवटेन हांसूंक येतालें तर दुसरेवटेन कदमाची काकुयट दिसताली. कदम काळसो आनी मोटवोच आशिल्लो. तोंडार सदांच गरीब, बावडे भाव. तो तसो घटमूट आशिल्लो पूण एकवटेचे धेंप गेल्लेवरी सदांच बागवल्लो पोंगो कसो दिस. आंगार मुस्तायकीय नीतळ शिस्तींत घालनाशिल्लो. सावधान, विश्रामबीन जातना ताज्या पायांक जोरच येनाशिल्लो आनी देहय तायट सरळ रावनाशिल्लो. ताज्यांत एकच बरो गूण आशिल्लो, तो कोणे कितेय सांगल्यार केन्नाच ना म्हणनाशिल्लो. हवालदारान म्हळें 'कदम ती मुखावेली दोंगुल्ली उखलून घेवन येशी?' तर हो आदी 'हां सायबा' म्हण्टलो आनी मगेर बावडेंशें तोंड करून इल्लेशें हांसतलो. 'ना' हें उतर ताज्या तोंडात केन्नाच नाशिल्लें म्हणच ताजी फौजेंतली नोकरी तिगून आशिल्ली अशें म्हणूं येता.

म्हजी ड्युटी सोंपली आनी म्हज्या जाग्यार कदम येवन उबो रावलो. उबो रावतकीर मुखावेल्या रूखावळीच्यो खांदचो, ताळयो आनी सावळेंत आरपार पातळिल्लो काळोख ताणे पळोवन घेयलो आनी तो कांचवेल्लेवरी जालो.

हांव भीतर येवन न्हिदलों आनी दोळ्यांत झेम आसूनय म्हाका अर्दवरतरी झेमच लागली ना. तीन वरां थंडेत उबो रावन म्हजें नाक चोंदिल्लेवरी जाल्लें आनी श्वास घेवंक भोव त्रास जातालो.

अवकीत म्हज्या काँटाशेजाराक कसलो तरी आवाज आयलो आनी थंड किरांवसो हात म्हज्या आंगाक लागलो.

'कोण रे?'

'हांव कदम.'

'कितें जालां?'

'भायर बेठीच भिरांतशी दिसता. तूं भायर वारांदात येवन न्हिदशी?'

म्हाका कदमाची तिडक माल्ली. एकवटेन ड्युटी कमांडर फाळके जागो जायत म्हण भिरांत आशिल्ली. हांव उठलों आनी कदमाल्या भुजाक धरून ताका सडसडीत भायर घेवन आयलों. म्हळें राव असो उबो. फौजेंत भरती जावन आयला आनी काळखाक भियेता?

हांव भीतर आयलों आनी म्हाका कदमाची बेठीच काकुयटशी दिसूंक लागली. हांवें म्हजें हांथरूण कवळ्ळें कदमाल्या हांथरुणातली एक कामळ काडून घेयली आनी हांव क्वार्टर गार्डच्या वारांदात येवन न्हिदलों. आनी ताका म्हळें, तुजी ड्युटी सोंपली की म्हाका उठय मगेर दोगय भीतर वचून न्हिदचे.

ताणे बेठेंच हूं म्हळें. तेन्ना ताज्या तोंडार कसले भाव आशिल्ले ते मात म्हाका कळ्ळे ना. कारण म्हजेपसून वावभर अंतरावेर तो गुड्प काळखांत उबो आशिल्लो.

कदम तसो वयान म्हजे बरोबरचोच. तेन्ना बावीस तेवीस

वर्सांचो. पूण म्हजेपरस देडदोन वर्सान सिनीयर. ताजो आर्मी नंबर तिनशे बत्तीसान सोपतालो तर म्हजी णवशें सातान.

पूण आमचे मनाचे धागे खंयतरी जुळिल्ले. म्हाका ताका पळेलो की बेठीच काकुयटशी दिस. हांव एक जाणा जाल्लों, कदमाली सगळी अबर्गत ताज्या भिजूडपणांत आसा. असो हो घटमुट मनीस सगळ्याच कामांक भियेता कित्याक !

आता हांव कदमाल्या विश्वासांतलो मनीस जाल्लों. ताका आवय नाशिल्ली. सवत आवयल्या कामांक विटून तो फौजेंत भरती जाल्लो. ताजी एक धाकटी भयण आशिल्ली. ते भयणीखातीर तागेल्या मनाक तळमळे भोगताले. ताका एक फावट सवत आवयल्या कांचातल्यान सोडोवंक जाय म्हण तो आवंडेतालो.

एक दीस आमी दोगय मेळून कॅन्टीनांत वताले. मुखावेल्यान मेजर चंद्रशेखर येतालो. हो ताका पळेलो आनी गळसणलो. ' अरे तो येता मुरे ' म्हणत रस्त्या कुशीक आशिल्ल्या रेशन् स्टोराच्या अडसराक वचून लिपून उबो रावलो. मेजर बळाटून वतकीर ल्हवच मुखार आयलो.

' अरे कदम असो कितें रे तूं ?'

' तो सायब भोव कडक रे. बेठोच तापयता आशिल्लो. प्रायवेट कपडचांत खंय भोंवतात काय म्हण विचाल्यार कितें सांगचे ?'

' अरे पूण म्हाका कांयच म्हळें ना मुरे ताणे.'

' म्हाकाच तापयतात रे सगळे.' कदमान पेन्टीतल्यान भायर सुटिल्ले खोमीस झाडलेशे केलें आनी पर्थें पेन्टीत खोयले.

' कदम तें खोमीस कितलें पोन्ने जालां आनी ताजेर खतां कितलीं. दुसरें एक बरें खोमीस आनी पेन्ट शींव टेरिलीनची.'

' कपडो घेवंक आऊट पास काडून शारांत वचूंक जाय. थंय गेल्यार वाट चुकून 'रेड लायट' एरियातबी पावल्यार मिलिटरी पोलीस सोडचे नात.'

आयकोन हांव तटास.

कीट इन्सपेक्शन् आयले की तो थतरवितर जातालो. रात दीस पेटयेंतली मुस्तायकी भायर काडून उस्तीत बसतालो. हें उमळ, तें धूय, ताका रंगय, धडी घाल अशें चालूच आसतालें. तरीय शेवटाक खंयतरी उणें उरतालें आनी कोणतरी ताका तापयतालो.

एक दीस कदम म्हजेसरीं आयलो आनी दोन रुपये उशणे मागूंक लागलो. ताज्या हातांत मग् आशिल्लो. हातांत मग् पळेतकीर म्हाका उगडास आयलो आयज बुधवार– रम् इश्यु डे. पूण हांव जाणा आशिल्लों कदम रम् पियेनाशिल्लो. हांवे विचालें,

' रुपयें कित्याक रे ?'

' रम् हाडूंक वेतां.'

' कोणाक ?'

' हवालदार मोरेन हाड म्हळ्या.'

' मगेर ताजे कडच्यान घेवचे न्हय पयशे ?'

' आतां तीनचार फावट जालें मग् हातांत दिता आनी रम् घेवन यो म्हण्टा, आयज म्हजे कडेनय पयशे नात. तूं जाणाच ह्या म्हयन्याक हांवे सगळे पयशे घरा धाडून दिले ते.'

आयज जरी दोन रुपयाक मोल नासलें तरी आठ धा वर्सां-फाटीं तांका निश्चित मोल आशिल्लें. हांवे कदमाकडच्यान मग् घेयलो. आनी हांव हवालदार मोरेसरीं गेलों. ' सर तुमी कदमाक रम् हाडूंक सांगिल्लो.'

' हय, हय. पूण खंय गेलो तो ?'

' ताका सुभेदार सावंत सायबान आनी कसल्यातरी कामाक धाडला.'

' तर तूंच वचून घेवन यो.'

' पयशे दिले नात म्हण्टालो.

' आदीं वचून घेवन तरी तो मुरे. '

' म्हजेकडेन कांयच पयशे नात सर. '

मोरेन कुशीकच हुमकळोन दवरिल्ल्या खोमसाच्या बोल्सांत हात घालून दोन रुपये काडून दिले, वोग्गी.

तो जाणा आशिल्लो सुभेदार सावंताले नांव घेवप म्हळ्यारच ताका शिटकावणी आशिल्ली. कारण सुभेदार सावंत दैत्य आशिल्लो दैत्य. अशें कितेंय ताज्या कानार गेल्यार तो मोरेक सोडचो नाशिल्लो. ते उपरांत मात ताणे कदमाक रम् हाडूंक केन्नाच फर्मायले ना.

जगल कँपात ट्रेनिंगाक गेल्ले तेन्नाची खबर मात सांगचीच पड्टली म्हाका. कँपाचे पंधरा वीस टेन्ट लायिल्ले आनी ताज्या सरभोवतणी स्नेक ट्रेंच खणिल्लो. आठ धा दिसांनी हो ट्रेंच खंयखंय इल्लोइल्लो कोसळिल्लो. एक दीस सकाळीं एका जवानान बोवाळ घालो, आतांच आपणे टेन्टात एक सर्प पळेलो आनी तो मारूंक गेल्यार खंय नाच जालो '. सगळ्यांनी हातांत दांडे घेवन ताका सोद-सोद सोदलो. पूण पर्थो म्हण तो दिश्टी पडलो ना.

कुशीकच आमचो टेन्ट. तातूंत कदमय आशिल्लो. कदम सामको सैरभैर, सामको कांचवेल्लो.

सांजचो कदमान स्टोरांतल्यान फावडो हाडलो आनी तो कोसळिल्लो स्नेक ट्रेंच उस्तून सारको करूंक लागलो. शंबरेक मीटर लांबीचो तो ट्रेंच थार दिनासताना उस्तून ताणे सारको गेलो. सर्पांक भीतर रिगूंक येद्दीवाट दवरीनासताना.

रातचे न्हिदचे पयलीं गरम जातालें तरी ताणे सगळी मुस्ता-यकी आंगार लकयली, पायांक मेंये घाले आनी सामक्को कांबरुन घेवन तो न्हिदलो. कोणेकोणे थोमणे माल्ले पूण ताणे कॅर केले ना.

आनी अजाप म्हळ्यार सकाळीं फुडेंन ट्रेंचात सर्प ! ट्रेंचात-ल्यान कँपा सरभोवतणी प्रदक्षिणा घालता. कदमान तर ताका वयर रिगूंक वाट दवरूंकच नाशिल्ली. सगळ्या जावानांनी ताका धांवडावन जाम करूनच माल्लो. कदम मात ताजेकडेन कांचवेन पळेतालो.

पठाणकोट शाराच्या भायल्या वाठारांत व्हडल्या व्हडल्या बराकींनी आमी रावताले. फातरांच्यो उंच उंच वण्टीं, वयर पाख्यांक व्हडलीं व्हडलीं आडीं, पाडसरीं आनी काव्यो. सगळें भव्य, अजापाचें बांधकाम !

त्या दिसा शिरन्नाटी पावस रकतालो. दडकांर दडको वेल्या शिमीटाच्या पथ्यार घालून घेतालो. परेड ग्राउंडावेल्यान सगळे परथल्ले. तांची आगावेली भिजिल्ली मुस्तायकी वेल्या सटयेर जळीमळीं पातळिल्ली. चिखलान भरिल्ले बूट कोणेकोणे पावळेंत

धुवंक उडयिल्ले. मुखावेल्या मेसांतल्यान वयर मरपी धुंवर पावसाच्या धुंवरांत खंय नाच जाल्लो. सगळो वाठार शेळेवन गेल्लो.

कदम चिप कांबरून खाटीर बशिल्लो. हांव म्हन्यांतल्यान वतना म्हणूंक लागलो, ' ये, बस रे मात्सो हांगा.'

हांव थिंगाच ताज्या खाटीर बसलों. तो सोताकडेनच उलयिल्लेवरी उलोवंक लागलो. ' शा, कसलो पाड पडिल्लो पावस. ह्या पावसांत ही बराक काय उरची ना. वेली ती एकच सरी सकयल आयल्यार पुरो.'

' कांय जावचें ना, बेठोच भियेता तूं कदम.'

' ती चय वण्टीक केद्दी व्हडली वेर आयल्या. आनी वेली ती लाकडाची मुस्तायकी सामकी करमेल्या.

आता मात म्हाका कदमाची तिडकच माल्ली. म्हळें, 'सामको भिजूड, बायजण तूं ! फौजेंत कित्याक आयला तूं मरूंक ? सवत आवयचो त्रास सोसूंक नज जाल्लो जाल्यार वचून जीव दिवपाचो !'

कदम सामकोच बावडो जालो. दुखाचें एक सांवटकूप ताज्या चेन्यार देवन आयलें. घोगन्या आवाजानसो तो उलोवंक लागलो.

' वसंत, म्हगेल्या आईल्या मर्णान म्हाका असो अरवळ आनी पोकरी केलो. आईक कसलो जीव खावपी रोग जाल्लो कोण जाणा, भीतर शेळ आयिल्याशा, काळखा कुडींत ती दिसान दीस पडून रावताली. तिची काया आनी रयाच बदलिल्ली. केंस झडूंक लागिल्ले. दोळे फोणकुलांत गेल्ले आनी ते सरभोवतणी काळे पडिल्ले. ती इतली भागिल्ली, हांथरूणार एक वायटकार भुरगें न्हिदलां अशें दिस. शेजारीपाजारी फुतफुत्ताले आतां ती मरतली, म्हण्टाले तें आयकलें आनी म्हजो आवरोच उडलो.

सद्दां डॉक्टर येतालो आनी एक इंजेक्शन दिवन वतालो. डॉक्टरान इंजक्शनाची सूय उबी धल्ली म्हण्टकीर म्हज्या आंगार कांटो उबो रावतालो, सरसरून.

केन्ना केन्ना आई कुरू करून म्हाका म्हन्यान आपयताली, मुखार वच्चेलो म्हाका धिरच जायनाशिल्लो. ज्या आईच्या उबेवगर एक खीण हांव रावनाशिल्लों. ती आता म्हाका भुतांल्या राज्यांतलीशी दिस.

आईल्या कुडीच्या जनेला भायर एक अटामाचो कोळोकिट्ट रूख आशिल्लो. ताजे आंग काळे आशिल्लें. खांदे, ताळचो आनी पानाय काळीं कुळकुळीत. ताजी सावळीय तशीच दाट काळी पड. भर दनपरांय तो काळोख दावकुला मारीत जनेलांतल्यान भीतर रिगता काय दिस. सीताय आजी एक दीस सांग, त्या रुखार एक म्हारू रावता. घरांत एक फावट एक पिकिल्लो कुचकुचीत केळीचो घड आशिल्लो. म्हारवान आईकडेन केळें मागलें. आईन लक्ष दिलें ना. उलटे केळीच्यो साली जनेलांतल्यान भायर म्हारवासरीं मोखल्यो म्हारू उचांबळ जालो आनी आईक बादलो.

आई भायर पडली तेन्ना हांव साताठ वर्सांचो. ती भायर पडल्या उपरांत लोक उलयताले, तो मसणटीवेल्यान सद्दां येता आनी आंगणांत बसून रड्टा!'

' पूण कदम.....' म्हाका कितें उलोवचें तेंच सुचलें ना. मुखाल्ली उतरां हांवे दातांतच चाचयलीं.

आनीक फावट कितें जालें जाणा, आमी एक फावट शेजारच्या गांवात नाटकाक गेल्ले. मदीं एक व्हाळ आसा. ताज्या धडयेर गच्च रूखावळ. त्या व्हाळाच्या एकवटेन हेर जातीच्या लोकांली मडीं लासतात. दिसाचेय लोक ते वाटेन वचूंक कचरतात.

आमी नाटक सोपून पर्थे येताले. धाबारा जाण आशिल्ले. मध्यानरात उलटून गेल्ली. व्हाळाची धेंगणा देवन येतना अचकीत एकलो आड्डलो ' भूत, भूत !' आनी घे तो धांवक लागलो.

मगेर हेरय धांवक लागलें. हांव आलतडच्या धेंगणार आपटून झिडपलों आनी लकून पडलों. एकलोंच !

हांव भंय दिसून थरथरतालों. काळोख, रुखावळीची सावळी, मुखार धप्पधप्प धांवपी लोक आनी म्हज्या फाटीक लागिल्लें तें भूत ! हांव कसोतरी उठलों. तोंडातल्या तोंडांतच हांवें एक किळांच माल्ली आनी हांव लकतलकत धांवक लागलों. हांवे लोकांक मेळोवन घेयले तेन्ना हुमेन चिप्प भिजिल्लों, पाय कडकड्टाले.

उपरांत आठ दीस हांव थाऱ्यार नाशिल्लों.'

हांवे कदमालें आयकोन घेयलें. म्हाका अजाप आनी चुरचुरे !

उपरांत म्हजी बदली सिग्नल् प्लाटूनात जाली. थंय देडदोन वर्सां हांवे वायरलेस् ऑपरेटराचें आनी हेर शिक्षण घेयलें. कदम मदींच केन्नाय मेळटालो. आपल्या भयणीविशीच तो चड उलयतालो. ताजे बेगीनच लग्न करून उडोवचे ताणे मनार घेतिल्लें. मदीं तो रजेर गेल्लो तेन्ना भयणीकडच्यान सगळो वावर करून घेतात म्हण ताजें, सवत आवय आनी बापायवांगडा झगडें जाल्लें.

अचकीत एक दीस युनीटाक बारामुल्ला लागसल्या पाकिस्तान काश्मीर सरादेर वचूंक हुकूम आयलो. थंयच्यान कांय घातमारे घुसून येतात आनी काश्मीरांत नश्टी कामां करतात म्हण सरकाराक सुनशा लागिल्ली. वट्ट सरादीचेर बरीच उचंबळाय आशिल्ली.

युनीट ताकतिकेन सामान पॅक करून तयार जाले. घे पन्नास साठ मिलिटरी ट्रकांची लायन लागली आनी म्हजी बदली पर्थी एक फावट कदमाल्या ' आल्फा ' कंपनीत, वायरलेस् ऑपरेटर म्हण, हांव आनी म्हजो असिस्टंट वसंत सावंत फाटीर वायरलेस् सेट, हडुचार पोचेस, कुशीक झोळे आनी खांदाक आर्मा मारून बेगोबेग आल्फा कंपनीत वचून जॉयन जाले.

पूण कदमाक पळेल्यार तो थतरवितर. ताज्या खांद्यावेल्या आर्माची शिलिंग इतली अळंग जाल्ली, आर्म बेठेच पायामेरेन दाणो कशें लांबतालें. फाटीवेलो झोळो फातर भरिल्ल्यावरी ताका जाड जालासो दिसतलो. चिंतारूंक लागलो, ' खऱ्यानीच झूंज जातलें रे सरादीर ?'

' सांगू नज.'

' सगळ्यांकच मुखार व्हरतले ? कांय जाण रिअर कॅपांत रावचे नात ?'

कदम असलीं भिजूडपणा चितूक नाका. आमी फौजेंत भरती जाले त्याच दिसाक आमची गुळी दुस्मानाल्या आम्युनिशन् फॅक्टरीन निर्मिल्या.'

बारामुल्लावेल्यान सात मैलांचेर सरादीचेर लांब लांब युनीटान

डिफेन्स उबे केल्ले. तातून आमची 'आल्फा' कंपनी सामकी एका पोंतार आशिल्ली.

आमी थिकाणार पावतकीर रातोरात मोर्चे खणिल्ले, आनी ताज्या शेजाराक व्हडलेव्हडले लाकडाचे कुडके आडवे घालून भुंयेत बंकर्स बांदिल्ले. म्हज्या वायरलेसीच्या मोर्ह्या शेजाराकच कदमालो लायट मशीनगन्चो मोर्चो आशिल्लो.

अजाप म्हळ्यार दुसरे दिसा सकाळीं बायनोकलरात पळेल्यार आमचेपसून एक किलोमिटाराचेर पाकीस्तानी फौजेचे डिफेन्स. दोनयवटेवच्यो फौजो एक दुसऱ्यामुखार हातात आर्मां रोखून उब्यो.

कदम डिफेन्सांत भोव शादूरसो पावलां दामून घेत बागवोनसो वावुरतालो. चडवेळ तो मोर्चातच आसतालो. सदींच सर्पान बिळांतल्यान तोंड वयर काडिल्लेवरी तकली वयर काड्टालो आनी खंयूच खूट जालें म्हण्टकीर वेगोबेग तकली सकल व्हरतालो. केन्नाकेन्ना ताणे खांदाक धरिल्ली मशीनगन् दिसताली पूण कदमाली तकली मात दिसनाशिल्ली. गनाची नळी वयर आनी अख्खो कदम मात मोर्चांत. चड करून गनार गन् चलोवपी नंबर दोन ना तर तांचो कमांडरच आसतालो. कदम सदांच मोर्चांत ना तर बंकरात दड मारून बशिल्लो. हांवे मदींच कदमाक म्हण शिळोणीबीन घायल्यार तो कांचवेन म्हण्टाला 'अरे अरे शिळोण कितें घालता, गार्डनात भोंवक आयला !'

तशी सरादेर शांततायच आशिल्ली. ताणतणाव खूब आशिल्लो पूण आर्मां मात चिपच आशिल्लीं. घडये किट पडचेली वाट पळेतालीं.

आनी एक दीस दनपरां अचकीत एक तोफखान्याचो बाँबगुळो. सूं ऽऽ करीत येवन आमगेल्या डिफेन्साचेर पडलो आनी खंयतरी ढा ऽऽ करीत फुटलो. मगेर आमच्या वाजूच्या तोफखान्यानय बाँबगुळे उडोवंक सुरवात केली. मगेर घे दोनय वाजूच्या तोफखान्याच्या बाँबगुळ्यांचो पावस. डिफेन्साचेर मदीं, फाटीं फुडें खंयतरी बाँबगुळे येवन पड्टाले. पूण केजुअल्टी मात जावंक नाशिल्ली. वरभर तरी ही बाँबगुळ्यांची देवघेव चल्ली आनी अचकीत एक गुळो येवन कदमाल्या मोर्ह्याच्या धडयेर पडलो. बाँब फुटलो आनी तांचो मोर्चा फुटून गेलो. आनी बंकर कोसळ्ळे. कदम धरून वट् तीग जाण आशिल्ले, दुसरो नारायण मोरे आनी तिसरो नायक बंडू पाटील.

आशीकुशीक मोर्चांत आशिल्ल्या आमकां कळिल्लें बांबगुळो खंयतरी लागींच पडून फुटला म्हण. तातून बंडू पाटीलाली किळांच आयकोंक आयली. हांवे बेगीबेगीन वायरलेसीवेल्यान लागींच्याच मोर्चांत आशिल्ल्या कंपनी कमांडराक खबर दिली. एल्. एम्. जी. चो मोर्चो डिस्ट्रोय जालोसो दिसता म्हण सांगले. मगेर हांवे वायरलेस हेडगियर म्हज्या असिस्टंटाल्या तकलेक खोयलें आनी हांव कदमाल्या मोर्चासरीं गेलों, बाग घेवन धांवत. इतलें म्हणसर पेल्यानच्या मोर्चांतले आनीकय दोगतीग जण आयले.

नारायण मोरेच्या पोटाची वेली पुराय चामडी फुटून गेल्ली आनी तो दोनय हात पोटार दामून घेवन पडिल्लो. हात रगतान सामके न्हाल्ले. दिस, ताणे खिणभर हात सोडल्यार ताज्या पोटांतली सगळी आंतडी सुटून सकल पड्टली. बंडू पाटलाचें एक वटेचें भूजच तुटिल्लें आनी तो मोर्चांतल्या मातयेत तोंड मुंगरुन पडिल्लो. रगत ताजे भूज धरिल्ले पेन्टीमेरेन गळटालें. पूण कदमालो पत्तोच नाशिल्लो. कुशीचो बंकर कोसळून पडिल्लो. हांवे अदमास केलो, कदम बंकरापांदाक पुरिल्लो आसतलो.

सगळ्यान मेळून गडबड घालीत बंकर उस्तिलो. आनी कदमाक ओडून काडलो. ताकाय मार लागिल्लो. ताच्या काना सकयल मानेकडेन मार लागिल्लो. आनी तातुंतल्यान रगत निशेताले. मांडयेत एक शेरो आरपार घुशिल्लो. थंयच्यान रगत गळत पांयाच्या बूटामेरेन व्हांवतालें. पूण मोरेक आनी बंडू पाटलाक लागिल्ल्या माराच्या मानान हाका लागिल्लो मार उणोच म्हणपाचो. ते 'जबर जखमी' जाल्ले तर हो फकत जखमी जाल्लो.

पूण कदमाक साबुद्द्व नाशिल्ली. ताजे दोळे वरशे गेल्ले आनी तो काचाबूल जावन बेठोच अं अं करतालो. ताजी भियेवन गुळीच जाल्ली. इलें उदक तोंडांत घालतलो म्हळ्यार बशिल्लीं दाडवणां सुटून सुटनात.

अजाप म्हळ्यार हांचो घात घेयलो आनी पांच मिण्टातच बंबार्डमेन्ट बंद जाले.

म्हजो असिस्टंट वसंत वायरलेसीवेल्यान व्हडव्हडान बटालियन् हेड् क्वार्टराक सांगणे घाडटालो. 'हॅलो, लायन, हॅलो लायन हेवी केज्युअल्टी ओन् अल्फा डिफेन्स. सेन्ड थ्री स्ट्रेचर्स विथ मेडिकल् एड्'

हेड् क्वार्टरातल्यान धा मिण्टातच तीन स्ट्रेचर्स आयल्यो. ताकतिकेन तांकां तिगांकय स्टेचरीत घाले. कंपनी कमांडर मेजर सिन्हान मुखार वचून तांगेल्या चेन्यावेल्यान हात भोवंडायत तांकां धीर दिलो.

स्ट्रेचरी एम्. आय्. रूमच्या लोकांनी उखल्ल्यो तेन्ना मोरे आनी पाटील अर्दजीव जाल्ले. आनी कदम आवरो उडूनच मरूंक पाविल्लो. तो पर्थोपर्थो रडत म्हण्टालो. आतां हांव मरतलों देवा, हांव मरतलों !

स्ट्रेचरी गेल्यो आनी थंय चिम्म अवकळा पातळ्ळी. पूण मेजर सिन्हा आड्डचो 'अपने अपने मोर्चे में जल्दीसे जाके पोजिशन लो.'

सगळे धांवले. वेताना येदोळ बंकर उस्तीताना मेळिल्लो तो देवाचो फोटो हांवे उखलून हाडलो. हांव जाणा आशिल्लों, कदम पठाणकोट आसतना न्हावन आयलो की तो फोटो पेटेर दवरून उदबत्ती लावन ताची पूजा करतालो. आनी मगेर आसा तसोच पर्थो पेटेंत दवरतालो. घडये हांगाय ताणे तो बंकरा भीतर पुजिल्लो आसतलो. बंबार्डमेन्ट सुरू जालें तेन्ना तो पांया पडून देवाक पाराथतालो आसुंये. फोटो ल्हानच आशिल्लो तायटायेदो. आनी आतां ताची कंवची गेल्ली.

तांका पयसुल्ल्या व्हडल्या मिलिटरी हास्पिटलान व्हेल्ले. उपरांत तांची खबरच मेळ्ळी ना.

पंधरावीस दिसांनी एक हवालदार रिअर कंपातल्यान आयलो. ताणे खबर हाडली, बंडू पाटलालो एक हात काडचो पडलो. नारायण मोरेली तीन व्हडली आपशरेन्स जालीं आनी आतां तो बरो जायत आसा. महेश कदम मात भायर पडला !

आयकोन हांव सुन्न. म्हाका भोव दुख्ख भोगलें. हांव जाणा जाल्लो, महेश मरपाइतलो जखमी जावंक नाशिल्लो पूण जिवीतभर भुतावरी फाटीक लागिल्ल्या भंयानच ताजो बळी घेयलो.

—■—

कवितेचें पिशें

–शंकर रामाणी

'Almost everyone is a poet at a certain stage of life but sometimes it's a disease that remains right through and turns into a mania.'– Octovio Paz

म्हाका चौदा वर्सांची पिराय जायमेरेन साहित्यीक ह्या प्राण्याची तोंडवळख लेगीत नाशिल्ली. कोणाचें वाचनय नाशिल्लें. घरांतल्या वातावरणाक सामाजिक–साहित्यीक–सांस्कृतिक ह्या जडगुळ्या उतरांचो वास केन्नाच माल्लोना. वास येतालो तो ब्युरोक्रासीचो.

१९३७ ह्या सालांत पुर्तुगेज लिसेवाचीं दोन वर्सां काडून जातकीर हांव इंग्लीश दुसरे यत्तेक आसतना वळख–पाळख नाशिल्लो साहित्यीक हो महा–चिवट प्राणी म्हजे गोमटेर येवन बसलो. वास्को ज्या सेंट जोझेफ हायस्कुलांत हांव शिकतालों त्या शाळेक त्याच वर्सा मुंबय विद्यापिठाची मान्यताय मेळोवपाची खटपट चालू आशिल्ली. ताका लागून जे कोण एज्युकेशन इस्पेक्टर येवपाचे आशिल्ले तांच्या दोळ्यांक उदक लावपाक, शाळेन शिक्षणाभायर केल्लो प्रोग्रेस दाखोवपाची गरज उप्रासली आनी त्या गरजेतल्यान, हेर गजालींभायर, शाळेचें एक हस्तलिखीत काडपाचें थारलें. मागीर तें भरपाखातीर कांय शिकपी भुरग्यांनी आनी शिकोवप्यांनी हातभार लायलो. त्या शिकपीभुरग्यांतलो एक हांव.

हांवें कवितेची एक कविता बरयली. म्हगेली स्वताची म्हळ्यार स्वतंत्र कविता न्हय. रेव्हरंड नारायण वामन टिळक ह्या मराठी कवीची 'पाखरा, येशिल का परतून' ह्या नांवांची एक कविता आसा. तिचें विडंबन केलें. शाळेंतल्या कांय भुरग्यांनी आनी कांय मास्तरांनी तो वाचली. खरी–फट तोखणाय जाली आनी कशें कोण जाण, तेन्नासावन म्हाका ताळे लावपाइतलें कवितेचें पिशें लागलें. एकदां पिशें लागलें म्हण्टकीर तें सुटपाक भोव कठीण. कविता बरोवपाची लहर केन्ना येत सांगूं नज म्हणून, रातचो न्हिदतना लेगीत उशावयर हांव कागद पेन्सील दवरूंक लागलों. तो एक नित्यनेम जावन पडलो. दर दिसा एक तरी कविता बरयलेबगर चैन पडना जाली. आनी दीस–रात कवितेचो ध्यास घेवन ताचो परिणाम इतलोच जालो, अभ्यासांत पयलींसावन सदांच फाटीं आशिल्लों हांव आनीकूय फाटीं पडूंक लागलों. घरांतल्यांचीं उलोवणी खावन लेगीत केन्नाच ताळ्यार आयलोंना.

ल्हव ल्हवू घरांत, शेजारापाजारा आनी हायस्कुलांत कवी म्हणून म्हजी कोणेयतरी फकाणां मारिल्लीं कानार पडूंक लागलीं. म्हजी ही फटीची नामना दिसानदीस वाडतच गेली. आपलो पूत, म्हळ्यार हांव, कविता बरयता हाची तोखणाय न्हय तर निखडुाय खासा म्हज्या बापायक चड आशिल्ली. 'आयज केलें आमोट । तांतूंत घालें सुंगोट' अशी आमगेल्या आनंदाली कविता अशें गरज नासताना तो आरक्यां–परक्यांक सांगतालो. कविता बरोवपाचें खूळ सोडून हांवें फक्कत अभ्यासांत लक्ष घालचें अशें ताका दिसतालें जांवये. बाकीबाब बोरकार आनी दामोदर अच्युत कारे हे तेन्नाचे दोन नामनेचे गोंयकार मराठी कवी. बाकीकडेन 'प्रतिभा' आनी कान्याकडेन 'प्रसाद' आसा अशें, केन्नाकेन्ना आमचो बापूय म्हण्टालो. ताचो अर्थ म्हाका तेन्ना खबर नाशिल्लो. ताका तो आशिल्लो कांय ना कोण जाण !

वास्को आमी ज्या एका भाडच्याच्या घरांत रावतालीं त्या घराच्या मालकाचें नाव दामोदर शेट लोटलीकार. म्हज्याच पिरायेचो ताचो एक नातू व्यंकट म्हज्यो कविता वाचून म्हजी तोखणाय करतालो. तो म्हजो घरांतलो संवगडी. ताजो व्हडलो भावय सूर्यकांत– म्हजो इष्ट. पूण तो सगळो दीस भायर काम करून पैशे मेळयतालो. ताकाय कथा बडोवपाचें चट

लागिल्लें. एक–दोन वर्सां उप्रांत आमी दोगांनीय मिळून एक हस्तलिखीत काडलें. दर अंकांत म्हगेल्यो चार–पांच कविता आनी तागेली एक दीर्घकथा आसताली. आमची दोगांचीय साहित्यीक खाज भागोवपाखातीर आमी तो उपद्व्याप केल्लो पूण तीन–चार अंक काडटकीर आमची उमेद भागली. हस्तलिखीत बंद पडलें. जाल्यारूय कविता बरोवपाचें म्हजें पिशें नेटान चालू आशिल्लें, पूण व्यंकटाची गजाल वेगळी– तो घरांतच आसतालो. म्हजेभशेन तोय अभ्यासांत फाटीं. एकठांय फिरप, एकठांय खेळप आनी एकठांय उनाडपणां करपाइतली आमची दोस्ती. आमी रावतले त्या घरांत आनी एक बिराड आशिल्लें. घरकाऱ्याचें आडनांव मोरजकर. ताका पांच भुरगीं, दोन चले आनी तीन चलयो. तातूंतली तीगजाणां आमच्या वांगडा खेळटालीं. मोरजकाराल्या रानचीकुडींत, माळयेर केदचाय वेळार योवच करपाइतली तांचेकडेन आमची दोस्ती. माळयेर बाजेपोंदा सोऱ्यान भरील्लें, एक बुयांव आनी ताचेर एक पेलो दवल्लेलो आसतालो. आमचे नदरेंतल्यान त्यो दोनय गजाली सुटूंक नाशिल्ल्यो. मोरजकाराल्या दाराभायर एक लांब पडवी आशिल्ली. रबरी चेंडू घेवन आमी फुटबोलचो खेळ खेळटाले. आमी म्हळचार, मोरजकारालीं तिगांजाणां आनी हांव आनी व्यंकट. खेळांत व्यंकटाचो हांव पार्टनर. फुटबोलसारको खेळ करप म्हळचार, पायांक पांय, खोंटेक खोंट लागप आयलेंच. एक दीस खेळटां खेळटां व्यंकटाची खोंट मोरजकाराल्या व्हडल्या चलयेचेर मात्शी फोर्सानिच बसली आनी आमचे आनी तांचेभितर केस्तांवांक तें एक निमित्त जालें. व्यंकटान म्हाका दोळो मोडलो आनी थंयचे थयंच फर्मायलें, 'आनंद, तूं एक कविता फुलय पळोवया...' कविता बरोवंक बुयांव, पेलो हो विशय बरो आशिल्लो . रोखडीच हांवें एक कविता बरयली. सगळ्या कवितेंची आतां म्हाका याद ना. पूण निमण्या, चार ओळींत पन्नासेक पिराय जाल्लो, पांच भुरग्यांचो बापूय मोरजकार, ताका हांवे उपदेश केल्लो.

सकलांना घातक असली
ती दारू तुम्ही सोडा
अन् माडीवरचे तुमच्या
तें बयांव– पेला फोडा.

आनी त्याच दिसा रातचें, मोरजकारालें भायलें दार धांपनकीर व्यंकटान कवितेचो तो कागद व्हरून अचळय तांच्या दारार गोमान दसयलो.

दुसऱ्या दिसा सकाळीं मोरजकाराली घरकान्न ती अर्दी पिनिल्ली कविता हातांत घेवन दोळे पुशीत आमच्या आवय म्हऱ्यान आयली आनी हुंडक्या हुंडक्यांनी रडूंक लागली. फुडें जावपाचें ते रोखडेंच जालें. आवयन म्हाका थंयच्या थंयच याद उरसारकें कवितेचें पानवळ दिलें आनी मागीर बापायन हाडां मोव जायसर म्हाका पेटलो. तेवटचान व्यंकटाल्या आवयन अनवाळचाचे बडयेन ताका बडय बडय बडयलो. पूण इतलें रामायण जावनलेगीत कवितेचें पिशें म्हाका जल्मभर दसलें तें दसलेंच.

हायस्कुलांत पांचवे यत्तेक आसतना हेगडे नांवाचो मास्तर आमकां English Text आनी Engiish General हे दोन विशय शिकयटालो. मनीस अत्यंत हुशार, खूब वाचन केल्लो शिकयताना आपणें वाचिल्ल्या कांय पुस्तकांविशीं तो उलयतालो. पूण शिकोवपांत तो जितलो बरो आशिल्लो तितलोच दुसऱ्याचीं फकणां मारपांत ताका आनंद दिसतालो. कवी म्हणून म्हजी नामना ताच्या कानार गेल्लीच. ताका लागून भर वर्गांत तो म्हजी फकणां मारी. पूण एक दीस ताणेच टिचर्स रूमांत म्हाका आफयलो आनी वर्ड स्वर्थ आनी शेले हांच्यो आपल्याकडल्यो अँथोलोजी म्हाका वाचपाक दिल्यो. तांतल्या कांय कवितांचो आशय उक्तावन दाखयलो. कांय मराठी कवी, चड करून, माधव ज्यूलियन वाचपाची सुचोवणी केली. तागेलें मार्गदर्शन, सुचोवण्यो खूब मोलादीक आशिल्ल्यो. म्हाका लागिल्लें कवितेचें पिशें ताका निजाचें– (Genuine) दिसलां आसूंक जाय. ह्या गजालीउप्रांत तो म्हजेकडेन वेगळ्या नदरेन पळोवंक लागलो. तोमेरेन हांव मॅट्रिकेक पाविल्लों. १९३९ ह्या वर्सा म्हगेली पयली मराठी कविता छापून आयली. मागीर १९४३ सावन कांय मराठी मासिकांत म्हज्यो कविता येवंक लागल्यो. मात प्रसिद्धीची ही वाट म्हजे बाबतीत मातय सोपी नाशिल्ली. १९७७–७८ मेरेन, म्हजे नदरेन बऱ्यांतली बरी कविता, सत्यकथेकडल्यान परत येताली. केन्नाकेन्ना लग्न करून घोवागेर धाडिल्ल्या पूण एकय दीस नांदूंक नाशिल्ल्या चलयेवरी इतलेबेगीन येताली. इतली खर निर्शेवणी म्हज्या वांटचाक आयली. पूण हांवें कवितेची फाट सोडलीना.

म्हाका सदांच फक्कत कवितेचो ध्यास. केन्नाय तरी बूड मारून खरीक वचपाक मेळटलें म्हणून कवितेची साधना हांव म्हत्वाची, मोलाची मानतां. ती साधना करताना आजमेरेन श्री. पु. भागवत हांचेसारक्या श्रेष्ठ चिकित्सक प्रकाशकाकडेन म्हजो दाट सबंध येत आसा. ताणीच आजमेरेन म्हगेले दोन कवितासंग्रह प्रसिद्ध केले. मात म्हजो पयलो कवितासंग्रह– कातरवेळ–बा. द. सातोस्कर हाणीं १९५९ ह्या वर्सा उजवाडायलो.

१९४५ ह्या वर्सा कवी दामोदर अच्युत कारे हाजेकडेन म्हजी वळख जाली आनी तांजेकडेन कवितेचेर चर्चा करपाची संद म्हाका मेळ्ळी. १९४७ सावन हांव गोंय सोडून बेळगांवां स्थायीक जायमेरेन प्रसिद्ध कोंकणी कवी पाडुरंग भांगी हांचेकडेन साहित्याचे बाबतीत इश्टागतीचे संबंध आयले. आमी पुर्तुगेज–ब्रासिलयख कवींच्यो कांय कविता वाचल्यो. एकमेकांच्यो कविता वाजून तांचेर खोलमेरेन चर्चा केली. संवसारांतल्या कांय नामनेच्या लेखक–कवींचें पुर्तुगेजींत अणकारलेलें साहित्य वाचलें.

कवितेच्या म्हगेल्या साधनेत आनी एक उत्तमांतली उत्तम गजाल म्हळचार म्हजो खानोलकर (आरती प्रभू), पु. शि. रेगे, श्री. पु. भागवत, जी. ए. कुलकर्णी, द. ग. गोडसे, नरेश कवडी ह्या नामनेच्या लेखकांकडेन आशिल्लो साहित्याविशींचो पत्रव्यवहार. जाल्यारूय दर एका कवीक–कलाकाराक ताची वेगळी वाट ताकाच सोदची पडटा–थंय ताचो ताकांच सांगात आसता.

सुरवातीक कांय वर्सां म्हाका कविता सरावान येताली अशें

म्हणचे परम हांव सरावान कविता बरयताळों अशें म्हळचार बरें दिमतलें. ती उस्फूर्त-Inspired दिमनाशिल्ली अशें-न्हय. पूण खासा कवीचें म्हणून जें एक अनुभव-विश्व आसता तें भायर-भितर पोमतलें जाल्यार कवीक वाचन, मनन, चिंतन ह्या गजालींची गरज आसता हाची जाणविकाय म्हाका नाशिल्ली. ती म्हाका पयली करून दिली हेगडे मास्तरान आनी मागीर दामोदर अच्युत कारे ह्या समीक्षकाची बारीक नदर आशिल्ल्या नामनेच्या गोंयकार कवीन.

आतां इतल्या वर्सांनी कवितेच्या साधनेक लागून म्हाका कविता येता अशें हांव म्हण्टां. दर एका कवीक तागेली कविता ताणे घेतिल्ल्या अणभवाच्या खोलायेंत ताका आपसूक देंवयता अशें म्हाका दिसता. कवीच्या साधनेचें खरें सामर्थ्य म्हळचार जितली ताची साधना व्हड तितली ताच्या कवितेच्या आशयाक खोलाय (Depth) चड. ती वाचतल्याक अंतर्मुख करता.

हांव कविता मुजरत बरयना, खऱ्यांनीच ती म्हाका येता. निर्मितीची ती प्रक्रिया, तो Process म्हाका सांगूंक जमचोना हावं फकत म्हण्टां.

कविता
खंयच्यान,
कशी
कोणाक सांगून-
-संवरुन येता ?
तिका काळवेळ मातय लागना
ती अचकीत
पावली मारीत येता आनी
मोर कशी
मनाच्या माचयेर नाचत रावता...
कविता येता
हांव फकत तिका येवकार दितां
आनी खासा तिगेल्याच
हांवे आपणायल्या उतरांनी
तिचें मखर सजयतां.

कांय वर्सांफाटीं The secret of artistic creation हो स्टीफन झ्वायग हांचो एक सुंदर निबंद हांवें वाचिल्लो. म्हज्या समाजिकायेप्रमाण त्या निबंदाचे सार खासा तुकारामाच्या उतरांनी सांगतलो म्हळचार, ' काय म्यां पामरें ! बोलावीं उत्तरें ! परित्या विश्वंभरे ! बोलविलें ' अशें आशिल्लें. म्हजे नदरेन, कवितेच्या निर्मणीच्या खिणाक अंतरीचे धांवे ! स्वभावे बाहेरो ! धरूं जातां परी आवरेना ' अशी कवीची मनस्थिती आसता. आसूंक जाय. कविता येवपाक काळवेळ लागना ह्या विशींचे म्हगेले तीन अणभव दिल्यार creative process ह्या विशयाचेर उलोवप नाजाल्यार बरोवप मातय सोपें न्हय हाची कल्पना येंवये.

१९६० सालांतलो अक्टोबर म्हयनो जांवये. तारीख लक्षांत ना. पणजे पुलिसेच्या ग्राउंडार रंगार आयिल्लो फुटबोलाचो खेळ पळोपांत हांव गुल्ल जाल्लों. इतल्यांत एका कवितेच्यो ओळी ओंठार उमाळून आयल्यो. म्हज्या बोल्सांत ना फोल ना पेन. मॅच अर्ध्यार सोडून हांव तसोच पुलिसेच्या लागसार आशिल्ल्या एका हॉटेलांत भितर सल्लों. आनी काउंटरार बशिल्ल्या मनशाकडल्यात कागद-पेन्सील घेवन, आयिल्ल्यो कवितेच्यो ओळी बरोवन काडल्यो...

दुसरो अणभव : तारीख : १५ जुलय, १९७० म्हगेली घरकान्न सदांच बरी नासताली. त्या दिसा तिका आनी मात्सो त्रास जावंक लागलो आनी रातच्या णवांक सुमार सोसूं नज इतलें पोटांत दुखूंक लागलें. दोतोराक हाडनाफुडें ताणे तिका जाता तितले बेगीन हॉस्पिटलांत व्हरपाक फर्मायलें... हावें म्हगेल्या एका शेजाऱ्याक टॅक्सी घेवन येवपाक धांवडायलो आनी इतले मजगतीं 'दिवे लागले रे' ह्या कवितेच्यो ओळी म्हाका स्फुरूंक लागल्यो... जीव गोळाक लागिल्ल्या त्या पाडचा वेळार फुलून आयिल्ली ती कविता. तिका येवकार दिलेबगर म्हज्यान कशेंच रावं नज जालें ..

आनी एक अणभव सांजवेळचो चड करून हांव लांब पासयेक वतां... रेल्वेच्या तिसऱ्या गेटीकडल्यान जी रेल्वे लायन गेल्या तिच्या कुशीच्यान एक पांयवाट आसा. एक दीस ते वाटेन हांव पासयेक गेल्लों. कांय वेळान तिळसांज जाली म्हणून पर्तपाच्या विचारात आसतनाच कवितेच्यो ओळी उमाळून आयल्यो आनी घरापावचे पयली मनातल्या मनांत सगळी कविता तयार जाली...

जीवखायरो असो हो कवितेचो creative process त्या संबंदान दर खेपो म्हाका वेगवेगळे अणभव येतात. देखून निर्मितीची प्रक्रिया म्हळचार ' परि त्या विश्वंभरे बोलविलें ' अशें म्हळचार अतीताय जांवची ना अशें म्हाका दिसता. तो विश्वंभर कोण आसुंये काय ?

खासा म्हगेली कविता रुपा-गुणाची, वयल्या पावंडयाची अशें हांव केन्नाच म्हणचोना. तशें म्हणप समा न्हय. कवी म्हणून म्हाका थोडें-भोव व्हडपण फावता जाल्यार Let the time itself decide अशें हांव म्हणन. जाल्यारूय वयल्या पांवडयाच्यो, आशयाची खोलाय आशिल्यो म्हाका कविता येवपाखातीर आज जी म्हजी साधना चल्ल्या ताचें नितळ समाधान म्हाका आसा आनी तें सदांकाळ आसतलें.

-▣-



"केन्द्रस्थानी बसलेल्या वीस लोकांद्वारा खरी लोकशाही चालू शकत नाही. प्रत्येक खेड्यातील लोकांचा लोकशाहीत सहभाग असला पाहिजे. —गांधीजी

लोकांच्या हाती सत्ता



प्रमुख वैशिष्ट्ये

पंचायत राज्य विधेयक

- गाव, गट व जिल्हा पातळीवर पंचायती
- तिन्ही पातळीवरील सर्व जागा निवडणूक आयोगाच्या देखरेखीखाली थेट निवडणुकांनी भरल्या जातील
- पंचायतीची मुदत ५ वर्ष असेल एखादी पंचायत मुदतीआधी विसर्जित करण्यात आली, तर सहा महिन्यांच्या आत निवडणुका घेतल्या जातील.
- अनुसूचित जाती/जमातींना त्यांच्या लोकसंख्येच्या प्रमाणात आरक्षण
- महिलांसाठी ३० टक्के आरक्षण
- पंचायती सामाजिक न्यायासोबत विकासासाठी स्थानिक योजना तयार करतील व अंमलात आणतील
- पंचायतींना कामांसाठी पुरेसा निधी दिला जाईल.

नगरपालिका विधेयक

- नगर पंचायत, नगरपालिका आणि महानगरपालिका या तीन प्रकारच्या नगरपालिका स्थापन करायची तरतूद
- निवडणूक आयोगाच्या देखरेखीखाली थेट निवडणुका मुदत पाच वर्ष
- कोणतीही नगरपालिका मुदतीआधी विसर्जित करण्यात आली तर सहा महिन्यांच्या आत निवडणुका घेतल्या जातील.
- सेवाभावी व्यक्तींना आपल्या वसाहतीची सेवा करण्याची संधी देण्याची वॉर्ड समितीत तरतूद
- स्थानिक संस्थांना सत्तेचे प्रभावी हस्तांतरण
- नियोजन प्रक्रियेत स्थानिक संस्थांची जास्त मोठी भूमिका
- नगरपालिकांना पुरेसा निधी

विकास आणि लोकशाही लोकांच्या दारी पोचविण्याचा क्रान्तिकारी उपाय

सच्चिदानंद आत्मो

– राम बाळकृष्ण प्रभु चोडणेकार

अनादी कालापसून आमकां भारतीयांक ह्या जगताच्या मूळ तत्वाक सोदून काडपाची जिवाक ओड लागिल्ली आसा. ही जाणीव मनशाक स्वस्थ बसूंक दिना आनी अशा वेळार तो चिंतन करूंक लागता. प्राचीन कालांतल्या रुशींनीं सकाळच्या पारार उदेतल्या उजवाडाचीं सुक्तां गायल्यांत, तातूंतल्यान तांणी निसर्गाच्या देखाव्यातली जी शक्त तांका होलमल्या तिचें चिंतन करतना जगताचें कारण सोदपाचो यत्न केला, अशें इतिहास सांगता. वेग–वेगळ्या काळांत अशे व्हड– मनीस जायत गेल्यात. ते सगळे एका ताळ्यान तें मूळतत्व 'आत्मो' हेंच आसा अशें सांगतात. हेंच तत्व प्राणी सृष्टीतलो मनीस धरून सगळी जीव सृष्ट वनस्पत आनी सगळ्या तरांची माती हातूंतय आसा. जशे ह्या पृथ्वीवेल्या वस्तूंत तो आसा, तसोच आमच्या माथ्यार आशिल्ल्या आकाशाच्या पोकळींत, आमकां कळिल्ल्या, आनी ताच्याकय कितलेशाच पटीनीं कळनासता उरिल्ल्या, ग्रहगोल, तारका, आकाशगंगा अशा वस्तूंनी, ज्यो आमकां ज्ञानाच्या सोदाभायर आसात तातूंतय तो भरून आसा.

वेगवेगळे तत्व गिन्यानी, शास्त्रज्ञ आनी ह्या जगाचे आदिकारण सोदपी चिंतपी हे शक्तींक आपापल्यापरी नावां दिवन तिगेले आसप ह्या ना त्या रुपान मान्य करतात. कोण ताका परमात्मो, कोण ईश्वर आनी कोणाक ताची सत्ता ज्यातरेन जाणवता तितल्या नावांनी जाणा जातात. ताच्या पुराय व्यापाराचो अदमास कोणाक करूंक जमलो ना. आमच्या सगळ्या पूर्वील आर्ष ग्रंथांनी ताचे वर्णन करतना शब्द–वेध घेवन ताचें दर्शन घेवप जमना म्हणून 'नजो' म्हणून लिखणी सकयल दवरल्या.

तांणी ह्या आत्म्याचो पुराय सोद घेवपाचो, जाणपाचो प्रयत्न खूब तरांनी केलो. पयलींच्या काळांत रुशी, मुनी, यती आनी विरागी जीण व्हरपी व्हड– मनीस जावन गेले. ते सत्याच्या सोदांत आपली तपाची जीण व्हरताले. ज्ञान मेळावन सदांच आपली साधना चलयत, संवसारीक आशांचो त्याग करून आपलें आध्यात्मिक चिंतन करीत रावताले. संवसारांतल्या तशेंच परमार्थाच्या प्रश्नाक जाप दिवपी अशे ते अधिकारी पुरुश आशिल्ले. ताणी अहंकार त्यागून आपल्या अनुभवान सृष्टींतल्या चैतन्याची जाण घेत आनी ताजेकडेन एकरूप जावन वासना विरयत जीण व्हरत, कमी उलोवन संवसारा पेलेकडच्या तत्वांचो सुमेळ साधलो. ह्या विशयांत गती मेळयिल्ल्यांतले कांय जण म्हणजे भगवान शंकराचार्य, स्वामी विवेकानंद, ज्ञानदेव, रामकृष्ण परमहंस, रा. द रानडे असल्यांच्या वाङ्‌यांतल्यान आनी भगवान श्रीकृष्णाल्या गीता ग्रंथांतल्यान या आत्मतत्वाखातीर साधकान कोणा रुपान विशय– प्रवेश आनी प्रगती करची तें वाचूंक आनी शिकूंक मेळटा. ह्या म्हापुरूशांनी सुरवातेकच आपणालो स्वार्थ परार्थाच्या रुपान विसर्जीत करून ते परमार्थाच्या वाटेन चलून गेले. काल– माहात्म्यच असलो एकाद्रो– दुसरो म्हापुरुश जनतेक जाय जाता जाता तेन्ना तांचे तीव्र मागणेक पाळो दिता. फाटल्या काळांत विज्ञानाची प्रगती आयच्या इतली जावंक नाशिल्ली. पुणून त्या त्या काळांत तांणी जे ब्रह्मज्ञानाचे सोद लायले आनी परंपरा राखली तीची आज फकत नांव– निशाणीच उल्ल्या. तो वारसो घेवन आत्मज्ञानच न्हय, तर योग आनी ब्रह्मविद्या हांचीय गती रूद्ध जाल्या. आज विज्ञानाच्या मळार जे अधिकारी वाट चलतात तातूंतय अभ्यासू आनी विद्यार्थी फक्त ज्ञान संग्रहाक तानेले अशे शास्त्रज्ञ किंचितच. फाटल्या काळांतल्या आचार्यांची तुळा करपी या काळांत जायनात, न्हय जावंक तांका अनुरूप परिस्थिती मेळना हें सत्य आमी विसरूंक फावना.

त्या प्रतिभावंताची जाणिवेची पातळी हिमालया येदी आशिल्ली. शाश्वत सत्याच्या सोदाखातीर तांणी दुःख आनी संकटां सोंसून, जी शांती आनी प्रसन्नता लोकाभिमूख रावन तगयली, आनी आपणाल्या साहित्यांतल्यान जीवनाचें आनी या जीणे भायलें विश्वाचें गूढ तत्वज्ञान सोप्या, सुंदर आनी अर्थपूर्ण उतरांनी उकतें करून दिले ताजेविशी अखिल मानवजात तांची ऋणी आसा. ते पुरूश जगाच्या बऱ्याखातीर आनी मनीस कुळवेच्या उद्धाराखातीरच पूर्व– जल्मांतले योगीच या जल्मांत आमच्या देशांत अवतरले. या नरश्रेष्ठ व्यक्तीचें कार्य जितलें उकतें आसा ताच्या परस चड अशें अव्यक्त

स्वरूपांत तें आसा. जेन्ना लोकाची मनां पडील्ली आशिल्ली अशा मंद वेळार त्या व्हड–मनशांनी तांच्या मनांत 'वैराग्य वसंत' फुलयलो; प्रापंचिकांक, तशेंच परमार्थाची वाट चलतल्यांक अलिप्त वृत्तीन जगपाचो संदेश दिलो. देव या संकल्पनेचेंवेले पायरीवेले स्वरूप कशें आसा, आनी आसूंक जाय हाचो प्रत्यक्ष धडो घालून दिलो. वासना आनी विकार हांच्या संवसारांतल्या जंजाळांत, मनशाल्या जिण्ेंत शाश्वताचो सोद घेवपाच्या नदरेन कितेंपसून करयेता ते करपाचें वाकी ताणी दवरलें ना. ताची जीद्द कितली हाचेर उलोवप म्हळ्यारच ल्हान तोंडांत व्हड घांस घेवप जातलें. तांच्या वाङ्मयाचें सौंदर्याची रूच–जाण घेवन त्या अणभवाच्या पेलेकडेन वचप जांकां जमतलें, तेच तें विशद करूंक शकतले. त्या रहस्याची विस्काटावणी हेरांच्यांनी करूंक जायना. ताची प्रज्ञा, प्रतिभा ही वैराग्याक आनी रसिकपणाक बाधा हाडीना म्हणूनच तांणी तत्वज्ञां इतल्याच मेकळेपणान अनगत्यांक वोड लायली, भक्तीचो मार्ग दाखयलो.

हें जग त्या वर्णन करूंक येना अशा आत्मवस्तू पसून तयार जालां पुणून जर आत्मोच दिसूंक येना तर तें कित्या वैल्यान असो प्रस्न उत्पन्न करून, ताची जाप आप–आपणाल्या वाङ्मयांतल्यान दिल्ली आसा त्या जापेन जांचे शंका–समाधान जायना आशिल्यांक ते आनीक चड सांगूंक सोदनात शंकराचार्यांचो 'आत्मबोध आनी दुसरे वाङ्मय, ज्ञानदेवाली 'भावार्त दीपीका' ही श्रीकृष्णाल्या गीतेवेली टीका आनी 'अनूभवामृत' हो ग्रंथ रा. द. रानडे ह्यांच्या Misticism in Maharastra आनी Pathway to God आनी दुसरे वाङ्मय, विवेकानंदालें प्रसिद्ध लेखन आनी श्री रामकृष्ण परमहंसाली ताच्या अद्वैत मिशनान प्रसिद्ध केल्ली बरपावळ हांतल्यान त्या थोर पुरूशाच्या कार्याची दिशा, आनी तांणी केल्ल्या आपल्या कार्याची समजावणी ध्यानांत येता. खंयच्याय विशयाची पूर्णताय जशे विज्ञान मान्य करना, तशेंच अध्यात्म आनी आत्मज्ञानय अपरे आसूंक शकता. पूण त्या साधकांनी केल्ल्या असामान्य वावराचो आवांठ खूबच मोठो आसा, तशेंच तो वावर फुडे व्हरपाचो उद्योग आज अडचून उल्ला हें दिसल्या बगर रावना. ह्या इमारतीची तांणी घाल्ली बुनियाद कोणे विसरूंक फावना. असल्या ज्ञानाच्या विद्यार्थ्यांक कांय पथां पाळची पडटात. तीं पथां आमच्या या संवसारांतय दीसपट्टी उपयोगाची आसात या विशयांतली प्रगती ल्हान पणांत सावन जायत रावल्यार तांची ही जीण सोंशिक, श्रद्धाळू आनी मनीसपणाची जातली. मनशांतल्या पशूक पयस करपाक आनी ताची जीण नागर पद्धतीचीच न्हय, तर आदर्श अशी दुसऱ्यांच्या विस्वासाक पात्र थरपाची गरज आसता. आमचें भारतीयांचें फाटलें दायज उस्तीलें जाल्यार एका भारतीय नागर मनशाच्या उन्नत जीणेंचो दिष्टावो आमकां जातलो. ज्या जीव सृष्टीत मनीस जल्माक आयला, त्या मूळ जीवाच्या कडल्या जाणीवेन आत्मतत्वाच्या सत्ता, प्रकाश आनी आनंद हांच्या सोद्याच्या मार्गान वचत रावन 'सच्चिदानंद' अवस्थेतल्या आत्म्याचो सोद 'आपुण आसां' असोच अणभवाक येतलो.

या विस्तारील्ल्या अफाट जगांत एकमेकां विरूद्ध घडामोडी चलत आसतात. हातूंत कोणे अद्वैताचो अणभव घेवपाचें थारायल्यार 'द्रष्टा आनी दृश्य' एकवटीत रुपांत पळोवपाचे ध्येय आनी सिद्धी ताका ह्या आयुश्यांत जावपाक मेळत अशें दिसता. आतांच्या काळांत असल्या प्रयत्नाच्या विचारांक थारो नासता. पूण या पदवेर पाविल्लो साधक आसचो ना, अशें म्हणूंक जावचें ना. 'वासुदेव: सर्वमिती' हो अणभव घेवन त्या प्रमाण चलणारे लोक आसात. आपल्या सकट सगळ्याकडेन आत्मसत्ताच भरून आसा; सगळें विश्व म्हळ्यार त्या वासुदेवाचीच सत्ता आसा; तोच आपले व्यवहार व्यापार करयता अशी दर खिणाक जाणवणारी भक्तीची जाणीव जावन वतगर त्या साधकाक अथवा भक्ताक आनीक कांय वेगळें करपाचें उरना. तो आत्मवस्तूच्या लागी पाविल्लो आशिल्ल्यान ताणे कितेंय केल्यारय ताका जग हें आपलेंच घर आसा अशी तीव्र जाणीव जाल्ली आशिल्ल्यान ताचो संकल्प आनी आचार दैवी प्रेरणेन योग्य असो जावन वता. अद्वैताची निमाणी स्थिती आपुणच देव आनी आपुणच भक्त अशी जाता. हो अणभव ताका आपुण जय आसता थंय सुखान अकर्मावस्थेंत दवरता. ताचे पूजेचे, ध्यानाचे आनी दुसरे कसलेय उपचार आसूंत ताचें देवाचें चिंतन चलता. विश्वाच्या रूपांत भेद आनी व्यवहार हातूंत ताका ती आत्मवस्तूच दिसता. या स्थितीकच भक्ती अशें म्हणटात.

जगाचो हो चलील्लो खेळ- निर्मणी, सांबाळप आनी सोंपवप हें परमात्माच्या हेतु विरयत आनंदाखातीर घडून वता. शत्पत्ती, स्थिती आनी लय हाचो खेळ हो नव्यान रचला अशें न्हय, तर तो अनादी काळाक सावन चलत आयला. त्या चिन्मात्र वस्तूचें आसप, दिसप आनी नासप हें विश्व निर्माण जालां आनी जालें ना हाच्या पेलेकडचें आसा. या जगांतलो निर्निमीत्त आनंद जाणे करून विश्व विस्तार पावता त्या आत्मवस्तूच्या प्रवाशांत मेळटा आनी तीका खंयच्याय अवस्थेंत बाधा येना. आपूण ज्या देशाचो नागरीक आसां, त्या अस्मितायेची जाणविकाय जनमनांत घट्ट जाली त्या मनशाक खंयय आसल्यार आपुण स्वजनांत आशिल्ल्याची जाण मेळटा, आनी आनंद मेळटा. मुखार हीच अनुभूती चडत्या पायरीचेर मुखार व्हेल्यार अखिल मानवजाती कडेन एकरूप जावन ताचो आनंद तीच मनीस पणाची उपासना जाता. ज्या आत्मतत्वाचो आपूण एक अंश आसां तें आत्मतत्व सगळ्या विश्वाक व्यापून आयिल्ल्यान सगळेकडेन आपलेपणान आसां असो अणभव ताका येता. आपलो देह म्हणजे शरीर आनी पुत, गणगोत हाच्या विशींची सगळी आसक्ती ना जावन ताची बुद्धच एका आत्माच्या भितर धीर जावन ताची सगळी 'हांव' विलीन जाता. ताचें संचित आनी प्रालब्ध ज्ञानान सोपिल्ल्यान ताका नव्या क्रियमाणाचो बंध बाधक जायना अशें त्या जावन गेल्ल्या श्रेष्ठीनी सांगलां.

तांणी ही आत्मवस्तू 'स्वसंवेद्य' आसा अशें म्हळां हेखातीर तिची तुलना रुपकान करूंक मेळना. तिचे सारखी तीच आसा; ते खातीर दुसऱ्या वस्तूचो आधार घेवंक मेळना.

मुक्त आयज बंद जीण

– मीना सुरेश काकोडकार

दनपारचो रखरख पियेवन सगलो वाठार हुनहुनीत उस्वास सोडीत आमलो. चुकूनलेगीत वाऱ्याची थंड शीतळ फूंक आंगाक आफडून वच नासली. रस्तो वतांत थळपेत मोन्यानीं झेमतालो. दारांचे दोळे धांपून घरां–घरां सोशेतालीं. अशा वेळार काकीबाय केन्ना बल्कावांचेर नासता. तीय बी दार धांपून भितर न्हिद ा. पूण आयज तिजें चित्त भितरय लागनासलें, भायरय लागनासले. आयज सदालें पत्र आयलां ... ...

'–सदा, अदीं मदीं पत्र घाल रे, खबर तरी कळटा.'

'–हें पळय काकीबाय, आमच्या व्यापामुखार पत्रां घालूंक वेळ खंय आसता ?'

'– हुसको जाता रे म्हाका '

'–हुसको कित्याक जावंक जाय ? हुसको करपा सारकें कितेंय घडल्यार तुका पत्र धाडटां.'...

सदा असोच ! फट्ट करून तोडून उडोवपी. ल्हानपणासावन तो असो. आनी आयज ताजें पत्र आयिल्लें. तशें हुसको करपासारकें पत्रांत कांय दिसनासलें; तरीकय तें पत्र पळयनाफुडें काकीबायच्या मनांत पाल चुकचुकूंक लागिल्ली. पत्र सादें दोन ओळींचें.

.. तुका व्हरूंक आयतारा येतां. तयारेन राव...

काकीबायन हुस्कार सोडलो. इतलीं वर्सां अंकलेन हांगा दीस काडले. आतां खंय व्हरूंक येता हो ? आनी अेकदम व्हरूंक येता म्हणचे ? आपल्याक येवचेलें आसा काय ना हें लेगीत विचारचेली गरज ना ? कशी आसतली ? इतलीं वर्सां सगल्यांच्या तालार तर नाचत आयल्या आपूण ! आतांच कितें वेगळें घडचेलें आसा ?

वाठारांतली किण्णसाण चिरीत अेक सायकल काम्पीण वाजयत मुखावयल्यान गेली; तशीं काकीबायचीं चितना तुटलीं. बल्कांवांवेली उठून ती भितर गेली. फाटोफाट शेपडी हालयत मोती भितर गेलो.

'–तूं आयलो मूं भितर ? जांव ! हांव बसतां भायर घर राखूंक तूं न्हीद भितर.' दाराक आडामो घालतां घालतां तिणें मोतीचेर धेंगसो घालो.

तिका खऱ्यानीच राग आयला काय ना हें सारकें पारखूंक न आयिल्ल्यान मोतीन दुबावानशी शेपडी हालयली आनी मान सकयल घाली. त्या घरांत काकीबायक सांगात म्हणटा तो ह्या मोतीचो आमलो. कुडीत वचून काकीबाय आड पडली. जनेला-भायल्या पेरी रुखाचेर दोन चानये पिलां अेकामेकांची फाट धरीत सकयल्यान वयर; वयल्यान सकयल धांवतालीं. तांचेर नदर दवरून दुर्गाचेर बशिल्ल्या बुकीची शेपटी फिट्ट फिट्ट जातालि.

'–शेंसडचो खाल्यात त्यो जिरचोच आसात. पाडपडिल्लो चानयांचेर दाळो दवरून बसला !' काकीबाय तणतणली.

'–बुकी, पयलीं भितर यो.'

बुकीन काकीबायकडेन पळोवन 'म्यांव' केलें; पूण जाग्या-वयलो मातलेगीत हालो ना.

काकीबायन वणटीवयले घडयाळाचेर नदर मारली. पोन्नें घडयाळ ...जाणटें ! पूण आजून चलता. मदीं मदीं विठू ताका यादीन कोर्द दिता. सद्दां फांतोडेर तिनाक काकीबायक जाग येता तेन्ना ह्याच घडयाळाचे टिकटिकेचो तिका सांगात जाता. मागीर दोस जांवचेली वाट पळयत ती पडून रावता.

० ० ०

काकीबायचें घर व्हड. चार चौक्यांचे. घराक तशो कुडी जायत्यो आसात. पूण दर अेके कुडीक कुलूप. ही 'हाजी' कूड ती ताजी कूड ! 'हो' 'तो' आपआपलो संवसार थाटून पयस पावला. पूण केन्ना काळांतलें तांचें अस्तीत्व सांबाळीत ह्यो कुडी बंदीस्त जाल्यात. तशें पळोवंक गेल्यार कुलूप नासतनालेगीत काकीबायची जीण ह्या वाडयांत बंदीस्त जावन पडल्या.

खूब खूब वर्सां पयलीं जेन्ना काकीबाय फकत कुसूम आशिल्ली... आवयबापायची अेकली अेकसुरी अपुरबायेची धूव आशिल्ली... तेन्ना जीण कितली वेगळी आशिल्ली. हांसती खेळटी ... व्हांवती जीण .. आतां ताजें कोंड जालां.

भुरगेपणांत कुसूमाचें लग्न जालें. व्हडलें घर... व्हडलें कुटूंब. बरें घराणें... निर्व्यसनी घोव. कुसूमाक कांय फाल्त नाशिल्लें. फकत धुवेच्या लग्नाखातीरच जिते राविल्लेभशेन कुसूमाचे आवयबापूय अेका फाटोफाट भायर पडले. उपरान्त कांय वर्सानी ताजो घोवय भायर पडलो. आतांमेरेनची कुसूमाची जीण कोणा ना कोणाच्या आदारानच सरिल्ली. कसलोय प्रसंग कसलोय प्रस्न भायलेभायर सुट्टालो. तिका केन्ना स्वयंसिद्ध निर्णय वेवचो पडलोच ना. पूण आवय बापायच्या आनी घोवाच्या फाटल्यान आदाराच्यो कुबडयो गळून पडल्यो आनी कुसूम बुडूंक लागलें... घुसमटूंक लागलें. आकांतान

आदार सोदतल्या कुसूमान देराल्या संवसाराक वेंग मारली. ताका स्वताची भुरगीं नाशिल्लीं. देरांची भुरगीं ताणें आपलीं मानलीं. ती तांची काकीबाय जाली.

...काकीबायबगर सदा जेवीना.

...काकीबायबगर विसू न्हिदना.

...काकीबायबगर कमा केंस वळयना.

...काकीबायबगर घरांतलें काम लेगीत वळगना.

फांतोडेर उठून काकीबाय कामाक लागताली ती मध्यानरात जाली तरी हातुणाक फाट लावंक पाव नासली. पूण तिका ताजी खंत दिसनासली. तिज्याच मनशांखातीर तर ती कश्टताली, घश्टताली ! मनाक खटकुपासारक्यो बारीक सारीक गजाली केन्ना केन्ना घडटाल्यो पूण काकीबाय तें लक्षांत केन्ना धरी नासली. हांचेबगर आपल्याक कोणाचो आदार आसा ? हांका दुखोवन आपूण खंय वतलीं ? कशें जातलें आपलें ? अशें मनांत येवन ती सगळें विसरचेलो यत्न करताली.

पयशांखातीर मात काकीबायक दुसऱ्यांमुखार हात करचो पडलो ना. घरचे येणावळींतलो तिजो वांटो चुकनासतना तिका मेळटालो. पूण पयशानीं सूख थोडेंच विकतें घेवंक येता !

भुरगीं व्हड जालीं. चलयांचीं लग्नां जालीं. चले शिक्षणा निमतान; नोकरे निमतान पयस पावले. उपरान्त तांचीय लग्नां जालीं. वेगवेगळीं बिराडां जालीं. अेके अेके कुडीक कुळूप लागत गेलें. काकीबायचो व्हडलो देर भायर पडल्यार सात–आठ वर्सां जाल्लीं. ताजी बायल ताज्याय पयलीं गेल्ली. ताज्यो दोनय धु लग्न करून मुंबय दिल्ल्यो. दुसऱ्या देराक अेक पूत अेक धूव. पू अमेरिकेक आसतालो. थंयच लग्न जाल्लो. आनी थंयच स्थायि जाल्लो. धूव कोल्हापुराक आसताली. बापायफाटल्यान आवया धुवेन आपल्यागेर व्हेली. ती वर्सांची वर्सां घरा पावनासली.

घरांत उरिल्ली फकत तिगां. काकीबाय आनी सदाचे आवय बापूय–तातो आनी सुशीलबाय. काकीबायचो निमाणो देर. सद तांचो अेकलोच पूत. तो काकीबायचे वेंगेंत व्हानाचो व्हड जाल्लो तो बरो ना जालो जाल्यार रातीच्यो राती काकीबाय जागरण करताली. सदान कितेंय मागलें आनी काकीबायन तें दिलें ना अ केन्ना जालें ना. सदा पणजे सिर्वीस करतालो. ताजी बायलय थं नोकरी करताली. ताणे पणजे ब्लॉक घेतिल्लो.

घरांत फक्त जाणटेलींच उरिल्लीं. तात्याच्या जिवाक बरें न जालें जाल्यार सुशीलबाय आनी काकीबाय कात्राबूल जाताली शेजरा वासरा लोक बरे आशिल्ले. उल्याक रोकडेच धांवून येताले तरीकय आपल्या मनशांचो धीर वेगळो अशें काकीबायक दिस. पूण सदाक थंय येवन रावप शक्य नासलें. ताणें अेक दीस तात्याक म्हळें 'तुमी दोगांय पणजे आयल्यार कशीं ?'

'– दोगांच कशीं येतलीं ? काकीबाय अेकली उरची ना ?'

'– अेकली म्हणजे किते तात्या ? शेजरा लोकांची जा आसा. रकाद धाडल्यार केन्नाय म्हज्यान येवं येता. सगळीं जाणां ब्लॉकांत कशीं जातलीं ?'

दिवाळेचीं परबीं
आनी
नव्या वर्साच्यो शुभेच्छा !

मे.
अच्युत राणू शेणवी
तळावलीकर

जनरल मर्चंट

मडगांव–गोंय

फोन : २२७१४

ताची उतरां काकीबायच्या कानार पडलीं आनी तिजें काळीज जड जावन आयलें. तिका दिसलें आपणें ह्या सदराखातीर कितें केलां आनी कितें ना! पूण आयज आपूण ताका परकी! भार उखलेचो पडलो जाल्यार आवय बापायाचो उखलप ताका चुकूंक येवंक ना. पूण आपलो उखलप ताका जड दिसता.

'काकीबाय, म्हजी आई तूं आं ऽऽ' अशें म्हणून वेंग मारून निजे कुशींत मुंगरपी सदा आतां खंय उरिल्लो? आपलें घर सोडून ब्लॉकांत वचून रावचेली काकीबायक इत्सा नाशिल्लीच पूण तरीकय सदान, 'काकीबाय, तीं दोगां तशीच तूंय बी. तुमी सगळींच म्हज्या म्हज्यांत रावात. अशें म्हणिल्लें जाल्यार तिका बरें दिसतलें आशिल्लें. पूण सदा तशें कशें म्हणत? आपणें आफयली आनी काकीबाय खऱ्यानींच तयार जाली जाल्यार? तात्य'क आनी आवयक आफोवपा फाटल्यानच ताचो स्वार्थ आशिल्लोच. ताजो चलो ल्हान आशिल्लो. चेडवा सुवादीन ताका करून वचचें पडटालें. सुशीलबाय आशिल्ली जाल्यार बरें जातलें आशिल्लें. पूण तीं दोगां ताजेबरोबर गेलीं नात.

० ० ०

बुकीन दुर्गावियल्यान घब्ब करून सकयल उडी मारली. न्हिदिल्लो मोती जागो जालो आनी व्हडल्यान भुकूंक लागलो. परत काकीबायची चिंतना तुटली.

'– पांच मिनटां सुशेगाद पडूंक दिव नाकात म्हाका तिणें म्हळें. दनपार उलगून गेल्ली. काकीबाय उठून रांदचे कुडींत गेली. खरें म्हळचार अेकल्यापुरती च्या करूंक तिका वाज येता. पूण दनपारची च्या घेतली ना जाल्यार तिजी तकली कणकणटा.

'पाडपडिल्लीच संवय.–' ती आपली आपल्याकच खेपता. अेकल्यापुरतें रांदपाचोय तिका वाज येतलो आशिल्लो पूण मोती आशिल्लो. ताका नुसत्या बगर जेवण चल नाशिल्लें. म्हणटकीर कितेंयतरी नुस्तें दिमपट्टें घेवचें पडटालें. मोमारा काकीबाय शिवराक जेवताली पूण मोतीक खारो बांगडो तरी शितांत मुडडून घालताली. तेभायर बुकाय आशिल्लो.

मनशांक माया लावन पळयिल्ली. आतां तीच माया काकीबाय मोनजातीचेर करताली पूण मोनजातीक धेक आसता खाल्ल्या-पानार परतूवप तांका कळना. काकीबायचो मोती तर भोव मायेस्त आशिल्लो. आपलेपरीन तिजेर मोग करतालो. फाटल्या फुडल्यान भोंवतालो. मातशें जिवाक बरें दिसना म्हणून काकीबाय सदचे परम चड वेळ न्हिदून उरल्यार हातुणा म्हज्यांत बसून रावतालो. ती उठमर कुशीन सरनासलो. काकीबायच्या मनांत मोतीविशीं उपाट माया दाटून आयली. तिणें मायेन ताका पोशेलो. मोतीचो जीव येदो येदो जालो.

काकीबायन च्या करून काडली. डब्यांतल्यो बिस्कीटी काडल्यो. दोन मोतीक घाल्यो सदा कित्याक व्हरूंक येता कोणाक खबर.... परतें तिच्या मनांत येवन गेलें. पूण वचचें पडलें जाल्यार मोतीची वेवस्था करून वचूंक जाय. च्या पियेवन काकीबाय मागीलदारांत गेली.

'–विठू, अे विठू' तिणें उलो मारलो.

काकीबायल्या घरा फाटल्यान विठूली खोंर. ताजी बायल शेंवतें काकीबायगेर वावर करता. तांच्या अडी अडचणींक काकीबाय तांकां पावता आनी काकीबायच्या उल्याक दोगांय घोव बायलां धांवन येतात.

'–विठू, सदाचें पत्र आयलां.'

'–बरी आसात न्हूं सगळीं काकीबाय?'

'–तशें कांय बरोवंक ना बाबा तागें. फकत म्हाका व्हरूंक येतां म्हळी.'

'–तुका व्हरोंक येतां म्हळी? व्हनीबायची बरी आसा मूं?'

'–म्हा काय तोच हुसको जाला. कळटलें फाल्यां! तशें कितेंय आसल्यार सदाबरोबर वचून येतलें दोन दिसांक'

'–वचून यो तूं काकीबाय. हांगासल्लो हुसको करूं नाका. म्हजें लक्ष आमा घराचेर.'

घराचो न्हय रे... म्हाका मोतीचो हुसको. फाल्यां वचचेलें थारलें जाल्यार ताजेखातीर तांदूळ काडून दवरतां. पदेराक उंड्याची लावण आसाच. ताका उंडे तुगेर दिवंक सांगतां. शेंवटूक सांग मोतीक दोन शिता गोटे शिजोवन घाल म्हणून' विठूक हांसो आयलो. 'काकीबाय, सामको भुरग्यावरी हुसको करता मगे ताजो.'

'– मोनजात रे ती. भूक लागल्यार कोणाक सांगतलो? उपाशीं रावतलो पोर. पोसला म्हणटकीर माया लागल्या.'

मोतीची वेवस्था करून जातकीर काकीबायक मातशें स्सू ऽऽ जालें.

कित्याक व्हरूंक येता काय सदा? सगळीं बरी आसात मूं? हरशीं व्हरूंक कित्याक येतलो आसलो? कसल्याय गरजेक ताका काकीबायची याद जावचेली. हरशीं न्हंय. आपल्याविशीं इल्ली तरी ओड आशिल्ली जाल्यार हांगा इतलीं वर्सां आपल्याक अेकली दवरतलो आशिल्लो? केन्ना चुकून लेगोत दोन दिसांक आपल्यागेर यो म्हळें ना. आतां अकस्मात व्हरूंक येता जाल्यार कितेंय पूण कारण आसतलें. चितता चितता काकीबाय फाटल्या यादिनी शेणून गेली.

...सदाचो बापूय अकस्मातच गेलो. बरो जेवला. बरो खाला. दनपरां आड पडला... सांज जातासर कांय ना. कितलें बरे मरण! हातुणार पडप ना... हाल अपेश्टा नात. वात अळंग पालवची तशी जीण पालवली. ताज्या फाटल्यान सदा रोकडोच आवयक पणजे व्हरूंक सोदी पूण तीच गेली ना.

सदाची बायल दुसरे फावटी गुरवार आशिल्ली. बाळंतपण लागीं पावलें तसो सदा आवयचे फाटीक लागलो. व्हडलो चलो तसो ल्हानच आशिल्लो. घरांत कोणाच्यातरी आदाराची गरज आशिल्ली. सदाक जाय जाल्यार दोगांकय व्हरूंक येतालें. पूण ताणें आवयकच आफयली.

ती फाटी फुडें येताली. पूण 'ताजे गरजेच्या वेळार आदार दिलो ना जाल्यार कशें जातलें? म्हजो हुसको करूं नाका. शेजार आसा उल्याक धांवून येवपी.' अशें म्हणून काकीबायनच तिका फोर्सान सदाबरोबर धाडली.

बाळंटेरा उपरान्त रोकडीच परती येवचेलें थारावन गेल्ली सुशीलबाय सदागेरच उरिल्ली. भुरगीं ल्हान. सून नोकरी करपी. सट्ट करून उटून वता म्हणप तिका जमनामलें. ती वतकीर काकीबाय घरांत अेकलीच उरिल्ली. घरांत चवथ बी पूजपाची आसल्यार त्या निमतान तरी घरचे लोक अेकठांय जमतात. पूण काकीबायगेर चवथ नाशिल्ली आनी पोन्न्या घरा येवंक कोणाक फुरसतय मेळ नाशिल्ली.

नाल्लांचो पाडो करूंक अेक मास्तर दवरिल्लो. ताणें पाडो करून नाल्ल विकले म्हणटकीर पयशे व्हरूंक सदा अेक फावट मारतालो. अेक दीस काकीबायन रावूं नज जावन ताका म्हणिल्लें,

'–सदा अदीं सदीं पत्र धाड रे. खबर तरी कळटा.'

'–हें पळय काकीबाय आमच्या व्यापामुखार पत्रां घालूंक वेळ खंय आसता ?'

'–हुसको जाता रे म्हाका.'

'–हुसको कित्याक जावं जाय ? हुसको करपासारकें कितेंय घडल्यार तुका पत्र धाडटां.'

हाजेर मागीर काकीबायन कांय म्हळें नाशिल्लें.

अेक दीस पावसान भिजिल्लो सुपूल्लो सुण्याचो पेटो कुडकुडत घराचे भितोडेक येवन उबो रावलो. काकीबायची आनी ताजी नदरानदर जाली तेन्ना साता जल्माची वळख आशिल्लेवरी ताणें शेपडी हालयली. काकीबायचे काळीज त्या भुकेल्ल्या जिवाक पळोवन कळवळ्लें. तिणें ताका घरांत व्हरून पुसलो आनी पोटभर जेवंक घाले. तेन्नाच्यान मंती घरांत रिगलो. सामकां घरचो जालो. असोच केन्नातरी बुकीय घरांत आयलो. पूण काकीबायक बुकीचो हुसको दिसना. तो जगभर हेडून आपलें पोट भरुंक जाणा. मोती ताजेभशेन न्हय. ताका काकीबायनच वाडूंक जाय.

पत्राचें चिंतून काकीबायक सारकी न्हीद लागली ना. दुसऱ्या दिता सदाची वाट पळयत ती भायर भितर करत रावली. शेंवतून म्हळें, 'काकीबाय बेटीच खासावीस कित्याक करोन घेता जीव ? सदाबाब येवचेल्या येळार येतलो.'

सदा पावतासर साडे धा जालीं. ताजेकडेन सगळ्यांची खबर घेतासर काकीबायक थार धरलो ना

'– बरीं आसात मरे मगळीं ?'

'– अं.. आसात गे... आईच मातशी.. बरी ना... तुजी याद काडटा.'

काकीबायच्या आंगांतल्यान चडून आयिल्ल्यावरी जालें. फुडें कितेंय विचारूंक तिका धीर जायना जालो.

'– जेवन रोकडींच भायर सरुंया.' सदान म्हळें. काकीबायन मान हालयली. धाकले जावेविशी तिका सदांच ओड दिसताली. आतां ती बरी ना. आपली याद काडटा जाल्यार आपणें थंय वचूंक जाय. इतलेंच तिका जाणवलें

काकीबायन सडसडीत रांदलें. विठूगेर मोतीची वेवस्था केली. नुस्तें शिजोवन घालचेखातीर थोडे पयशेय दवरले.

'– सुशीलबाय बरी ना. म्हजी याद काडटा म्हणून सदा

दिवाळेचीं हुनहुनीत परबीं !



जॉर्जी ट्रॅवल्स

मडगांव

बेला विस्ता अपार्टमेंट

बेंगलोर, मंगळूर, मुंबय आनी पुणे
ह्या सुवातांनी वचणी बसींच्यो तिकेटी
मेळपाची सुवात

फोन : २१३३७

दिवाळी शुभेच्छा !

हरिहर जनार्दन भुजले

भाजीपाल्याचे व्यापारी

मडगांव-गोंय

विनायक ट्रान्स्पोर्ट

फ्लीट ओनर्स

ट्रान्स्पोर्ट कॉण्ट्रेक्टर्स कमिशन एजण्ट

मडगांव-गोंय

व्हरूंक आयला. दोन चार दिसानी येतां ' तिणें शेंवत्याक सांगलें. सकाळच्यान मोती तिज्या फाटल्याफुडल्यान भोंवतालो. ताका कसली तरी मुलूम लागिल्ली.

मगली तयारी जातकीर सदान दाराक कुलूप लायलें. स्टॅंडार वचूक रिक्षा हाडिल्ली. तातूंत बसचे पयली काकीबायन मोतीक पोंचेलां

'रोकडीच येतलीं हांव, विठू म्हन्यांत राव.' तिणे म्हळें. करूण नदरेन मोतीन काकीबायक पळयलें. आपल्याक सोडून वचं नाका अशें ती नदर मोन्यानीं तिका विनयताली. काकीबायच्या दोळ्यांत दुकां दाटून आयलीं.

रिक्षा सुटली तरी बरोच वेळ मोती तिजेफाटल्यान धांवत रावलो. मागीर कितें तरी समजल्लेवरी मोन्यानीं परतलो.

० ० ०

सदागेर वतकीर सुशीलबायची स्थिती पळोवन काकीबाय कळवळ्ली. तिका आरीचें जाल्लें. उलोवपय बंद जाल्लें. सगळे व्यवहार हातुणार करचे पडटाले. दोगानीय अेकामेकांक पळोवन दोळ्यांतल्यान दुकां काडलीं. हातुणार पडून झरत मरचेलें जाणटेंपण कोणाच्या वांट्याक येवचें न्हय काकीबायच्या मनांत येवन गेलें.

दोन दिसानीं वचचेलो बेत करून आयिल्ली काकीबाय सदागेर चार दीस उरली. घडये मोतीचो हुसको नाशिल्लो जाल्यार आठ दीस रावत आशिल्ली. पूण काकीबायक ताजो हुसको आशिल्लो. सदागेर चारूय दीस तिजे मोठे मायेन सुशीलबायचें सगळें केलें. तिजें गू मूत काडलें. पांचव्या दिसा तिणें सदाक म्हळें, ' सदा, हांव घरा वनलें म्हटां सगळें तत्रस्त उडोवन आयलां. मोतीय आमा... आयज पावय म्हाका.'

सदा फाटीफुडें आयलो... 'घरा आनीक कित्याक वचूंक सोदता काकीबाय ?'

'–अशें म्हणून कशें जातलें बाबा ?'

'–तूं थंय अेकलीच कितलो तेंप रावतली ? ...'

'–इतलो तेंप रावल्यां थंय आनी थोडो तेंप...'

'–तशें न्हय गे... आई अशी हातुणार पडल्या... तिजें सगळें करून ऑफिसांत वचप म्हळ्यार सरूक थोडे त्रास पडनात. आईचें सगळें करूंक कोणय दवरतलों हळ्यार हालीं तेंपार खंय मेळटा कोण ? तूं आपल्यार आमकां तितलोच आदार. त्याभायर तूंय जाल्यार थंय अेकलीच...'

आपल्याक हांगा आफोवप फाटलो सदाचो हेतू कितें आसत हे विशीं काकीबायच्या मनांत कितेंय दुबाव आशिल्लो जाल्यार ताजीं उतरां आयकून तो ना जालो. निमणें आपल्या स्वार्थाखातीरच ताका काकीबाय जाय आशिल्ली. आवयचे कश्ट काडचेखातीर तो काकीबायक आफयतालो. आनी आपूण बरां ना जावन हातुणार पडल्यार कोण करतलो आपले ? काकीबायचे तकलेंत येवन गेले. तिणें सदांच सगल्यांखातीर जीण झरयिल्ली. पूण जांचेखातीर ती झल्ली ताणीं तो आपलो हवकच जाल्लेवरी सगळें भरभरून घेतिल्लें काकीबायन सदांच दिवचेलें आनी हेरानीं हवकान घेवचेलें अशेंच

दिवाळेचीं हुनहुनीत परबीं आनी नव्या वर्साखातीर शुभेच्छा !

मेसर्स अनंत नरसिंह नायक असोसिएटस

मडगांव–गोंय.

▣ तार : बाबू

▣ फोन : ऑफिस : २२१७१, २१३३५
घर : २२३१२

मुडीस च्या प्रेस्टीज प्रेशर कूकर

क्वालिटी बिस्कीट आनी बाऊन्स दूध पावडर

ह्या उत्पादनाचे गोंयचे एकमेव वितरक

सगळे घरून चलताले. कोणाक तिजो धेंक नाशिल्लो.

आतांय म्हणून सदाक दिशिलें आपणें राव म्हणटकीर काकीबाय रावतली. पूण इतलीं वर्सां अेकटुकी जीण सारून काकीबाय खूप कितें तरी शिकिल्ली. ती जाणा आसली सदाक दुखयल्यार तो पोटांत तिडक घेवन रावतलो. फाटी फुडें आपूण हातुणार पडल्यार आपल्याचेर नदरलेगीत घालचो ना. येदी व्हडली जीण ताजेखातीर घश्टीली; पूण आतां मातसो दुखवलो जाल्यार केल्लें तें सगळें अेका खिणांत विसरून वतलो !

'हाका' दुखयल्यार कशें जातलें? 'ताका' दुखयल्यार कशें जातलें? जाणटेपणांत कोण आपल्याक आदार दितलो? ही भिरांत काळजांत घेवन काकीबायन आयजवेरची जीण सारील्ली. पूण खंय कितें? जाणटेंपण अेकटुकेंच तर सारताली. शेजारच्या लोकांचो आदार आशिल्लो. गरजेक पावतालीं. पूण हातुणार पडल्यार आपलें कशें जातलें? कोण करतलो आपलें? आवयचें काडटनाच सदा खरशेला. आपलें कितें काडटलो तो? मरणाचो भरवंसो कोणाच्यान दिवं यता? तान्याभशेन मरण थोडयाच पुण्यवंतांच्या नशिबांत आसता... हातापायान धड आसल्यार कशेय दीस काडूं येतात... खरो आदार जाय तो हातुणार पडल्यारच न्हय? काकीबायच्या मनांत तरेकतरांचे प्रस्न आरते परते घुंवताले. त्यापरस तशी परिस्थिती आयल्यार बात आपली आपणच पालोवन कित्याक उडोवची न्हय? अकस्मात तिजे तकलेंत येवन गेलें. तितलें धैर्य आसा जाल्यार हेर सगल्या प्रस्नांची जाप सोदीत बसचेली गरज तरी कसली आपल्याक? आपले येद्दे व्हडले जिणेंत पयलेच फावट काकीबायन स्वयंसिद्ध निर्णय घेतलो... मागीर तिज्या मनांतली भिरांत आपसुकच गळून पडली.

थंड चित्ताण तिणें सदाक सांगले, 'ना सदा म्हाका घरा वचूंक नाय. हांगा रावप म्हाका शक्य ना–' सदाक तिडक मारली. आपली अडचण काकीबाय समजून घेना म्हणचे कितें? ताणें तशी कल्पनाच करूं नाशिल्ली. ताजी तिडक काकीबायक समजली पूण तिका आतां भियेवन दीस काडचेली गरज खंय आशिल्ली?

सुशीलबायचो निरोप घेतना मात काकीबायच्या काळजांत उमाळो दाटून आयलो. तिजी नदर पळयतना काकीबायक बद्दू मोतीचे नदरेचो उगडास जालो.

'येतां' भरिल्ल्या गळचान तिणें जावेक सांगलें.

० ० ०

घरा मुखार रिक्षा थांबली. सदा स्टॅन्डावयल्यान तिका रिक्षांत बसोवन भायल्याभायर परतो पणजे गेल्लो. दाराक तेंकून मोती बशिल्लो. रिक्षाचो आवाज आयकून तो अेकदम उठलो. काकीबाय रिक्षांतल्यान देंवनाफुडें ताणें तिजेर घालून घेतलें. तिका पावल फुडें घ लूंक दिना जालो. ताणें काकीबायचे पाय ल्हेंवले; हात ल्हेंवलें, उबो रावन तोंड ल्हेंवलें. कशे तरेन आपलो आनंद उक्तावचो हें ताजे ताकाच कळनाशिल्लें. कूंऽऽ कूंऽऽ करून अेकेवटेन तो रडटालो आनी दुसरेवटेन खोशेन शेपडी हालयतालो. काकीबाय आयल्या तें पळोवन विठू आनी शेंवतू धांवत आयलीं. विठून मोतीक कुशीन काडचेलो जायतो प्रयत्न केलो. पूण तो कोणाकच आटाप नाशिल्लो.

आपल्याक पळोवच मोतीन उक्तायल्ली तितली खोशी तितलो मोग हेर कोणाकडल्यान काकीबायन केन्नाच अणभवूंक नाशिल्लो.

'– काकीबाय, तूं वचतमावन मोती शिताक आफडूं ना. फकत हांगा बसून आसा.' शेंवतून सांगलें.

मोनजात जावन लेगीत कोणेंय वाडलें म्हूण कितें जालें पोटाक मेळटकीर जालें असो विचार मोतीचे तकलेंत येवंक नाशिल्लो. ताका काकीबायनच वाडूंक जाय आसलें. तिजेबगर ताका अन्न गोड लाग नाशिल्लें. हातूंत ताजो स्वार्थ खंय आशिल्लो? आशिल्ली फकत मोनी माया.

'म्हजी वाट पळयनालो रे पोरा? काकीबायन ताका सांसपीत विचारलें.

विठून घर उकतें केलें. शेंवतून बेगिबेगीन साम्र मारली. जगूली सून च्या आनी सांजो करून घेवन आयली. आपली नासूनय त्या सगळ्यांनीं दाखयिल्लें आपलेपण पळोवन काकीबायचें मन भरून आयलें. आनी त्या आपलेपणांत तिजें अेकलेंपण खंयचें खंय शेणून गेलें... आतां ती अेकली उरूंक नाशिल्ली !

–❀–

With Best Compliments From :

ONLY THE BEST MAKE HISTORY

HERSONS

(THE FIRST NAME IN SPRINGS)

Herson is known for quality, Thear of reliability has been by making product which meets The Sringent Standard of Original Equipment Automobile Manufacturers.

When You Need Springs Ask For Hersons.

Hersons (India) Steel Industries

OFFICE :
Nandanvan Apartments,
Luis de Miranda Road,
Margao–Goa.

FACTORY :
Shed No. D2-26,
St. Jose de Arael,
Margao Industrial Estate,
Margao-Goa.

HERSONS Telex : 196-205
Phone : 22975 21246

हुंवार

– दत्ता नायक

शुभदा

शुभदा वॉर्डाभितर आयलें तेन्ना लेक्चर निकतेंच सुरू जाल्लें. धवोफुल्ल गावन घाल्ले दोतोर आपटे एके कॉटीलागीं उबे आशिल्ले. शुभदाच्यो वर्ग–भगिनी आनी वर्ग–बंधू दोतोर आपटे भोंवतणीं चोमो करून उबे राविल्ले. दो. आपटे ' गुप्त–रोग चिकित्सा ' ह्या विशयाचेर लेक्चर दिताले. शुभदाय थंय घुसलें.

'...आनी सगळ्या गुप्त–रोगांचो राजा म्हळ्यार भायली पिडा. म्हळ्यार सिफिलीस. सिफिलीस पिडेच्यो तीन अवस्था वा स्टेजीस आसतात. फर्स्ट स्टेज, सेकंड स्टेज आनी थर्ड स्टेज. पयले अवस्थेंत ही पिडा जाल्ल्या रुग्णाच्या ग्लान्स–पेनीसार निरुपद्रवी दिसपी धव्यो पुळयो येतात. पयले अवस्थेंत हे पिडेचेर उपचार करप चड बरें. दुसरे अवस्थेंतय सातत्यान उपचार केल्यार सिफिलीस रुग्णांक हे पिडेपासून आपली मेकळीक करून घेवपाक जाता. पूण थर्ड स्टेजींच्या रुग्णांक मात हे पिडेपासून आपली सासणाची सुटका करून घेवपाक जमना. आतां हे कॉटीवयल्या रुग्णाची स्थिती पळेयात... ...' दो. आपटेन लेक्चर दिता आसतनाच ते कॉटीवयल्या रुग्णाकडेन सगळ्यांचें लक्ष ओडलें.

त्या पेशंटाच्यो खाड–मिश्यो बोटभर वाडिल्ल्यो. दोळे भितर गेल्ले. खाड वाडिल्लें आसतनाच ताची भितर गेल्लीं गालफडां बेसबरी दिसतालीं. ताच्या दोळ्यासकयलीं हाडां वयर सरिल्लीं. ताच्या आंगार धवी शादर पांगुरलेली.

दो. आपटेन ताचेवयली चादर काडली. चादरासकयल ताच्या आंगार फकत एक बानयन सोडल्यार तो पुराय नागडो आशिल्लो. मातय हालनासतना तो सगळ्या विद्यार्थ्यांकडेन आनी दोतोराकडेन काकुयटेन पळेतालो. आंगावयलो चादर काडिल्ल्यान ताका आपले नागडे अवस्थेची खूब्ब लज जाल्ल्याचें जाणवतालें. ताणें आपली कूड आंखडांवन भितर ओडिल्लेभाशेन केली. ताच्या हातापायांचे व्हीर जाल्ले. ताचें लींग विरूप जाल्लें.

दो. आपटेन ताचें लींग आपल्या लुआं घाल्ल्या उजव्या हातान उखल्लें. आपल्या विद्यार्थ्यांक उपरांत गंभीरतायेन ते सिफिलीसची चड माहिती दिवपाक लागले.

शुभदाचें लक्ष अकस्मात एके कुशीक पडिल्ल्या त्या पेशंटाच्या हातार गेलें. व्हिरासारको बारीक जाल्लो तो हात. त्या हातार मुरली वाजोवपी कृष्ण गोंदयिल्लो आशिल्लो. हाताची कात सुरकतलेल्यान आटिल्ली. कात आटिल्ल्यान कृष्णाचें तें चित्रय आटिल्लें.

शुभदान आंग काडलें. ताचें मन बधीर जालें. ताची कूड घट्ट जावन आयली. कुशिल्ल्या चिखलाची ती घाण ताच्या नाकांत शिरपाक लागली. ताच्या मेंदूक सण्ण जालें. आनी अश्या वेळार मल्लुकें मारून आयिल्लेभशेन येवपी ती घुंवळ ताका आयली. एक घुसमटलेली किळांच मारून तें बेशुद्ध पडलें आनी अशें बेशुद्ध आसतनाच तें भडाभड ओंकलें.

० ० ०

शुभदा शुद्धीर आयलें तेन्ना दो. आपटेन ताचेर प्रथमोपचार केलें. ताचेभोवतणी हेर विद्यार्थी–विद्यार्थिनी उव्यो राविल्यो.

'मिस रेगे! आतां कशें दिसता तुका?' दो. आपटेन सून्न जावन पळोवपी शुभदाक विचारलें.

'हांव बरें आसां,' शुभदान जाप दिली. तें उठून उबें रावपाचो यत्न करपाक लागलें.

'राव! राव! मिस रेगे! तूं मातशें हेच कॉटीर न्हिदून राव आ,' दो. आपटेन ताका उठपाक दिनासतना म्हळें, 'हांव आनीक एका वरान तुका तपासपाक परतो येतां तोमेरेन तूं हांगाच अशें आड पडून राव.'

वॉर्डांतल्या स्पेशल रुमांत आशिल्ले ते कॉटीर शुभदा मागीर न्हिदूनच रावलें. ताची तकली खूब उसळूंक लागिल्ली. ताका हुडक्या हुडक्यांनीं रडपाक येवंक लागलें. तें खूब वेळ तशेंच रडत रावलें. रडटा आसतनाच ताचो दोळो लागलो आनी तें सुस्त न्हिदलें.

० ० ०

दो. आपटेन उठयल्यानच शुभदाक जाग आयली. तें कॉटीर उठून बसलें. ताका तेन्ना खुबूच बरें दिसपाक लागिलें. ताची फोडटाली तो तकली आतां थांबिल्ली.

'मिस रेगे! तुका आयज आयिल्याभाशेन अदीमदीं अशीच घुंवळ येता व्हय?' दो. आपटेन विचारलें.

'हय, दोतोर! केन्नाकेन्नाय येता.'

'मिस रेगे! अंदूं तुजें थर्ड इयर एम. बी. बी. एस. म्हळ्यार तूं सामकें दोतोर जायत आयलां. आनी अशें आसतनाय तुजे घुंवळीर अद्यापय तुवें कांयच कसो उपाय घेतलो ना? हेदोळ तुजें क्लासमेट मिस मनू हजारे म्हाका सांगतालें, तुका खंय एक फावट सिनेमा थिएटरांतय अशीच घुंवळ आयिल्ली. शव–विच्छेदनाच्या प्रॅक्टिकलावेळारय तुका खंय दोन खेप अशी घुंवळ आयिल्ली. तुवें अजूनमेरेन खंयच्याच दोतोराक तुजी प्रकृती कशी किदें दाखयलीना?'

'दोतोर! हांवें एकदां म्हज्या फॅमिली डॉक्टराक म्हजी प्रकृती दाखयिल्ली. दोतोरान म्हजे तकलेचो एक्सरे काडलो. मलमूत्र परिक्षा केली. रगताची तपासणी केली. पूण कसलेंच दुयेंस सांपडलें ना. दोतोर म्हणपाक लागलो– अपचन वा पित्ताखातीर अशी घुंवळ येता आसूंये.'

'मिस रेगे! तुका आयिल्ली ही घुंवळ मल्लुक्यांत जमा जायना. इट इज नॉट कॅटॅग्स्ली. अपचन, पित्ताखातीर अशी घुंवळ येवप कुस्तार. तुज्यांत तरी कसलीच पिडा आमाशें म्हाका दिसना. हो प्रकार शारिरीक पिडेचो न्हय. कसलेतरी मानसिक पिडेचो हो प्रकार आमा अशें म्हाका दिसता. तुका घुंवळ येता तो कसल्यातरी मानसिक ताणाखातीर अशें म्हाका दिसता. आयज आमच्या ॲम्फी–थिएटरांत दोतोर दोडगे ह्या निष्णात मानसशास्त्रज्ञाचें एक व्याख्यान आसा. सांजेच्या चार वरांचेर तूं मुजरत यो लेक्चर सोंपतकच हांव तुजी त्या दोतोरावांगडा वळख करून दितां. घुंवळेची ही तुजी केस आमी ताचेकडेन दिवंया.'

'थॅंक्यू डॉक्टर! थॅंक्यू व्हेरी मच. हांव मुजरत व्याख्यानाक येतां,' शुभदान कृतज्ञतायेन म्हळें. आनी शांत, जाय तिं उलोवपी डॉ. आपटे ताका थंयच सोडून गेले.

शुभदा उठलें. वंटीक हुमकळायिल्ल्या हारश्यांत ताणें आ नुरा निरखिली. गावनाच्या बोल्सांतल्यान फणी काडून आ केंसार हात भोंवडायलो. बेसिनार वचून पचापच थंड उदक आप तोंडार मारलें. उपरांत तुवाल्यान तोंड पुसलें. ताका प्रसन्न दिस लागलें. ताणें रुमाचें दार अदें उगडलें. तो गुप्तरोगान ज जाल्लो पेशंट थंयच आशिल्लो. तसोच हाल–धोल नासतना निस पळेत राविल्लो.

शुभदाची नुरा मात पाशाणाभशेन कठोर जाली. ता ओंठाची सरळ रेघ जाली. निश्चयान तें रुमाभायर आयलें. पेशंटाचे कॉटीलागीं येवन उबें रावलें. तें त्या पेशंटाकडेन निर्विक तोंडान पळेत रावलें. वॉर्डांत नर्स नाशिल्ली. हेर पेशंट आपआपल कॉटींचेर वोगी आड पडिल्ले.

त्या मनशान शुभदाकडेन पळेलें. ताका दिसलें. आपणा वखद वा इंजेक्शन दिवपाखातीर नर्सच आयल्या. ताणें परतें ता कडेन पळेलें. तें तशेंच ताचेकडेन रोखून पळेतालें. ताच्या दोळ्यां उचंबळायेचो उजो धगधगतालो.

'तुमी कोण?' त्या पेशंटान मात्शेंशें आंग काडून शुभदाकडे पळेलें आनी उपरांत अशक्त, अस्फुट आवाजांत विचारलें.

'म्हाका वळखलो?' शुभदान धारदार आवाजांत विचारलें ताचे दोळे धगधगताले.

'कोण .. कोण तुमी?'

'म्हाका वळखलो?'

'ना! कोण तुमी? किदें जाय तुमकां?'

'वळखलोना म्हाका? पानशेतच्या हुंवाराची याद आसा? एरवंडवणा पार्कांतल्या 'लक्ष्मी निवास' बंगल्याची याद जाता? फकत तेरा वर्सां पिरायेचे ते चलयेची तुका याद जाता?'

'तूं? तें तू? तूं तें?' पेशंटाची नुरा धवीच जाली.

'हय... तेंच हांव. हांवूच तें.' शुभदाचो धारदार आवाज चडलो. ताचे दोळे ताचेर उजो ओंकताले.

'नाका... नाका... म्हाका मारूं नाका... देवा रे! धांवारे धांवात कोणीयतरी. म्हाका वांचयात, 'तो थर्ड भियेवन जिवाच्या आकांतान आड्डूंक लागलो. जशें कितें शुभदाच्या दोळ्यांतलें तेज ताका भाजून करपून उडयतालें. वॉर्डांतली नर्स धांवत धांवत त्या पेशंटालागीं आयली. तोमेरेन तो पेशंट असह्य भिरांतेन बेशुद्ध पडिल्लो.

'किदें जालें, डॉक्टर?' नर्सीन अजापान शुभदाक विचारलें.

'कांय ना. हांव वतां' शुभदान थंडसाणेन जाप दिली. तें वॉर्डाभायर आयलें. नर्स त्या बेशुद्ध पडिल्ल्या पेशंटाकडेन आनी शांततायेन पावलां मारीत वचपी शुभदाकडेन अजापान आ करीत पळेतच उरली.

० ० ०

शुभदा हॉस्पिटलाच्या कंपौंडाभायर आयलें. चर्चगेटीचे दिकेन

चलपाक लागलें. ताचे तकलेंत विचारांचे चक्र गरगर फिरतालें.

' म्हाका येता त्यो फिटस ! त्यो फिटस शारिरीक पिडेखातीर येनात अशें डॉ. आपटेन म्हळें. म्हाका जाल्यार हें केन्ना खबर आशिल्लें. हांवें फ्रॉयड वाचला. सायकॉलॉजीवयलीं हेर कितलीशेंच पुस्तकां वाचल्यांत. म्हाका येता त्यो फिटस म्हळ्यार मानसिक विकृतीचें एक लक्षण हें म्हाका केन्ना समजल्लें. ताचेर उपचार करपाक फकत मानसशास्त्रज्ञच जाय हेंय म्हाका खबर आशिल्लें. पूण म्हजें हांवेंच मानसशास्त्रज्ञाकडेन कशें वचपाचें ? असो एकाद्रो सायकियास्ट्र म्हाका मेळ्ळो लेगीत जाल्यार ताका म्हजी ही विचित्र मानसिक अवस्था सांगपाची कशी ? ...'

' म्हाका दादलो-बायलेचो संबंध ह्या विशयाचीच वीट दिसता. जर हांव सिनेमाक गेलें, आनी त्या सिनेमांत जर प्रणय प्रसंग आसले जाल्यार म्हाका कुशिल्ल्या चिखलाचो घाण येवपाक लागता. मेंदूचेर सोंसपाक जायना असलें दडपण पडटा आनी हांव बकाबक ओंकता. म्हाका घुंवळ येता...'

' अदींमदी म्हाका तेंच विचित्र सपन पडटा. सपनांत हांव जीव घेवन धांवतां आनी तो कोणतरी म्हज्या फाटल्यान लागता. म्हजेर अत्याच्यार करपाक पळेता. हांव किळच्यो मारीत जागें जातां. म्हज्या बाबाक अप्पाक दिसता हाव हुंवाराचें सपन पळोवन किळचतां. पानशेत धरण फुटील्ल्यान आयिल्लो हुंवार. ज्या हुंवारान म्हजे आवयक, म्हजे भयणीक विनिताक, म्हज्या भावांक-सुधीर आनी नितीनाक म्हजेपासून आनी अप्पासायबांपासून झोंपून व्हेल्यात...'

' अप्पासायब हुंवाराच्या तडाख्यांतल्यान वाचले ते मुंबय गेल्ल्यान. हांव हुंवारांतल्यान वाटावलें तें फकत दैवगती म्हणून. हांव वाचलें. पूण दैवान म्हजेर केदो आघात केल्लो ! आनी हो आघात फकत म्हाकाच सोंसचो पडिल्लो. आनी फकत एकल्यानच हांवें तो सोंशिल्लोयबी. अप्पासायबांचें ब्लड-प्रेशराचें दुयेंस ! तांचोच हुस्को करून एकलेनच हांवें हो आघात मोन्यानी सोंशिल्लो. म्हाका केन्नाकेन्नाय ह्यो अश्यो फिटस येतात हें अप्पासायबांक खबर नाशिल्लें. हांवेंय तांका तें कळपाक दिवंक नाशिल्लें...'

' कळयतलें तरी कशें हांव ? म्हाका खंयच्याय शृंगारिक नवलिकेंतलो प्रणय प्रसंग वाचल्यार सामको वीट येता हें अप्पासायबांक कशें सांगपाचें ? म्हाका कुशिल्ल्या चिखलाची घाण येता आनी हांव बकाबक ओंकतां. म्हाका फीट येता. म्हाका लैंगिक आकर्षणच दिसना. हांव थंड शेळेल्लें... हांव ' फ्रिजिड.' म्हज्यान सर्वसामान्य, नॉर्मल चलयेप्रमाण लग्नूच जावपाक जावचे ना. कारण फकत म्हजो बापूय अप्पासायब सोडलो जाल्यार म्हाका खंयच्याच दादलेमनशाविशीं आदर दिसना. म्हजेवांगडा इश्टागत जोडपाक सोदपो दादल्यांची तर हांव मनस्पुर्वक नसाय करतां. म्हजेवांगडा वळख वाडोवपाचो यत्न करपी तरनाट्यांक तर हांव सामकें धांवडावन घालतां. तांकां चार हात पयस दवरतां...'

० ० ०

विचारांचें चक्र आपल्या मनांत घुंवडायत चलपी शुभदा फाटल्या फाटल्यान चलत येवपी एका मनश्याक आपटलें. तो मनीस पयस किदेंतरी पळेतालो आनी तसोच वळपाखातीर तो गर्दतल्यानच दोन पावलां फाटले वटेन चलिल्लो, शुभदाक आपटल्लो. शुभदाच्या हातांतलीं पुस्तकां सकयल पडलीं. लक्ष दिनासतना चलपी त्या मनश्याची शुभदाक खूब भिरभिरी माल्ली. ताका बेसबरो तापोवन काडपाखातीर ताणे त्या मनश्याकडे पळेलें.

' जिवोत्तमकाका !'

शुभदा त्या मनश्याक पळोवन अजापान आडडलें. कितल्या-वर्सांनी शुभदा तांका पळेतालें. जिवोत्तमकाका ! हय तेच ते. सुमार चवदा वर्सांपयलीं ते ताका कृष्ण-निवास बिल्डिगेंत मेळिल्ले-ताका आनी तांका बळवंत व्यायाम मंडळांतल्या तरनाट्यांनीं हुंवारांतल्यान वांचयिल्लीं. तेन्ना ते ताचेकडेन पळेनासतना वंटीवयले एके पालीकडेन थकिल्ले नदरेन टकटक करून पळेत राविल्ले. अशें पळेना आसतनाच ते ताचेकडेन अकस्मात उलयिल्ले. अप्पासायब मुंबैच्यान येवन ताका मेळ म्हणसर ताणींच ताची आस्थेन जतनाय घेतिल्ली. तें जितें आसा ही खबर अप्पासायबांक ताणींच दिल्ली. आनी उपरांत अकस्मात तुटक, गुमानित, स्थितप्रज्ञ वागून ते नाच्च जाले. ते आज परते मेळटाले.

' कोण ! शुभदा ! शुभदाच मगो तूं ? ' जिवोत्तम ताचेर एकदांच आपली नदर फिरोवन पयस खंयतरी पळेत उलयले. चवदा वर्सां उपरांत लेगीत ते ताका वळखल्ले. चवदा वर्सांपयलीं तें एक येदेशें शाळेंत वचपी पोर आशिल्लें. स्कर्ट घालून भोंवपी तें आज साडयेंत भोंवतालें. खुबूच देखणी तरनाटी जाल्लें. आनी तरीलेगीत ते ताका वळखल्ले.

' हय ! शुभदाच हांव. अप्पासायब आनी हांव आतां मुंबय रावतात. कितल्या वर्सांनी मेळ्ळे तुमी. आतां तुमी आमचेकडेन येवपाचें. हुंवारावेळार तुमी म्हाका आधार दिलो. अकस्मात नाचशे जाले तुमी. आमी तुमकां खूब खूब सोदले. ' शुभदा ओणोव घालून आपलीं रस्त्यार पडिल्लीं पुस्तकां एकठांय करीत उलोवंक लागलें पुस्तकां एकठांय करून तें उबें रावलें आनी अजापभरीत जालें. जिवोत्तम बेगीनबेगीन चलत पयस गेल्लो आनी गर्दत भरसून नाच जाल्लो. तें जशें किदें तांका कादयेंत घालतलें आशिल्लें. जशें काय ताचेलागीं रावल्यार तांका अशें तें तांचें रावप खूब लुकसाणेचें आनी घातक थारतलें आशिल्लें.

कोणा तरेचे मनीस हे जिवोत्तमकाका ! किद्याक काय अशे हे पळून वतात ? अशे तुटक, मोघम, कोडसाणेन किद्याय काय वागतात ? ' शुभदान आपल्याकच विचारलें. ताणें घडयाळ पळेली. दोन वरां जाल्लीं. तें झपाझप चलत चर्चगेटीलागीं आशिल्ल्या आपल्या सदच्या हॉटेलांत आयलें. चार वरांचेर व्याख्यान आशिल्लें त्या सायकियाट्रीस्टाचें. ताणें रायस-प्लेटची ऑर्डर दिली. जेवलें आनी रोखडेंच कॉलेजीवटेन चलपाक लागलें.

' म्हज्यो इश्टिणी म्हाका जाणवाय समजतात. कारण हांव कोणाचकडेन चड संबंध दवरिना. कोणाकच केन्नाच चड विश्वासांत

वना. कारण केन्नाकेन्नाय म्हाका चड भावनाप्रधान जावपाची संवय. तशें तुसडेंची हांव वागना. कोणाच वांगडा हांव दुस्मानकायबी करीना. पूण हांव जावन कोणाचीच इस्टागत जोडूंक वचना. कोणय जर म्हजेकडेन पयलीं उलयलो जाल्यारूच हांव उलयतां. खूबूच एकमुळें रावतां हांव. ही एकमळे पणाची संवय म्हणल्यार लेगीत एके तरेची विकृतीच. शुभद कॉलेजींत पाविल्लें तेन्ना तीन जाल्लीं.

० ० ०

चार वरांमेरेन वेळ सारपाखातीर म्हणून शुभदा लायब्ररींत वचपाक वळलें.

'गुड ऑफ्टरनून !'

शुभदान पळेलें. सकाळची ती त्या वार्डांतली नर्स उबी आशिल्ली.

'किदें सिस्टर ?'

'तो सकाळचो पेशंट भायर पडलो. प्राण सोडटना इतलो वळवळून आडुतालो. देवते ! म्हाका भोगस... म्हाका क्षमा कर... म्हजी चूक जाली अशें किदेंतरी बडबडत, खूब भियेल्याभाशेन आंचके दीत तो आजच तूं वतकच एका वराभरयान मेलो' नर्सीन शुभदाक सांगलें. शुभदा खीणभर मोनें जालें.

'तूं ताका वळखतालें ?'

'हय, हांव ताका वळखतालें, 'शुभदान निर्विकार, शुष्क तोंडान जाप दिली आनी तें चलपाक लागलें.

'हय ! म्हाका त्या मनश्याक कशेंच विसरपाक जालेंना. चौदा वसांउपरांतलेगीत हांव ताका वळखलें. आज देवान न्याय दिल्लो हांवें पळेला. होच तो मनीस. म्हजे मानसिक पिडेक निमित्त जाल्लो होच तो मनीस. होच तो ! म्हाका पडपी भयांकृत सपनांनी येवन म्हाका किळच्यो मारीत, घामान चिप्प भिजून, काळजाचो थरकांप जावन जागें जावपाक लावपी सैतान. होच तो मनीस जाणें हांव यौवनाच्या हुंबऱ्यार आसतना शृंगार भोग, तारुण्यसुलभ भावना हांचेविशीं म्हज्यांत आखांताची घृणा उत्पन्न केली. आनी...!!! आनी अशें आसूनयबी ताची म्हाका आतां तिडक येना. किदयाक ? तो मेल्याचें आयकून म्हाका ताची काकुयट दिसली. ताच्या मर्णाक हांवूच कारण जालें काय ? ना ! तो मरतोलोच आशिल्लो. पिडेन ताका पूराय पोखरून उडयिल्लो. आयज नाल्यार फाल्यां ! पूण म्हाका पळोवन ताचें मर्ण बेगीन धांवून आयिल्लें हाचेविशीं दुबाव ना. चौदा वसांउपरांत फकत ताच्या गोंदयल्या मुरलीधर कृष्णाच्या चित्रावयल्यान हांव ताका वळखल्लें आनी तोय म्हाका वळखल्लो. तो इतलो किद्याक काय भियेलो ? देवा ! ताका मुक्ती दी. हांवे ताका पूरायेन भोगशिला. हांव ताची नसाय हाचेफुडें केन्नाच करचेंना,' चलतां चलतांच शुभदाचे दोळे डबडबले. तें लायब्ररींतल्या लेडीज रूमांत गेलें. बेसिनार वचून तोंडार थंड उदकाचे पचकारे मारले. थंड उदकाच्या स्पर्शान ताका प्रफुल्लीत दिसपाक लागलें. तें लायब्ररींत एका टेबलासरी वचून बसलें. ताणें परतोय घडयाळींत वेळ पळेलो. चाराक धा मिनटां उणीं आशिल्लीं. आपणें चार जावन धा मिनटांनी लेगीत लेक्चराक गेल्यार उपकारता अशें येवजून ताणें एक दोन दिसाळी चाळळी. आनी एका इंग्रजी दिसाळयाच्या पयल्याच पानार आयिल्ली ती जायरात ताका दिसली.

'डॉ. एस. एम. डॉज. फेलो ऑफ कॅलिफोर्निया कॉलेज ऑफ सायकियास्ट्री, २७ मेरीडेन, फोर्ट लेन, मुंबय. मानसिक नदरेन दुयेंत आशिल्ल्यांक सल्लो दिता. मेळपाचो वेळ सकाळीं सात ते धा मेरेन. सांचे स ते आठ मेरेन. प्रत्यक्ष मेळात वा बरयात. म्हणजे ॲपोयंटमेंट ठरोवंक येता.'

शुभदान ती जायरात कादेर्नार बरोवन काडली. ताणें परतोय वेळ पळेलो. सव्वाचार जाल्लीं. शुभदा ॲम्फी थिएटरांत वचपाक भायर सरलें.

० ० ०

शुभदा पावलें तेन्नां डॉ. दोडगेचें लेक्चर सुरू जाल्लें. डॉ. दोडगे तरनाटो दिसतालो. चेरो गोरोपिठ्ठ आशिल्लो. निळचा सुटांत तो उबो रावन उलयतालो. ताणें खाड वाडयिल्लें. दोळचांक काळसर भिंगाचें वक्ल लायिल्लें. ताच्यो खाड–मिश्यो आनी केंस पिंगश्या कोराचे आशिल्ल्यान वेदीवयल्या दिव्याच्या उजवाडांत भांगराभशेन चकचकताले. डॉ. दोडगे प्रभावी उलयतालो. इंग्लेज भाशेचेर ताचें असामान्य प्रभुत्व आशिल्लें.

'एकदां म्हजेकडेन एक चली पेशंट म्हणून आयलें. तें अदींमदीं हिस्टेरीक जातालें. संतापाचे भंयाकृत झटके ताका येताले. असल्या झटक्यांवेळार सामकार आशिल्या खंयच्याय मनश्याक तें बेभान जावन पचापच उलयतालें. हांवें ताका तपासलें. हें चली पयलीं एका चल्याचेर मोग करी हें म्हज्या लक्षांत आयलें. हो भुरगो आशिल्लो गिरेस्त बापायचो फाफाऱ्हांव पूत. हाणें ते चलयेक जितल्या वेगान लागीं केली तितल्याच वेगान खोंटायली. दुसरोय एक भुरगो हेच चलयेचेर मनस्पुर्वक मोग करपाक लागलो. हेय चलयेच्या मनांत ताचेविशीं मोग उत्पन्न जाल्लो. पूण कांय इश्टिणींसामकार हे चलयेन प्रतिज्ञा केल्ली. हांव लग्न जालें जाल्यार त्याच उडाणटप्पू चल्यावांगडा. आनी ही आपली प्रतिज्ञा खरी करपाखातीर हे चलयेन त्या दुसऱ्या सज्जन भुरग्याक स्पश्टपणान न्हयकारलो. हरशीं हे चलयेचें अंतर्मन त्याच नकार दिल्ल्या भुरग्याचेर मोग करतालें पूण बाह्यमन आपल्या अहंकाराखातीर आनी इश्टिणींच्या भर मजलसींत केल्ले प्रतिज्ञेच्या दबावाखातीर आपूण तसो मोग करीना अशें दाखयतालें. हांवें ताचेर उपचार केले. आता ती सुखी आसा. हांवें तशे मार व्हडले अशे उपचार ताचेर करूंक नाशिल्ले. फकत ताच्या अंतर्मनाक नेमकें किदें जाय हें पटयलें. ताणें उपरांत चड ताणून धरीनासतना सरळ त्या सज्जन भुरग्यावांगडा लग्न केलें. ताचो हिस्टेरीया, ताचें वैफल्य साप्प पळून गेलें.'

'शेक्सपियराच्या कवितेप्रमाण हो सगळो संवसार म्हळयार एक नाटक. संवसारांतलो दर एकलो मनीस ह्या नाटकांतले एक एक पात्र रंगयता. आपलें हें नाटकी पात्र सरभोंवतणच्या लोकांक आवडटा तेच भाशेन त्या मनश्याक वठोवचें पडटा. येदोळ सांगिल्ले ते चलयेक हरशीं तो दुसरो सज्जन भुरगो आवडटालो. पूण इटिश्णी-

मामकार केल्ले प्रतिज्ञेखातीर तें चली हें आत्मघातकी नाटक करतालें ...'

'दर एकल्या मनशान सदांकाळ आशावादी आसपाक जाय. फकत आशावादच मनश्याची इत्माशक्ती प्रबळ करता ...'

शुभदा तन्मयतेन डॉ. दोडगेचें पटोवन दिवपी उलवप आयकतालें. ह्या मनश्यांत तेजस्वी, ओजस्वी अशे किदेंतरी आशिल्लें. शुभदाक ताचो दर एक विचार मनांपासून पटटालो.

उलवप सोंपतकच डॉ. दोडगे बसलो. ताणें मेजावयलो उदकाचो ग्लास तोंडाक लायलो. उपरांत उपकार आठवप जाले. आनी हे सगळे सोंपतकच डॉ. आपटे उठून शुभदालागीं आयले.

'डॉक्टर ! मिट मिस रेगे ! मेडीसीन करता. हुशार विद्यार्थिनी !' डॉ. आपटेंनी डॉ. दोडगेवांगडा शुभदाची वळख करून दिली.

'नमस्ते !' डॉ. दोडगेन नमस्कार केलो आनी आपले धवे फुल्ल चकचकीत दांत दाखयत तो हांसलो. शुभदानय डॉ. दोडगेक प्रतिनमस्कार केलो.

'म्हाका दिसता हांव तुमकां वळखतां?'

डॉ. दोडगेन थंडपणान म्हळें.

'म्हाका तुमी वळखतात?' शुभदान अजापान विचारलें.

'हय ! भौतेक तुमचें नांव शुभदा वा शोभा आसपाक जाय. हांव चवदा वसांपयलीं पुण्यांत आशिल्लों. जोग बिल्डिगेंत हांव तुमच्या शेजरा रावतालों.'

'तुमी सुहास काय किदें ?'

'हय ! तुमीं शुभदाच मूं ?'

'हय !'

'अरे वा ! म्हण्कच हें बरें जालें. तुमची वळख आसा मूं, मिस रेगे ! आतां तूं भिडेनासतना ह्या दोतोराचो सल्लो घे. नाव जस्ट येक्स्क्यूज मी ! म्हाका थोडें काम आसा', डॉ. आपटे त्या दोगांकय प्राकाराभायर सोडून परतले. डॉ. दोडगेची कार लागींच आशिल्ली. निळी अँम्बॅसॅडर.

'हुंवारावेळार हांव पनवेलाक आशिल्लों. परतो आयलों जाल्यार सगळी जोग बिल्डिगच व्हांवून गेल्या. जोग बिल्डिगेंतले एकान एक मनीस हुंवारांत बुडल्यात अशेंय म्हाका कळिल्लें. आय अँम व्हेरी ग्लॅड टू सी यू. तुमची हेर सगळी सुखरूप आसात मूं ? '

शुभदाक खोल खंयतरी बुफेल्लेभाशेन जालें. भांगरा केंसांचो राजकुंवर. घारश्या दोळ्यांचो.

'हुंवारांत फकत हांवच वांचलें. म्हजो बापूय मुंबै गेल्लो. तेथ:तीर बांटावलो. बाकी कोणच उल्लीनांत. '

'आरे रे ! '

शुभदान ओले जाल्ले आपले दोळे लेंसान मान सकयल आसतनाच पुसले.

'हांव तुमकां म्हजें व्हिजिटींग कार्ड दितां. फाल्यां सकाळीं णव बरांचेर तुमकां म्हजेकडेन येवपाक जातलें ? हांवें तुमची केस घेवपाचें थारायलां. डॉ. आपटेन म्हाका येदोळच लेक्चर सुरू जावचे पयलीं तुमकां अदीमदीं येतात त्या फीटसविशीं सांगलां. तुमी फाल्यां येयात. मातय भिडेवं नाकात. तेभायर तुमीय वैजकी शिकतात. हांव तुमकां खंयूय लिफ्टबी दिवं व्हय ? ' डॉ. दोडगेन कारीचें दार उगडीत विचारलें.

'नाका डॉक्टर ! म्हाका आतां क्लास आसा. हांव फाल्यां सॅर्त येतां.' शुभदान म्हळें.

'बाय बाय बेबी !' डॉक्टरान गाडी स्टार्ट करून म्हळें. पूण उपरांत रोखडीच ताणें चावी ऑफ केली. गाडयेच्या जनेलांतल्यान आपली तकली भायर काडून ताणें शुभदाक म्हळें,' तुमकां याद आसा ? जोग बिल्डिगेंत हांव तुमकां बेबी म्हण्टालों. येदेशें चली आशिल्लीं तुमी. केदो बदल जाला तुमच्यांत !'

ताणें आनीक एकदां हांसन शुभदाकडेन पळेलें आनी गाडी फुडें व्हेली.

शुभदान एकफावट पयस धांवपाक लागिल्या त्या निळ्या गाडयेकडेन पळेलें. उपरांत हातांतल्या व्हिसिटींग कार्डावेयल्यान नदर भोंवडायली.

'डॉ. एस. एम. डॉज. फेलो ऑफ कॅलिफॉर्निया कॉलेज ऑफ सायकियास्ट्री. २७ मेरीडेन, फोर्ट लेन, मुंबय.'

'आरेच्या ! डॉ. डॉज (Dodge) डॉक्टर दोडगे !

शुभदान अजापान स्वगत म्हळें. येदोळ एका इंग्लेज दिसाळचाच्या पयल्या पानार वचिल्ले ते जायरातीची ताका याद जाली.

शुभदा रोखडेंच घरा येवपाक भायर सरलें.

० ० ०

कॉलेजांतल्यान शुभदा घरा पावलें. ताका प्रसन्न बरें दिसतालें. खूब दिसां उपरांत ताका अशी प्रसन्नताय भोगताली. अप्पासायब व्हरांड्याचेर इजी-चेरार पातळलेले.

'शुभी ' ताणीं उलो केलो. शुभदा हांसत तांचेमुखार गेलें.

'अप्पा ! आज दोन वळखीचीं मनशां मेळ्लीं. वळखात पळोवया कोण तीं ? ' ताणें लक्तुबायेन म्हळें.

'कोण गो बाये ?'

'पयलीं मेळ्ळे ते जिवोत्तमकाका ! आपलेच तंद्रेन फाटल्यान चलत येत ते म्हजेर आदळ्ळे. म्हाका ताणीं पयल्याच खिणांक वळखलें. हांव तांचेकडेन उलोवपाक म्हणून वतालें जाल्यार ते म्हजेपासून पळून गेल्लेभाशेन बेगीन बेगीन चलत नाच्च जाले.'

'विचित्रच मनीस तो ! हुंवाराच्या वेळार ताचे उपकार लेगीत मानपाची ताणें म्हाका संद दिली ना. नाच्च जालो.'

'दुसरो मनीस मेळ्ळो तो आशिल्लो डॉ. सुहास दोडगे ! अप्पा, चौदा वसांपयलीं घारश्या दोळ्यांचो एक भुरगो आमच्या शेजरा आशिल्लो. रूम भाडयान घेवन रावी. याद जाता तुमकां ? होच भुरगो आतां एक मोठो मानसशास्त्रज्ञ जाला. आज आमच्या कॉलेजांत ताचें उलवप दवरिल्लें. ताची म्हजी वळख म्हज्या प्रोफेसरान करून दिली. म्हाका पळेनाफुडें तो म्हाका वळखलो.'

'अशें! म्हाका त्या भुरग्याची याद आसा. म्हाका एकदां घुवळ आयिल्ली. ताणेंच म्हाका मदत केल्ली...' आनी अप्पासायबान आपलें उलवप अर्द्यारूच सोडलें. ते पयस खंयतरी पळोवपाक लागले. शुभदान तांचेखातीर आनी आपलेखातीर च्या करपाक दवरली.

० ० ०

हातुण्णार पडल्याबराबर शुभदाक आयचो संबंध दीस येवजलो.

तो उपदंश जाल्लो पेशट! हातार श्रीकृष्ण गोदयल्लो. किडिल्ल्या दांतांचो. व्हिराइतल्या बारीक हातापांयांचो!!! ताच्या सपनानी यत्रपी. ताका अशी मानसिक विकृति जडोवपी!! भेश्टावपी! अस्वस्थ करपी! म्हाका अदीमदीं ज्यो फीटस येवंक लागल्यात त्यो हाचेखातीरच येवंक लागल्यात. तोंड धांपून धुमके सोंसपाचें दिव्य म्हाका ह्या मनश्याखातीर करचें पड. आनी देवान ताका ख्यास्त केल्ली. तो रोगग्रस्त जाल्लो.

तो मनीस म्हाका भियेल्लो. जशें काय हांवें ताचेकडेन तिरस्कारान पळेलें म्हळचार हांव ताचो जिवच काडपाक तयार जालें. आनी तो मरतोलो आशिल्लो ताचेपरस बेगीन मेल्लो. म्हजेखातीर? जायतुयबी! पूण आतां म्हाकातरी हांव अलिप्त, भावनारहित दिसतां. ह्या मनश्याक हांवें भोगशिला. ताका क्षमा केल्या...

जनेल उक्तें दवरिल्यान शुभदाचे कुडींत पिठाभाशेन चांदनें पडिलें. पयस खंयतरी भय्या लोक भजन करताले. शुभदाच्या दोळ्यांतल्यान वोगीच दुकां व्हांवपाक लागलीं.

डॉ. दोडगे! भांगरा केंसांचो राजकुंवर? तेन्नाच तो बाबीस तेवीस वर्सांचो आशिल्लो. राजकुंवरीक भांगराच्या रथांत बसोवन व्हरपी राजकुंवर! आतां ताचें लग्न जालां आसतलें. एक दोन भुरगीयबी आसतली. कशी दिसता आसतलीं काय तीं? गुटगुटीत राजाबिडीं! ताची बायल कशी दिसता आसतली काय! राजकुंवर-राजकुंवरी. तांची इल्लीशीं अपुर्बायेचीं भुरगीं. पाकळ्यापाकळ्यांचे झगे घालपी.

'पूण हांवशें अशें येवजूंक किद्याक लागलें? ताच्या बायलेचो-ताचो- ताच्या भुरग्यांचो म्हाका विचार करचोसो किद्याक दिसलो आनी म्हज्या पोटांत अशी भूक लागतकच जाला तशी भावना किद्याक जाली...? राजकुंवराक मेळ्ळी राजकुंवरी! हांमच्या दोळ्यांचो! राक्षशीणीक मारून राजकुंवरान राजकुंवरी मेळयली. शुभदाच्या दोळ्यांतल्यान थांबनामतना दुकां व्हावतालीं. कसलीं हीं दुकां? नसायेची? म्हाका सुहासाचे बायलेची नसाय दिसता? हांव तर अशें थंड! अशें फ्रिजिड! शृंगार वाचतना, पळेतना बकाबक ओंकपी! फिट येवन घुंवळपी. भुरगेपणांतलें सगळेंच कशें पांचवेंचार, ताजें, प्रसन्नताय हाडपी आसता! भुरगेपणांत त्यो यादी!!!

आनी जिवोत्तमकाका! बळवंत व्यायाम मंडळांत आमची भेट जाल्ली. पूरग्रस्तांच्या मदत-केंद्रार ताणीं म्हाका जेवण हाडून दिल्लें. देवळाच्या प्राकारांत ताणी म्हाका मायेन थापटून न्हिदयिल्लें. हांव तांचेरूच ओंकिल्लें. ताणीच हांव वांचला आनी जिवें आसा हें अप्पासायबांक कळयिल्लें. आनी तेन्नाय आनी आतांयबी तुसडेपणान वागून ते म्हजेपासून पयस गेल्ले. किद्याक? तांकायबी कसली तरी मानसिक विकृती आला व्हय? तांकायबी सुहासान तपासपाक जाय?

खाड वाडयल्लो सुहास! खाडयो राजकुंवर! ना. अश्विनीकुमार! देवांचो वैज! पूण तो काळें वक्लशें किद्याक वापरता काय? ताचे घारशे दोळे तेखातीर आज म्हाका पळोवपाक मेळ्ळेनात.. ...

शुभदाक आपूण केन्ना थार न्हिदलें हें कळ्ळेंचना.

० ० ०

जिवोत्तम

'जिवोत्तमकाका' हो उलो आयकतकच हांव थक्क जालों..

हे मुंबयत इतल्यो उंचेल्यो बिल्डिंगो आसात! आनी त्यो दिसपाकय एकासारक्यो. ते बिल्डिंगेच्या चवथ्या मजल्यार येट्टी ब्हडली जायरात हूमकळायिल्ली. ती वाचपाच्या नादांत हांव चोख्ख फाटकुरो चलपाक लागलों. आनी ताचेर वचून आदळ्ळों.

'जिवोत्तमकाका!'

हय तेंच तें. शुभदाच तें. आडनांव किदें काय ताचें! हय रेगे. बद् चवदा क्सांउपरांत तें म्हाका पळेतालें. आनी हांव ताका पळेतालों म्हाका खिणाभितर वळखलें आनी हांवय ताका रोखडोच वळखलों. विस्तीद घालपी सान चलयेचें एका रुपेस्त तरनाटेंत रूपांतर जालें आनी तरीकय हांव ताका वळखल्लों. ताका पळोवन म्हाका खूबच खोशी जाली. ताच्या दोळ्यांच्या भुंवयांमदीं गंधाची तिकली लायिल्ल्याप्रमाण ताचो तो तीळ आशिल्लो. ह्या तिळाखातीर एकाद्रे जाव ये, हांव ताका खिणाभितर वळखल्लों.

'कोण! शुभदा! शुभदाच मगो तूं?' हांवें ताका विचारिल्लें.

उपरांत म्हाका भिरांत दिसपाक लागली. आरे दुश्टा! कपळ फुटक्या हतभाग्या! चल! पळ! ताचेपासून पयस राव! तुका ताचेविशीं माया दिसपाक लागत आनी तेखातीर ताका दुख्ख भोगत. ताका क्लेश जायत. यातना भोगच्यो लागत! पळ! पयस राव! पळून वच ताचे लागच्यान! ताचेर तुजी सांवळीलेगीत पडपाक दिवं नाका.

आनी हांवें झपाझप चलत गर्दींत घुसपून वचून नाच्च जावपाचो हरप्रयत्न केलो.

० ० ०

११ जुलै १९६१ क शुभदाक हावें पयलें पळेलें.

रोंव रोंव करीत धांवपी हुंवाराचे उदक 'मुठा' न्हंयेच्यो दोनूय देगो गाजयत 'मुळा' न्हंयेंक येवन भिडिल्लें. आनी ह्या दोनीय न्हंयांचें उदक भयांकृत आवाज करीत फुडें फुडें वताळें. वाटेर

मेळपी पूल खिळखिळायत. मातयेचीं, विटांची, फातरांचीं घरां स्वाहा करीत... शेतां, मळे हांची नासाडी करीत झाडां, पेडां, झोपांचो निःपात करीत... जशें काय मुळा आनी मुठा ह्या दोनय न्हंयांचें उदक पुणें शाराचें पाप धुवन व्हरतालें. जशें काय पुणेरी लोकांचें पाप अजस्त्र ड्रेगनाचें रूप घेवन फुडें धांवतालें. उदकाक प्रचंड वेग आशिल्लो हो वेगच ही सगळी वित्तहानी, प्राणहानी घडोवन हाडटालो.

पुण्यांतले बांध, सांकव सगळे व्हांवून गेल्ले. लकडी ब्रीज हालून खिळखिळो जाल्लो. संगम ब्रीज कोंसळपाकडेन पाविल्लो. उदकाच्या प्रचंड वेगवान लोटांत व्हांवून येवपी म्हशी, गायो, बैल बदकां तशीच व्हांवत व्हावत फुडें वतालीं.

पानशेताचें मातयेचें धरण फुटिल्लें तांतूंन सांठयिल्लें उदक सों सों करीत व्हांवत आयलें आनी खडकवासला धरणाक आदळिल्लें ह्या धरणांक मार बशिल्लो. आनी उदकान हाहाःकार मातयल्लो.

० ० ०

त्या दिसा हांव म्हज्या भाज्जेच्या दुकानांत बशिल्लों. ... किदें जाता हें लक्षांत येवचेपयलींच म्हजें दुकान आनी हांव उदकाच्या लोटांत व्हांवत वचपाक लागलों. थर्त भियेल्लों हांव. इतली भियेवपाची हरशी म्हाका गरज नाशिल्ली. किद्याक ? हांव जिवाक पुराय विटिल्लों. हांव एकलो एकसूरो आशिल्लों. हें एकसूरेपण म्हाका जाळटालें. आनी तरीलेगीत हांव धडपडूंक लागलों. म्हाका पेंवपाक येतालें. पूण वेगवान प्रवाहांत पेंवतोलो किदें ? अर्दमेलो जाल्लों आनी इतल्यान कोणेतरी म्हजेर झोंपय घालून म्हाका घट धरलो. बेसबरें पळेतकच कांय बलदंड तरनाटयांनी म्हाका वांचयल्लो हें म्हज्या लक्षांत आयलें. कृष्ण-निवास नांव ते बिल्डिंगेचें. बिल्डींग पक्की कॉंक्रिटाची आशिल्ली. बळवंतराव जोशी ते बिल्डिंगेचे मालक. बळवंतराव 'बळवंत व्यायाम मंडळ' चलयतालो. हुंवारा दिसा धाडशी बळवंतराव आपल्या तरनाटचा शिश्यांक घेवन, कमराक राजू बादून बिल्डिंगेच्या एकवाटेन आशिल्ल्या शेज्यार बशिल्लो. कोणय मनीस प्रवाहांतल्यान व्हांवत बिल्डिंगेचे वटेन येवंक लागतकच ते तरनाटे उदकांत उडी घेताले. राजवाच्या आदारान ते उदकांत व्हांवन वचपी अभागी जिवांक वांचोवपाचे यत्न करीत. ताणी सगळे मेळून स जाणांक वयर काडिल्ले. तांतले चौगजाण मेल्ले. दोगां जितीं आशिल्लीं तीं दोगां म्हळ्यार शुभदा आनी हांव.

० ० ०

म्हजेपयलीं ताणीं शुभदाक वयर काडिल्लें. ताचे सामकारच हांव कुडकुडत बशिल्लों. ताच्या बेशुद्ध चेऱ्याकडेन हांव पळेतच बघिल्लों तेंच तोंड. फकत दोळ्यांच्या भुंवयांमदी गंध लायिल्ल्या-भशेन एक तीळ आशिल्लो. कितलें सारकेंपण आशिल्लें हे चलयेच्या तोंडांत आनी म्हज्या वासंतीच्या तोंडांत. फकत भुंवयां मदीं आशिल्लो तो तीळ सोडल्यार.

वासंती ! म्हजी चलीं. फकत देड म्हयन्यांआदी तें सोंपिल्लें. म्हजो बायल वासंती जल्माक आयल्या उपरांत फकत चार म्हयन्यानी भायर पडिल्ली. चार महिन्याचें अर्भक ! ह्या अर्भकाक हांवे तेरा वर्सांरिमेन ममतेन, मोगान, मायेने वाडयल्लें. ताका व्हड केल्लें. म्हजी बायल भायर पडल्याउपरांत हांवें कोणाचीच माया केलीना. वासंतीची मात मन लावन जतनाय घेतालों. ताचेर ममताय बेसबरी करतालों हांव हे गुणी चलयेचेर हालीं खूबच जीव दवरिल्लो हांवें. आनी ताचेर हांवें खूब जीव दवरला हें म्हज्या लक्षांत येवचेपयलींच तें टायफॉयडान भायर पडिल्लें. ह्या संवसारांत म्हाका एकसूरो सोडून गेल्लें. हांवें म्हजे आवयचेरय खूब माया केल्ली. हांव तिचेर इतलो जीव दवरपाक लागिल्लों ! आनी हांव आठ वर्सांचो आमतनाच ती भायर पडली. कारण तिचेर खूबूच माया करपाक लागिल्लों न्हय हांव ? हांव एकसूरोच उल्लों. कारण म्हजो बापूय हांव एका म्हयन्याचो आसतनाच भायर पडिल्लो. हांव एकसूरोच ल्हानाचो व्हड जालों. म्हज्या हांवेच म्हजेर संस्कार केले. स्वानुभवाचे. म्हजे म्हाकाच हांवें देख दिली. आनी हांव जेन्ना तरनाटो जालों तेन्ना लग्न केलें. पांच वर्सां आमी दोगांयनीय लग्नाचें सूख भोगलें. हांवे तिचेर उपाट मोग केलो. पांच वर्सांउपरांत वासंती जल्माक आयलें आनी सावित्री म्हाका सोडून गेली. हांव खूबच मोग करपाक लागिल्लों न्हय तिचेर ?

पयलीं पयलीं हांव वासंतीची नसाय करतालों. दिसतालें हेंच चली आपले आवयच्या मुळार आयलें. हांवें ताची सुश्रुशा केली पूण तांतूत मोग नाशिल्लो. कर्तव्यबुद्धी चड आशिल्ली. पूण ह्या म्हज्या गुणी पोरान आपल्या सदगुणांनी म्हजेर जीव दवरलो. आनी हांव ताचेर उपाट माया करपाक लागलों. आनी रोखडेंच तें टायफॉयडान म्हाका ह्या जगांत एकसूरो सोडून गेलें.

आनी आयज देवान म्हाका परतीय भूल घालपाचें थारायलां काय ? वासंतीच्याच तोंडावळचाचें तें चली म्हजेमुखार बेशुद्ध पडिल्लें. तेंय वासंतीचेच पिरायेचें आशिल्लें. जसो काय देव म्हाका परतोय भुलोवंक सोदतालो. हें चली पळे ! आसा काय ना तुज्या वासंतीसारकें ? हाका माया लाय !

'नाका ! नाका ! माया लावप आनीक नाका !' कितल्या अकस्मातपणान हांव आडुलों.

'किदें जालें ? तुमकां किदें जायबी व्हय ?' बळवंत व्यायाम मंडळाचो एक तरनाटो भितर येवन म्हाका विचारपाक लागलो. हांवें दोळे धांपून घेतले. त्या तरनाटचाक दिसलें हांव हुंवाराच्या शॉकाखातीर न्हिदेंत बडबडलां.

नाका ! आनीक कोणाकच माया लावप नाका. म्हाका एकसुरोच रावूं दो रे देवा ! हांवें माया लायनाफुडें मनशां पटक् करून नाच्च जातात. मरतात, म्हाका आनीक कोणाक मारपाचें ना.

० ० ०

'आवय गे' अशीं उतरां काडीत शुभदान दोळे उगडले. हांव तसोच सुकण्याभशेन ताचे सामकार उकडयां बसून रावलों. ताणें दोळे उगडल्यात हें म्हाका रोखडेंच कळ्लें. हांव भायर आयलों. बळवंतराव जोशी आनी ताच्या शिश्यांक तें शुद्धीर आयिल्ल्याचें सांगले. तांका खूब खोशी जाली. ताणीं ताच्या पोटांतलें

उदक केन्नांच काढून उडयिल्लें. आनी तें केव्हा शुद्धीर येता हाचीच ने वाट पळेताले. शुभदा आपले भोंवतणीं प्रफुल्लीत खुमणी घेवन उवं राविल्या बळवंत व्यायाम मंडळाच्या तरनाटयांक पळोवन गोंदळ्लें.

' भियेवं नाका आं. नशीब बरें म्हणून तूं वांचलें, ' कोणेतरी शुभदाक म्हळें.

' तुजे कपडे थोडयाच वेळांत सुकतले. तोमेरेन ही कॉफी घे. चादर पांगरून सुशेगाद न्हिदून राव, ' कोणेतरी ताका सुचयलें. शुभदान वोग्गी रावन काफी घेतली. म्हाकायबी ताणें काफयेचो एक कप दिलो. कॉफी घेतकच आमकां दोगांयकय बरें दिसलें. गारठ्ले कुडीक उब आयली.

हांव तसोच शून्यांत नदर दवरून पळेतां हें शुभदाच्या लक्षांत आयलें. तें उठून बसलें आनी म्हजेकडेन पळोवपाक लागलें.

' बाय ! तुजें नांव किदें ?' हांवें ताका अचळय विचारलें.

' शुभदा.'

' हू ' असो एक हुंकार दिवन हांव परतो वोग्गी बसलों. चड उलोवप नाका. चड माया नाका.

' तुमी खंय रावताले तर ? शुभदान म्हाका विचारलें.

' एम. ई. एस. कॉलेजालागीं.'

' तुमकां आनीक कोण आसात ?'

' कोण एक ना. हांव एकलोच. एकलोच हांव, ' आनी हांवें व्हड प्रयासान शुभदाच्या मुखामळावयल्यान म्हजी नदर दुसरेकडेन वळयली. कितलें साम्य आशिल्लें ताचें वासंतीवांगडा ! म्हाका तर खोणभर दिसलें वासंतीच जिवें जावन म्हजेलागीं उलयता. म्हज्या दोळ्यांत दुकांनी गर्दी केली. हांव उठलों. भायर व्हरांड्यांत आयलों.

० ० ०

सैमाचें धुमशण चालू आशिल्लें. कोणेतरी ट्रांन्सिस्टर सुरू केल्लो. कोणतरी ताचेर पुराची बातमी दितालो. सामकार व्हांवपी उदकांतल्यान दोन तकल्यो नाल्ल व्हांवून वच्चे तश्यो व्हांवून वतना दिसल्यो. पावस शिडशिडट्टालो.

हुंवार ! ...वित्तहानी ! प्राणहानी ! प्रलय.

म्हाका मनूची कथा येवजली. खंयचेंय एक युग सोंपले म्हणट कच देव खय धर्तरेर प्रलय घडोवन हाडटा हो प्रलयबी न्हय मूं ? ही कलीयुगाचो अखेरबी न्हय मूं ? हे खेपो व्हडें करपाक देवान कोणाक सांगलां आमतलें काय ? कोण आसतलो काय हो मनू ? हिमालयाच्या काय मेरु पर्वताचे तेंगशेर पावपी, थंय हुंवाराचें उदक देवं म्हणसर रावपी, बराबर व्हेल्ल्यो पशुपक्षांच्यो जोडयो आनी वनस्पती हांचो उपेग करून परती जगाची उत्पत्ती करपी...हो प्रलयकाळूच मूं ?

' आई ! आई ! '

हांवें आंग काडलें. शुभदा हुडक्या हुडक्यानी रडटालें. ताचे हुडके आयकून बळवंतराव भितर आयलो. ताणें ताका थापटीलें आनी म्हळें, ' बाय ! तूं मात लेगीत भियेवं नाका. तूं सामकें बरें आसा. आपल्याकच आनीक त्रास करून घेवं नाका. चल ! आमी किदेंतरी खावन घेवंया. काल भरून दवरिल्लें उदक पिंपांत आसा. स्टोव्हांत पेत्रोल भरपूर आसा. गंवांचें पीठ आसा. बटाट आसा. भाजी चपाती खावन घेवंया. भुकेन मनश्याक चड रडपाक येता. चल. ' बळवंतरावान शुभदाक आपल्या हातांनी आधार दिलो. ताका भितर व्हरून बसयलें. स्वताच रांदपाक लागलो.

हांवूय उठलों. भितर येवन बळवंतरावाक मदत करपाक लागलों. शुभदाक रडटना पळोवन मात खोल खंयतरी कलकलपाक लागलें.

' बाय ! तुजीं आनीक कोण कोण आसात ? ' बळवंतरावान चपाती तव्यार उडयतना विचारलें.

आनी शुभदान उपरांत आपूण खंय रावतालें, आपली आबय-भावंडां हुंवारांत व्हांवत कशी गेलीं, आपलो बापूय अप्पा-सायब मुंबैक ऑफिसाच्या कामाखातीर केन्ना गेल्लो हें सगळें रडत स्फुंदत सांगिल्लें. आनी घुबडाभशेन वोग्गी बसून हांवें ताची सगळी खबर आयकली.

' म्हजी आई, भावंडा मेळटलीं काय म्हाका परतीं ? शुभदान इतल्या आर्त स्वरांत तो प्रस्न विचारलो की म्हज्या दोळ्यांत तरतरीत उदक आयलें. बळवंतराव आनी ताचे शिश्य सहानुभूती-दर्शक चुकचुकले.

' बाय ! तूं भियेवं नाका. तुजो बापुय सुगूर आसा. ताका हुंवाराची खबर कळनाफुडें तो वेगोवेग पुण्याक येतलोच. तुमी एकमेकांक मेळटलीं. दोगांय एकमेकांक मेळटलीं. दोगांकय एकमेकांचो आधार जातलो. सगळें जें किदें घडटा तें भीमरुपी महारुद्राचे अत्सेप्रमाण घडटा. दर एके गजाली फाटल्यान ईश्वरी संकेत आसता. '

शुभदा पिळदार बाहुदंडाच्या बळवंतरावाचें रांगडें तत्वज्ञान आयकतालें. बळवंतरावान उपरांत म्हजी चवकशी केली. ह्या संवसारांत बळवंतरावामारकिलीं दिलदार मनशां आसतात म्हणूनच जिवीत सुसह्य जाता. हांवे ताका मोजक्याच उतरांनी म्हजी माहिती दिली.

० ० ०

' हुंवाराचें उदक देंवता ' अशें मोठ्याचान कोणतरी आडुलो. हांव जागो जालों. मेजार एक मेणवात जळटाली. मेजाच्या हारशांतल्यान म्हाका चादर गुठलावन गाढ न्हिदिल्लें शुभदा दिश्टी पडलें. हांव भायर आयलों. बळवंतराव आनी ताचे शिश्य उदका-कडेन पळेताले. उदक खऱ्यानीच देंविल्लें.

रातचीं धा-साडे धा वरां जाल्लीं. पावस शिडशिडत आशिल्लो. हुंवाराम वीज, उदका पुरवण पुराय बंद करून उडयल्ली.

हांवे बळवंतरावाचीय चवकशी केली. बळवंतराव खासा पुण्याचो. विधूर. ताचे एकलेच चलयेचें ताणें लग्न करून दिलें. कृष्णनिवासांतल्या पयल्या मजल्यावयल्या ब्लॉकांत तो एकलोच रावतालो. ताचे हेर सगळे शिश्य शाळा कॉलेजांचे विद्यार्थी. सगळे

ण्याभायले. कृष्णनिवासाच्या तळमजल्यार आशिल्ल्या रुमांनी
ावपी. हुंवारान धुमशेण घालपाक सुरवात करीनाफुडें ताणी आपलें
ामानसुमान वयर हाडून बळवंतरावाच्या ब्लॉकांत उडयल्लें.

साडे धा उपरांत शुभदा सोडून आनी कोणूच न्हिदलोना.
ळवंतराव आनी ताचे शिश्य आतां फुडें सरकार पूरग्रस्तांखातीर
सले उपाय येवजितोलो. सगळ्या पुण्याचें पुनर्वसन करपाक कितले
ीस लागतले, मातयेबगर दुसरें कसलें धरण बांदतले, लोकांक
ुकसाण भरपाय दिवपाक सरकार कशें जापसालदार हाचेर
रपूर चर्चा करताले. हांव वोग्गी रावून ताचें सगळें आयकतालों.

'म्हजी आई आनी भावंडा जिवीं आसतलीं काय?' अकस्मात
ुभदा भायर आयलें आनी म्हजो हात हालयत ताणें विचारलें.
ाच्या दोळ्यांतल्यान घळाघळ दुकां गळटालीं. हांवें फकत ताची
कली सांसपिली.

'बाय! तूं मातय भियेवं नाका. जें किदें जाता तें श्री
नुमंताचे इत्सेप्रमाणच जाता. ताका जाय जाल्यार तुजी आवय
जिवी आसपाक जाता. तुजी भावंडां तुका सुखरूप मेळपाक जाता.
ूण ताची इत्सा जाय. सगळें सुखदुखा ईश्वरी संकेतावरवींच जाता.
खातीर फटीची आशा धरूं नाका नाउमेद जावन वोगीच खंत
करीत बसूं नाका निश्चित राव,' बळवंतरावानय ताका थापटीलें
आनी ताचें सांत्वन करपाचो यत्न केलो.

परतीय कोणेंतरी ट्रांन्सिस्टरार हुंवाराची बातमी लायिल्ली.
ुराचो आवेग उणो जाला, उदकाची गती उणी जाल्या आनी हेर
कितल्योश्योच हुंवाराच्यो बातम्यो रेडयो–निवेदक दिताली.

० ० ०

फांतोड जाली. बळवंतराव, ताचे शिश्य, शुभदा आनी हांव
कृष्ण निवासाची इश्कादेवून सकयल आयलीं. इश्कादेरच धोंपर-
भर चिखलाचो गाळ सांचिल्लो. त्या गाळाक एके तरेचोच कुशिल्लो
वास येताली.

सगळ्यांनी पयलीं आपलीं नाकां दामून धरलीं. पूण थोडे
वेळाउपरांत सगळ्यांक त्या कुसट कुबट वासाची संवय जाली
आनी त्याच कुसट्टाणीत आमी मेकळेपणान श्वासोश्वास करपाक
लागले.

सांचिल्ल्या रेव्यांतल्यान चलप कुस्तार जातालें. उदक जितले
उंचायेर चडिल्लें तितले उंचायेर रेव्याची एक रेग दिसताली.
सगळ्याक उध्वस्त जाल्ल्यो बिल्डिंगो... नश्ट जाल्ले रस्त्यावयले
खांबे, सकयल कोंसळिल्ली झाडां झोपां दिसतालीं. जंय पळेता थंय
विध्वंस. बॉंब वर्शावान उध्वस्त जाल्लेभशेन दिसपी लोकवस्ती.
ुला न्हंय आतां संथ व्हांवताली. लकडी ब्रिज कोंसळावपी ही
कालची क्रुद्ध न्हंय आज त्याच पूलाचे भाग आपल्या पात्रांत घेवन
संथ व्हांवताली.

गादयो, उशीं, चादरी विजेच्या वायरींक लोंबकळटाना दिस-
ताली. इतले फांतोडेरलेगीत लोकांचे थवेच पुराचो विध्वंस पळोवपाक
भायर सरिल्ले पूरग्रस्त लोक कैद जाल्ल्या युद्ध सैनिकांभशेन सतर-
वितर जावन आपल्या कोंसळिल्ल्या घरादाराकडेन हताश जावन
पळेताले.

एका भुरग्याचें मडें इलेक्ट्रिक खांब्याक आडखळून लोंबतालें.
उदक वयर येता तें पळोवन तो वयर खांब्यार चडला आसतोलो.
विजेचो शॉक बशिल्ल्यान थंयच दसून उरला आसतोलो. पुलीस
स्ट्रेचरावयल्यान मडीं ॲम्बुलसींत घालताले. एक मनीस पुराच्या
शॉकान थार पिसो जाल्लो. ताची बायल आनी भुरगीं ताका दुकां
व्हांवयत थाथारतालीं. आनी जात्रा पळोवची तशें हांव हे सगळें
पळेतालों. जात्रा! विध्वंसाची जात्रा!

बळवंतरावाच्या हातांत ट्रांन्सिस्टर आशिल्लो. ताचेर कोणतरी
पूरभागांत मदत करपाखातीर स्वयंसेवक म्हणून येवपाक आवाहन
करतालो.

'बाय! आतां आमी सगळेजाण लोकांक मदत करपाक
वतात. तुज्या वळखिच्या लोकांकडेन वा नातेवायकांकडेन तुका जाय
जाल्यार आमच्यांनी पावोवपाक जाता. आमी तुका पावोवन येतात.
म्हण्टकच मागीर तुजो बापूय थंयसून तुका व्हरपाक
शकतलो. बळवंतरावान शुभदाक सांगलें. ताणें म्हजे दिखेन पळेलें.
हांवें तांचे उपकार आठयले.

'हांव पावयतां ताका' हांवें म्हळें. आमकां दोगांकय थंय
सोडून बळवंतराव आनी ताचे शिश्य वचूंक गेले.

'म्हजो लागींचो नात्यांतलो पुण्याक कोण ना. म्हजी कुंदा
म्हणून एक इश्टिण एरंडवणाक रावता. हांव ताचेकडेन वचून
पळेतां,' शुभदान म्हाका म्हळें, 'थंय उदक पावूंकना अशें हेदोळ
हांवें बातम्यांनी आयकलां'

'हांवें तुजेवांगडा येवपाक जाय?' हांवें विचारलें.

'ना! म्हाका रस्तो खबर आसा'

'तशें आसा जाल्यार मागीर तूंच वच. म्हाका फकत तुजे
मैत्रिणीचो पत्तो सांग. तुज्या बापायचें पुराय नांव सांग. हांव
तुजेविशीं ताका कळोवपाचो यत्न करतां,' हांवें अलिप्तपणान दुसरे-
कडेन पळेत म्हळें. शुभदान म्हाका बापायचें नांव आनी ताच्या
इंन्कमटॅक्स ऑफिसाचो पत्तो सांगलो. तें एरंडवणाचे दिकेन चलपाक
लागलें. हांव ताचे फाटमोरे आकृतीकडेन पळेतूच उरलो. म्हाका
म्हजें चली वासंतीच चलत वता काय दिसलें.

शुभदाचो बापूय मुंबै गेल्लो. म्हणूनच तो वांचलो. हांवें मुख्य
पोलीस चौकेर ताचें नांव दिलें. मदत केंद्रारय नांव दिलें. तो
आयल्यार ताणें सरळ कुंदा नांवाच्या चलयेच्या पत्त्यार वच्चें असो
ताका रकाद दवरलो. शुभदा सुगूर आसा अशेंयची सांगून दवरलें.
वाहतूक बंद जाल्ली. पुर्णेभर धोंपरभर चिखोल आनी रेबट जाल्लें.
हांव तसोच चिखोल माडयत भोंवलों. म्हजें घर, म्हजें दुकान साप्प
बुडिल्लें आनी नाच जाल्लें. पूण थंयच हताश बसून तो विध्वंस
पळोवचो अशें मात म्हाका दिसलेंना. शुभदाची आनी तिच्या
बापायची भेट जाली काय ना हें पळोवपाची म्हाका उमळशिक
लागिल्ली. हांव तसोच रेल्वे स्टेशनालागींच आशिल्ल्या इन्कमटॅक्स
ऑफिसांत गेलों. थंयसून मुंबैच्या इन्कमटॅक्स ऑफिसांत शुभदाच्या
बापायच्या नांवार तार केली. वेगोवेग कुंदाच्या घरा वच्चें आनी

शुभदाक मेळचें अशें ताका कळयलें. म्हजी भांगराची मुदी कँपांत विकून तारेचे पैशे फारीक केले. म्हाका सामकें पूरो जाल्लें. परतोय डेक्कन जिमखान्यार चलत आयलों. दिसलें कुंदागेर वच्चें आनी शुभदाक मेळचें. ताची आनी ताच्या बापायची भेट जाली काय ना तें पळोवचें. सांजची पांच वरां जाल्लीं आनी म्हाका पयस शुभदा दिसलें. तें सामकेंच बावन गेल्लें. ताचे केंस पिसुडलेले. पांय चिखलांत भरभरलेले. ओंठ सुकिल्ले. काचाबूल जावन असहाय्य अवस्थेंत पाय फुडें धुकलीत तें चलतालें. ताणें म्हा[illegible] ळोवंक नाशिल्लें. ताच्या ओठांतल्यान रगत येवन तें सुकिल्लें. ता[illegible] आंगात एक टी शर्ट आशिल्लो.

'शुभदा' हांवे ताचेलागी वचून ताका ह्वबू आवाजांत उलो केलो.

'जिवोत्तमकाका!' शुभदा अकस्मात आनंदून किळचलें. ताणें म्हजो हात घट्ट धरलो. आनी तें हुडक्या हुडक्यानी हो हो करीत रडूंक लागलें....!!!

'तुजी इश्टिण तुका मेळ्ळीना? हांवे ताका विचारलें.

'ना. तें मुंबै गेलां. हांवें तुमचेबराबर तागेर वचपाक जाय आशिल्लें.' ताणें परतेय घुस्मटून रडत म्हळें. सगळी येरादारी ठप्प जाल्ली.

'शुभदा! चल. आमी त्या मदत-केंद्रार वचुंया,' हांवें तुटक उतरांनी म्हळें. ताका घेवन हांव मदत-केंद्रार गेलों. थंय पूर-ग्रस्तांची तुफान गर्दी जाल्ली. स्वयंसेवक पूरग्रस्तांक एके रांकेंत उभे करताले. तांका जेवपाखातोर ॲलुमेनची बशी आनी पेलो दिताले. हांव आनी शुभदा वचून क्यूंत रावलीं. कसली ती वळखपाक न येवपी दावलभर भाजी आनी केन्नातरी भाजिल्ल्यान कडक जाल्ली एक एक चपाती आमकां मेळ्ळी. फकत एक पेलो पियेवपाक उदक मेळ्ळें.

क्यूंत राविल्ल्या प्रत्येक मनश्याक ॲंटी कॉलरा ॲंटी टाय-फॉडचें इंजेक्शन दिताले. आमकां इंजेक्शन तोपून जाले उपरांत कपडे दिले. शुभदाच्या वांटयाक तांबड्या रंगाचे एक जीन आनी फुलांचो डिझायन आशिल्लो एक बुशशर्ट आयलो. म्हाका एक सदरो आनी लेंगो मेळ्ळो.

हांवें शुभदाक घेवन क्य सोडलो? तें बकबक करून चपाती खावंक लागलें. बावडें! खुब भुकेल्लें तें. म्हाका भूकच नाशिल्ली. हांवे म्हजे चपातीचो एक व्हडलो कुडको तोडून शुभदाचे बश्येंत घालो. ताणें नाका म्हळें ना. ताची चपाती केन्ना सोंपिल्ली. ताका व्हसव्हसून खातना पळोवन म्हाका ताची काकुयट दिसली. दिसलें ताका लागीं ओडचें. ताचे केंस सांसपूचे आनी म्हणचें 'सोवकास खा गो बाय!' पूण हांवें तशें केलेंना. अलिप्तपणान दुसरेकडेन पळोवंक लागलों.

आनी शुभदा अकस्मात फकाफक ओकलें. हांव बेगीनबेगीन ताचेसरी गेलों. ताची तकली घट्ट धरली. ताका ओकूंक दिलें. ताच्या आंगातलो टी शर्ट आनी स्कर्ट ओंकीन म्हेळो जाल्लो. सकाळीं ताच्या आंगार ब्लावज आशिल्लो ताची म्हाका तेन्ना याद जाली. ताका टी शर्ट कसो मेळ्ळो ताचें म्हाका अजाप दिसलें. पूण [illegible] ताका विचारलें ना.

हांव पयस गेलों. न्हंयेच्या उदकांत म्हाका मदत-केंद्रा[illegible] मेळिल्लो सदरो एकेवटेन हांवें भिजयलो. ओलो केलो. सदरो घे[illegible] शुभदाकडेन गेलों. ओल्या वस्त्रान ताचें तोंड, हातपाय पुसून काढ[illegible] उपरांत सदऱ्याचे सुकेवटेन पुसून नितळ केले.

'शुभदा! तूं त्या कोनश्याक वचून हे नवे कपडे बदल[illegible] यो.' हांवें ताका सुचयलें. पूण ताका बावडयाक सामकें पुरो जाल[illegible] हांवें थोडोवेळ येवजिले आनी उपरांत ताचो टी शर्ट काढ[illegible] उडयलो. तें जोरान भाजतालें. हांवें ताका बुशशर्ट घालो.

'म्हाका मात्सो तो ओलो कुडको दियात,' ताणें म्हा[illegible] सांगलें. हांवे ताका तो ओलो सदरो दिलो. तें पयस मोडून पडिल्ल्या एका घराच्या आडोशाक गेलें आनी कपडे बदलून आयलें. ता[illegible] तांबडें जीन आनी फुलांचो बुशशर्ट घाल्ल्यान पयलीं तें चल्या भशेनच दिसलें.

सांज जाली. रातीचो काळोख सगळ्याक पातळूंक लागलो शुभदा पिरंगूंक लागलें.

'शुभदा! बाय, तुका किदें जाता?' हांवें ताका विचारलें.

'म्हजी कंबर आनी सगळें आंग फोडटा' ताणें वळवळत म्हाका सांगलें.

हांवें शुभदाक उखलें. फुलाभशेन ल्हव आशिल्लें तें. ताक घेवन मदत केंद्रार गेलों. ताका थंयचे नर्सीक दाखयलें. नर्स सांगपाक लागली इंजेक्शन दिल्ल्यान ताका जोर आयला. तिणें ताचेर वखत म्हणून दोन गुळयो दिल्यो. हांवे त्यो शुभदाक घेवपाक लायल्यो.

मदतकेंद्रार एक चादरय मेळिल्ली म्हाका. तांतूत शुभदाक गुठलायलें. ताका घेवन एका देवळाच्या आवारांत गेलों. बंदिस्त युद्धकैदी बसचे तशे कित[illegible]शेच पूरग्रस्त देवळाच्या आवारांत येवन बशिल्ले. हांवें कोनश्याचोसो एक जागो धरलो. शुभदाक घेवन थंय बसलों. म्हज्या कपडयांची गुठली केली. शुभदाखातीर तांचें उशें केलें. शुभदाक मेळिल्ली चादर ताका हातरूंक घाली. आनी ताका न्हिदयलें. हांव उकडयां, आंगाची मुटकुळी करून शुभदाचे तकले-लागीं बसलों. घुबडाभशेन मोन्यांनी आनी घुमो बसलों. उपरांत तशेच दोळे धांपिल्लेकडेनच न्हिदलों.

'नाका... म्हाका सोड... नाका' शुभदा खाटीक मारूंक व्हरपी गाय जशी आकांतान हांबेता तशें आडुलें.

हांव ताचे आरडीन कचक्क करून आंग काडून जागो जालों. हांवें शुभदाक घट्ट धरलें. तें न्हिदेंतच थर्त भियेवन आडुलें. कसलें तरी भयांकृत सपन पडिल्लें आसतलें ताका. हांव ताका थापटूंक लागलों. तेन्ना तें पूराय जागें जाल्लें.

शुभदाच्या किळच्यानी हेर पूरग्रस्त जागे जाले. ताणीं 'किदें जालें? कोण आडुलो? किदें जाले?' आदी वाऱ्यारच कांय प्रस्न विचारून थोडोवेळ बोवाळ केलो.

'जिवोत्तमकाका!'

'शुभदा! बाय किदें जालें? सपनबी पडलें काय किदें गो'

तुका ? भियेवं नाका आं. हांव जिवोत्तमकाका तुजे म्हन्यान आसा' ताका हांवें थापटीत धीर दिलो.

'जिवोत्तमकाका ! म्हाका ओंकूक येता,' शुभदान पिरंगत अर्धवट ग्लानींन म्हळें. हांवें ताका उखल्लें.देवळा भायर व्हेलें. देवळाचें छप्पर मोडिल्ले. अर्देअदोक व्हांवून गेल्लें. [देवळांतलो देवूय हुंवारांत व्हांवून गेल्लो. दिवोबिवो खंयच पेटयल्लो नाशिल्लो.

हांवें काळखांतच चाचपडत शुभदाची तकली फुडें धरून ताका ओंकूक लायलें, शुभदा पांचवें–हडवें किदेंतरी ओंकलें. ताचे ओंकीक असह्य वास मारतालो. म्हाकाय त्या वासान ओंकूक येता काय असो म्हाका दुबाव मारलो. पूण व्हडा कश्टान हांवें ती ओंकपाचों भावना दामली आनी जिरोवन उडयली. शुभदाक परत ताच्याय हातुण्णार हाडून न्हिदयलें.

शुभदाक जोर चडूंक लागलो. तें चड चड पिरंगूंक लागलें. हांव ताचे कुशीक न्हिदलो. आनी ताका थापटूंक लागलों.

ताका थापटीतना म्हाका म्हजे वासंतीची तीव्रतायेन याद जावंक लागली. खूब खूब याद येवंक लागली ताची. दोळ्यां-तल्यान दुकां व्हांवपाक लागलीं. हांव म्हजे वासंतीकच थापटीतां अशें म्हाका दिसपाक लागलें.

'हे चलयेचो बापूय येवन ताका व्हरमेरेन हांव ताची सेवा करतलों. ताचो बापूय ताका घेवन वतना हांव गळसणचो ना. दोळ्यांत दूक काडचो ना. वोग्गी रावतोलों. तुटक वागतोलों. हांव जांचेर माया करता तीं सगळीं मरतात. म्हाका एकलोच सोडून वतात.'

'हें इतलें किद्याक काय भियेलें ?हाका कसलें सपन पडलें काय ? इतलो कसलो भंय दिसलो ताका? सोबीत, निश्पाप मुखामळाचें हें शुभदा. म्हजें वासंती. हांव ताका थापटीता आसतनाच म्हाका न्हीद लागली.

० ० ०

हांव सक्काळीं जागो जालों. शुभदा शांत न्हिदिल्लें. हांवें ताच्या कपलाक हात लावन पळेलो. जोर नाशिल्लो. धाम सुकिल्ल्यान ताचें कपल चिकट जाल्लें. ताच्या गव्हाळी रंगाच्या मुखामळार एकेतरेची फिकटसाण आयिल्ली. आनी दोन भुंवयामदलो तो तीळ तेखातीर चड काळो दिसतालो.

म्हजो हात ताच्या कपलाक लागतकच ताची न्हीद चाळवली. तें दोळे उक्ते करून म्हजेकडेन पळोवपाक लागलें. उपरांत गळसणल्याभशेन दुकां व्हांवोंव लागलें. हांव उठलों. मदतकेंद्रार वचून एक पाव आनी ॲलुमिनियमचो पेलो भरून च्या हाडली.

'शुभदा ! ही च्या घे. तुका बरें दिसतलें. भूक आसा जाल्यार हो पाव खा.' शुभदाक खूब भूक लागिल्ली. ताणें पाव आनी च्या सोंपयली.

'शुभदा ! बाय तुका आतां बरें दिसता मगो? हांवे ताचेकडेन पळेनासतना विचारलें.

'हय, जिवोत्तमकाका ! आतां खुब्ब बरें दिसता म्हाका' शुभदान सांगलें.

'हें पळे शुभदा ! हांव पयली एरंडवणाक वचून कुंदाच्या बंद घराक एक चीठ लावन येतां. तुज्या बापायक हांवें ताचो पत्तो दिल्लो. उपरांत हांव तुज्या बापायक कशेयभशेन गांठटां. तूं ह्या मदतकेंद्रावयल्यान मात कशेंच हालूं नाका. जेवण, च्या बी थंय दितात ती घे. पूण तूं हांगासून दुसरेकडेन खंयच वचूं नाका. तुजो बापूय हांव नासतना आयलो जाल्यार मुजरत वच. कळ्ळें मगो ?' हांवें म्हळें.

'हय जिवोत्तमकाका ! अप्पासायब आयले तरीकय तुमी परते यो मेरेन हांव हांगाच रावतां,' शुभदान सांगलें.

हांव सरळ रेल्वेस्टेशनालागीं आशिल्ल्या इन्कमटॅक्स ऑफिसांत गेलों. शुभदाचो बापूय म्हाका थंयच मेळ्ळो. हुंवाराची बातमी कळनाफुडें कालूच तो पुण्याक आयिल्लो. ताका म्हजो रकाद मेळूंक नाशिल्लो. तो ससून हॉस्पिटलांत गेल्लो. थंय ताका आपलीं बायल, दोन चले आनी एके चलयेचीं प्रेतांच पळोवंक मेळिल्लीं. शुभदाय वांचपाची शक्यताय ना हाची ताका मनोमन खात्री जाल्ली. तो पुराय खचिल्लो. ताचो वरिश्ठ अधिकारी समजूतदार आनी मायेस्त लागलो म्हाका. ताणें शुभदाच्या बापायक धीर दिलो. चारूय प्रेतां कायदेशीर सोपस्कार करून ताब्यांत घेतलीं. तांचें दहन केलें. शुभदाच्या बापायक तो वरिश्ठ आपल्या घरा घेवन गेलो. त्या अधिकाऱ्याचें मुर्ती काय अशें किदें नांव आशिल्लें. हांवें शुभदा जिवें आसा हें शुभदाच्या बापायक सांगतकच ताणें म्हाका कडकडून वेंग मारली. हांव ताका घेवन मदतकेंद्रार आयलों.

'शुभो !' अशी हालेट मारून तो शुभदालागीं गेलो आनी शुभदाक घट्ट आपले वेगेंत घेतलें.

हांव पयस राविल्लों. म्हज्याय दोळ्यांतल्यान दुकां येवंक लागलीं. आनी हांवें थंयसून कूस मारली. हय ! आनीक मोयगाश वाडोवप नाका. परतेंय एकसुरेंपण आपणावप नाका. हांव थंयसून पळ्ळों.

० ० ०

'जिवोत्तमकाका !' हो शुभदेचो उलो आयकून सगळें किदें येवजलें !

हुंवारा उपरांत हांवें म्हजें दुकान, घराचो जागो विकून उडयलो. पनवेलाक गेलों. थंय म्हजो पयसचो एक सोयरो आसा. आवयकडल्यान आशिल्लें हें नातें. हांव तांच्या मळ्यांत काम करतां. अलिप्त रावतां. ह्या म्हज्या सोयऱ्याचें नांव माधवराव दोडगे. दोडगे कुटुंबिय म्हाका मायेन वागयतात. हांव तांचें काम करतां. ते म्हयन्याक म्हाका पगारय दितात. पूण म्हाका पैशांची गरजच भासना. तांकां आवय–बापूय नाशिल्लो एक पुतणयो आसा. नांव सुहास. अमेरीकेक वचून शिकून आयला. मुंबैंच आसता. माधव-रावाच्या धाकट्या भावाचो पूत. हो धाकटो भाव टायफॉयडान भायर पडिल्लो. उपरांत ताची बायलय पेडुचार जाल्ली. तांचो एकुलतो एक चलो सुहास पोरको जाल्लो. पूण माधवरावान ताका आपलें पोरकेपण केन्नाच भासूक दिलेंना.

आनी आयज माधवरावाचो रकाक दिवंक हांव मुंबै आयिल्लों.

मुहासाखातीर हो रकाद आशिल्लो. वाटेर शुभदा मेळलें.

'जिवोत्तमकाका' हो उलो आयकल्याबराबर हांवें ताका पळेलें. म्हाका ताचो तीळ दिसलो आनी हांव ताका वळखलों.

'कोण? शुभदा! शुभदाच मूं तूं?' म्हाका खूब म्हळयार खूब खोस जाल्ली.

म्हजें वासंती आयज जर जिवें आसता तर बद्द ताचेभशेनच दिपतलें आशिल्लें. खरेंच ताचेभशेन दिसतलें आशिल्लें काय? ह्यो म्हजो यादी चवदा वर्सांउपरांत लेगीत अश्यो ताज्यो कश्यो उरल्यात? शुभदा! शुभदा! म्हाका तुजेलागीं खुब्ब खुब्ब उलोवपाचें आशिल्लें. तूं किदें करता, खंय आसता हें विचारपाचें आशिल्लें. पूण उपरांत याद जाली. हांव दुर्भागी. म्हाका कोणाचोच पाश आसपाक उपकारना, माया लागपाक उपकारना आनी हांव भराभर चलत गेलों. ताचेसरीन उरिल्लों जाल्यार जशें काय तें म्हाका पकडटलें आशिल्लें. हांव झपाझप पयस चलत रावलों.

दिसताय आसत तें एकाद्रे म्हजे चलयेसारकें. पूण तांतूंत किदें जालें? म्हाका एकसुरो रावपाचो आसा. म्हजेखातीर दुसऱ्यांक त्रास नाका आनी आतां म्हजें वयूय जालां. म्हाका कसलोच पाश नाका. फुकटची माया नाका. अजाप एकेच गजालीचें दिसता. चौदा वर्सांपयलीं फकत एकाच दिसा म्हज्या सहवासांत आयिल्ल्या शुभदान म्हाका वळखलो कसो?

० ० ०

अप्पासायब

'अशें? म्हाका त्या भुरग्याची याद आसा. म्हाका मदत केल्ली...' आनी हांवें म्हजें उलोवणें अर्देंच सोडलें. हांव पयस पळोवंक लागलों. शुभदान म्हजेखातीर आनी आपलेखातीर च्या दवरली. म्हाका त्या भुरग्याची बेसबरी याद आसा. म्हाका ताचेविशीं आनीक चड उलोवपाक जालें ना. कारण म्हाका म्हज्या घुंवळीच्या प्रसंगाची याद जाली. म्हाका हाय ब्लड प्रेशर दुयेंस तेन्नाच्यान लागिल्लें. आनी म्हाका घुंवळ... म्हजे बायलेक– म्हजे लतिकेक मारहाण करतना अयिल्ली. यादी उसळून वयर येवपाक लागल्यो आनी हांव बेचैन जालों!

लतिका! म्हजें लतिका!

म्हजे लतिकेचो जल्म जोग बिल्डिंगेतच' जाल्लो. म्हजो ताची पयली वळख एक दीस अशीच बस–स्टॉपार जाल्ली. अंडाकृती मुखामळाच्या उदकाळ तेजस्वी दोळ्यांचे हे तरनाटे लतिकेन म्हाका पिशें लायलें. हांवेंच म्हजो मोग उक्तावपाक फुडाकार घेतलो. एके रातींत हिमालय चडपाची आनी एका दिसांत अरबी समुद्र हुंपपाची खुमखुमी तेन्ना म्हज्या तरनाटचा देहांत सळसळ–टाली. ही खुमखुमी पिशी आशिल्ली. अवास्तव आशिल्ली. पूण जुवानपण उसळटालें. म्हज्या मोगाक लतिकेकडल्यान प्रतिसाद मेळ्ळो.

With best compliments from :

Industrial Credit & Development Syndicate Limited

H. O. . Syndicate House,
MANIPAL–576 119.

Goa Branch :

107, Mahalaxmi Chambers,
18th June Road,
PANAJI,
GOA 403 001.

Phone : 5258

Credit Syndicate, A Unit of The Multi-Crore Multi-Product Manipal Group of Companies Offers Hire Purchase, Leasing and Attractive Deposit Schemes.

आमच्या लग्नाक एक वर्स आमतना लतिकेचो बापूय भायर पडलो. दुसऱ्या वर्सा आमीं लग्न केलें. जोग विल्डिंगेंत हांव रावपाक गेलों. लग्नाउपरांत दोन वर्सांनी सुधीर जालो उपरांत देडा वर्सांच्या अंतरान दोन चलयो जाल्यो. शुभदा आनी विनिता. विनिताउपरांत चार वर्सांनी निर्तीन जालो.

दर एका बाळंटेराउपरांत लतिका बदलत गेलें. हिस्टेरीक जायत गेलें. कितलो बदल्लो ताचो स्वभाव ! तें आपल्या भुरग्यांचेर आत्यंतिक मोग करतालें. दर एका भुरग्याफाटल्यान तें एक सपन पळेतालें. आमच्या संवसाराक आधार जावचो म्हणून तें स्वता नोकरी करतालें. आठ तास शिविस, सकाळीं चार वरां भुरग्यांक शिकवप, रांदप, कितला जीव दणदणायतालें तें ! म्हाका ताची साप्प काकुयट दिसताली. ताणें कितल्योय आड्डी-हुयेली मारल्यो तरीय हांव वोग्गी रावतालों. हे काकुयटेखातीरच म्हाका अशें शांत रावपाक जातालें. पूण निमणें हांवयबी मनीसच. केन्नाकेन्नाय म्हजे संतापाचो लेगीत उद्रेक जातालो.

हिस्टेरीक म्हळ्यार लतिका कशें वागतालें? तें सकाळीं पांचांक चुकनासतना उठ्ठालें. सुधीर, शुभदा, वनिता हांका सडसडीत हालोवन हातरूण सोडपाक लायतालें. स वरांमेरेन तांचो आनी आपलो प्रातःविधी सोंपोवन तें तांचो अभ्यास घेतालें. तांका समजावन सांगपाचो यत्न करतालें. पूण ह्याच वेळार तें खूबच हिस्टेरीक वागतालें. भुरग्यांक शिकवप हेंच फकत आपलें कर्तव्य. ते शिकवपलेगीत 'छडी बसे छमछम विद्या येई घमघम' हे धर्तेर. कितल्यो बोबो-हुयेली मारताले तें ! भुरग्यांक कितल्यो गाळी घाली. कितली आदळ आपट करतालें ! आपल्या भुरग्यांक शिकयतना आपूण कितलो व्हडलो बोवाळ करतां आनी ह्या बोवाळाचो आपल्या शेजाऱ्यांक कितलो त्रास जाता हाची तें पर्वाच करिनाशिल्लें. एका काळार गोड स्वभावाचें आशिल्लें लतिका आतां झगडाळ बायल म्हणून फामाद जाल्लें.

लतिका आपल्या भुरग्यांकडेन महत्वाकांक्षेन पळेतालें. आ ल भुरगीं वर्गात सदांच पयलीं येवपाकच जाय असो ताणें निश्चय केल्लो. हे खातीरच ताची ही सगळी धडपड आशिल्ली हे धडपडीचें पर्यावसान कित्यांतय जाल्यार ताका पर्वा नाशिल्ली. एकदम फांट्या पाऱ्यार मोठ्या मोठ्यान आड्डून तें आमच्या सगळ्या शेजाऱ्या-पाजाऱ्यांक उठयतालें.

आमच्या शेजरा भौतेक शाळा कॉलेजांतले विद्यार्थी रावत. लतिकेच्या बोबो हुयेली मारीत सकाळच्या पारावयल्या शिकोवपान तांची न्हीद इबाडटाली. ताच्या अभ्यासांतय प्यत्यय येतालो. ह्या विद्यार्थ्यांची आनी लतिकेची सदांच ते खातीर झगडीं जातालीं. खूब सहन केल्याउपरांत म्हाका केन्ना केन्नाय ह्या झगड्यांत पडचें पड.

दर एकलो विद्यार्थी घरमालक जोगाकडेन लतिकेआड करांदाय मारी. जोग विचारूंक म्हणून येतालो आनी उपरांत जोगाचें आनी लतिकेचें झगडें जातालें. इतलो अपुर्बायेची चली, इतलो उतळताप करपी बायल मनोस कशी किदें जालो हाचें जोगाक लेगीक कुवाडें पड.

खुबदां जोग म्हाका सांगतालो, 'जगन्नाथराव ! लतिकेक खूबच अशक्तताय आयल्या. ते खातीर तें अशें वागता. तुमी ताका दोतोराक किद्याक दाखयना ?'

हांव वोगीच रावतालों. दर म्हयन्याचें बजेट लतिका तयार करी. ताका पगार मेळटालो ३५० रूपया. म्हयन्याचे पयले तारखेक तें आपलो पगार म्हजेकडेन हाडून दितालें. वांगडा म्हयन्याचें बजेट. लतिका सामकें शिस्तीचें. ताच्या बजेटांत बस भाडें, च्या खर्चापासून फी, पुस्तकां कादेर्न, पेन्सिल, म्हयन्याक एका आयतारा सिनेमा आदी सगळ्या गजालींचो आसपाव आसतालो. तेभायर सगळें रांदप तें स्वता करतालें. सकाळीं उठनाफुडें आनी साडेणवमेरेन तें एकेकडेन रांदप करतालें. दुसरेकडेन गाळीफस्ती घालीत आदळआपट करीत भुरग्यांक शिकयतालें. हांव जावन ताका केन्नाकेन्नाय रांदपांत मदत करतालों. ताका टॉनिक्स घेवपाचो हांव आग्रो करतालों. पूण तें म्हजी सुचवणी फेटाळटालें. लतिकेचें सगळें आत्यंतिक. सामकें एका टोंकार वचून. भुरग्यांक लेगीत शिस्त आत्यंतिक, टोंकाची.

धा वरांचेर जेवण सोंपतकच तें सायकलीर बसून ऑफिसाक वतालें. ताका कश्ट खूब काडचे पडत. चार भुरग्यांची आवय जातकच लतिका पयलीचें उरलेंना. खूबच बारीक जाल्लें तें. पोलेबशि ले. पयलीं अंडाकृती आशिल्लें ताचें मुखामळ अंडाकृती उरलें ना. दोळे उदकाळ आनी तेजस्वी आशिल्ले पूण तातूंत कश्टांखातीर आयिल्लो थकवो दिसतालो.

सुधीर, शुभदा, विनिता ह्या तिगांकय लतिका धाडाय धाडाय धाडायतालें. फकत अभ्यासावेळार. पूण नितीनाक मात तें केन्नाच हात लाय नाशिल्लें. नितिन ताचो सामको अपुर्बायेचो आशिल्लो.

ताचो कटाक्ष आशिल्लो तो फकत आपल्या भुरग्यांच्या शिक्षणाचेर. सुधीराक इंजिनियर करपाचें ताणें थाम धारायल्लें म्हणूनच तें ताका दरदिसा आंग-तोंड सुज म्हणसर मारतालें आनी शिकयतालें. तो बयान भुरगो, ताची आकलनशक्ती आपलेपरस उणी हें ताका पटनाशिल्लें. आपूण जितलें जलद ताका शिकयता तितल्याच जलद गतीन ताका खंयच्याय विशयाचें आकलन जावंक जाय अशें ताका दिस. ताका जितलें जलद आकलन जालेंना जाल्यार मागार तें खुबतालें. ताका मार मार मारी. केन्नाकेन्नाय भंयानच सुधीराच्या लक्षांत कांयच वचनाशिल्लें आनी तेखातीर मागीर तें पिरंजळत रावतालें.

आपूण जशें वागता तशेंच वागपाचें अशें ताका मनापासून दिस. ताच्या प्रयत्नांखातीरच आमची तीनय भुरगीं शाळेंत आपआपल्या वर्गात सदांच पयलीं येतालीं. वर्गांत सुधीरचो नंबर पयल्या पांच भुरग्यांनी येतालो. खेळां सर्तोनी तो बक्षिसां मेळयतालो. आमच्या भुरग्यांनी सगळ्यांत हुशार आशिल्लें शुभदा. पयलो नंबर केन्नाच सोडीनाशिल्लें तें. ताका गावपाचोय नाद. आशिल्लो. आपल्या सुरेल आनी गोड गळ्यान तें जेन्ना कविता म्हणटालें तेन्ना त्यो आयकत रावीनशें दिसतालें.

भुरग्याक शिकयतना तें जितल्या नेटान बोवाळ घाली

तितल्याच नेटान आनी उत्साहान आपल्या भुरग्यांक खंयच्याय गजालीन जैत मेळटकच तें तांचें कवतूक करी.

नितीनाच्या जल्माउपरांत लतिकेन आपणे जावन आपलें ऑपरेशन करून घेतलें. केन्नाकेन्नाय तें भुरग्यांक मारता तें पळोवन, लोकांवांगडा ताका अशीं झगडींझुंजां करतना पळोवन म्हाका भिरभिरी मारताली. हांव संतापान ताका ठोकून काडटालों. उपरांत म्हजो म्हाकाच पश्चाताप जातालो.

'लतिके ! तूं कियाक गो अशें वागता ? किदें आशिल्लें तूं, किदें जालां आतां तूं ? कियाक असो जीव दणदणायता ? कियाक असो उतळताप करून भुरग्यांचो अभ्यास घेता ? ' हांव ताका म्हणटालों. हावें ताचेर हात उखल्लो म्हणटकच तें वोग्गी बसतालें. पूण म्हजी नसाय मात केन्नाच करी नाशिल्लें. म्हाका खूबच वायट दिसतालें.

'लतिके ! तुका आमची पयली भेट याद जाता ? हांवें तुजो घेतिल्लो पयलो कीस येवजता ? ' हांव ताका भूतकाळांत व्हरपाचो यत्न करी. तेंय उपरांत फुलतालें. म्हाका म्हणी 'खरें सांगूं ? म्हाका तुजो मार खावप आवडटा ' म्हाका हांसचें काय रडचें तेंच कळनाशिल्लें. फकत एकांतांत आसतना तें म्हाका एकेरींत संबोधतालें. नाजाल्यार भरग्यांहुजीर, लोकांहुजीर 'अहो जाहो.' 'म्हजें एक सपन आसा. तुमच्या सगळ्यांवांगडां हांव तें पळेतां. सुधीर इंजिनियर जाला. हजारांनी रुपया जोडटा. पर्वतीचे कुशीक ताणें सगळ्यांखातीर एक ल्हानसो बंगलो बांदला. शुभदा, विनिता बि. ए. पास जाल्यांत. प्रेमविवाह करून बऱ्या घराण्यांनी गेल्यात. नितीन दोतोरकी करता. तूं आनी हांव पेन्शन घेतात. आमी बंगल्याच्या व्हरांड्यार ओल्तेरार बसतात. सगळ्या बोवो हुयेलींचें झगड्या-झुंजाचें सार्थक जाल्यान. तृप्त मनान ' तें खंयतरी पळेत स्वप्नाळ उलयतालें. ताच्या ह्या सपनांत तें म्हाकाय अचळय घेवन वतालें ?

आनी सुहास दोडगे म्हज्या लक्षांत रावलो तो लतिके खातीरच. हो एकच असो विद्यार्थी आमच्या शेजरा रावून गेलो जो लतिकेबराबर झगडलोना. ताणें सदांच आमच्या कुटुंबावांगडा स्नेहपूर्ण संबंध दवरले. तो सदांच आमचे वांगडा सौजन्न्यान वागलो.

एक दीस आमच्या नितीनाक आमचे शेजान्नीचे चलयेन धुकल्लो. नितीन तोंडयां पडलो. ताच्या दातांतल्यान रगत आयलें. आमची शेजान्न म्हळ्यार मिसेस गिडे. लतिका वाघिणीभशेन संतापलें. ताणें हे गिडेवांगडा हातघाईर येवन झगडें केलें. हांव सकाळीच त्या दिसा कामार गेल्लों. लतिका इतलें संतापलेलें की ताणें ते गिडेचे कपडेलेगीत पिनिल्ले. केशटचो ओडिल्ल्यो. आनी त्या सुहासान हें झगडें आपूण मदीं पडून आनी दोनीय पक्षांकडल्यान थोडोभोव मार खावन सोडयल्लें.

दुसऱ्या दिसा ह्याच झगड्याचो संदर्भ घेवन लतिका गिडेवांगडा आनीक झगडपाक शिवशिवतालें. कालचो ताचो राग अद्याप न्हिवूंक नासलो. भुरग्यांचो अभ्यास घेतनाच ताणें अकस्मात गिडेक गाळी घालून आव्हान दिवपाक सुरवात केली. हांव भडकलों. ताका रागान तोंड धांपपाक सांगलें. पूण तें हिस्टेरीक पद्धतीन हुयेलो मारपाक लागलें. म्हाकाच गाळी घालपाक लागलें. म्हजो संताप अनावर जालो. हांव ताका धाडाय धाडाय धाडावंक लागलों. आनी उपरात म्हजी शुद्धच गेली.

हांव शुद्धीर आयलों तेन्ना सुहास म्हजेर उपचार करतालो. त्या वेळार तो एम. बी. बी. एस. पास जाल्लो. इंटर्नीशीप करतालो. ताणेंच म्हाका ससून हॉस्पिटलांत व्हेलो. म्हज्यो सगळ्यो येझामी करून घेतल्यो. उपचार बरोवन दिले. लतिकेक ताणेंच सांगलें कीं ताणें म्हाका आतां सांबाळपाक जाय. म्हज्या मनाक त्रास जावन म्हजें प्रेशर वाडत अमल्यो खंयच्योय गजाली ताळपाक जाय.

कितलो मोग करी म्हजेर लतिका ! म्हाका प्रेसांवांचें जालां हें कळनाफुडें ताणें म्हजी जिवापाड जतनाय घेवपाक सुरवात केली. तें सकाळीफुडें भुरग्यांच्या अभ्यासाखातीर उठतालेंच. पूण ताणें आपल्यो बोबो हुयेली खूपूच उणें केल्यो. ताका आड्डून भुरग्यांक शिकोवपाची अनिवार इच्छा जाताली पूण म्हाका तिडक बी येत हे भिरांतेन तें वोगी राव. अशेभशेन आत्मसंयमन करपाक ताका खूब-त्रास जाताले. केन्नाकेन्नाय ह्या प्रयत्नांखातीर ताका रडपाक येतालें. अशेवेळार तें काकुयटेन दोळ्यांतल्यान दुकां गळयतालें. म्हाका खूब वायट दिस.

'हें पळे, लतिके ! भुरग्यांचो अभ्यास हांव घेतां. तूं फकत रांदप कर. सगळीं कामां केल्यार तुजेर चड ताण पडटा. तुका तो सोंसपाक जायना आनी तेखातीर तूं अशे रागीट जालां' हांवे ताका समजायलें.

'नाका ! नाका ! तुमकां विश्रांतेची गरज आसा. तुमकां ऑफिसांतच चड काम पडटा. तांतूत आनीक हें तुमी करूं नाकात. हांवूच घेतां भुरग्यांचो अभ्यास. आडुनासतना घेतां,' ताणें म्हाका निक्षून सांगले.

हुंवाराच्या एक म्हयन्यापयलीं म्हाका घुंवळ आयिल्ली. आनी तेउपरांत ह्या एका म्हयन्यांत लतिका पुराय बदलें. पूण भुरग्यांविशी आपणें बाळगिल्ली महत्वाकांक्षा ताणें बदल्लीना. पूण आपलें वागणें मात ताणें पुराय बदलून उडयलें. शिकयतना भुरग्यांक तें मारीना जालें. भुरग्यांची माराची भिरांत गेल्ल्यान तीं चड मन लावन अभ्यास करपाक लागलीं. हांव लतिकेच्या फाटल्यान लागलों. ताका दोतोरान दिल्ली टॉनिक्स सुरू केलीं. हांव स्वता ताका ती टॉनिक्स वेळच्यावेळार दिवपाक लागलों. खऱ्यानीच लतिकेची प्रकृति सुधारपाक लागली. अदींमदीं ताका आड्डून उलोवपाचे झटके येताले. पूण उपरांत तें आपूण अशें आड्डल्याखातीर आपणाकच गाळी घाली. म्हजेकडेन 'रागार' जांव नाका आं ' अशी याचना करी आनी केन्नाकेन्नाय काकुयटेन रड.

हुंवाराच्या तीन दीस पयलीं हांव आमच्या इन्कमटॅक्साच्या मुंबयच्या ऑफिसांत कामाखातीर गेल्लों.

० ० ०

हुंवाराच्या दिसा मुंबयच्या ऑफिसांत हांव कामांत गुल्ल

जाल्लों. साडेबारांक म्हज्या बॉसान म्हाका आपल्या कॅबिनांत आपोवन व्हेलो. तांच्या मेजार एक ल्हानसो ट्रांन्सिस्टर आशिल्लो.

'मिस्टर रेगे ! पुण्यांत हुंवार आयला. आतांच बातमेंत सांगलां,' बॉसान म्हाका सांगलें.

'पुण्यांत हुंवार दर वर्सा आसताच. पावसांत उदक लंकडी ब्रिजाच्या सामके लागच्यान व्हावता,' हांवें म्हळें.

'मिस्टर रेगे ! हो हुंवार प्रचंड आसा खंय. खंयचेतरी धरण फुटलां खंय. संबंध पुण्याची खंय हानी जाल्या. बसा मातशे त्या कदेलार. आतां बारा पंचेचाळीसांच्यो बातम्यो आयकुंया,' बॉसान म्हळें.

म्हाका हांसपाक आयलें. बॉस मार गंगेक हुंवार येवन हानी जावची तेभाशेन उलयतालो. बॉसान ट्रांन्सिस्टर सुरू केलो. आपूण काम करपाक लागलो.

आनी हांवे बारा पंचेचाळीसांच्यो बातम्यो आयकल्यो. काल पानशेत धरण फुटिल्ल्यान डेक्कन जिमखाना, लक्ष्मी रोड, जंगली महाराज रोड आदी जाग्यांचेर जाल्ले हानीची वर्णनां आयकूंक मेळ्ळीं. म्हज्या पायांपोंदची जमीन सरकता असो भास म्हाका जालो. आमची जोग बिल्डिंग मातयेची. डेक्कन जिमखान्यार फर्ग्युसन कॉलेज रोडार आशिल्ली ही आमची बिल्डिंग. ह्या प्रलयंकारी हुंवारामुखार ती आपलो निभाव कशी लायतली ? म्हजें लतिका ! म्हजो सुधीर, नितीन ! म्हजें शुभदा, विनिता ! हांव भंयान धवो जालों. पूण बॉसान धीर दिलो. तांणें म्हळें, घरांत उदक येवचे पयलींच लोक सुरक्षित जाग्यार गेल्यातच आसतले. पूण रेडियोर उदक अकस्मात वाडिल्लें अशी बातमी हांवें अयकल्ली. लोकांक सुरक्षित सुवातेर वचपाक अवसरतरी मेळिल्लो आसतलो काय ? हांवें बॉसाकडेन पुण्याक वचपाचें परमिशन मागलें. तांणें तें रोखडेंच दिलें.

हांव वेगोवेग पुण्याक आयलों. स्टेशनार हजारांनी लोक मुंबै वचपाक तिश्ठत बशिल्ले. सगळ्यो बशी सगळ्यो रिक्शा बंद आशिल्ल्यो. हांवें भाडयाची सायकल घेतली. पूण सायकल हुंवारान पातळायल्ल्या रेव्यान फुडेंच वचना जाली. कालच्या हुंवाराचे उदक खंयमेरेन पाविल्लें ताचो अंदाज आयलो. हांव सायकलीन परतोय स्टेशन वाठारांत गेलों. कँपांत हुंवाराची बाधा जावंक नाशिल्ली. हांव आमच्या वरिश्टाच्या म्हळ्यार मुर्तीच्या घरा गेलों. तांणीं म्हाका आपणागेर जेवयलो आनी थोडो विश्रांति घेवपाक लायली. पूण हांव तळमळटालों. विश्रांति आनी कशी घेतलों. हांव बेगीन–बेगीन पांच स किलोमिटर चिखोल चिड्डीत डेक्कन जिमखान्यार पावलों.

जोग बिल्डींग आपल्या जाग्यार नाशिल्ली. हे बिल्डिंगेतलो दर एकलो मनीस बुडलो अशें लोकांनी खात्री दिवन सांगलें. आनी हांव बेशुद्ध पडलों.

सगळेच शोक करताले. म्हणटकूच आनीक कोण कोणाचें सांत्वन करतालो ? हांव पडिल्लो तसोच जोग बिल्डिंगेच्या जाग्यारच शुद्धीर आयलों. उठलों आनी सरळ मुर्तीच्या घरा आयलों. मुर्ती मनीस सामको बरो तांणें म्हाका धीर दिलो. तो स्वता म्हजेबराबर आयलो. आमी सगळ्यांत पयलीं ससून हॉस्पिटलांत गेलें. मॉर्गांत असंख्य प्रेतां आशिल्लीं. हांवें सगळीं प्रेतां पळोवपाक सूरवात केली. म्हजेसारकेच हेर कितलेशेच लोक थंय आयिल्ले. प्रेतांनी आपले कोणय नातेवायक बी दिसत काय म्हणून पळताले. आनी एका कोनश्याक म्हाका लतिका, सुधीर, नितिन आनी वनिता दिसलीं. चारय प्रेतां लागीलागींच आशिल्लीं. हांवें हालेट मारली. त्या चारय प्रेतांक वेंग मारून हांव हो हो करीत रडपाक लागलों. मुर्तीन म्हजें सांत्वन केलें. तांणें स्मशानभुमींत वचून दहनाची तयारी केली. आनी तो परतोय हॉस्पिटलांत आयलो. हांव चारय प्रेतां ताब्यांत घेवन गळसणून थंयच बशिल्लों. शुभदा मात मेळ्ळेंना. ताचेविशीं कांयच कळ्ळेंना. हांवें आख्खो मॉर्ग धुंडाळ्ळो.

हांवें चारय प्रेतांचें विधीयुक्त दहन केलें. शुभदाची आशा हांवें संपूर्ण सोडिल्ली. दिसलें बाबडयाच्या नशिबान विधीयुक्त दहन लेगीत ना. मुर्तीन मात म्हाका एकटो कसोच सोडलोना. म्हाका परतोय आपल्या घरा व्हेलो. म्हाका परती परती घुंवळ येवंक लागली. तांणें म्हाका दोतोराक दाखयलो. दोतोरान म्हाका सिडेटीव्ह इंजेक्शन दिवन निद्रयलो. दोन दिसांचो ताण, दुख्ख ह्या आघातां खातीर हांव अर्द्मेलो जाल्लों. हांव थार निद्रून पडलों.

सुहास दोडगे हुंवारावेळार पुण्याक नाशिल्लो. हांव मुंबै वचवेपयलीं तो आठ दिसांची सुटी काडून पनवेलाक गेल्लो. हुंवाराच्या चार दीस पयलो. वतना तो म्हाका सहज म्हणून सांगून गेल्लो. कारण तोच त्या दिसांनीं म्हजेर उपचार करतालो.

० ० ०

चौदा वर्सांपयलीं फकत एकदां हांवें जिवोत्तमाक पळेल्लो. पूण म्हाका तरीय ताची याद आसा. आतां पळेल्यार एकाद्रे हांव ताका वळखूंचो ना. पूण तांणें केल्ल्या उपकाराची याद मर म्हणसर म्हज्या काळजांत सासणाची उतरली. खंयचो कोण मनीस ! ताचो शुभदाबांगडा कसलो ऋणानुबंद ! पूण ह्या देवमनश्यान ताची कितलीं सेवा केल्ली ताका कितलो आधार दिलो ! शुभदा जिवें आसा, हें कळोवपाक तो केद्या व्हड तळमळीन धडपडतो !

म्हाका दिल्ल्या गुंगेच्या इंजेक्शनाच्या अंमलांतल्यान हांव निकतोच उठिल्लों. म्हाका दुख्खाचो उमाळो सोंस नाशिल्लो. मुर्ती आपलें कामधाम सोडून म्हजेबरीन राविल्लो. आनी म्हाका समजायतालो.

ही किदें परिस्थिती जावन पडिल्ली म्हजो ! बेघर, बेसहारा ! म्हजें पुराय कुटुंबच नानपश्चात जालें. म्हजेर जाल्ल्या ह्या आघातान हांव पुराय चिड्डून गेलों. आत्महत्तेचो विचार पक्को करतालों आनी तेन्नाच जिवोत्तम आयिल्लो.

आयल्याबराबर तांणें शुभदा वांचलां आनी तें मदतकेंद्रार सुखरूप आसा हें म्हाका सांगलें. हांवें आनंदान ताका घट्ट वेंग मारली. तो म्हाका घेवन पूरग्रस्त मदतकेंद्रावर गेलो. शुभदा थंयच आशिल्लें. तांबडें जीन आनी फुलांचो बुशशर्ट घालून. चल्यासारकें दिसतालें तें.

'शुभी !' हांवें आक्रोश केलो आनी ताका वेंगेंन घेतलें. कितलोसोचवेळ आमीं तशींच उरलीं.

थोड्यावेळाउपरांत भोवतणी पळेल्यार जिवोत्तम नाच्च जाल्लो. शुभी परतें परतें आपल्या नव्या 'जिवोत्तमकाका' ची याद काडटालें.

'देव खूबदां मनश्यांचें रूप घेवन आधार दिता', हांवें शुभदाक समजायलें.

हुंवाराउपरांत आठूच दिसांनी हांवें पुणें सोडलें. म्हाका पुणें खावपाक येवंक लागलें. काळ वतकच हांव दुख्ख विसरतलों आशिल्लों. ना अशें ना. पूण सद्याक तें सोंसपाखातीर त्याच जाग्यार रावून यादींच्या द्यायांनी म्हजें मन म्हाका बुड्डून घेवपाचें नाशिल्लें. मुर्तीन स्वताचें वजन वापरून म्हाका मुंबै ट्रान्स्फर दिली. म्हाका मुंबैंत एक ऑफिसराचो ब्लॉक लेगीत मेळ्ळो.

हुंवाराचो शुभदाचेर केदो व्हडलो आघात जाल्लो! पयलीं दोन कर्सां तें घरांतच रावलें. फकत वाचतच रावतालें. कितलें समंजस म्हजें शुभी! ऑफिसांतल्यान हांव परतो यो मेरेन तें म्हजी वाट पळेत बसतालें. हांवे ताचेर खंयचेच बाबतींत सक्ती केलीना. ताका पूर्ण मेकळीक दिल्ली.

पूण शुभी हुंवाराचो आघात अजूनय विसरूंक ना. तें म्हयन्यांतल्यान एकदांतरी किळच्यो मारीत उठ्ठा. केन्नाकेन्नाय 'नाका! नाका! सोड म्हाका!' अश्यो करूण आवाजांत किळच्यो मारीत, हुडक्यांनी रडत उठ्ठा.

म्हाका आतां शुभीचें अशें न्हिदेंतल्यान किळचत जागें जावप सामकें वळखीचें जालां. जेन्ना शुभी अशे सपनेवन किळचत उठ्ठा तेन्ना हांव आतां आंग काडून जागो जायना. हांव उठटा आनी लायट लायतां. घामान चिप्प भिजून, थरथर कडकडपी शुभीक हांव फकत थापटीतां.

तेंय पूण म्हजो स्पर्श जायनाफुडें जागें जाता. म्हाका पळोवन आपल्याक सांवरपाचो यत्न करता. आनी उपरांत स्फुंदून स्फुंदून रडटा. म्हाकाय अश्यावेळार रडें आंवरना. लनिका, सुधीर, विनिता, नितीन हांची सगळ्यांची म्हाका खूब खूब याद येता.

० ० ०

हुंवाराच्या वर्सा शुभदा णवेंत आशिल्लें. ताका दोन वर्सां मुंबै फुकट वगडावची पडली. तें फकत वाचप करतालें. घरची सगळीं कामां तें करी आनी फकत घरा राव. हांवेय ताका शिकपाची सक्ती केलीना.

दोन वर्सां उपरांत शुभीन आपणे जावन शाळेंत वचपाची इत्सा उक्तायली. म्हाका आनंद जालो. तीन वर्सांभितर शुभदा फस्ट क्लास डिस्टिंक्शन घेवन एस. एस. सी. पास जाले.

उपरांत ताणें शिक्षण चालूच दवरलें. ताका इंटराक बी ग्रुप घेवन फस्ट क्लास मेळिल्लो. पूण तें जेन्ना मेडिकलाक गेलें, तेन्ना एका म्हयन्याभितर ताणें मेडिकल कॉलेज सोडलें. म्हाका ताणें सांगलें, 'प्रेतां चिरगचा म्हाका वीट दिसता.' ताणें बी. एस. सी. केली. ताका बी. एस. सींतय फस्ट क्लास मेळ्ळो.

अकस्मात ताच्यांत खंयसून आवड निर्माण जाली देव जाणा! ताणें परतेंय मेडीकलाक ॲडमिशन घेतलें. अंदू तें एम. बी. बी. एस. च्या तिसऱ्या वर्साक आसा.

इतलें सरळ सभावाचें म्हजें शुभी! तें म्हजे कपडे धुता, म्हज्यो वस्तू व्यवस्थित दवरता, रांदप करता. इतलीं सगळीं कामां बरे रितीन करूनय तें आपल्या शिक्षणाकडेन बेसबरें लक्ष दिता.

हालीं शुभी स्वता म्हजें प्रेसांव चेक करता. म्हजीं वखदां, गुळयो वेळच्यावेळार दिता. म्हजी सगळे तरेची जतनाय घेता.

आतां म्हाका हुस्को जाला ताच्या फुडाराचो. सत्ताविसावें वर्स चालू आसा ताका. आनीक एक दोन वर्सां. इंटर्नीशिप जातकच ताका डिग्री मेळटली. एम. बी. बी एस. ची.

० ० ०

सुहास

म्हजें उलवप सोंपतकच डॉ. आपटेन म्हाका ताची वळख करून दिली. लेक्चरापयलीं ताणें खरें म्हळ्यार ताचेविशीं सांगिल्लें. हे चलयेक अकस्मात फीटस येतालो. हांवें ताचेकडेन पळेलें ताच्या दोन भुंवयांमदलो तो काळो तोळ दिसलो म्हाका. म्हजें मन झरझरीत चवदा वर्सांफाटल्यान गेलें आनी हांव ताका वळखलों.

'म्हाका दिसता हांव तुमकां वळखतां,' हांवें म्हळें

'तुमी म्हाका वळखतात?' ताणें अजापान विचारलें.

'हय! भौतेक तुमचें नांव शुभदा वा शोभा आसपाक जाय. हांव चवदा वर्सांपयलीं पुण्याक आशिल्लों. जोग बिल्डिंगेत हांव तुमच्या शेजारा रावतालों.' हांवें तें सांगतकच म्हाका तें वळखलें.

काळ कितले बदल करता! एक इल्लेशें, सान, स्कर्ट घालपी चली एक सोबीत युवती जाल्ली. हे चलयेंत कसलेंतरी प्रभावी आकर्शण आशिल्लें. म्हाकातरी ताचेकडेन पळेत रावचेंशें दिसपाक लागलें. हांवें ताका दुसऱ्या दिसाचो ॲपॉयमेंट दिलो. गाडी फुडें व्हरतना हांवें ताका 'बाय बाय बेबी!' म्हळें. उपरांत म्हाका दिसलें हांवे वोगीच चड आगावूपण केला. हांवें गाडी बंद केली, तकली भायर काडून ताका म्हळें.' तुमकां याद जाता? हांव जोग बिल्डिंगेंत आसतना तुमकां 'बेबी' म्हणटालों. सामकीं ल्हान आशिल्ली तुमी तेन्ना. कितलो बदल जाला तुमच्यांत'

तें म्हजेकडेन आपल्यो धव्योफुल्ल दंत पंक्ती दाखोवन हांसले. म्हाका खोल खंयतरी वोगीच हालिल्ल्या भशेन जालें.

० ० ०

म्हाका शुभदा, जोग बिल्डिंग हांची घट्ट बरी याद आसा. जोग बिल्डिंगेन म्हज्या मनार एक पुसना तसलो छाप मारला. पानशेतच्या हुंवारांत जोग बिल्डिंग ना जावन गेल्ली. शुभदा सोडल्यार तांतूत रावपी हेर सगळे लोक मेल्ले. तांतूत हांवूयबी आसपाचों. पूण हुंवाराच्या चार दीस पयलीं हांव पनवेलाक गेलों. म्हाका नॅर्व्हस ब्रेकडावन जाल्लो. किशोर साठेन–म्हज्या इश्टान म्हाका पनवेलाक वचून रेस्ट घेवपाचो सल्लो दिल्लो. म्हाकाय वाज आयिल्लो. हांव पनवेलाक गेलों आनी वांचलों.

हुंवाराउपरांत आयलों जाल्यार जोग बिल्डींग जाग्यार नाशिल्ली. ती आशिल्ली अशें दाखोवपी थंय कांयच उरूंक नाशिल्लें. बिल्डिगेंत रावपी सगळे मेल्ले हें म्हाका कळिल्लें. फकत तें चली वाटावल्लें हेंय अंधुकशें कळिल्लें आनी आज चवदा वर्सां-उपरांतलेगीत हांव ताका वळखल्लों.

० ० ०

हांव जोग बिल्डिगेंत रावपाक गेल्लों तेन्ना एम. बी. बी. एस पास जाल्लों. म्हजी इंटर्नीशिप चालू आशिल्ली. हांव चार वर्सांचो आमतनाचे आवय-बापायक मुकिल्लों. म्हजो बापूय टायफॉयडान भायर पडिल्लो. आवय उपरांत एका वर्सान धनुर्वात जावन पेडुचार जाल्ली. म्हाका म्हजे आवयची अंधुकशी याद आसा. बापायची मातूय ना. माधवराव दोडगे म्हजो चुलतो. माधवकाका म्हाका इतले मायेन आनी मोगान वागयता ! म्हाका जाल्यार ताणें आवय-बापायची उणीव भासूंकच दिली ना. म्हज्या दर एका जैताचें गांवभर कवतूक केलें हांव दोतोर जालों म्हळचार हांवें दोडगे घराण्यांत अद्वितीय दिग्विजय केला अशें ताका प्रामाणिकपणान दिस. म्हाका ताणें केन्नाच किदेंच उणें पडपाक दिलेंना. म्हजे दर एके इत्सेक मानून घेतली. हांव डेक्कन जिमखान्यावयल्या जोग बिल्डिगेंत रावूंक येवपाचें कारण म्हळचार सायकियाट्रीस्ट काणे डेक्कन जिमखान्यार रावतालो. ताच्या मार्गदर्शनाखाला हांवें अमेरीकेक सायकियास्ट्रीच्या उच्च शिक्षणाखातीर वचपाचें थारायल्ले. तेभायर म्हजो अभ्यास सोंपिल्लो. इंटर्नीशिप चालू आशिल्ली. तेखातीर हांव हॉस्टेल सोडून जोग बिल्डिगेंत रावपाक आयिल्लों. आनी म्हजो रूम शुभदाच्या ब्लॉकाशेजरा आशिल्लो. म्हाका रूम दिवचेपयलीं घरमालक जोगान म्हाका शुभदाच्या आवयविशीं कल्पना दिल्ली.

' हें पळेयात ! ही बायल फांत्या पारार उठून बोबो-हुयेली मारता. आपणांक डिस्टर्ब जाता म्हणून जर तुमी तिका सांगपाक वश्यात जाल्यार तुमचेवांगडा ती झगडटली. ती बायल सामकी हिस्टेरीक जाता. उपरांत कागाळ करपाक मात येवं नाकात म्हजे-लागीं. हांव कसलीच जबाबदारी घेवचो ना मागीर ' जोगान म्हाका सांगिल्लें.

हांव फकत हांसिल्लों. कारण म्हजो म्हज्या डाराडूर न्हिदेचेर पुराय विश्वास आशिल्लो. कितलोय बोवाळ जालो तरी लेगीत म्हजी कुंभकर्णी न्हीद चाळवपाची शक्यताय नाशिल्ली. हांवें तोच-रूम घेतलो.

० ० ०

हांव पयलेंच खेप जोग बिल्डिगेंत रावपाक आयिल्लों तेन्ना सांज जाल्ली. हांवें सामान रुमांत दवरलें. रुमाभायर आशिल्ल्या व्हरांड्यार येवन उबो रावलो. रस्त्यावयल्या येरादारीक पळेत. हांव येवचेपयलीच म्हज्या शेजरा मातशें पयस एक बारा तेरा वर्सांचे, शाळेचो युनिफॉर्म घाल्लें, नाकादोळ्यांनी वेवस्थित सोबीत आनी निश्पाप दोळ्यांचे चली म्हजेकडेन टकटक करीत पळेतना म्हाका दिसलें. हांव ताका पळोवन हांसलों. पूण तें हांसनासतना तशेंच म्हजेकडेन पळेत रावलें.

' किदें बेबी ! तुजें नांव किदें ?' हांवें ताका विचारलें.'

' शुभदा.'

' आर्रा ! सोबित मगो तुजें नांव. तूं किदें शिकना गो ?'

' णववी. मॉडर्न हायस्कुलांत. तुमचें नांव किदें ?'

' सुहास.' म्हाका तें स्मार्ट चली आवडलें.

' तूं खंय रावता ?'

' हांगा ! तुमच्या रुमाशेजरा ' हांवें सांगलें.

० ० ०

दुसरे दिसा हांवें शुभदाच्या आवयची हांवें जांवन वळख करून घेतली. हांवें तिका उलयता उलयता एक दोन कॉमिक गजाली सांगल्यो. त्यो आयकून ती हांसली आनी आमचेमदलें वातावरण स्नेहार्द्र जालें. म्हजेवांगडा खूब बरी उलयली ती. मालक जोगांचें किदेतरी चुकूंक ना मूं ? वोगीच ताणें तिका झगडाळ थरोवंक ना मूं ?

पूण म्हजो हो गैरसमज दुसरेच दिसा पयसावलो. हांव पयल्या मजल्यार वचपाखातीर इश्काद चडपाक लागलों. जाल्यार शुभदा वयल्यान बेगीनबेगीन येतना सकयल कोंसळलें. पूण हांवें ताका पड-पाक दिनासतना घट्ट धरून सांवरलें.

शुभदान तोंड वयर करून म्हजेकडेन पळेलें. तें रडटालें.

' किदें जालें बेबी ? तूं रडटा किद्याक ? ताका फाटीर थाप-टीत हांवें विचारलें. वयल्यान डरकाळचो-प्रतिडरकाळचो, प्रहार-प्रत्याहार, गाळी-फस्तींचे आवाज येताले.

' आई आनी गिडेबाई एकामेकांक मारतात. तांका सोडोव-पाक कोणच ना,' शुभदान हुडक्यांनी रडत म्हाका सांगले. हांवें ताका थापटीलें आनी धीर दिलो. हांव बेगीनबेगीत वयर गेलों.

शुभदाची आवय आनी गिडेबाई रागान बेभान जाल्ल्यो. शुभदाच्या उजव्या कुशीक गिडेबाईचो ब्लॉक आशिल्लो. गिडेबाई शाळेंत व्यायाम-शिक्षिका म्हणून काम करताली.

रेगेबाई (शुभदाची आवय) आनी गिडेबाई एकमेकांक घांस मारताल्यो. दोगांनीय एकमेकांक घट्ट वेंग मारिल्ली. एकमेकांक सकयल उडोवपाचो दोगांयचोय हरप्रयत्न चालू आशिल्लो. एक-मेकांक घट्ट दशिल्ल्याभशेन दोगीय व्हरांडाभर गडगडत गडगडत फिरताल्यो. ही ' फ्रीस्टायल ' मारामारी म्हज्या रुमाभायर आशिल्ल्या व्हरांड्याचेर चलताली. मारामारींत दोगांयच्योय साडयो सुटिल्ल्यो. पिंदिल्ल्यो. आंगार फकत घागरो आनी पोल्कच उरिल्लें. लज भीड विसरून त्यो दोगीय मारीन वा मरन अशे ईर्शेन तुफान झगडटाल्यो.

हांव गेलों. रेगेबाईच्या दंडांक घट्ट धरून हांवें तिका वयर ओडली. अकस्मात फाटल्यान ओडिल्ल्यान रेगेबाई गिडेबाईच्या चपक्यांतल्यान सुटली हांवें सगळी शक्त एकवटावन रेगेबाईक घट्ट पकडून धरली. ती सामकी पिसावल्ली. धरून दवरिल्ली आसतनाच ती पचक करून गिडेबाईच्या तोंडार थुंकली.

तेन्नाच आनीक एक गजाल जाल्ली. रेगेबाईन गिडेबाईचें पोल्क घट्ट धरिल्लें. हांवें अकस्मात रेगेबाईक वयर ओडिल्ल्यान

गिडेबाईचे पोक पुराय पिदलें. आनी पोपाय्यांभशेन दिसपी तिचीं दांनय थुलथुलीत थानां उगडीं पडलीं. गिडेबाई लजेन आनी रागान बेभान जाली. जमनीर पडिलें लाटणें तिणें उखल्लें आनी आपली सगळी शक्त एकवटावन रेगेबाईचेर मारलें. पूण रेगेबाईच्यावदला तें म्हज्या खांद्यार बसलें. म्हाका एक तीव्र कळ आयली. हांवें मागीर सरळ रेगेबाईक उखल्ली आनी तिच्या ब्लॉकांत व्हेली. तिच्याय वस्त्रांची साप्प दशा जाल्ली. हांवे थंयची चादर काडून तिजेर पांगुरली. गिडेबाई फुत्कार सोडीत रेगेबाईक यथास्थित पेटपाक भितर घुसताली. पूण तिका हांवे घट्ट धरून भायर हाडली. दादल्याचो स्पर्श जातकच गिडे सामकी नॅर्व्हस जाली. आनीक चड धडपड करिनासतना ती म्हज्या रुमांत आयली. हांवें म्हजो एक चादर तिका पांगुरपाक दिलो.

'गिडेबाई! संतापाच्या भरांत मनशां पिश्याभशेन वागतात. द्वेशान द्वेश वाडटा. तुमी शांत जायात. तुमच्या ब्लॉकांत चलात.' हांवें तिका समजायलें. गिडेबाई आपल्या ब्लॉकार गेली.

हांवें सुटकेचो एक हुस्कारो सोडलो. म्हजो दुखावल्लो खांदो सांसपिलो. म्हज्या रुमांत गेलों. म्हजें खोमिस आनी बानयन काडून उडयलें. उजवेवटेन दुखावल्लो म्हजो खांदो पळेलो तो भाग लाटण्याच्या प्रहारान झेंजरलेलो.

इतल्यान म्हज्या रुमाचें दार उक्तें जाल्लें. शुभदा भितर आयले. हांव ताचेकडेन पळोवन हांसलों. शुभदाचे रडिल्ल्यान सुजिल्ले डोळेय हांसले.

'बेबी! तूं आईकडेन राव पळोवया. ना जाल्यार ती परती भायर येतली,' हांवें ताका सांगलें.

'आई कॉटोर न्हिदल्या. हांवें दाराक भायल्यान खिळी लायल्या. आईक न्हींद लागल्या,' शुभदान सांगलें

हांव हारशामुखार येवन उबो रावलों. म्हजो झेंजरलेलो भाग हारशांतल्यान नियाळ्ळो. मेजाचो खण उगडलो. पेनिसिलीन मलम काडलें आनी दुखावल्या जाग्यार लायलें पूण म्हजे हाताक बेसबरो खांद्याच्या फाटल्यान वचपाक जायना जालें.

'म्हजेलागीं मलम दियात. हात लायता' शुभदान सांगलें. ताणें म्हज्या फाटल्यान कदेल ओडलें. कदेशार तें उबें रावलें. आनी म्हज्या दुखावल्या भागाक मलम लावपाक लागलें.

हांव हारशांतल्या शुभदाच्या प्रतिबिंबाक पळोवन हांसलों. शुभदाय हांसलें आनी मागीर लजलें. हांवे लक्तुबायेन म्हज्या खांद्यार फिरणारो शुभदाचो हात धरलो.

'वेदोळ तू भियेलें, बेबी? तुजो बापूय आनी भांवंडा अजून घरो येवंक नात?' हांवें ताका विचारलें.

'आतां येवपाची जाली तीं' शुभदान आपलो हात तसोच म्हज्या हातांत दवरून म्हळें

हेर कोणूव हे बिल्डिंगेंत रावनात काय? हांव नाशिल्लों जाल्यार हे लोक अशेंच वोग्गी रावून मजा पळेतले आशिल्ले व्हय?' हांवे ताका म्हळें.

तें रडपाक लागलें. हांवें बोल्सांतल्यान लेंस काडलो. ताचे दोळे पुसले. ताचे गाल सांसपिले. खांदे थापटीले.

'रडूं नाकाओ बेबी!' कदेलार उबे राविल्ल्या शुभदाच्या कंबराक धरून ताका हांवें सकयल देंवयले ते फुलाप्रमाण ल्हव आशिल्लें. तें हांसलें उपरांत लजलें. आनी आपल्या ब्लॉकांत गेले.

दुसऱ्या दिसा सकाळीं हांव सुस्त न्हिदल्लों. म्हाका 'सुहास, सुहास' असो अस्पष्ट आवाज आयकूंक आयलो. हांवें कूस परतिली आनी परतोय न्हिदलों. परत दारार धडधड जालें. कोणतरी जनेलाच्या कवाडार परतें परतें टीक टीक करतालो. हांव जागो जालों.

'सुहास! सुहास! बेगीन येयात! दार बेगीन उगडात!' म्हाका शुभदाचो रडवो उलो आयकूंक आयलो. हांव पिट्टीक करून उठलों. बेगीनबेगीन लेंगो आनी खोमिस चडयलें आनी दार उघडलें. शुभदा रडटालें.

'बेबी! किदें जालें? रडटा किद्याक? हांवें ताका विचारलें.

'अप्पासायबांक घुंवळ आयल्या. तुमी मातशे येशात?' शुभदान रडटा आसतनांच म्हजेलागीं मागलें. हांव रोखडोच म्हजो स्टॅथोस्कोप आनी म्हजें बॅग घेवन रेग्यांगेर गेलों. ताचो बापूय अजूनय पुराय शुद्धेर येवंक नाशिल्लो. ताची आवय मात भियेवन बकवक करीत रडटाली. ती नॅर्व्हस जावन धवीफुल्ल जाल्ली. ताचो भाव रडत रडत बापायच्या नाकालागीं कांदो धरतालो. ताचीं दोन ल्हान भावंडा 'अप्पा, अप्पा' म्हणत आक्रोश करतालीं.

'सगळींजाणां वोग्गी रावात पळोवया. वोगीच भियेवपाक कसलेंच कारण ना,' हांवे अप्पासायबालागीं वोणोव घेत सगळ्यांक धीर दिलो. हांवे ताका तपासलो. नाडी पळेली. ब्लडप्रेशर घेतलें. तें वाडिल्लें. हांवे ताका एक इंजेक्शन दिलें. तो पुराय शुद्धीर आयलो. थोडचा वेळाउपरांत काचाबूल जावन सगळ्यांक पळोवंक लागलो.

'आतां कशें किदें दिसता तुमकां? म्हजेंच पाड पडिल्ल्याचें चुकलें. म्हजी चूक जाली. परत अशें केन्नाच करचें ना हांव,' शुभदाची आवय सामकी बिलू जावन अप्पासायबांक आश्वासनां दिवपाक लागली.

'मिस्टर रेगे! तुमी आतां उठूं नाकात. ह्यो चार गुळयो घेयात. तुमका दोन दोस पुराय विश्रांतेची गरज आसा. हांव म्हज्या दुसऱ्या दोतोर इश्टाक घेवन येतां. तोमेरेन तुमी हांतरुणाबयल्यान हालूं नाकात.' हांवें ताका धीर दिलो आनी रेगेबाईक भायर आप्यली.

'हें पळेयात, मिसेस रेगे! तुमच्या घोवाचें ब्लडप्रेशर हिसपाभायर वाडलां. तशें वाडप वायट. हेखातीर तांका तिडक बिडक येवपाक दिवंक जायना. मनाक त्रास जायत असलें कसलेंच दुख्ख तांका जावंक उपकारना. हांव एका वराउपरांत म्हज्या इश्टाक घेवन येतां. म्हाका तांचो कार्डियोग्राम काडपाचो आसा. तांका आतां किदेंय लायट डायट दिवपाक हरकत ना' हांवें रेगेबाईक सल्लो दिलो. हांव भायर सरलों. किशोर साठेक घेवन आयलों. आमी दोगायनीय अप्पासायबाचो कार्डियोग्राम काडलो. म्हजेंच अनुमान बराबर आशिल्लें. अप्पासायबांक हाय ब्लड प्रेशराची पिडा जाल्ली. किशोर प्रॅक्टीस करतालो. ताणें अप्पासायबांक प्रिस्क्रिप्शन दिलें. तो भायर सरतकच हांव म्हज्या रुमांत आयलों.

आनी निलिमा जोशी म्हज्या रूमांत निळी साडी आनी

ताचेर निळें पोल्क घालून बशिलें.

'तूं? हांवें अजापान विचारलें.

'हय. हांवूच. किद्याक? अजाप जालें?' ताणें म्हाका आव्हान दिल्याभशेन म्हळें

'हय. आमच्या सारकिल्या गरीबांच्या घरा नाजाल्यार तुजे सारके चलयेचे पांय लागपाक आयल्यात? हांवें अडेचें हांसून म्हळें.

'तें आसूंदी. आज म्हाका तूं खंयचें पिक्चर दाखयतलो? तुवें म्हाका पिक्चराक व्हरपाचें. हांव उपरांत तुका थ्री कॉयन्सांत जेवण दितलें. चल, बेगीन या. ना जाल्यार पिक्चराक खूब उशीर जातलो.' ताणें म्हाका फर्मायलें.

'निलिमा! तूं वादळाभशेन वागता, म्हाका तरनाट्या चलयांवांगडा भोंवपाची संवय ना.' हांवें भिडेवन म्हळें.

'संवय ना जाल्यार आतां संवय करून घे येदो व्हडलो दोतोर तर जाला तूं. ते भायर आनीक तूं फॉरेनाक वचपाचो आसा,' ताणें म्हाका म्हळें.

आनी इतल्यान म्हज्या रुमाचें दार उक्तें जालें. शुभदा हातांत चिक्र-पीर घेवन उबें. निलिमाक पळेतकच तें मंत्रमुग्धा-प्रमाण ताचेचकडेन पळेत उरलें, म्हाका मजाच दिसली. हांव हांसलों.

'किदें बेबी! किदें हाडलां तुवें म्हाका?' हांवें ताका अपुर्बायेन विचारलें.

ताणें आग काडलें. आनी ताच्या कोपांतली च्या इल्ली सकयल पडली. उपरांत ते नीट्ट म्हजेसरीन आयलें.

'तुमकां आईन च्या धाडल्या,' ताणें म्हळें. हांवे कप-बशी घेतकच तें बेगोवेग रुमाभायर गेलें. निलिमा ताचेकडेन भावरहित नुरा करून पळेतालें.

'पळेलें आमच्या भारतियांचे अडाणीपण? दारार मारी नासतना भितर आयलें. युरोप, अमेरिकेंत ल्हान भुरग्यांक लेगीत हो सिविक सेन्स आसता,' ताणें कुछित्री सुरांत म्हळें.

हांव वोग्गी रावलों.

० ० ०

निलिमा म्हळ्यार एक वादळ. हांव सायकियाट्रीस्ट काण्यांचें मार्गदर्शन घेतालों निलिमा तांची भाची. ताच्याच घरा आमची वळख जाल्ली. ताच्या पळोवपांत सदांच आव्हान भरिलें आसतालें. तशें तें वमघशीत आशिल्लें सोबित आशिल्लें जुवानपणान मुस-मुसतालें. पूण हे चलयेंत अतीकामुक अशें किदेंतरी आशिल्लें. ताका पळेनाफुडें म्हज्यो इंद्रियसुलभ भावना उसळटाल्यो. हांव महत्प्रयासान आत्मसंयमन करो. म्हाका कांयच कळना अशें दाखयतालों पूण म्हाका आपलेमुखार नाचोवपाची ताका प्रबळ इत्सा जाताली काय दिसता. हांव पाघळना हो आपल्या जुवान सौंदर्याचो अपमान अशें किदेंतरी ताका दिसतालें जावंक जाय.

ताची म्हजी खरें म्हळ्यार इतली सलगी लेगीत जावपाचें कारणच नाशिल्लें. कारण म्हाका फ्लर्टपणा आवड नाशिल्लो. हांव स्वभावान शांत. तें रस्त्यावयल्यान वतनालेगीत लोकांकडे आव्हान-पूर्वक पळेता आसपाक जाय असो म्हाका दुबाव येतालो. तें तापट आशिल्लें. इलेशे गजालीवयल्यान बोवाळ घालतलें. हांवें हाचे वांगडा चड वळख किद्याक वाडोवची? म्हाका काय ताचेवांगडा प्रेमलग्न करपाचें नाशिल्लें. हांव ताचेबराबर सदांच हात राखून वागतालों. आनी दिस्त हाचीच ताका तिडक येताली. ताका हांवें ताचे मुखार वेसण घालिल्या अश्वलाभशेन नाचिल्लो जाय आशिल्लो. पूण हांव म्हजो तोल सुटपाक केव्हाच दिनाशिल्लों.

म्हणूनच तें आपूण जावन म्हाका सिनेमाक आकयतालें. जेव-णाचें निमंत्रण दितालें. त्याच वेळार शुभदान म्हाका च्या हाडून दिल्ली आनी म्हाका बरें दिशिल्लें. म्हाका रोखडेंच एक निमित्त सुचलें.

'निलिमा! आतांच तें चली येवन गेलां. ताचो बापूय बरो ना. हांवेच ताका वखद दिलां. आतां ताका घेवन म्हाका हॉस्पिट-लांत वचपाचें आसा,' हांवें ताका शांतपणान सांगलें.

'तुका म्हजेपरस तो मनीस चड लागचो?' ताणें म्हाका रुश्ट नुरा करून विचारलें. हें म्हजेवयले ताणें केलें खरें म्हळ्यार अतिक्रमण आशिल्लें.

'म्हाका म्हजो पेशंट कोणायपरस चड महत्वाचो दिसता. कारण असलो पेशंट आपलो जिवच दोतोरा सुवादीन करता' हांवें म्हळें

'माय फूट' अशें किदेंतरी पाय आपटीत ताणें म्हळें आनी तरतर करीत चलून तें म्हज्या रुमांतल्यान भायर गेलें. हांवें ताका थांबयलें ना.

हांवे हुस्कारो सोडलो. वादळ पयस गेल्लें. हांवें ताचें आक्रमण परतून लायिल्लें.

० ० ०

म्हाका जाल्ली खोस खिणाचीच आशिल्ली. चार दिसांउपरांत एका शेनवारा दनपरा परत तें म्हज्या रूमांत आयलें. हांव दनपारां जेवन ऑफ आशिल्ल्यान रुमार आयलो. भितरल्यान दाराक खिळी घालपाक विसरलों. कॉटीर आड पडलों आनी थार न्हिदलों. निलीमा नीट्ट भितर घुसलें. दार वाजोवपाचो सिविक सेन्सबी न पाळटां. ताणें म्हाका हालोवन जागो केलो.

'सुहास! म्हजे मांडयेक मातसो मार लागला. किदेंतरी उपचार कर पळोवया' म्हाका ताणें म्हळें.

'पळोवया किदें जालां तें?' म्हज्यांतलो दोतोर जागो जालो. ताणें आपली मांडी दाखोवपाक साडी खूब वयर ओडली. म्हाका ताचो तो प्रमाणबद्ध मांडयेमेरेनेचो गोरो गोरो पाय दिसलो. मांडयेक जांगेकडेन फकत थोडें मेरकुक्रोप लायिल्लें. वोगीच. मार लागूंक नाशिल्लो. न्हय एक गांज ओडिल्ली. पूण हांव मात त्या उत्तेजक, अनावृत्त पायांकडे पळेतच उरलों. म्हज्यो भावना म्हाका आवरना जाल्यो. आनी इतल्यान ताणें म्हजें दीर्घ चुंबन घेतलें. ठिणगी पडिल्ली. आनी कापराभशेन हांव पुराय पेटलों... हांवें त्या दिसा जल्मांत पयलेच खेप स्त्रीसूख भोगलें. म्हाका ताणेंय सगळेतरेन त्या दिसा भोगलो. तेभायर हो अणभव ताका मातय नवीन न्हय हें

तणें त्यां दिसा घेतिल्ल्या सराईत फुडाकारान म्हाका दाखोवन दिलें. आतां म्हज्या लक्षांत येता. निलिमा एक 'निफोमानियाक' Nymphomaniac आशिल्लें. एकाच दादल्यावांगडा एकनिष्ठ न रावूंक शकपी तें चली आशिल्लें.

० ० ०

आज हांवें मानसशास्त्रज्ञ म्हणून नामना जोडल्या. पूण ज्या दिसा निलिमान आनी हांवें शरीरसूख भोगलें, त्या दिसाच्या दुसऱ्या दिसापासून म्हाका खूबच गुन्यांवकारी दिसपाक लागलें. बेचैन दिसपाक लागलें. किद्य नच लक्ष लागना जालें. हांवें एक भयांकृत पाप केल्लेभशेन म्हाका दिसपाक लागलें. आपल्या संस्कारांचो, संस्कृतीचो केदो पगडो आमता आमचे वागणकीचेर, आमच्या मनाचेर ! म्हाका हें सत्य पयलेच खेप त्या दिसांनी होलमलें.

ज्या दिसा निलिमान म्हाका शरीरसूख दिलें ताच्या दुसऱ्या दिसापासून म्हाका हांव निलिमाच्या मोगांत पडलांशें दिसपाक लागलें. हांव पिश्याभशेन ताका मेळपाक भोंवंक लागलों. ताच्याच विचारांनां म्हाका ग्रसून उडयलो. आनी ..

अश्यावेळार बराब्बर सात दिसांउपरांत निलिमा जोशी म्हाका मेळपाक म्हज्या रुमांत आयलें. विजयी मुद्रेन ताणें म्हाका आपल्या लग्नाची निमंत्रण–पत्रिका दिली. जशें काय आमचेभितर कांयच घडूंक नाशिल्लें अशे भशेन तें त्यादिसा वागलें आनी गेलें. थोडयाच दिसांनी ताचें आनी शाम गोळे ह्या कारखानदाराचें लग्न जालें.

ताणें निमण्या आठ दिसांक किद्याक जायना, म्हाका नाचयल्लो. हो म्हजेर एक जबरदस्त आघात कसो म्हाका दिसलो. म्हाका पुराय नॅर्व्हस ब्रेकडावन जालो. म्हाका जाता त्यो वेदना, ही सगळी गजाल कोणाक तरी सांगून म्हजें मन रितें करचेशें म्हाका दिसलें.

० ० ०

हांवे म्हजी ही सगळी गजाल किशोर साठेक सांगलीं. म्हाकाच हांव चोर कसो दिसपाक लागिल्लों. म्हाका त्या दिसानीं कोणाच्याच नदरेक नदर दिवंक जाय नाशिल्लें. किशोर साठेन म्हाका हवाबदल आनी स्थळबदल करपाची सुचवणी केली. म्हाका पनवेलाक वचून थोडे दीस रावपाचो सल्लो दिलो. आनी हांव पनवेलाक गेलों. हुंवारा्या चार दीस पयलीं.

शुभदा मेळलें. ताच्या भुंवयांमदल्या त्या निळाखातीर हांव ताका रोखडोच वळखलों. आनी आज म्हाका ह्या सगळ्या गजालींची याद जाली.

ह्या चवदा वर्सांक म्हज्यांत कितलीशींच स्थित्यंतरां घडून आयिल्लीं. हांव कॅलिफॉर्नियाक गेल्लों. मायकियास्ट्रीची स्पेशल डिग्री घेतल्ली. धा वर्सां अमेरीकेन राविल्लों आतां मुंबैंत स्थायिक जाल्लों. हांव अमेरीकेंत कितलेश्यान लयांच्य सहवासांत आयिल्लों. व्यवसायाच्या निमित्तान, सुवाळ्यांच्या निमित्तान पूण हांवें अद्याप लग्न करूंकना कारण म्हाका भितर खंयतरी दिसतालें म्हजी जल्माची साथीदारीण म्हाका भारतांतच मेळटली. जिका हांव पळेल्याबराबर हीच ती म्हजी जल्माची जोडीदारीण म्हणून वळखतलों.

शुभदाक पळेलें आनी म्हजी साथीदारीण म्हाका मेळली असो भास जालो म्हाका. पूण उपरांत तटस्थतायेन विचार केलो. म्हाका शुभदा मेळप असंभव कशें दिसपाक लागलें. म्हज्यांत आनी ताच्यांत बारा वर्सांचें तरी अंतर आसतलें. तें म्हाका इतल्या वयस्क मनश्याक पसंत कशें किदें करतलें ?.

म्हाका हांसूंक आयलें. ते कथेची याद जाली. एका आजन्म ब्रह्मच्यारी शास्त्रज्ञाक एका मनश्यान विचारलें 'तुमी जल्मभर अशे लग्न केलेबगर किद्याक रावले ?'

शास्त्रज्ञान सांगलें 'ताचें किदें जालें जाणां? हांव एका आदर्श बायलेच्या सोदांत आशिल्लों.'

'आनी अशी आदर्श बायल कोणूच भेटलीना ना तुमकां ?'

'मेळली तर ! तिका हांवें लग्नाची ऑफर लेगीत दिली. पूण !!!'

'पूण किदें ?'

'तिणें म्हाका सांगले– हांव आदर्श दादल्याच्या सोदांत आसां.'

शुभदा फाल्यां येवपाचें आसा. हांव ताचो सगळो पूर्व इतिहास ताका म्हजें तें खास संशोधनाउपरांत तयार केल्लें इंजेक्शन दिवन काडून घेवपाचो आसा. ह्या इंजेक्शनाचें हांवें स्वता संशोधन केलां. तेखातीर भारत सरकारचीं आनी अमेरीकी सरकाराची इनामां लेगीत म्हाका मेळ्ळचांत. हें इंजेक्शन घेतकच मनीस कांयच लिपोवन दवरिनासतना म्हजेकडेन मेकळ्या मनान उलयता. इंजेक्शनाचो अंमल पाऊण वर उरता. म्हाका गरजेचें दिसता तितले खेप हांव म्हज्या रुग्णांक हें इंजेक्शन दितां. ताचो पुराय पूर्वेतिहास आनी सद्य:स्थिती हेविशीं म्हाका सविस्तर खरी माहिती मेळयतां. आनी उपरांत म्हाका म्हज्या रूग्णांचेर उपचार करप सोपें जाता. योग्य उपाययोजनाय करपाक जाता. थार पिशे जाल्ले रूग्ण सोडल्यार हांवें कितलेशेंच जाणांक म्हजे हे खास पद्धतीन बरे केल्यात.

० ० ०

शुभदा

हांवें सामकार आशिल्ले चार मजली बिल्डिंगेकडेन पळेलें. तिच्या कोनश्यार 'मेरीडेन' हीं अक्षरां सिमेंट प्लास्टरान काडिल्लीं. प्रवेशदाराच्या दोनी कुशिनीं दुकानां आशिल्लीं. हांव भितर गेलें. लिफ्टाचे उजवे कुशीकच एक येद्दी व्हडली पाटी आशिल्ली. ताचेर बिल्डिंगेतल्या लोकांची नांवा आशिल्लीं. डॉ एस. एम. दोडगे, पयलो मजलो.

हांव सुहासाच्या कंन्सल्टींग रुमांत गेलें. एके जाण्टेले, प्रेमळ किरीस्तांव बायलेन म्हजें स्वागत केलें. हांवें घडयाळ पळेली. णवांक पांच मिनटां आशिल्लीं. ड्रॉविंग रूमांत एक व्हडलें कांचपात्र आशिल्लें. तांतूतल्या निळ्या उदकांत ल्हान व्हड विविध जातीचीं

नुस्तीं भोंवताली. कांचपात्राच्या फाटल्यानच प्रकाश येवजण केल्ली. उदकांतल्यान एक ग्लासाचीच नळी थांबनासतना बोमाडे सोडटाली.

' तुमी बसना किद्याक ? दोतोर जिस्त णव वरांचेर येतलो,' ते रिसेप्शनीस्टान सांगले. हांव कांचपात्रामुखारच बसलें. नुस्तीं निरखुपांत म्हाका मजा दिसली. आनी जिस्त णवांक सुहास आयलो.

' गुड मॉर्निग बेबी,' रुबाबदार चलत तो भितर आयलो.

' गुड मॉर्निग डॉक्टर !' म्हजी नदर ताचे नदरेक एक खेप भिडली. हांव दुसरेकडेन पळोवंक लागलें. पूण तो मात म्हजेचकडेन पळेतालो असो म्हाका भास जातालो.

' कमावन ! प्लीज कमइन.' तो भितर गेलो. ताचे फाटल्यान हांवय गेलें.

' बेबी ! तुमची म्हजी पयलींची वळख आसाच. हांव तुमकां बहुमानार्थी संबोधिनासतना ' तूं ' म्हण्टोलों. कारण तुजी म्हाका याद जाता तेन्ना तूं स्कर्ट घालपी इल्लेशें चली आशिल्लें,' सुहासान म्हळें.

सुहास म्हजेलागीं सलगीन उलयतालो. आनी म्हाका हे ताचे सलगिचो राग येनाशिल्लो. म्हजेवांगडा अशें उलोवपाचो सुहासाक मुजरत अधिकार आसा अशें म्हाका दिसलें.

' तुमकां म्हाका तूं म्हणपाचो मुजरत अधिकार आसा डॉक्टर,' हांवें म्हळें.

' हां ! आतां काम करुंया. तूं ह्या दिवाणाचेर न्हीद. दोळे धांपून घे. हां ! आतां मनांत विचार कर. तुका हांव जे जे प्रस्न विचारलों त्या त्या प्रस्नाच्यो जापो तूं हातचें कांयच राखून दवरिनासतना दितलें. तुका आतां हांव एक इंजेक्शन दितलों,' सुहास उलयतालो.

हांवें दोळे धांपले. सुहासाचे सुचवणेक संपूर्ण सहकार दिवपाचें हांवें थारायलें. थोडया वेळान म्हाका म्हज्या हाताक इंजेक्सांवाची सूय तोंपिल्ल्याचें जाणवलें. इंजेक्शनाचो द्रव जेन्ना म्हज्या नसांनसांतल्यान व्हांवूंक लागलो तेन्ना म्हाका पिसाप्रमाण ल्हव ल्हव दिसपाक लागलें. म्हजीं गात्रां शिथील जालीं. सगळो आनंद, सगळी खोस म्हज्यांतच उपाट भरून वयर आयल्या अशी म्हाका भावना जाली. हांव कोणाकय कसलेंय सहकार्य दिवपाक आतां राजी आशिल्लें. म्हजो उत्साह म्हज्यांतल्यान भायर ओतपाक लागिल्याची म्हाका जाणविकाय जाली.

० ० ०

' तुका फीटस येतात त्यो केन्ना येतातशें तुका दिसता ? कश्या फीट प्रकारची आसता ?'

म्हाका तो प्रस्न स्पश्ट उतरांनी आयकूंक आयलो म्हज्याच मनांत आशिल्ली खंयचीतरी व्यक्ती म्हाका तो प्रस्न विचारताली. आनी हांव मेकळेपणान उलोवंक लागलें... ...

' हांव जेन्ना शृंगारीक, प्रणयप्रधान अशें किदेंतरी पळेतां, वाचतां आनी हें पळोवप, वाचप जेन्ना चड प्रमाणांत जाता तेन्नाच म्हाका फीट येता. फिट येवचेपयलीं म्हज्या नाकांत कुशिल्ल्या चिखलाचो वास दरवळिल्ल्याचो म्हका भास जाता आनी म्हज्या मेंदूवयलो ताबो वता. म्हाका फीट येता आनी हांव बकाबक ओंकतां. अश्या वेळार म्हाका सगळ्याच हेर गजालींचो वीट येता. ... ...'

' अश्यो फिटस तुका केन्नाच्याय येवपाक लागल्यो !' परत त्या भितरल्या आवाजान प्रस्न केलो.

' पानशेतच्या हुंवाराउपरांत म्हाका अश्यो फिटस येवपाक लागल्यो. पुणें सोडून निकतेंच हांव मुंबै आयिल्लें. हांव एकदां एक शृंगारीक कादंबरी वाचतालें. तांतूत कितलेशेंच कामुक प्रसंग आशिल्ले. ती कादंबरी वाचतनाच म्हाका पयली फीट आयली. परतीय दुसऱ्या दिसा तीच कादंबरी वाचपाचो यत्न केलो. तेन्ना लेगीत असलोच अणभव आयलो. म्हाका वाचपाचो खूब नाद. हुंवाराउपरांत हांव दोन वर्सां शाळेंतच गेलेंना. हीं दोन वर्सां हांवें फकत वाचपांत सारलीं. पयली फीट येतकच हांवें दोतोराक दाखयलें. दोतोरान म्हज्यो सगळ्यो येझामी केल्यो. एक्सरे लेगीत काडलो. पूण म्हज्यांत कसलीच ॲबनॉर्मेलिटी सांपडलीना. उपरांत आमच्या फॅमिली डॉक्टरान हो तारुण्य सुलभ हिस्टेरिया अशें निदान केलें... ...'

' एक दीस हांव म्हजे इश्टिणीवांगडा एका इंग्लेज पिक्चराक गेलें. त्या सिनेमांतय अशीच कामुक प्रसंगाचीं प्रकरणां आशिल्लीं. तसले सीन पळेता आसतनाच म्हाका ओंकारी येवपाक लागली. हांव धांवतपळत थिएटराभायले लॅव्हॅटरीत गेलें. थंय फसाफस ओंकलें. तेन्न म्हाका फिटय आयली. म्हजे इश्टिणीन म्हाका घरा पावयलें. आतां हांव शृंगारीक कादंबऱ्यो, सिनेमा केन्नाच पळेना. म्हाका दादल्यांची तिडक येता. जे म्हजेकडेन अपेक्षेन पळेतात वळख वाडोवपाचो यत्न करतात, सलगी करतात त्या सगळ्या दादल्यांचो हांव द्वेश करतां...'

'हांवे सायकॉलॉजीचेर खुब्ब वाचलां. आनी म्हाका तें कोडू सत्य आतां कळ्ळां. हांव फ्रिजिड, कोल्ड, थंड चली. हांव लग्न जाल्ली जीण केन्नाच जियेवंक शकचेंना. म्हाका लग्नच करपाचें ना. हांव दोतोर जातकच फकत लोकसेवा करीत जियेतलें. म्हाका अश्यो फीटस येतात हें अद्याप हांवें अप्पासायबांक कळपाक दिवंक ना. तांका ब्लडप्रेशर आसा. तांका आनीक मनस्ताप नाका आमच्या फॅमिली डॉक्टराकलेगीत म्हाका फीटस येता तें अप्पासायबाक कळोवं नाका सांगलां. म्हाका आता शास्त्रीय वा वैजकी विशयावयली सोडून दुसरी खंयचीच पुस्तकां वाचपाक भिरांत दिसता. एकदा अशेंच एक कादंबरी हांव लायब्ररींत वाचतना म्हाका फीट आयली. म्हणून वाचनाबाबत हांव आतां सिलेक्टिव्ह जालां. वाचचेपयली खंयचेंय पुस्तक शृंगारीक प्रणयप्रधान नासतलें हाची खात्री करून घेतां...

' हो सगळो त्रास हुंवाराउपरांत सुरू जाला. हांव फ्रिजिड हें म्हाका कळ्ळां. फ्रायडाच्या मताप्रमाण आपणांक कसली मानसिक विकृती आसा हें एकदा कळटकच ती विकृती नाच जाता. पूण हांव फ्रिजिड हें म्हाका कळ्ळां आनी हें कळ्ळ्याउपरांत लेगीत हांव फ्रिजिडच उरलां...'

' तुजे जीणेचे आतां दोन भाग करुंया. पानशेत हुंवारापयलींचो एक भाग आनी हुंवाराउपरांतचो दुसरो भाग...' परतेंय त्याच भितल्ल्या आवाजान म्हळें.

'हुंवारापयलीचे जिणेचो भाग तर जशाचो तसो म्हाका येवजता. कालच हांव हुंवारांतल्यान वांचिल्ल्याभशेन म्हाका दिसता. इतल्यो सगळचो यादी ताज्यो आसात.'

'म्हजी आई! म्हजे भाव सुधीर आनी नितीन! म्हजी भयण विनिता! सगळचांविशींच्यो यादी ताज्यो आसात. आमी जोग बिल्डिगेंत रावतालीं. आईन खूबच कडक शिस्तेंत दवरलेलीं आमकां. म्हाका जाल्यार म्हजो अभ्यास घेतना आई गाळयांनीच उलो करताली. आमकां सगळचांक अभ्यास घेतना, शिकयतना बेदम मारताली. आईकडल्यान शिकोवन घेवप म्हळचार एक दिव्य. तिच्या मारांच्या भंयानच आमकां येता तींय उत्तरां आमी चूक दितालीं. आई बोवो हुयेली मारी. आमच्या शेजरा रावपी लोकांक सकाळींच उपद्रव जातालो. हे लोक आईक हें सांगपाक येताले पूण आई तांची पर्वाच करिनाशिल्ली. तिची आनी शेजाऱ्यांचीं आऱ्यापयऱ्यान झगडीं जातालीं...'

'आतां हुंवारापयलीं सुमार दोन म्हयन्यांच्या घडणुकांच्यो यादी आसात व्हय तुका?' त्या आवाजान भितरल्यान विचारलें.

'हय! हुंवाराच्या सुमार दोन म्हयने पयलीं एक दीस एक तरनाटो भुरगो जोग बिल्डिगेमुखार देंवलो. हांव एकलेंच पयल्या मजल्यावयल्या कॉमन व्हरांड्याचेर उबें आशिल्लें. बुटांचो 'खट खट' असो आवाज करीत रुबाबदार चलत तो पयल्या मजल्यार आयलो. आई, आप्पासाहेब ऑफिसांतल्यान अजून येवंक नाशिल्ले. सुधीर, विनितालेगीत शाळेंतल्यान येवंक नाशिल्लीं. नितीनाक सकाळीं मॉंटेसरीतल्यान तांच्या शाळेची एक मास्तरीण आपल्या घरा घेवन वताली. ही मास्तरीण आईच्या पयशिल्ल्या नात्यांतली. मॉंटेसरीतलो वेळ सोंपतकच ती नितीनाक सांबाळपाचें काम करताली.

तो भुरगो सुंदर दिसतालो. हांसत्या तोंडान सगळेकडेन पळेतालो. ताच्या माथ्यार अस्तमतेक वचपी सूर्याचें किर्ण पडिल्ल्यान ताचे मूळांत पिंगशे केंस भांगराच्या केसांभशेन चकचकताले. म्हज्या निमाण्या वराचो मास्तर त्या दिसा गैरहाजिर आसलो. म्हणूनच हांव बेगीन घरा येवन व्हरांड्यार अशें उबें राविल्लें. टॅक्सीतल्यान देवून आपल्या नव्यान भाड्याक घेतिल्ल्या रुमांत वचून त्या भुरग्यान आपलें सामान दवरलें. आनी तो भुरगो ह्यो करता त्यो सगळचो गजाली म्हज्या दोळ्यांच्यो पातयो हालयलेबगर हांव पळेत राविल्लें.

हांव अशें एकटक ताका पळेतां हें ताच्या लक्षांत आयलें. ताणे म्हजेकडेन पळोवन स्मित केलें. पूण म्हज्या मुखामळार प्रत्युत्तराचो हांसो उदेलोना. म्हाका फुडार येवजोलो. फाल्यां आईन बोबो मारीत आमकां शिकोवपाक सुरवात करतकच होय सुंदर तरनाटो पिकार जातलो. आईकडेन आपणांक त्रास जाता हें सांगपाक येतलो. आई ताचेवांगडा झगडटली. उपरांत होय आमची सगळचांची नमाय करपाक लागतलो. आनीक दोन दिसांउपरांत हो असोच म्हजेकडेन पळोवन गोड हांसत व्हय? कायली आप माटली पोटली घेवन हो भाड्याक घेतिल्लो नवो रूम सोडून वतलो?'

'किदें बेबी! तुजें नांव किदें?' ताणें म्हाका विचारलें.

'शुभदा' हांवें जाप दिली.

'आर्रा! सोबीत मगो तुजें नांव. तूं किदें शिकता गो?'

'णववी. मॉडर्न हायस्कुलांत. तुमचें नांव किदें?' हांवें विचारलें.

'सुहास,' ताणें म्हाका आपलें नांव सांगलें.

'तूं खंय रावता?' ताणें म्हाका विचारलें.

'हांगा! तुमच्या रुमाशेजरा' हांवें सांगलें.

हांवें त्याच दिसा 'भांगरा केंसाचो राजकुंवर आनी राक्षसीण' हें गोश्टींचें पुस्तक वाचिल्लें ताची म्हाका अद्यापय याद जाता. त्या पुस्तकांतल्या राजपुत्राचें वर्णन सुहासाक सारकें बरें लागू जातालें. त्या पुस्तकांत राक्षशिणीन कादयेंत दवरिल्ली एक राजकुंवरीयबी आशिल्ली. हांव काय ती राजकुंवरी? आनी राक्षशीण कोण? आई? शी! किदेंतरी कशें येवजप हें म्हजें? राक्षशीण राजकुंवरीक जेवणखाण दिनामतना छळटा. आई जेवणखाण दिता. पूण आमचो अभ्यास करून घेतना मात आमकां छळ छळ छळटा. आनी हो राजकुंवर सुहास? म्हजेपरस धा-बारा वर्सांनी तरी पिरायेन व्हडलो आसतलो. हांव सामकें सुहासाच्या मोगान पडलें.

० ० ०

'धा आण्यांक एक डझन पेरां मेळटात. तर अर्ध्या डझनाचें मोल कितलें जातलें?' आई लांब तान मारिल्लेभशेन आवाज काडीत म्हजें गणित घेताली. हरशीं म्हाका अर्द्या डझनाचें मोल पांच आणे जातलें हे रोखडेंच कळिल्लें. पूण उत्तर चूक दिल्यार आईची दोन थापटां खावची लागतलीं हें हांव जाणां आशिल्लें. म्हणूनच म्हजें उत्तर खऱ्यानीच बराबर आसा काय चूक आसा हाचो हांव थोडोवेळ विचार करपाक लागलें. आनी आईच्या मनाची शांतताय नश्ट जाली.

'शुभे! उलय बेगीन. अर्ध्या डझनाचें मोल कितलें गो? उलय मगो. बेगीन सांग,' आई विकृत किळचत आनी हालेट काडून विचारूंक लागली.

हांव गडबडलें. पांच आणें हें अचूक उत्तर खबर आसूनय गोंदळळेल्यान हांवें 'स आणे, आई'! अशें चूक उत्तर दिलें.

आईन मेजून दोन थापटां म्हजे फाटीर घालीं हांव कळवळलें. पूण मदचेभशेन रडलें ना. आईन मोठ्यान न आडुतां म्हाका विचारचें अशें परतें परतें दिसलें.

म्हाका त्या शेजारा रुमात रावूंक आयिल्या त्या पिंगश्या केंसाच्या आनी घारशा दोळ्यांच्या तरनाटाची याद जाली. आईच्या ह्या बोबीन म्हाका लज जाली. आतां मेरेन आईची सगळी बोब ताणें आयकल्या आसतली. हेर भुरग्यांसारकी ताकाय आईची भिरभिरी मारल्या आसतली. ह्या दोन दिसांभितर तो आईकडे बोब मारूं नाका अशें मागपाक येतलो. आई तेन्ना झगडटली. गाळी फस्ती घालतली. ताका धांवडायतली. मनांतल्यान आई आनी आमकां सगळचांक गाळी घालीत टर्म सोंपचेपयलीं रूम सोडटोलो, जोगाकडेन करंदाय मारीत रावतलो. ताचें घारशें दोळे राग येतकच कशे किदें चकचकतलें?

'शुभडे! मांग बेगीन अर्ध्या डझनाचें मोल कितलें तें?' आपली दोन सणसणीत थापटां पडल्या आसतना हांव रडनासतना बोम्मी रावलां आनी येवजितां हाचें आईक अजाप जालें.

'पांच आणे आई!' हांवें मनांतली आनीश्चितताय सोडून निश्चयान सांगलें,' अर्दो डझन म्हळचार स केळीं. डझनाच्या निम्मे म्हणून पांच आणे'

'येदोळ किद्याक पिडा मारिल्ली तर?' आईन तापयत विचारलें.

'आई गे! तूं रागार जाली म्हण्टकच म्हाका भंय दिसता. तूं मारतली म्हणून हांव गोंधळटां. तुंवें रागार जायनासतना जर म्हाका विचारिल्लें जाल्यार येदोळच तुका पांच आणें हें उत्तर हांव दिवपाचें. तूं आडुली आनी भिगेवन म्हज्या तोंडातल्यान म हें उत्तर वेगोवेग आयलें. तूं आडुनासतना म्हाका विचार गे आई!' हांव भियेत भियेत पूण काकुयटेन उलयलें.

'बरें बरें! चड शाणेपण शिकोवं नाका तूं म्हाका,' आई म्हजे हे सूचवणेन मातशी गोंदळून उलयली. आनी मजा म्हळचार उपरातचे सगळे प्रस्न तिणें सकयल्या नॉर्मल आवाजांत विचारले. आईन म्हजें सांगणें मानून घेतलें हाचो म्हाका आनंद जालो. हांवे उत्साहान सगळ्या गणितांची उत्तरां बिनचूक दिलीं.

म्हजो अभ्यास घेवन जातकच आई सुधीराचो अभ्यास घेवंक लागली. सुधीराचो अभ्यास म्हळचार पंधरा वीस मिनटां फकत बोंबाबोंब. सुधीराचेर गाळयांचो शिवर. आईच्या कर्कश आवाजान जोग बिल्डींग दणदणली.

तो शेजराचो घारश्या दोळ्यांचो भुरगो आतां मात तिडकतलो अशें म्हाका दिसलें. तो तापट आसतलो काय? 'आपणांक डिस्टर्ब जाता' अशें आईक सांगपाक तो आतां येतलो काय?

'देवा! बोबो न मारपाची आईक बुद्ध दी. राजकुंवराभशेन दिसपी हो भुरगो आईच्या त्रासाक लागून हो रूम सोडून वच्चो ना अशें कर. आमचां तो नसाय करचो ना अशें कर.' हांवे मनांतल्या मनांत देवाची प्रार्थना केली. पूण देवाकलेगीत म्हजी प्रार्थना आयकूपाक खूब कुस्तार जावपाक जातालें.

'धुकरा! शंभराचे पाव कितले? पंचवीस पंचवीस पंचवीस-आई हेळ काडून दर एका 'पंचविसा' चेर सुधीराचेर एक एक प्रहार करीत आडुली. प्रत्येक प्रहाराउपरांत सुधीर किळचलो, चित्कारलो.

ह्या किळच्यानी तो भुरगो-सुहास नक्कीच जागो जाल्लो आसगाक जाय. हो बोवाळ खंय चल्ला हें ताका हो वेळ मेरेन कळलां आसतलें. ह्या दोन दिसांभितर तो जोगांकडेन करंदाय करतलो वा आईकडेनय येत. गाळीफस्ती घालून आई ताका मागीर सॅर्त धांवडायतली.

हांव उठलें आनी भायर गेलें. आमच्या ब्लॉकाच्या सामकारचो रूम सुहासाचो. ताच्या रुमाक भायल्या पॅसेजीक लागूनच एक जनेल आशिल्लें. ह्या जनेलाच्या कवाडाक सामकी सकयल एक बारीक चीर आशिल्ली. ही चीर सामकी अवघड जाग्यार आशिल्ली. रुमांत रावतल्यांक ती चीर थंय आसा हें मातुय कळनाशिल्लें. फकत म्हाकाच ती चीर थंय आसा हें खबर आशिल्लें. हांव पॅसेजींत आयलें. कोण येतात्री काय हाची हेवटेन तेवटेन पळोवन सुलूस घेतली. आनी उपरांत हांवे जनेलाचे ते चिरीक म्हजो दोळो तेंकयलो.

सुहास ताच्या कॉटीर न्हिदिल्लो. ताच्या आंगार फकत एक मोटवे निळें कलसांव सोडल्यार दुसरें कांयच नाशिल्लें. ताणें दोळे धांपिल्ले. ताच्या मुखामळापरस ताचें पोट आनी छाती चड गोरी आशिल्ली. आटयल्या दुदाच्या रंगाची. पिंगश्या केंसांची झुलपां ताच्या कपलार आयिल्ली. तेखातीर ताचें तोंड चलयेच्या तोंडासारकें दिसतालें. सुंदर आनी नाजूक. ताचे हातपाय प्रमाणशीर आशिल्ले. एक हात ताणें कपलार दवरिल्लो. आईच्या बोवाळान ताका मातलेगीत जाग आयली ना. तो गाढ न्हिदिल्लो. म्हळचार इतलो वेळ आई जी बोब मारताली ती हाणें आयकूंक नाशिल्ली तर.

'शुभे! शुभडे! घुवडे बेगीन, हांगा यो' आईचो विकृत उलो आयकूंक येवंक लागलो. पूण आईच्या ह्या गर्जनांचो सुहासाचे न्हिदेर इल्लोय परिणाम जाल्लो दिसलोना. हांवें चिरेक तेंकयल्लो दोळो काडलो आनी हांव आमच्या ब्लॉकांत गेलें. आईन पानार वाडिल्लें.

'खंय गेल्लें मरूंक?' आईन विचारलें

हांवे किरंगळीचे बोट दाखयलें. मोन्यानी पानार बसून जेवपाक सुरवात केली जेवता आसतना म्हाका सुहासाच्या खव्याच्या रंगाच्या आंगाची याद जाली. ताचे पिंगशे केंस आनी घारशे दोळे. धवेफुल्ल दांत दाखयत हांसपाची स्टायल. ताचें रुबाबदार चलप.

'भांगरा केंसांचो राजकुंवर आनी राक्षशीण.'

भांगरा केसांच्या राजकुंवराक राक्षशीण जादू करून संमोहीत करता. ताका गाढ न्हिदयता. असो न्हिदयल्लो राजकुंवर सुहासा भशेनच दिसतालो जावंक जाय. हांव राजकुंवरी. धवोफुल्ल फुलांच्या पाकळ्यांनी सजयल्लो झगो घालपी राजकुंवरी. राजकुंवरीन राजकुंवराक पयलेच खेप पळेलो. तिका तो आवडलो. राजकुंवरीकय राक्षशिणीन कादयेंत उडयिल्ली. राजकुंवरान राक्षशिणीक युक्तीन मारून उडयली आनी राजकुंवरीक सोडयली. सुहास आईक मारून उडोवन म्हाका सोडयतलो.

'शुभे! आनीक चपाती वाडूं?' आईन मोव आवाजांत विचारलें.

'नाका आई!' हांवें जाप दिली. म्हज्या काळजांत हालल्यासारकें जालें. आई भायल्यान कांटेरी पणसासारकी. पूण भितल्यान ती आमचेर जिवापास्ट मोग करता हें हांव जाणां. म्हणून हांव आईक भियेतां. पूण तिची नसायमात करिना. अभ्यासावेळार ता आमचें आंगतोंड सुज म्हणसर आमकां मारता पूण आमी मातशीं जर बरीं ना जालीं. आमकां जर थंडी बारकूण जाली जाल्यार ती संबध रात न्हिदनासतना आमची सेवा करता हें हांव जाणां. हांवे आईकच राक्षशीण केली हें येवजन म्हाका खूब वायट दिसलें. म्हजे सामकार आई जेवपाक बशिल्ली. जेवण सिमेंट टायल्सांचे जमनीर दोन शेंद्रयो घालून चलिलें.

आईचें तोंड जेवतना हालतालें. तिच्या कपलाचे दावे कुशीक

एक गुडेसारको भाग हालतालो. कपलावयली एक रक्तवाहीनी ती. ते शीरेचो आकार एकेकडेन गुडेसारको जाल्लो. आईक अशी जेवतना पळोवन म्हाका तिची सामकी काकुयट दिसली. तिचो तो कृश देह. आमकां शिकयतना ती घालताली त्यो गाळीफस्ती, आमचेविशीं उच्च अपेक्षा बाळगुपी तिचें मन. ऑफिसांत वचून मान मोडून काम करपी तिची काया. आमचेखातीर आपल्या जिवाची लेगीत पर्वा न करपी म्हजे आईक हांवें राक्षशीण कल्पिली हाची म्हाका खूब खंत जाली. म्हाका म्हजीच भिरभिरी माल्ली.

'आई! तूं घे मगे चपाती.' हांवें आईक चपातेचो आग्रो केलो. हांवे तिची जी वायट राक्षशिणीकडेन तुळा केल्ली त्या प्रयत्नांचें अशेतरेंन परिमार्जन करपाचो यत्न केलो.

आईक वोगीच गंहिवरल्याभशेन जालें.

'नाका गो बाय शुभी! तुका शीत वाडूं?' आईन मोगान म्हाका विचारलें. उपरांत ती उठली. आंवपाक भायर गेली.

० ० ०

शाळेंतल्यान येतना सिनेमाची पोस्टर्स पळेत हांव येतालें. हिंदविजय थिएटरामायर म्हाका तें पोस्टर दिसलें. कंबरार हात दवरिल्लो एक नट उबो आशिल्लो त्या पोस्टराचेर. तो नट सारको सुहासाभशेन दिसतालो. केंसाची स्टायल, मनगटांमेरेन बाह्यो आशिल्लें खोमीस, उबो रावपाची तीच ढब. सुहासाची याद जायनाफुडें म्हजें मन परयांच्या संवसारांत सदचेभाशेनच संचार करपाक लागलें. सुहास राजकुंवर. शूर आनी सुंदर. हांव राजकुंवरी. धव्याफुल्ल फुलांच्या पाकळयांचो झगो घालपी. राजकुंवराबागडा राक्षशिणीचे कादयेंतल्यान पळून वचपी.

जेन्ना जेन्ना म्हाका सुहासाची याद जाताली, तेन्ना तेन्ना म्हज्या काळजांत खोसदिणेंशें किदेतरी दिसतालें. पोटाक भूक लागतकच जी भावन जाता तशीचशी कसली भावना म्हाका जाताली. निकतेंच म्हाका तेरावें वर्स लागिल्लें आनी हांव सुहासाचेर मनापासून मोग करपाक लागिल्लें. सुहासाच्या दर एके करणेंत किदें तरी बरें आसता अशें दिसपाक लागिल्लें म्हाका.

कालचीच गजाल. हांव सदचेभाशेनच शाळेंतल्यान परतलें. आई सुहासाकडेन खूब वर्सांची वळख आशिल्ल्याभाशेन हांसतखेळत उलयताली. पयलीं म्हज्या दोळयांचेरच म्हजो विश्वास बसलोनाह्या सुहासाक कसली जादूबिदू येता काय किदें? आई आनी एका विद्यार्थ्याकडेन इतली हांसत आनी मेकळचा मनान उलयता? आनी हो विद्यार्थीय करंदाय मारपाचें सोडून तिका किदेंतरी विनोदी गजाल सांगून हांसयता? आई केन्नाकेन्नाय आयतारा तिच्यो ऑफिसांतल्यो इश्टिणी आमगेर आयल्यो की अशी मेकळेपणान आनी खळखळून हांसता. आई हांसतकच खरेपणांत बरी दिसता. तिचो रागीटपणा हांसतकच नाच्च जावन वना.

'आनी साडयेर विचू पडिल्ल्यान प्रोफेसर बाईन जी उडी मारली ती बद्द कदेलार बशिल्ल्या टकलू प्रिन्सिपलाचे मांडयेर...'

सुहास आईक कॉलेजांतली कसली तरी विनोदी घडणूक सांगतालो. ऑफिसांतल्यान येतकच थकून गेल्ली आई उत्साही हांसताली. मेकळें आनी सोबित हांसताली.

सुहास म्हाका चड आवडपाक लागलो. हो उमेदी तरनाट म्हजें आराध्यदैवत जालो. आईक हरशीं सगळे शेजारी महारोग्याक ताळचें तशे ताळटाले. आनी हो सुहास? आईकडेन येता किदें! सलगीन उलयता किदें! तिका हांसयता किदें! हांव लागीं पावतकच सुहास म्हजेकडेन पळोवन हांसलो.

'किदें बेबी! शाळा सुटली?' ताणें विचारलें.

'हय', हांवें वोगीच लजून जाप दिली. हांव घरांत गेलें. दप्तर दवरलें. आनी परतें भायर येवन आईच्यो आनी सुहासाच्यो गजाली आयकुपाक उबें रावलें.

० ० ०

एक दीस हांव शाळेंतल्यान घरा आयलें आई मोठमोठ्यान आडुटाली, झगडटाली. हांव परयांच्या गजालिनीच वावुरतालें. सुहासाक राजकुंवर कल्पून. म्हजी तंद्री आईचे हुयेलीन भंगली. हांव बेगीनबेगीन इश्काद चढून वयर आयलें.

व्हरांड्यार म्हाका एक विलक्षण दृश्य दिसलें. आई पदर खोवन गाळीफस्तींचो शिवर करताली. सकयल्या गिंडेबाईवांगडा तिचें झगडें चलिल्लें. गिंडेबाई नाटकांत दादल्याक बायलेचो पार्ट दिल्लेभशेन दिसताली. पुराय पांच फूट सात इंच उंची, चरबी वाडिल्लो देह, ओंठार मातशीशी मिश्याभशेन फुटिल्ली ल्हंव. आपल्या हातांत एक लाटणें घेवन गिंडेबाई डरकाळ्यो फोडताली. व्हरांड्यांत आईमुखार झुंजाचे तयारेन उबी आशिल्ली. आईच्या हातांत एक कायलातो आशिल्लो. आज कसल्यातरी निर्धारानच गिंडेबाई वयर आयिल्ली.

'तुज्या चपक्या नाकाच्या सुशीन नितीनाक तोंडातल्यान रगत ये म्हणसर वंटीर आपटून मारपाचें कारण किदें? तुमी मदांध जाल्यांत जाल्यार मसणांत वचात. लोकांच्या भुरग्याचो जीव काडूंक येवं नाकात. चड जीव शिवशिवता जाल्यार बांयत वचून जीव दियात. भोंसडीच्यानो! बोडकेच्यानों? लोकांच्या भुरग्यांचें रगत पियेवंक येवं नाकात. वेरझव्यांनो! तुमचो बापूय म्हज्या भुरग्यांक पोशिना.'

आईन ठो ठो करीत गाळी फस्तींचो बॉंबवर्शाव चालू दवरिल्लो. बाबडो नितीन ब्लॉकांत गाढ निद्दिल्लो. ताणें अशीं झगडीं झुंजा करून असले रक्तपात हरशीं पयली खूब केल्ले. पूण जिस्त आयजच आई ताचें तोंड आपटूपी सुशीक पळोवपाक पाविल्ली कारण तिचें ऑफिस बेगीन सुटिल्लें.

'हां! हां! गाळीफस्ती करूं नाका, रांडे! तुजो बापूय आनी तुजो पोंगयो घोवूय म्हजे चलयेक पोशिना. लोक तुका भियेतात अशें समजता?' गिंडेबाई आपल्या हातांतले लागणें निरखीत गरजली.

'आई! पुरो गे आई! घरांत चल गे तू.' आईचो पदर फाटल्यानच्यान ओढीत हांवें तिका काकुयटेन सांगलें.

'तूं चूप शुभी! तुजो घोव फूंक मारल्यार पडटलो काडी पैलवान, रांडें! ताका खावन तूं अशी फुगल्या. दादल्याभाशेन

शाळेंत भुरग्याक तूं पि. टी. शिकय. भोंमडीचे! तुका ओंठार फुटल्या तो मिशी पयली तुज्या घोवाक कापून उडोवंक सांग, आनी उपरांत यो झगडूंक रांडे! आईन गिंडेबाईच्या वर्मारच बोट दवरलें.

गिंडेबाईतली व्यायाम शिक्षिका जागी जाली. तिणें एक डरकाळी फोडली आनी ती आईच्या आंगार धांवून गेली. लाटणें कायल्याक भिडलें. म्हज्या किळच्याकडेन लक्ष दिनासतना दोगीय एकामेकांचे केंस ओडूंक लागल्यो. नाखटांनीं बुरकूंक लागल्यो. एकामेकाचे कपडे पिंदूक लागल्यो. आनी हांव! हांव रडत रडत एका ब्लॉकाकडल्यान दुसऱ्या ब्लॉकाकडेन गेलें. पूण दर एक बिराडकार म्हाका दिसता भितरल्यान कान दाराक लावन भायलें झूंज खंयचे अवस्थेक पावलां ताची सुलूस घेतालो. पूण भायर येवन हात घाईर आयिलें हें झगडें सोडोवपाक मात कोणूच येनाशिल्लो.

हांव सामकें गळमणलेले अवस्थेंत सकयल्या मजल्यार रावपी जांग मालकाकडेन वचपाक भायर सरलें. बेगीनबेगीन इश्काद देंवतना म्हजो एक पाय सोंपण चुकलो. हांव सकयल कोंसळ्लें. पूण वयर येवपी कोणेतरी म्हाका घट्ट धरून सांवरलें. हावें रडत रडत तोंड वयर केलें.

'किदें जालें, बेबी? तूं रडटा किद्याक?' म्हजे फाटीर थापटीत सुहासान म्हाका विचारलें. हांवें ताका आईच्या झगडचाविशी सांगलें. तो बेगीन वेगीन वयर आयलो. आईक आनी गिंडेबाईक ताणें एकमेकांपासून पयस केलीं. दोगांयचेय सामके अवतार जाल्ले. गिंडेबाईचें पोल्क पिंदिल्यान तर तिची सगळी लज भायर पडिल्ली. दोगांयच्याय चकमकींत बाबडचा सुहासाकय थोडो मार खावचो पडलो. ताच्या खांदावयलो भाग लाटण्याच्या प्रहारान झेंजरलो. सुहासान आईक ब्लॉकाभितर हाडटूकच हांवे दाराक भायल्यान खिळी घाली. दिसलें नाजाल्यार आई परत भायर येवपाचो यत्न करतली. हांव सुहासाच्या रुमांत गेलें. तो दुखावल्ल्या भागाक मलम लावपाचो यत्न करतालो हारशांत पळोवन दुखावल्लो भाग निरखितालो.

'म्हजेकडेन मलम दियात. हांव लायतां,' हांवें म्हळें. हांवे ताचेफाटल्यान कदेल ओडलें. कदेलार उबें रावलें. ताच्या दुखावल्ल्या भागाक मलम चोळूंक लागलें.

तो हारशांतल्या म्हज्या प्रतिबिंबाकडेन पळोवन हांसलो. हांवय हांसल आनी मागीर लजलें. ताणें लवतुबायेन ताच्या खांदार भोंवपी म्हजो हात धरलो. म्हाका धीर दिवपी उलोवंक लागलो तो

म्हाका रडूंक आयलें. ह्या लज करपी प्रसंगाखातीर म्हाका खब्ब दुख जालें. सुहासान मायेन म्हजो हात धरिल्लो म्हणूनय म्हाका आनंदान रडपाक आयिलें. ताणें आपल्या बोल्सांतलो लेंस काडलो आनी म्हजे दोळे पुसले. म्हजे गाल थापटीले. म्हजे खांदे थापटीले.

'रडूं नाका, बेबी!' कदेलार हांव उबें आशिलें. ताणें म्हज्या कंबराक धरून म्हाका सकयल देंवयलें. हांव हांसलें, लजलें आनी म्हज्या ब्लॉकार गलें. आई न्हिदिल्ली. हांवें भायल्यानच्यान दार उगडिनाकुडें ती उठून बसली.

मारामारी केल्ल्यान तिचो दावो दोळो सुजिल्लो. गळचार नाखटांच्यो जांगो उदेल्ल्यो. तांतूंतल्यान रगत आयिल्लें. हांवे थंडसाणेन आरमार उगडली. बर्नोल काडलें. आईच्या घायांक लायलें. आई अकस्मात घस्मटून रडपाक लागली. 'आई! तूं रडूं नाका गे. तूं रडल्यार म्हाकाय रडूंक येता. ते पळे अप्पा आनी सुधीर आयले, हांवे आईच्या गालावयल्यान हात फिरयत तिका समजावपाचो यत्न केलो.

० ० ०

'शुभं! उठ बेगीन. न्हिदेंत हांसता किदें पिश्याभशेन? बेगीन उठ. आई आज सामकी तापल्या.' म्हजी धाकटी भयण विनिता म्हज्या आंगावयलें पांगरूण खस्सक करून ओडून काडून म्हाका सांगतालें. आनी हांव म्हज्या सोबीत सपनांतल्यान जागें जालें.

'... ... म्हजें आंनी भांगरा केंसाच्या राजकुंवराचें लग्न जाता. शेनाय आनी चौघुडो वाजता. हांव आनी राजकुंवर भांगराच्या रथांत बसल्यांत. हांवे राजकुंवरीचो धवोफुल्ल पोशाख घाला. भांगराच्या मुकुटाक हिरे पांचू आदी मोलादिक खडे वापरून मढयल्लें एक कमळ बसयलां. आनी हो रुबाबदार राजकुंवर म्हज्या शेजरा म्हज्या खांदार आपलो एक हात दवरून बसला. म्हज्या गालांवयल्यान एक सुंदर गुलाबाचें फूल भोंवडायता. हांव लजतां. ताचेकडेन पळोवन अमरपिकें हांसता. राजकुंवर म्हाका लागीं ओडून आपलो एक गाल म्हज्या गालार घांसता. भूक लागतकच पोटांत जशी एक सुखद वेदना जाता तशी वेदना म्हज्या पोटांत जाता. म्हजें तोंड त्या राजकुंवराच्या तोंडाकडे पावतकच हांव त्या राजकुंवराक वळखतां. तो सुहास. सुहासच तो. तो हांसता आनी 'बेबी' असो उलो मारता. हांव लजतां. हांसतां. भांगरा केंसाचो राजकुंवर! सुहास!'... ...

आनी विनितान म्हाका ह्या सपनांतल्यान जागें केलें. हांव उठलें, तोंड धुवपाक गेलें आई आयज खऱ्यानीच तापिल्ली. कालच गिंडेबाईकडेन तंटो मारामारी केल्ली आई आयज दुसऱ्या हल्ल्याची तयारी करताली. कालच्या मारान तिचो एक निळो किणेल्लो दोळो अद्यापय निळोच आशिल्लो. गळचावयले बुरके ताजे आशिल्ले. पिंदिल्ल्यान तिस्त्यो जाल्ली तिची साडी एका खुंटयेर युद्ध-विध्वंसाची खूण जावन लोंबकळटाली. आईक आपलो आनी गिंडेबाईचो जाल्लो असो युद्धविराम पसंत नाशिल्लो. दुसरी आघाडी उघडपाक तिचें संतापी मन फुरफुरतालें. नितीनाचे तोंड आपटून रगत काडप म्हळचार आईचे नदरेन एक भयांकृत गुन्यांव आशिल्लो.

काल लागिल्ल्या माराचो नितीनाचेर हरशी मातलेगीत परिणाम उरूंक नाशिल्लो. ताचें तोंडय दुखनाशिल्लें. काल आपलें तोंड आपटून रगत आयिलें हाची ताका याद लेगीत नाशिल्ली. पूण आईक ती आशिल्ली. इतलेंच न्हय तर गिंडेबाईवांगडा जाल्ले कुस्तेची लेगीत तिका वेवस्थित आनी पक्की याद आशिल्ली.

म्हणूनच आयज तिका गिडेगाईक परतेंय आव्हान दिवपाचें आशिल्लें. विदेंतरी करून गिडेबाईक लढपाक प्रवृत्त करपाचो तिणें यत्न चलयल्लो. तेचखातीर आई सकाळच्यान मकयल्या मजल्यार लेगीत आयकूंक येत असल्या वयल्या आवाजांत गिडेबाईक गाळो घालताली. गिडेबाईच्या ओंठावयल्या मिश्यांविशीं सरभोंवतणच्या लोकांक माहिती दिताली. अप्पासायबांक गिडेबाईन पोंगयो कशें म्हणिल्लें हें तांका सांगून तांच्यातली तिडक जागोवपाचो खर यत्न करताली. पूण अप्पासायबान तिका नैतिक तेंको दिवपाचें म्हयकारलें. तांच्या कपलार त्रासिक मिरी उमटल्ली.

'म्हाका तुवें झगडें केल्लें नाका. अशिक्षित गांवढळाप्रमाण मारामारी आनी हाणामारी आनीक जाल्ली म्हाका मातलेगीत आवडची ना,' अप्पासायबान तिका स्पश्ट उतरांनी सांगलें.

आई संतापान सामकीच विकृत जाली. किद्याय किदें उलोवंक लागली. ती अप्पासायबांकच गाळी घालपाक लागली. म्हाका आई आज अप्पासायबांकडल्यान सॅर्त मार खातली हें समजलें.

'भोंसडीचे अप्पासायब ! ते रांडगेक तुमी भियेतात? तिणें काल तुमका 'पोंगयो' म्हळा. ताचें तुमकां कांयच ना? फाल्यां भुरग्यांक रस्त्यावयली भिकारीणलेगीत मारतली. तुमी तिजेर भाळून भुरग्यांक मारूंक दितात? असल्यो मोठेल्यो चेडयो शुक्रवार पेठेंत खुब्ब आसात जाय जाल्यार. तिका भियेवन म्हज्या पोरांक स्वाधीन करूं नाकात ते चेडयेच्या,' आई ताळतंत्र सोडून चडांत चड विकृत उलयत रावली.

'आतां तूं वोगी बसता काय ना?' अप्पासायबान संतापान तांबडोगुंज जायत आईक धमकायली. अप्पासायबांच्या संतापाचो उद्रेक जाता हें म्हाका स्पश्ट कळलें. म्हज्या मनाची मारकी तडफड जावंक लागली.

'भोंसडीचे अप्पासायब! ना वोगी बसना. किदें करतले तुमी म्हाका? मारतले मूं? ते चेडयेखातीर, ते वेश्येखातीर?'

आनी अप्पासायब आईक मारूंक लागले. वेवस्थित मारूंक लागले. खोंटो थापटां हांचो भडिमार करून ताणी आईक अर्दमेली केली. आमी भुरगीं रडूंक लागलीं. त्या रडपाच्या आवाजांतच 'मारा! मारा म्हाका. मारून उडयात ते चेडयेखातीर' हें आईचे पालुपद चालूच आशिल्लें. हांवें रडत, आडुन आईक न मारपाच्यो अप्पासायबांक विनवण्यो केल्यो. पूण अप्पासायब बेभान जाल्ले. ते आईक पेटीत रावले. आमच्यो किळच्यो, 'आईक मारूं नाका' म्हणून आक्रोश, आईचे हुडके, आनी गाळीफस्ती हाणी सगळो परिसर दुमदुमून गेलो.

आई आनी अप्पासायबांमदीं सुधीरान आनी हांवें घालून घेतलें. आमी रडली. विनवण्यो केल्यो. अप्पासायबांची कितलीशींच थापटां आनी खोंटो आमचेर दोगांयचेर बसल्यो.

'आई! थांबय गे हें. तुमी वोगी रावात अप्पा! आईक मारूं नाकात, अप्पा! तुमी मातशे शांत जायात' हांवें रडत भेंकत दोगांयचीय विनवणी केली.

नितीन लुडबो उलयत आपल्या धाकटुल्या हातांनी अप्पासायबांक फाटल्यान ओडपाचो यत्न करतालो. पूण अप्पासायबांच्या संतापाचो ज्वालामुखी भडकल्लो. आईन दादल्यांचे शक्तेमुखा पराजय पत्करलो. अप्पासायबांच्या प्रत्येक प्रहाराबरोबर आ वळवळून रडूंक लागली. तिचो संताप, विकृत उलोवप दुकांच्य रुपांत तिच्या दोळ्यांतल्यान भायर पडपाक लागलें. प्रहार आनं आघाताची सणक तिका जाणवूंक लागली.

अप्पासायबांच्या रागाचो पारो वयर चडत गेलो. तांचे दोळे तांबडेगुंज जायत गेले. कपलावयली शीर तट्टटून फुगली. कानाच्यां पाळयो तांबड्योगुंज दिसपाक लागल्यो आईक मार मार मारून दमले. श्वास घेवपाक मातशे थांबले आनी थंयच चीर्र करून घुंवळ येवन सकयल कोंसळ्ळे. प्रेताभशेन घट्ट जाले.

आमी भुरगीं तें दृश्य पळोवन भियेवन किळच्यो मारपाक लागलीं. 'अप्पासायब अप्पासायब' म्हणत आक्रोश करपाक लागलीं. आईचो सगळो विकृत अवतार नाच्च जालो. ती सामको मोव पडली. तिणें आंग काडलें आनी ती अप्पासायबांमुखार येवन बागवली.

अप्पासायबान दोळे परतिल्ले. ते कसलीच हालचाल करी नाशिल्ले. आईन भंयान अर्दमेली जावन एक किळांच मारली.

'किदे जालें तुमकां? किदें जालें तुमकां?' रडकुच्या सुरांत आईन विचारलें.

'कोणतरी धांवात रे! पावात रे! हांका पळेयात हे किदें करतात तें!' इतलो वेळ सगळ्या जगाआड बंड पुकारपी आई आतां असहाय्य जावन लोकांक आधाराक आपोवंक लागली. पूण कोण एक आयलोना.

आईन अप्पासायबांचेर उदक मारलें. कांदो चिड्डन नाकालागीं धरलो. थोडोशी हालचाल केली पूण अप्पासायब बेशुद्धच उरले. म्हाका अकस्मात सुहासाची याद जाली. सुहास दोतोरकी शिकतालो हें म्हाका कळिल्लेंच. हांव धांवत भायर आयलें. सुहासाच्या रुमाच्या दारार खटखटायलें.

कांयच जाप आयलीना. कांयच हालचाल आयकूंक आयलीना. हांव धांवत पॅसेजींत गेलें. जनेलाचे ते चिरेंतल्यान पळेलें. सुहास सुस्त न्हिदिल्लो. आपलें खव्याच्या रंगाचें आंग उघडें घालून. हांवें जनेलाचेर मोठमोठ्यान धाडायलें. उलो मारले.

'सुहास! सुहास! बेगीन येयात! दार बेगीन उगडात!'

म्हज्या उल्यांनी सुहास जागो जालो. ताका हांवें अप्पासाहेबांक घुंवळ आयिल्ल्याचें सांगलें. सुहास वेगोवेग आपली बॅग घेवन आमचे-कडेन आयलो. ताणें सगळ्यांक पयली वोगी केले. अप्पासयाबांक एक इंजेक्सांव दिलें. तशे ते शुद्धीर आयले. तो मुद्दम दोतोर किशोर साठेक घेवन आयलो. दोगांयनीय अप्पासायबांक आनीक पुराय तपासलें. दो. किशोर साठे सुहासाचो इश्ट. ताणें अप्पासायबांक प्रिस्क्रिप्शन्स दिली. सुहासान आईक अप्पासायबांक हाय ब्लड प्रेशर आशिल्याचें सांगून तांच्या मनाक त्रास जायना तशें बागपाचो सल्लो दिलो.

आई सुहासाच्या उपकाराच्या वज्यान चिडून गेली. सुहासन येदो व्हडलो बोवाळ कसो आयकलोना हांचें तिका अजाप दिसलें.

'तुमी खंय आशिल्ले तर? तुमच्या रुमात नाशिल्ले?' आईन खात्री करुन घेवपाक तीर ताका विचारलें.

'हांव रुमांत न्हिदिल्लों. तुमी रातच्या आठ साडेआठांक न्हिदनात. हांव रातचो तीन वरांमेरेन हॉस्पिटलांत नायट ड्युटीक आसतां. सकाळीं बद्द धांक उठ्तां. हे पळेयात. आतां एक च्या आप्पासायबांक दियात. आनी कमलीय गरज दिसल्यार म्हाका आफयात.' सुहास आपल्या रुमांत गेलो. आईक आयिल्लो दुबाव पयसावलो. जल्मांत पयलेच फावट तिका एका विद्यार्थी शेजाऱ्याविशीं इतलो आदर निर्माण जाल्लो.

म्हजें मन जाल्यार सुहासाच्याच फाटल्यान भोंवपाक लागलें. देवदूत! भांगरा केसांचो राजकुंवर! सुहास! कितलो मोठो मनान! म्हाका जाल्यार ताचेखातीर म्हजो प्राणलेगीत अर्पण करचोसो दिसलो. ताका हांव दैवी पुरुश मानपाक लागलें.

अप्पासायब उलयनासतना उठले. कॉटीर वचून न्हिदले. ब्लॉकार कीण्ण शांतताय पातळळी आईच्या दोळ्यांतल्यान दुकां व्हांवतालीं. तिका अशी रडटना पळोवन म्हाका तिची कायकुट दिसली. धाकलो नितीन रडटना सारको आईभशेन दिस.

आई गेव! तूं रडूं नाका गे', धाकल्या नितीनान आपल्या धाकटुल्या हातांनी आईचे दोळे पुसले. आईन ताका सामको आवेगान लागीं ओडलो. ताच्या पोल्यांवयल्यान आपले ओंठ भोंवडायले. अप्पासायब हें सगळें पळेताले. ताणी अकस्मात आपलें तोंड उशांत खुपशिलें. म्हाका दिसता नितीनाची करणी पळोवन ताकाय कळवळ्ळ्य भशेन जाल.

हांवें स्टोव्ह पेटयलो. च्याक आदण दवरलें.

'आई! सुहासाकय च्या दिवं?' हांवे आईक विचारलें.

'दे तर. हे आनी विचारपाक जाय? तांका च्या हांव दितां. तूं प्यलो सुहासाक च्या व्हरून दी,' आईन सांगलें.

हांव च्याचो कप घेवन सुहासाच्या रुमांत गेलें. दार उगडलें आनी भितर गेलें. एक गोरेंपिठु मेणमणीत अवयवांचे निळी साडी आनी तिकाच मॅचिंग निळें पोल्क घालें एक वाडिलें चली ताच्या रुमांत एका कदेलार बशिल्लें. हांव ते चलयेकडेन मंत्रमुग्धासारकें पळेत रावलें. तें चलीय म्हजेकडेन निर्विकार तोंडान पळेतालें. तोंडार हांसो अजाप आदी खंयचेच भाव दाखयनासतना.

'किदें बेबी! किदें हडलां तुवें म्हाका?' सुहासान हांसत हांसत म्हाका विचारलें. हांवें आंग काडलें. त्याखातीर म्हज्या हातांतल्या कपांतली च्या थोडी सांडली. उपरांत हांवें सरळ वचून सुहासाक च्या दिलो.

'तुमकां आईन धाडल्या ही च्या,' हांवें म्हळें आनी हांव रोखडेंच भायर आयलें.

० ० ०

म्हाका ते नरसाटे चलयेचो वांगीच राग आयलो. ताचें सुंदर पूण मातय न हांसपी तोंड म्हाका निरुखाळ आवडलेंना. हांवें च्याचें कप सुहासाक दिलें. खरें म्हळचार सुहासान ती च्या घेवन सोप म्हणसर म्हाका थंय रावपाचें आशिल्लें. पूण तें निळी साडी न्हेशिल्लें चली म्हजेकडेन आनी सुहासाकडेन आळीपाळीन आनी मख्ख रावून पळेत रावलें. जशें काय ह्या भुरग्याची आवणांक आडखळ जाता अशेंच तें सुहासाक सुचयतालें. हांव थंय राविल्लें दोगांकय नाका हें म्हज्या लक्षांत आयलें. हांव रोखडेंच भायर सरलें.

किद्याक म्हणून खबर ना, पूण म्हाका ते निळे साडयेकान्नीची नसाय दिसपाक लागली. सुंदर दिसपी तिच्या देहांत दुश्ट मनच आसपाक जाय अशें म्हाका ठामपणान दिसपाक लागलें.

हांव आमच्या ब्लॉकार आयलें. थंयचें वात वरण बरेंच निवळलेलें. म्हज्या मनांत परत परत सुहासाचेच विचार घोळपाक लागले.

भांगरा केंसाचो राजकुंवर आनी राक्षशीण. सुहास राजकुंवर आनी ती निळी साडयेकान्न राजकुंवरी? ना. ती निळी साडयेकान्न राजकुंवरी न्हय. हांव जाण्टें जालें, तसली साडी आनी पोल्क न्हेसलें जाल्यार तिचेपरस शतपटीन सुंदर दिसतलें. तें मातय हांसना. अंतःकरणान नक्की दुश्ट आसतलें. राक्षशीणीभशेन. हय राक्षशीणच. मायावी सुंदर रूप घेतिल्ली राक्षशीण. शूर्पणखेन लक्ष्मणाक भुलोवपाखातीर असलेंच रूप घेतिल्लें. सुहास राजकुंवर. पूण राजकुंवरी मान ती निळी साडयेकान्न न्हय. राजकुंवरी हांव. ती निळी साडयेकान्न राक्षशीण. शूर्पणखा. मायावी सुंदर रूप घेवन राजकुंवराक भुलोवपाखातीर आयिल्ली.

हांव ते निळे साडयेकान्नीक पळोवन पुराय अस्वस्थ जाल्लें. हांवें आईचो धाकटो हारसो घेतलो. तांतूंक म्हजें तोंड हांव पळेत रावलें. म्हजे केंस हांवे दोनीय हातानी फाटल्यान व्हरून पळेलें. तोंड एकेवटेन करून पळेलें. म्हजें तोंड दुबावाविरयत ते निळे साडयेकान्नीपरस सुंदर दिसतालें. म्हाका वोगीच हांव जाण्टे जाल्लेभशेन दिसलें. हांवय निळी साडी आनी निळें पोल्क न्हेशिल्लेभशेन म्हाका दिसलें.... . सुहासाचें आनी म्हजें लग्न जालां. सुहास म्हज्या खांद्याक खांदो तेंकोवन म्हाका घेवन भोंवपाक वता. सगळे हेवटेन तेवटेनचे लोक जोडो कितलो सुंदर दिसता अशें कवतुकान आमकां पळोवन मनांतल्या मनांत म्हणटात... ...

हांव तशेंच हारशांत पळेत रावलें. थोडचा वेळाउपरांत म्हजे म्हाराच म्हजें तोंड कुरुप दिसपाक लागलें. शाळेचो युनिफॉर्म घाल्लो म्हजो देह म्हाका बावळट दिसपाक लागलो. म्हाका दिसपाक लागलें ती निळी साडयेकान्न म्हजेपरस कितलीशीच सुंदर दिसता. सुहासाचें आनी ते निळे साडयेकान्नीचें लग्न जाता. तीं दोगांय फिरपाक वतात. भांगरा केसांचो राजकुंवर भांगराच्या रथांतल्यान राजकुंवरीक घेवन भोंवपाक वता. ती निळी साडयेकान्न राजकुंवरी न्हय. राजकुंवरी हांव. ती मायावी राक्षशीण... ...

हांव सामकें पिसावल्लेंभशेन येवजूपाक लागलें. ते चलयेचो खूब द्वेश करपाक लागलें.

थोडयावेळाउपरांत आमच्या दारार कटकट जालें. हांवें दार उगडलें. भायर सुहास उबो आशिल्लो. ताच्याफाटल्यानच्यान ती निळी साडयेकान्न मख्ख तोंडान सकयल देवताली. तिणें एकदांय फाटल्यान पळ्लें ना. सुहासाच्या हातांत रिकामें च्यायें कप आशिल्लें.

'थँक्यू बेबी ! हें तुमचें कप', ताणें म्हज्या हातांत कप दिलें आनी तो हांसलो. हांव ताच्या त्या हांसपांत विरघळून वचपाक लागलें सुहास थंयच्यान गेलो आनी म्हाका बोगीच रडपाक येवपाक लागलें.

त्या दिसा सुहासान म्हजो हात हातांत घेतिल्लो. म्हज्या कमराक धरून सकयल देंवयल्लें. हाचो अर्थ सुहासाक हांव खूब खूब आवडलेलें असो जातालो. हांवें तेन्नाच एक निर्णय घेवन उडयल्लो. लग्न करपाचें जाल्यार फकत सुहासावांगडा. आनी आतां हांवें सुहासाच्या खऱ्या इश्टिणीक निळे साडयेकान्नीक पळेल्ली. अकस्मात ती मुखार येवन राविल्ली. सुहासाक तें चली खूब आवडटालेंबी काय ? फकत एक पिटीस चली म्हणून ताणें म्हजें कवतूक केल्लेंबी काय ? तो ते निळे साडयेकान्नीवांगडा प्रेमविवाह बी करतलो काय ? आमच्या शाळेंतल्या भिडेसरान गोखलेबाईवांगडा केल्लो तसो ?

ते चलयेवांगडा लग्न केल्यार तो सुखी जावचो ना. अशेंबी आसा व्हय ? तो सुखी जायत. लग्नाउपरांत ते निळे साडयेकान्नीक भुरगीं जातलीं. सुहासाभशेनच भांगरा केसांचीं. घारश्या डोळ्यांची. चले आनी चलयो. निळी साडयेकान्न आवय म्हणून आपल्या भुरग्यांकडेन कशी किदें वागतली काय ? म्हजेकडेन पळेताली तशीच मख्ख पळेत आनी भावनारहीत तोंडान आपल्या भुरग्यांकडेनय पळेतली ? सुहास सुखी जाल्यार म्हाका बरें दिसपाचें ना ? सुहासाक हांव देवदूत मानतालें. तो सुखी जाल्यार म्हाका मात्रय वायट दिसपाचें ना.

केन्नाकेन्नाय मनीस दिसता तसो नासता. ती निळी साडयेकान्न एकाद्रे स्वभावान बरीय आसत. एकाद्रे सुहासाक ती सुखीय करीत ! ताका जर सूख मळत जाल्यार म्हाकाय सूख जातलें. सुहास ! भांगरा केसांचो राजकुंवर ! देवदूत. तो सुखी जाल्यार. म्हाका मुजरत खोस जातली.

'शुभी ! हांव मातशो न्हिदतां आं. नितीनाक तूं वाड' आईन थकिल्ल्या सुरान म्हाका म्हळें. आनी सुहासाच्या विचारांची म्हजी तंद्री भंगली. म्हाका आईची काकुयट दिसली. आईक हें अमलें कसलें दौर्बल्य आशिल्लें काय ? तिच्या मेंदूक असो तटक करून संताप किद्याक येता ? राग अनावर जातकच तिका आपणें उलोवचे न्हय अशे दिसपी विचारलेगीत ती फटाफट उलोवन किद्याक वता काय ? तिका आपली जीब सांवरपाक किद्याक जायना ? म्हाका न्हिदिल्ले आईची खुबच काकुयट दिसली.

० ० ०

म्हाका त्या दिसा अर्दो दीस सुटी आशिल्ली. शेनवार आशिल्लो. हांव शाळेंतल्यान घरा परतलें. म्हजी आई दाराची चावी व्हेंटीलेटरार दवरताली. आमच्यांतली जीं कोण पयली घरा पावता तांका ती मेळची म्हणून. हांवे चावी काडली. दार उगडलें. दप्तरबी भितर दवरलें. जाळयेच्या पांटल्यापोंदा आईन थालीपिठ दवरिल्लें तें खालें भायल्यान खीळी लावन हांव भायर व्हरांडचार आयलें. थंयच्य पॅरॅपेटीक तेंकून हांव रस्त्याकडेली येरादारी पळोवपाक लागलें.

इतल्यान म्हाका सुहासाची तीव्रतायेन याद जाली. हाली बेकार आसतकच हांव सुहासाविशींच्या स्वप्नरंजनांतच गुल्ल आसतालें. हांव सुहासाच्या रुमाफुडें गेलें. दाराक भायल्यान कुलूप नाशिल्लें. भितल्यान खिळी घाल्ली.

हांवें दार खटखटावंक हात उखल्लो. मागीर येवजिलें. सुहास न्हिदिल्लो आसल्यार ताका आनीक त्रास किद्याक दिवपाचो ? तो न्हिदिल्लो नाशिल्लो जाल्यार दार खटखटावन भितर वच्चें आनी ताचेवांगडा उलोवचें, अशी म्हाका खर इत्सा जाली. हांव फाटल्या पॅसेजींत गेलें. फाटल्यान फुडल्यान पळेलें, पॅसेजीर कोण नाशिल्लो. हांव त्या जनेलाकडेन गेलें. ते चीरेंतल्यान भितर पळोवंक लागलें.

आनी हांव थंयच खिळून उल्लें. म्हज्या पोटांत खंयतरी एक वेदना स कून गेली.

हय. सुहासाच्या कॉटीर सुहास आनी ती निळी साडयेकान्न बशिल्ली सुहासाचे ओंठ तिच्या ओंठार आवेगान दाबिल्ले आशिल्ले. ताचे दोनय हात तिच्या फाटीवयल्यान फिरताले. तिचे दोनय हात ताच्या गळ्याभोंवतणी आशिल्ले. ताची मान घट्ट धरून तें ताचीं चुंबनां घेतालें. ती चली कसलेतरी तृप्तीचे सुस्कारे सोडटाली. तिच्यो नाकापुडयो थरथरताल्यो.

म्हजो दोळो ते चीरेक दसूनच उरलो. सुहासाच्या आंगार फकत निळी चड्डी आशिल्ली.

सुहासान ल्हवूल्हवू ते चलयेची साडी सोडयली. ताची नुरा रक्तवर्णीय जाल्ली. म्हज्या काळजांत आनी पोटांत कलकल्लेल्या-भशेन जालें. सुहासान आपलें तोंड तिच्या सगळ्या तोंडावयल्यान भोंवडावपाक सुरवात केली. तें धोंपरा तेंकोवन कॉटीर बसलें. सुहासान उबो रावून ताका वेंग मारली. तिणें आपले दोळे धांपून घेतिल्ले. सुहास तिच्या दोळ्यांची आवेगान चुंबना घेवंक लागलो. तो किदेंतरी घोगऱ्या आवाजांत उलयतालो. ताचे ओंठ थरथरताले. ती आतां फकत निळें पोल्क आनी सकयल धवोफुल्ल घागरो घालून उबी आशिल्ली. सुहासाचो हात तिच्या थानांर गेलो. तिच्या ओंठाचे चुंबन घेतनाच ताचो हात तिच्या सर्वांगार भोंवपाक लागलो. तिका तो मुड्डूंक लागलो.

ताणें तिका कॉटीर आडवी घाली. पयर गिंडेबाईन आईक झगडटना उडयल्ली तशी. ताणे तिचेर आपलो देह घालो आनी उपरात .. !!!

म्हाका कशेंचेंच जावपाक लागलें. किदेंतरी वेगळेंच दिसपाक लागलें. जीव भियेल्लेभशेन जालो. पोटांतल्यो वेदना वाडल्यो. म्हज्या मांडयांक ओलें ओलें किदेंतरी लागलें. हांवें आंग काडलें. किदें गळटा तें हांवें हात लावन पळेलें. आनी हांव भंयान अर्दमेलें जालें. तांबडो रंग ! रगत ! म्हज्या गुह्येंद्रियांतल्यान रगर व्हांवतालें. हांव सामकें थर्त भियेलें. सुहास करतालो तें पाप हांवें पळेलें म्हणून देवान ही ख्यास्त म्हाका दिल्या आसतली काय ? म्हाका जाल्यार

मंयानच पुंवळ येवपाक लागली.

इतल्यान लांकडी इश्कादेचेर कोणाची तरी पावलां वाजिल्लीं आयकुपाक आयलीं. हांव धडपडलें. आडखळत आडखळत चलपाक लागलें. इश्कादेमुखार उबें रावलें. सामकारच्यान आई येताली. इश्वाद चडत. म्हाका मोठ्ठो आधार मेळिल्लेभशेन जालें. धीर आयलो.

'आई' हांवें कडकडो भरिल्ल्या आवाजांत आईक उलो केलो. हांव सामके धवें जाल्लें.

'किदें जालें शुभी? तूं अशें किद्याक पळेता?' आईन म्हजी गर्भगळीत स्थिती पळोवन भियेवन म्हाका विचारलें.

हांव मोन्यानी भितर गेलें. आईमुखार उबें रावलें. म्हजो स्कर्ट वयर करून तांबड्या रगतान भिजिल्ल्यो म्हज्यो मांडयो तिका दाखयल्यो.

'आई! म्हाका किदेंतरी जाता गे. पोटांत सामकें दुखता' हांवें घुस्मटून रडत आईक वेंग मारली.

आई हांसली. म्हाका थापटूंक लागली.

'शुभी! भियेवं नाका आं. तूं आतां जाण्टी बायलमनीस जालां. तुंवें आतां तुजें शील आनी अब्रू सांबाळपाक जाय. एकलें चली बायल जातकूच ताका निसर्गधर्मप्रमाण अशेंच जाता. आतां दर म्हयन्याक सेगीत चार दीस तुका अशेंच जातलें. तुका ह्या-खातीर भियेवपाची मातय गरज ना, आईन म्हाका विश्वासान घेवन सांगलें.

हांव आज किदेंतरी नवीन आयकतालें. स्त्रीत्वाच्या आगमनान म्हज्या मनाचे नवीन कप्पे आनी नवीन दालनां उगतीं जातालीं. म्हाका सुहास आनी ते निळे साडयेकान्नीन केल्लें तें कृत्य आईक सांगचेंशें दिसलें. तें कृत्य पळेतनाच म्हाका हो स्त्राव सुरू जालो हेंय आईक सांगचेंशें दिसलें. पूण म्हाका खूब लज दिसली. कांयच सांगनासतना हांव वोगी रावलें.

० ० ०

हांव दुसऱ्या दिसा शाळेंत गेलें तें सामकें बदलेल्या मनःस्थितींत. म्हाका वेगीच पिरायेन जाण्टे जाल्लेभशेन दिसपाक लागलें. म्हजी मान परती परतीं सकयल वताली. म्हजे दोळे म्हजीच छाती निरखिताली. म्हज्या धाकटल्या स्तनाचे धाकटुले गुळे म्हज्या युनिफार्माच्या पोल्कांत्यान स्पष्ट आकार घेवन उठून दिसताले. हांव परतें परतें म्हज्या हड्डयाकडेन पळेतालें. हांव अशें पळेता तें हर कोणय पळेना मूं हाचो सुलूस घेतालें. म्हाका वोगीच आतां म्हजेर व्हडली जापसालदारकी पडल्या कशें दिसतालें.

शाळेंत पावनाफुडें हांवें कुंदाक गांठलें. म्हजेपरस पिरायेन जाण्टे आशिल्लें कुंदा म्हजी इश्टिण आशिल्लें. ताका हांवें ग्रावंडाचेर इंटरव्हालाक भोंवता आसतना कुशीक निवांत जाग्यार व्हेलें. लजेन तांबडेंगुंज जायत हांवें कुंदाक म्हज्यांत जाल्ल्या बदलाची माहिती दिली. कुंदान म्हाका मेकळेपणान उलोवपाक दिलें. उपरांत आपणांक खबर आशिल्लें शरीरधर्माविशीचें ज्ञान म्हाका दिलें.

पुरुष-स्त्रीचे संबंध, त्या संबंधापासून संतती कशी उत्पन्न जाता, लग्न म्हळ्यार किदें, तें कित्याचाचीर करतात, चडे आनी दाइले हांचे पासून आपलें शोक कशें सांभाळपाक जाय, नाजाल्यार किदें परिणाम जातात होविशीं सविस्तर माहिती कुंदान म्हाका दिली.

हांव कुंदाच्या ज्ञानामुखार थक्क जालें. आईन ते मानान म्हाका कायच महिती दिवंक नाशिल्ली. कुंदाक इतलें गिन्यान कशें प्राप्त जालें असो म्हाका प्रस्न पडलो. हांवें कुंदाक विचारलें, कुंदा! तुंवे जी म्हाका इतली माहिती दिली ती तुका पयलीं कशी कळली? तुका कोणें सांगलें हें सगळें?

म्हजी आवय सोशलवर्कर म्हणून काम करना. म्हाका पयले खेप म्हैन्याची पाळी सुरू जातकच म्हजे आवयन म्हाका विश्वासांत घेवन हें सगळें सांगलें. भुरगेपणांतच भुरग्यांक लैंगिक विशयांवयलें गिन्यान दिवपाक जाय अशें तिचें मत. म्हाका तिणें आनीक कितल्योश्योच गजाली शील संवर्धनाखातीर सांगल्यात. देखीक शाळेंतल्यान घरा वतना कोणाय अनवळखी दादल्यान वा वळखीचो लेगीत आसल्यार–सायकलीवयल्यान लिफ्ट दिवपाची तयारी दाखयली जाल्यार ताचेवांगडा वच्चें न्हय. गर्देत भोंवपाक वच्चें न्हय. दादल्यांकडेन ते न्हाता असतना, न्हिदल्ले आसतना, उक्त्या आंगान आसतना पळोवंचे न्हय. कोणाय अनवळखी मनस्यान मुद्दम वळख काडून खावपाक पियेवपाक दिलें जाल्यार घेवचें न्हय. एकांतांत तरनाट्या वांगडा खेळचें न्हय. रस्त्यावयल्यान वतना चल्यांनी कॉमेंट मारलो वा फकणां केली तर हांसचें न्हय. आपणें आयकुंकूच ना अशें दाखयत नाकासामकार पळोवन चलचें. अश्लिल कथा आशिल्लीं नेमाळीं पुस्तकां वाच्चीं न्हय. तरनाटे चले फाटीं फुडें रावन संवकळ वाडोवपाचो यत्न करपाक लागल्यार तांचे वांगडा मख्खपणान उलोवचें. तोंड गंभीर दवरचें. चड परिचय वाडपाक दिवचो न्हय. नाटक सिनेमा पळोवंक खूब इश्टिणी वा घरचे लोक आसलेबगर वच्चें न्हय. अस्ताव्यस्त पाय वयर काडून बसचें न्हय,' कुंदान म्हाका शीलसंवर्धनाचे एका फाटल्यान एक अशे धडे दिले. त्या नवीन गिन्यानान हांव पुलकीत जालें. हांव आतां एक जबाबदार मनीस जालां म्हाका आतां प्रत्येक दादलो आनी तरनाट्याकडल्यान भिरांत उप्रासता. हांवें म्हजें लग्न जायमेरेन सावधानतायेन वागपाक जाय अशें म्हाका प्रकर्शान दिसपाक लागलें.

म्हळ्यार सुहासाबराबर वागतनालेगीत हांवें सावध रावपाक जाय. तोय दादलोच. काल ताणें निळे साडयेकान्नीवांगडा केल्लो तोच कुंदा सांगता तो 'शरीरसंबंध'. सुहासाचें आनी ते चलयेचें लग्न जाल्लें ना अशें आसतनाय त्या दोगांयनीय हें शरीरसूख घेतलें कशें? ह्या संबंधांपासून ते निळे साडयेकान्नीक गर्भ उरलो जाल्यार? सुहास तिका आपूण तुजेवांगडा लग्न करिना म्हणून सांगपाक लागलो जाल्यार?

कुंदान माहिती दिल्लेप्रमाण ती कुमारी माता जाली जाल्यार? ती आत्महत्या करतली? गर्भपात करतली? सुहासाच्या घरा वचून रडटली? ताच्या आवयबापायच्या हातांपायां पडटली?

जगांत चलिल्ले हे प्रक्रियेचें म्हाका खूबच अजाप दिसलें. उत्पत्ति अशी कशी जाता? कितलो धक्को दिवपी माहिती ही?

अप्पा आनी आई हांच्या शरीरसंबंधांपासून सुधीर, हांव, विनिता आनी नितीन उत्पन्न जाल्यांत ? सगळ्या प्राणिमात्रांची उत्पत्ति असल्याच शरीरसंबंधांपासून जाता ?

कोंबो कोंबयेचेर चडटकच म्हाका तो कोंबयेक रागान मारपाकच तशें करना अशें दिसतालें. कुकल्यान मांजराची ताचेर वयर चडून मान धरतकच ताका मांजराक ख्यास्त करपाची आसा म्हणून तो तशी मांजराची मान धरून गुरगुरता अशें म्हाका दिसतालें. सुणो कोल्गाचे फाटीर उबो रावता तोय रागानच अशें म्हाका दिसतालें. त्या सगळ्या प्राण्याचे करणेचो, सुहास आनी ते निळे साडयेकान्नीन केल्ले करणीचो अर्थ म्हाका आजच बरो समजल्लो.

कुंदान म्हाका आजमेरेन हांव न समजल्ल्या कितलेश्याच गजालींचो अर्थ समजावन सांगिल्लो. हे ज्ञानप्राप्तिन म्हाका खूब अजापभरीत आनंद जालो.

सुहासान ते निळे साडयेकान्नीवांगडा केल्ली करणी हें पाप अशें मात म्हाका परतें परतेंय दिसतालें. सुहासासारको देवदूतय पाप करता ? हें पाप नासतयबी. तो तिचेवांगडा लग्न करपाचो आसत. ते चलयेचो ताचेर पूराय विश्वास आसत. म्हणूनच ताणें इतल्या निःशंक मनान ताका आपलें सौंदर्य, कौमार्य, शील लूटूंक दिल्लें. म्हणटकच सुहास तिचेवांगडाच लग्न करतलो.

म्हाका तो खुब्ब आवडटा हें ताका मातूय खबर नासत. म्हाका तो सामकें पोर समजता. ल्हान भुरग्यांक वागोवचें तशें तो म्हाका वागयता.

सुहास ! आरे हांव तुजेर प्रेम करतां ! तुजेखातीर हांव खंयचीय गजाल करपाक तयार आसां. कसलोय त्याग करपाक तयार आसां. पूण दुर्दैव म्हजें ! तुका म्हज्या भावनांची जाणविकायच ना. तूं ते निळे साडयेकान्नीवांगडा लग्न करतलो. एकाद्रे तें चली स्वभावान बरेंय आसत. ते ताका सुखीय करीन. तांच्या शरीरसंबंधांपासून तांका भांगरा केसाचीं, घारश्या दोळ्यांची भुरगीय जायत. आनी हांव ?

भांगरा केसाचो राजकुंवर आनी राजकुंवरी. सुहास राजकुंवर. निळी साडयेकान्न राजकुंवरी. दोगांयचेंय लग्न जातलें. सुहासावांगडा जर म्हजें लग्न जावपाक जाय जाल्यार उपाच एकच. ती निळी साडयेकान्न मरपाक जाय. हो विचार म्हज्या मनांत येतकच हांवे कैद्यान आंग काडलें. हांव राक्षशीण ? हांव राक्षशीण ? राजकुंवरांचें मर्ण इच्छुपी राक्षशीण ? ना. ना. हांव राक्षशीण न्हय. हांव जलमभर लग्नच करचेंना. कुंदाचे आईप्रमाण सोशलवर्कर म्हणून काम करतलें. पूण ते निळे साडयेकान्नीचें– सुहासाचे भावी बायलेचें वायट चिंतचें ना. जी सुहासाक आवडटा तिची हांव नसाय करचेंना.

पूण हांव ते निळे साडयेकान्नीचें इतली नसाय किद्याक करतालें ? कारण पयलेच भेटींत तो म्हाका मातलेगीत हांशिल्ली दिसली ना. आपूण कोणाकच किंमत दिना. सगळे आपले गुलाम अशे भावनेन ती आढ्यतायेन निर्विकार पळेत बशिल्ली. सुहासासारकिल्या हांसत्या तोंडाच्या आनी उमद्या तरनाटचाक ती केन्नाच सुखी करपाक शकचिना अशें म्हाका ठाम दिशिल्लें. पूण सुहासाक

With best compliments from :

Made out of the Finest Materials

MANGALORE GANESH BEEDIES

Smokers cannot afford to miss them

DAILY SALES EXCEED 8 CRORE BEEDIES

Head Office :

Mangalore Ganesh beedi Works

VINOBA ROAD * MYSORE-570 005

Telephone : 20241 27172

Telegrams : 'AROMA'

ा आवडटा. तो तिचेवांगडाच लग्न करतलो. लग्न जातकच सुहास
ामच्या सामकार आशिल्ल्या रुमांतच रावतलो काय? ताचेर
ांच प्रेम करतालें हें ताका समजत काय? समजल्यार तो मनांत
दें म्हणटालो काय?

'हें चली सामकें मूर्ख आनी पिशें. भुरगेपणां करता,' अशें
ंलो काय तो? म्हजा ताका तिडक येतली? काय सदचेभशेन
खळखळून हांसतोलो? हें म्हजे विचार आयकून ताची प्रतिक्रिया
दें जाली?

म्हाका सुहास आनी निळे साडयेकाशीचो ती करणी कुंदाक
ागचोशी दिसना. सुहासाचें आनी म्हजें एक नातें आसा आनी ताची
ाडी कोणायकडेन करप म्हळ्यार त्या नात्याचो अपमान करप.
ाव सुहासावांगडा बेईमान कशेंच जावपाक ना. ज्या मनश्यान म्हजेर,
हज्या कटुंबाचेर इतले उपकार केल्यात ताचेविशीं कृतघ्नता? ना.
ाव ना. तेभायर सुहास ते चलयेवांगडा लग्न करपाचो आसा.
खातीर तांचो शरीरसंबंध म्हळ्यार घोवाबायलेन केल्ल्या शरी-
संबंधा सारकोच. तांतूत ताणीं पाप करूंक ना. पाप केलांच
ाल्यार तें हांवें केलां. त्या जनेलांतल्यान चोरयां पळोवन. हांव
पटी. चोरया पळोवपी. राजकुंवरीचें वायट इच्छुपी.

सुहासाचो विचार करीत म्हजें मन भन्नाट धांवतालें.

० ० ०

एक दीस शाळा सुट्टकच कुंदा आनी हांव घरा परतुपाक
ागलीं. हांव सुहासाचेर प्रेम करतां हें म्हाका ठाम पटिल्लें. पूण
या उतराचा अर्थ कुंदाच चड बरे तरेन म्हाका सांगतलें अशें
हाका दिसलें.

'प्रेम करप म्हळ्यार एके चलयेक एक चलो खुब्ब आवडप.
ानी चल्याकय ती चली खुब्ब आवडप. कोणाचोय केदोय विरोध
ासल्यारलेगीत चलयेन त्याच चल्यावांगडा लग्न करप. चल्यानय
कतल्योय भाडमेळी आयल्यो जाल्यार त्यो पयसावन तेच चलये-
ांगडा लग्न करप. आमच्या शेजरा एके बामणाचे चलयेन एका
हाराच्या चल्यावांगडा लग्न केलां. म्हळ्यार ती दोगाय शिकिल्लीं
ाल्लात. जाण्टेल्यांच्या नापसंतेक आनी विरोधाक ताणीं मातय
हत्व दिलें ना. निमाणें प्रेमविवाह केलो. हाकाच म्हणटात प्रेम
करप,' कुंदान म्हाका सांगलें.

अप्पासायब आनी आई हाणीं प्रेमविवाह केला हें हांवें
हानपणांत शेजारी उलयतना आयकल्लें. प्रेमविवाह केल्लीं
नश्यांयबी प्रेमविवाह न केल्लेप्रमाणच वागतात. राग आयलो
ाल्यार बायलां भुरग्यांक धाडायतात. भुरग्यांक वाडयतां वाडयतां
रशेतात.

'कुंदा! तुजे म्हजे पिरायेच्यो चलयो प्रेमांत पडटात गो?'
ांवें विचारलें.

किद्याक ना? म्हाका म्हजो मावसभाव खब्ब आवटडा. हांव
ाचेर प्रेम करता. हांवे लग्न फकत ताचे वांगडाच करपाचें
ारायला. सद्दचा तो कॉलेजांत इंटर आर्टसाक आसा. ताकाय हांव
ावडटा. आमी थोड्या वर्सांनी लग्न केल्यार तें प्रेमलग्न वा
प्रेमविवाह जातलो,' कुंदान म्हळें.

आ! म्हळ्यार हांवच एकटें प्रेम करिना तर! म्हजेप्रमाण
जायतीं जाणां प्रेम करतात. हांव मामकें खोशी जालें. म्हज्या
नादानच हांव चलपाक लागलें. इतल्यान कुंदान म्हाका फाटल्यान
ओडलें. एके उक्ते स्टँडई गाडयेन म्हाका सरळ धडक दिवपाची.
कुंदान फाटल्यान ओडिल्ल्यानच हांव एका जीवघेण्या अपघातांतल्यान
वांचिल्लें. कँच्यक' असो ब्रेकाचो आवाज जालो. म्हज्या काळजांत
धडधडपाक लागलें. हांवें भिरांतेन थयर पळेलें.

ती उक्ती गाडी थांबिल्ली. गाडयेंत एक रुबाबदार
तरनाटो बशिल्लो. म्हजेकडेन रागान पळेतालो. ताचा-
शेजरा एक तरनाटी बशिल्ली. आरेच्च्या! सुहासाची निळी
साडयेकान्न! आज तिणें हळडुवी साडी आनी हळडुवें पोल्क
घाल्लें. तोंडार तेच उद्दाम भाव. तेंच भावनारहित मरुखपण.
आपूण शुभदाक वळखूंकच नाशें ती दाखयताली. हांव मंत्रमुग्धा-
प्रमाण त्या दोगांयकडेन आळीपाळीन पळेतालें. कुंदान म्हाका
फाटल्यान हात लावन मुखार चलपाक सुचयलें.

त्या रुबाबदार तरनाट्यान रागारागान दोळे वोठे करून
कार फुडें व्हेली. जशें काय हांव म्हळ्यार एक क्षुद्र जंतू आशिल्लें.
म्हाका चिडिल्ल्यार आपणाचेर वोगीच एक रिमत पडटली
आशिल्ली. हें सगळें म्हाका ताणें आपल्या तिरस्कारयुक्त पळोवपान
दाखोवन दिलें.

कुंदान म्हाका कोंपर मारलो.

'शुभे! त्या दादल्याशेजरा बशिल्लें चली कोण जाणा?
ताचें नांव निलिमा जोशी. पक्की चालू चली. खंयच्याय बऱ्या
दिसपी आनी श्रीमंत तरनाट्यांक नादाक लावपाचो ताका छंद
आसा. ताचेशेजरा बसला तो कोण जाणा? एका फॅक्टरी
मालकाचो तो गिरेस्त भुरगो. ताचें आडनांव गोळे.'

'निलीमा जोशी' 'चालू चली,' 'नादाक लावप' आदी
उतरां म्हज्या कानांत केदोवेळ घुमतालीं. म्हळ्यार निलिमान
सुहासाक फकत नादाक लायला तर? तें चालू चली हें ताका
खबर ना? खबर आसूनय ताणें ताचेवांगडा शरीरसूख भोगलें?
हांव चड चड येवजणेंत घुस्पून घरा पावलें.

० ० ०

आयतारा आई आमचो अभ्यास घेनाशिल्ली. आमकां पुराय
विश्रांती दिताली. हरशीं खंयच्याच दिसा आमकां सकाळच्या
साडे स उपरांत आई कशीच न्हिदपाक दिनाशिल्ली. आयतारा
आमी उसरां उठटाली. आठ साडेआठांक.

हांव त्या आयतारा आठांकच उठिल्लें.

उठल्याबराबर सुहासाचेंच विचारमंथन सुरू जालें. चालू
निलिमा जोशीवांगडा सुहासान पाप केल्लें. देवदूताभशेन दिसपी
आनी वागपी सुहास पापी? तोय पाप करता? ताका निलीमा
खरें कशें तें खबर आसा? ताका सोडून दुसऱ्या गिरेस्त आनी
रुबाबदार तरनाट्यावांगडा तें भोंवपाक वता तें खबर आसा? हें
जाणा जावन लेगीत कामवासना आंवरपाक येना आशिल्ल्यान ताणें

निलिमाबांगडा शय्यासुख घेतलें? भायल्यान देवदूताभशेन दिसपी हो भुरगो भितल्यान इतलो वाममार्गी आशिलो?

ना. ना. ते राक्षशिणीनूच– निलिमानूच– ताका नादाक लायला आसतलो. केन्नाच न हांसपी, भावनारहीत मुखामळाचे हे चालू चलयेन सुहासाक उत्तेजित केला आसत. कुंदान सांगिल्ले-प्रमाण हेर दादल्यांभशेनच सुहासाचेंय निलिमाच्या कामुक आनी उत्तान हावभावांखातीर उद्दीपनय जालां आसत. म्हणूनय तो असो व्हांवत गेला आसत.

सुहासाक पाप करतना हांवें पळेल्लो. तरी लेगीत तो म्हाका किद्याक इतलो आवडटा? ताचेखातीर म्हजो जीव उंवाळून उडोवचो अशें म्हाका किद्याक दिसता? ताणें म्हाका किदेंय करपाक सांगल्यार ताका हांव ना म्हणचेंना. ताणें निलिमाक मारिल्ली तशी वेंग म्हाका मारली जाल्यार? ताणें ताचें घेतल्लें तशें चुंबन घेतल्यार? कॉटीर ताका न्हिदयल्लें तशें म्हाका न्हिदयल्यार?

म्हजे ताचेर प्रेम आसा. तो म्हाका खूब आवडता हें ताका कळ्ळ्यार तो म्हजे वांगडा निलीमा सारकी सलगी करतलो? म्हाका ताणें तशे विचारलें जाल्यार? हांव ताका फाफुडटलें? ना. केन्नाच ना. मागीर किदे ताणें म्हाका किदेंय केल्यार आवडटलें? तें पाप जावचेना? जावंदी पाप. तें पाप हें जाणा आसूनलेगीत हांव ते ताचे इत्सेखातीर करतलें?

' तरनाटे न्हिदिल्ले आसतना, उक्त्या आंगान आसतना तांका पळोवचे न्हय' हो कुंदाचो उपदेश हांव सुहासाबाबत पाळी-नाशिल्लें. आई म्हजो अभ्यास घेवन जाल्या उपरांत जेन्ना सुधीराचो अभ्यास घेवंक सुरवात करताली तेन्ना हांव बेगीबेगीन व्हरांड्याचेर येतालें. पॅसेजीत कोणच ना हाची खात्री करतालें आनी ल्हवूच जनेलाचे चिरेंतल्यान सुहासाच्या रुमांत पळेतालें. सुहास येदेवेळार सदांच न्हिदिल्लो आसतालो. सुहासाचे अशें चोरयां दर्शन घेतले-वगर म्हाका बरें दिसनाशिल्लें.

धा वरांचेर इश्कोलांत वचपाक हांव जेन्ना भायर सरतालें तेन्ना हांव परतेंय एकदां सुहासाचें ते चिरेंतल्यान दर्शन घेतालें. केन्नाय व्हरांड्याचेर उवो राविल्लो दिसल्यार, हांव ताचेवांगडा उलोवपाची एकय संद सोडी नाशिल्लें. ताचे नदरेक मुजरत पडचें अश्या जाग्यार वचून हांव व्हरांड्यार उवें रावतालें.

' किदें बेबी?' असो ताचो तांसन्या तोंडान केल्लो उलो आयकून म्हाका धन्य धन्य जातालें. ताणे म्हजेकडेन अशेंच उलयत रावचें अशें म्हाका दिसतालें पूण तो म्हजेकडेन ल्हान चलयेकडेन कवतुकान पळोवचे तशें पळेतालो. ल्हान भुरग्यालागीं उलोवचें तशें उलयतालो.

० ० ०

आयतार आशिल्लो. हांव सकाळी फुडें उठले बराबर ' रविवारची सकाळ ' चाळून पळेतालें. ह्या दिसांनी घरांतलें वातावरण खूबच बदललेलें. त्या दिसा अप्पासायबांक ब्लड–प्रेशर वाडून घुंवळ येतकच आईन आपली आरड, बोब मर्यादित केल्ली. आमकां शिकयतना ' रांडे,' ' चेडये ' आदी विशेशणां ना जाल्लीं. तिका जरी आपलो संताप आवरनामलो, विकृत उलोवप आव नाशिल्लें तरी ती तें आवरपाचो ह प्रयत्न करताली. अप्पासायबांच बलायकेक जिवापाड जपताली. तांका तिडक येत अशें कांय उलयनाशिल्ली. अप्पासायबांक आयिल्ले घुंवळीन तिच्या मना भितर खंयतरी भिरांत उत्पन्न केल्ली. ताचेबगर जियेवप ह कल्पनाच तिका सोंसपाक जाय नाशिल्ली

हांव ' रविवार सकाळ ' वाचतालें. पानांफाटल्यान पान चाळटालें. चवथ्या पानार म्हजे दोळे खिळून उरले. हय. तिचो फोटो. निलिमा जोशीचोच फोटो. सुहासाचे प्रेयसीचोच फोटो. आनी फोटो फकत तिचो एकटेचोच नाशिल्लो. लग्नाचो फोटो आशिल्लो तो ' नांदा सौख्यभरें ' असो ठळक माथाळो दिवन छापिल्लो तो फोटो आशिल्लो निलीमा जोशी आनी शाम गोळे हांच्या लग्नसंमारंभाचो तो फोटो आशिल्लो. हें चली काय राक्षशीण? सुहासावांगडा रममाण जावपी तें फकत एका म्हैन्या भितर दुसऱ्या वांगडा लग्न करून मेकळें जाल्लें. तो श्रीमंत फॅक्टरी मालकाचो चलो म्हणून? ताचेकडेन मोटार आनी पयसो आसा म्हणून?

सुहासाक फकत आपली वासना शमोवपाक ताणें वापरिल्लो.

हांव ल्हवूच उठलें, सुहासाच्या रुमामुखार येवन पळेलें. रुमाक कुलूप आशिल्लें. तरीकय हांवें वोगीच ते चिरेंतल्यान एकदां भितर पळेल. सुहास नाशिल्लो. म्हाका चुकिल्ल्या चुकिल्ल्या भशेन दिसलें. कालय हांवें सुहासाक पळोवंक नाशिल्लो. सुहासाक निलीमाविशीं कळळां काय? ताचें लग्न गोळेवांगडा जालां हें ताका समजलां आसतलें काय? हें निर्लज्य निलिमा आपलेबराबर रमिल्लें तशेंच आतां गोळे वांगडा रमतलें हें कळटकच ताका ताची तिडकबी येवची ना? तो गोळेचो आनी ताचो आत्यंतिक द्वेश करचो ना? ह्या लग्नाचेर ताची प्रतिक्रिया किदें जातली? प्रेमभंगाच्या दुखान तो आत्महत्त्याबी करिना मूं

देवा! म्हजेर उपकार कर. ताका असली आततायी आनी आत्मघातकी बुद्ध दिवं नाका. हांव ताचेर प्रेम करतां म्हाका तो जाय. ताचेखातीर म्हाका किदेंय करीन दिसता.

' शुभी? आज आमी सगळीं ' भानुविलासां 'त स्पेशल शोक वतलीं. काल म्हणटाले ते प्रमाण तूं पिक्चराक येवचेना मुगो? शाळेंत गणेशचतुर्थीच्या रिहर्सलाक वतलें मगो?' आईन म्हाका विचारलें.

' हय आई! म्हजी इश्टीण कुंदा साडेअकरांक हांगा येतलें· उपरांत आमी दोगांय वतलीं. हांव हांगाच रावतां ताचेखातीर, हांवें आईक सांगलें.

धा वरांचेर ब्लॉकाचेर फकत हांवच उरलें, कुंदाची वाट पळेत. हांवें ' रविवारची सकाळ' उखल्ली. आनी हांव व्हरांड्यार गेलें. परतेंय चवथें पान उक्तें केलें. ' नांदा सौख्यभरे ' शिर्शक दिसलें. निलीमा जोशी आनी गोळेचो फोटो पळेलो. मायावी, सुंदर रूप घेतिल्ली राक्षशीण. सुहास राजकुंवर. गोळे राक्षस. राक्षस राक्षशिणीचें लग्न जालां. आतां राजकुंवर आनी राजकुंवरीचें लग्न जावपाक जाय. म्हजें आनी सुहासाचें लग्न. ' नांदा-सौख्यभरे ' शिर्शक दिवन छापिल्लो तसलोच फोटो.

इकाइदेचेर कोणाचीतरी पावलां वाजलीं. हांवें आंग काडलें हय. सुहासच. सुहासच तो. ताचेवांगडा ताचो दुसरो दोतोर इश्ट किशोर साठे आशिल्लो. पयलेच खेप हांवे सुहासाक सिगरेट ओडटना पळेलो. ताचो इश्टय सिगरेट ओडटालो. हांव बेगीन बेगीन इश्कादेवयर येवन उबे रावलें. म्हजें अंतस्कर्ण ताका पळोवन कसलेतरी सुखद संवेदनेन धोलूक लागले. भांगरा केसाच्या राजकुंवरा! यो. हांव तुजेर मोग करता रे म्हज्या राजा! तुजेखातीर हांव किदेंय करीन. हांव तुजेर मरता रे म्हज्या राजकुंवरा!

'हां! किदें बेत्री? आयज आयताराची सुटी मगो?' सुहासान सदचेभशेन हांसत म्हाका हटकिलें. पूण तो वाय्यार उलयल्लेप्रमाण उलयतालो. म्हजेकडेन पळेनासतना. आपल्या इश्टाक घेवन तो आपल्या रुमांत गेलो. हांव किदें जाप दिता तें आयकुपाक थांबनासतना ताणें सोडिल्लो सिगरेटचो धुंवर म्हज्या नाकाक झोंबलो. पूण तो सुहासाच्या तोडांतल्यान भायर आयिल्लो म्हणून हांवें त्या धुंवराचो वास म्हज्या नाकांत सांठयलो. म्हाका तो वास पवित्र लागलो. सुहासान रुमार वतकच भितल्ल्यान खिळी घाली.

हांव ल्हवूच पॅसेजीत गेलें. जनेलाचे ते चिरेक दोळो लावन भितर पळेलें. सुहासाचो इश्ट कॉटीर न्हिदून सिगरेट ओडटालो. सिगरेटचो गोबोर तो हात कॉटीभायर काडून फाफुडटालो. सुहास कदेलार एक पाय वयर काडून बशिल्लो सिगरेट ओडटालो. ताचें उलोवणें स्पश्टपणान म्हाका आयकूंक येतालें. हांवें म्हजे कान सामके जनेलाक तेंकयल्ले. सुहास भायर लोकांक आयकूंक वच्चे न्हय म्हणून ल्हवू आवाजांत उलयतालो.

'कांय दिसांपयलीं ह्याच निलिमावांगडा हांवें मजा मारिल्ली. ना तिणेंच म्हाका ती मारूंक दिल्ली. काणेकडेन एक दीस मेळिल्ले हे चलयेन म्हजेवांगडा वळख वाडयली. सलगी वाडयली. म्हजी इश्टिण कशें ते वागपाक लागलें. म्हाका येटीकेटस शिकोवपाक लागलें. अस्तमतेच्या लोकांचे रिती रिवाज शिकोवपाक लागलें. एक दीस सरळ म्हज्या रुमार आयलें. आनी म्हाका पिक्चराक वचपाचो आग्रो करपाक लागलें. म्हज्या मनाक ताचें अशें फी वागप पटनाशिल्लें. हांव ताचो गुलाम जावपाक तयार नाशिल्लों. हांवे म्हजी मर्यादा सोडूंक नाशिल्ली. पूण ताका हें एक आव्हान कशें दिसलें. ताच्या सौंदर्यामुखार हांव विरघळना म्हणजे किदें? एक दीस दनपरां तें म्हज्या रुमांत आयलें आनी आपले मांडयेक मार लागला अशें सांगपाक लागलें. म्हाका आपली उगती मांडी दाखयली. हांव खुब्ब उद्दीपीत जालों. आनी ताचेवांगडा रतीक्रिडा केली. पयलेच खेप स्त्रीसुख भोगलें. पूण दुसऱ्या दिसा उपरांत म्हाका हांवच गुन्यांवकारी दिसपाक लागलों. हांवें भयांकृत पाप केलां अशें म्हाका दिसपाक लागलें. त्याभायर म्हजे म्हाकाच हांव निलिमाच्या मोगांत पडलां कशें दिसपाक लागलें. हांव पिश्याभशेन ताका मेळपाक भोवूंक लागलों. ताचे विचार म्हाका ग्रासून उडोवपाक लागले आनी चार दिसांपयलीं छत्री हांसत निलिमान आपली निमंत्रण पत्रिकाच म्हज्या हातांत दिली. ताणें आव्हान जिखिल्लें. ताणें म्हाका उल्लू करून नाचयल्लो.

हांव गुन्यांवकार. हांवें पाप केलां. हांवें म्हजें शील, पावित्र्य भंगयलां अशें म्हाका दिसपाक लागलां.

येदोळ पळेलें तुवें किशोर? त्या ल्हान चलयेचे नदरेक म्हाका नदर दिवपाक जालेंना. किद्याक? हांवें एक व्हडलो गुन्यांव केला आनी जगलोकांक तो म्हजो गुन्यांव खबर जाला अशें म्हाका दिसता. आमच्या संस्कारांचो, संस्कृतीचो केदो पगडो आसता आमच्या मनांचेर. वागणुकेचेर! म्हाका जाल्यार म्हजी न्हॅव्हेंस्थानी वाडिल्लेभशेन दिसता.'

सुहास उलयतालो. हांव भायल्यान आयकतालें. किशोर साठे दोळे धांपून सुहास सांगता तें आयकतालो. तो आयकता काय ना हेंच म्हाका कळनाशिल्लें.

सुहासान वापरिल्लीं कितलीशींच उतरां म्हाका नवीन आशिल्लीं. पूण म्हाका ताच्या उलोवण्याचो पुराय अर्थ कळिल्लो. म्हज्या ह्या राजकुंवरान पाप करूंक नाशिल्लें. म्हाका दिसतालें तशें निलिमानच ताका आपल्या नादाक लायिल्लो. पुरूश जातिच्या नेमांप्रमाण तो व्हांविल्लो. ताचो हो गुन्यांव नाशिल्लो. हो गुन्यांव ताचो. ते निलिमाचो. ते मायावी राक्षशिणीचो. ताणेंच ह्या राजकुंवराच्या हातांतल्यान पाप घडोवन हाडिल्लें. हांवें भितर पळेलें.

किशोर साठे आतां उठून बशिल्लो. ताणें सुहासाक म्हळें, 'सुहास! हांव तुका एक गजाल सांगूं? तूं बऱ्या अंतस्कर्णाचो म्हणूनच तुज्या मनाक तुवें केल्ले करणीची टोंचणी लागल्या. तुज्या हातांत जें घडलां तांतून फकत तुजोच अन्याय ना. तुजेकडल्यान हें पाप घडोवन हाडलां. तुका तुज्या 'नॅव्हेंस ब्रेकडावना'चेर एक उत्कृश्ट उपाय सांगतां.

तूं पनवेलाक वच. आनी तुज्या बापोलयाकडेन चार दीस राव. तुज्या आवयबापाय उपरांत ताणींच तुका पोटांतल्या भुरग्याभशेन वाडयला सांभाळळा. तुजे वांगडा फाटी एकदां हांव पनवेलाक गेल्लों. तुज्या काकाचो स्वभाव आनी निवळ रावपाची संवय म्हाका खुब्ब आवडिल्ली. म्हाका तुज्या काकाच्या वागेची आनी मळचाची याद आसा. पनवेलाच्या सैमाची याद आसा. तूं तुज्या काकाच्या आनी निसर्गाच्या सान्निध्यांत आठदीस रावशित तर म्हाका दिसता तुजी इबाडून गेल्ली मानसिक शांती तुका मेळटली. जुंवानपणांत चुको ह्यो जावपाच्योच. ह्या चुकांखातीरच आपणें सुधारपाक जाय हें आमका कळटा. म्हाका आनीक चड कांय एक सांगपाचें ना तुका.' सुहासाचो इश्ट परत कॉटीर न्हिदलो आनी वयर पळोवपाक लागलो.

सुहासान मान हालयली. इश्टाचें म्हणणें ताका पटिल्लें.

'तुजेंच खरें किशोर! म्हज्याय मनांत तेंच आयिल्लें.' सुहासान म्हळें.

इतल्यांत लाकडी इश्कादेर कोणाचीतरी पावलां वाजिल्लीं हांवें आयकलीं.

'शुभदा! ए शुभे' अशे कुंदाचे उले आयकूंक आयले.

हांव वेगोवेग ताका मेळपाक पॅसेजीतल्यान कुंदाकडेन धांवलें.

म्हाका आनंद जाल्लो. म्हाका सुहासाचें अंतरंग कळिल्लें.

ताचेविशीं म्हाका चड माहिती मेळिल्ली. सुहासाक आवयबापूय ना. तो पोरको. म्हज्या मनांत सुहासावयल्या प्रेमाची पातळी उंचावली. दोनच दिसांउपरांत सुहास पनवेलाक गेलो. हुंवाराच्या चार दीस पयलीं.

० ० ०

'हां, आतां तूं जेन्ना जागें जातलें तेन्ना तुका खुपच उत्साही दिसतलें. तूं नोर्मल चली. तुज्यांत कांयच उणीव ना.'

त्या भितल्ल्या आवाजान म्हज्या विचारमंथनाक ब्रेक लायले.

'हां आतां तूं स्वता म्हण. म्हाका खुपच उत्साह दिसता.'

'म्हाका खुपच उत्साह दिसता.'

'हांव नॉर्मल चली.'

'हांव नॉर्मल चली.'

'म्हज्यांत कांयच उणीव ना.'

'म्हज्यांत कांयच उणीव ना.'

आनी म्हाका पिसाभशेन ल्हव ल्हव दिसपाक लागलें. हांव वाऱ्यारच उफेतां असो म्हाका भास जालो. हांवें दोळे उगडले. हांव कॉटीर न्हिदिल्लें. म्हाका खंणभर हांव खंय आसा तेंच कळना जालें. आनी उपरांत म्हाका याद जाली. हांव सुहासाच्या कन्सल्टीग रुमांत आशिल्लें. सुहास म्हाका एकल्याकच थंय सोडून भायर गेल्लो. म्हाका उत्साही दिसतालें. म्हज्यांत प्रचंड आत्मविश्वास भरला अशें म्हाका दिसपाक लागिल्लें.

० ० ०

सुहास

हांव शुभदेक भितरच सोडून भायर आयलों. म्हजी कूड हुमेन थपथपिल्ली. हातांक कडकडो भरिल्लो. कितलें अजापभरीत, खवदूळ घालपी सत्य म्हाका शभदेकडल्यान कळिल्लें! म्हजेर तें पाडस-प्रेम (calf-love) करतालें. ताचें अंतरंग ताणें मृदुपणान वर्णन करून म्हाका सांगिल्लें.

हांवें ताका सगळीं मेळून दोन इंजेक्शनां दिल्लीं. पुराय देड वर तें म्हाका आपलो भूतकाळ उगतो करून दाखयतालें. कितल्या समर्थपणान! ताच्या मनाच्या पडड्याचेर ताचो भूतकाळ खूबच ताजो उरिल्लो. म्हाका दिसलें तें म्हजोच भूतकाळ म्हाका वर्णन करून सांगतालें. म्हाका आनीक आयकूनज जालें.

हें चली म्हजेर इतलें जिवापास्ट प्रेम करतालें? आनी आतां हें चली स्वताक फिजीड, अॅबनॉर्मल समजतालें.

'सुहास! माधवरावान तुका हें पत्र दिला. म्हजेकडेन तुका त्या पत्राची जाप दिवपाक सागलां.'

हांवें वयर पळेलें. जिवोत्तमकाका. आमच्या पनवेलाच्या मळ्यांत खुब्ब काम करपी, अलिप्त रावपी.

'आरे वा! जिवोत्तमकाका! तुमी? माधवकाकांची बलायकी कशी आसा?' हांवें जिवोत्तमकाकांक विचारलें.

'बरी आसा. हांव काल सांजेच्या साडेपांच वरांचेर हांगा पादलों. पूण तुजो हो कन्सल्टींग-रूम वंद जाल्लो. म्हाका तुजो घरचो पत्तो काय खबर नाशिल्लो. हांव हॉटेलांत रावलों. आज तुका सुशेगाद मेळपाक आयलां. हांव आज सांजेचो परतो वतलों. काकांक जाप बरोवन दिता मूं?' ताणें विचारलें.

'ना जिवोत्तमकाका!' हांव आज तुमकां म्हज्या घरा रावोवन घेतलों. तुमी फाल्यां सकाळीं वचात.' हांवें माधवकाकांचे पत्र फोडीत म्हळें. पाकीटांतल्यान एक फोटो भायर पडलो आनी काकाचें पत्र. फोटो एके चलयेचो. भौतेक म्हाका सोयरीक आयिल्ली दिसता. काकांचें पत्र वाचपाक लागलों.

चि. सुहास,

'तुका हे चलयेचें स्थळ सांगून आयलां. चली बि. ए. जाल्या. सुंदर आसा. हें मुकुंदराव सान्यांचें निमणें चली. म्हाका कितलेश्याच गजालींचीं तो आश्वासना दितालो. हांवें ताका म्हळें पयलीं आमच्या चल्याची पसंती. उपरांत फुडलीं उलोवणीं.

म्हाका दिसता तुका आतां आडतिसावें वर्स लागलां. तुवें वेगोवेग आतां लग्न करप बरें. तुका चली दाखोवपाक मुंबय येवपाची सानेची तयारी आसा. जिवोत्तमाकडल्यान तेप्रमाण रकाद धाडचो.

तुजो,
माधवकाका

हांवें फोटो आनी पत्र परतें पाकिटांत घालें.

'जिवोत्तमकाका! तुमी मातशे हांगा बसात आं. म्हजो एक पेशंट भितर आस.' हांव भितर गेलों. जिवोत्तमकाका बसलो.

शुभदा पुराय शुद्धीर आयिल्लें. ताचे दोळे उगते आशिल्ले. म्हाका पळोवन तें हांसलें. हांवय हांसलों. पूण ताच्या दोळ्याक दोळो दिवपाक म्हाका जालेंना.

'किदें बेबी! हांव डू यू फील!' हांवें विचारलें.

'माव्हेंलस. म्हाका खूब्ब बरें दिसता, डॉक्टर! म्हाका हरशीं दोतोरकीचें गिन्यान आशिल्ल्यान' 'नार्को अॅनॅलीसीस' (narco analysis) म्हळ्यार किदें 'थिओपेंटोन सोडीयम' (theopentone sodium) पेशंटाचेर कसो परिणाम करता हें खबर आसा. पूण तुमी इंजेक्शन दिल्याउपरांत हांव फकत म्हजेभितरच येवजितालें अशें म्हाका दिसलें. किदें येवजितालें ताची म्हाका याद जायना, शुभदान म्हाका सांगलें.

हांव हासलों. हांवें सोडून काडिलें म्हजें इंजेक्शनच तशें प्रभावी आशिल्लें. तें दिना फुडें पेशंट मगळें किदें लिपयनासतना, घडिलें तशें सविस्तर वर्णन करून सांगता. पूण पेशंटाक मात आपूण उलोवंकूच ना. फकत येवजितालों अशें दिसता. दोतोर आसून शुभदाकय अशेंच दिशिल्लें. हांवें ताका म्हजो टेप रिकॉर्डर वाजोवन दाखयल्लो जाल्यार?

'दॅटस ओके, बेबी! आनीक एक फावट फाल्यां णव वरांचेर येवपाक जातलें तुका हांगा? म्हाका आनीक एक सेशन घेवचें

पडटलें.' हांवें शुभदाक म्हळें.

'उपकारता डॉक्टर ! हांव फाल्यां येतां.' तें उठलें. आमी दोगांय भायर आयलीं.

'कोण ? जिवोत्तमकाका !' शुभदा जिवोत्तमकाकाक पळोवन मातशेशें किळचलें.

'शुभदा !' जिवोत्तमकाकान अजापान ताचेकडेम पळलें. 'तूं हांगा कशें !'

'तुमकां पकडपाक... आतां उलयात. पयर अशे पळून गेल्लेभशेन तुमी किद्याक गेले ?' शुभदान ताका विचारलें. ताचो आवाज आनी मूड प्रफुल्लीत जाल्लो.

'बेबी ! तुजी आनी आमच्या जिवोत्तमकाकाची वळख आसा ?' हांवें शुभदाक विचारलें.

'तुमचे जिवोत्तमकाका ?'

'हय. ते आमचे काका. आतां पनवेलाक आसतात' हांवें ताका सांगलें.

'सांगात न्हय, जिवोत्तमकाका ! तुमी त्या दिसा अशे म्हाका सोडून झराझर चलत नाच्च किद्याक जाले ? हुंवाराच्या वेळारय म्हजी आनी अप्पासायबांची गाठ घालून दितकच तुमी अशेच अदृश्य जाल्ले.' शुभदा ताका कृत्रिम रागान खडसायतालें.

'म्हाका काल वेळ जातालो. ह्या सुहासाक गांठपाचो आशिल्लो म्हाका' जिवोत्तमकाका चुळबूळ करीत जाग्यावयल्यान उठलो. म्हाका दिसलें ताका बेगीन भायर सरपाची घाई जाल्या. आमकां थंयच सोडून आपणें पळपाचो ताणें बेत केला.

'जिवोत्तमकाका !' शुभदान फुडें येवन ताचो दावो हात आपल्या दोनय हातांनी धरलो. 'जिवोत्तमकाका ! तुमी म्हजेर रागार जाल्यात काय किदें ? म्हजें किदें चुकलें बी ?'

हांवें पळेलें. शुभदाच्या दोळ्यांत उदक आयिल्लें.

'डॉक्टर ! ह्या जिवोत्तमकाकांनी हुंवाराच्यावेळार म्हाका खुब्ब आधार दिलो हाणींच अप्पासायबांक सोडून काडले. आमच्या दोगांयचीय भेट घडोवन हाडली. पूण हे आमचेकडेन खुब्ब अलिप्तपणान वागून पयस गेले. काल परतीय सुमार चवदा वर्सांनी भेट जाली. हाणीं म्हाका वळखलें. पूण म्हजेकडेन चड कांयच उलयनासतना ते अलिप्तपणान परतेय नाच्च जाले. जिवोत्तमकाका ! सांगा मूं ? म्हजे किदें चुकलें ?' शुभदाच्या दोळ्यांतल्यान दुकां गळपाक लागलीं. खुबच भावनाप्रधान जाल्लें तें. ताणें अद्याप जिवोत्तमकाकाचो दावो हात घट्ट धरून दवरिल्लो.

'तशें न्हय, शुभदा ! तुजो गैरसमज जाता. हांव तेन्नाय आनी कालय घाईंत आशिल्लों,' जिवोत्तमकाकान आड्खळत, चुळबूळ करीत म्हळें.

'तर मागीर आतां तुमी म्हज्या घरा येवपाकच जाय. काल अप्पासायबांक म्हजी तुमची भेट जाल्ल्याचें सांगिल्लें. ते खूपच कळवळ्ळे. तांका तुमकां मेळपाचें आशिल्लें. तुमी येता मूं, जिवोत्तमकाका ? येयातच तुमी. येयातच. ना म्हणूं नाकात' शुभदान काकुयटेक येत ताका सांगलें.

'ते तुमच्या घरा येतले आनी आतांच येतले. हांव तांका आतां तुमगेर व्हरपाचो आसां' हांवें म्हळें.

'डॉक्टर ! तुमकां आनीक ॲपॉयटमेंटम बी ना ?' शुभदान विचारलें.

'आसात. पूण सांजेक. तीन वरांउपरांत. हांव आयलोना जाल्यार हे जिवोत्तमकाका तुजो हात सोडून पळटले,' हांवें मुमुरल्यांनी हांसून म्हळें. शुभदाक लज जाली. ताणें खऱ्यानीच जिवोत्तमकाकाचो हात घट्ट धरून दवरिल्लो. ताणें तो सोडलो. जिवोत्तमकाका अस्वस्थ चुळबूळ करताले.

हांव त्या दिसा शुभदाच्या घरा गेलों. ग्रँटरोडार पयल्या मजल्यार आशिल्या एका फ्लॅटांत तें रावतालें. ताच्या बापायक. अप्पासायबांक हांव मेळ्ळों. ते आतां इन्कम टॅक्सांतल्यान रिटायर्ड जाल्ले. घरांतच चडशे आसताले. वाचन करीत इजीचेअरार ते बसूनच आसताले. तांचे केंस आतां पिकिल्ले.

म्हाका पळोवन तांका खुब्ब खोस भोगलो. जिवोत्तमकाकांक तर ताणीं आनंदान वेंग मारली. म्हजें खाड पळोवन पयलीं म्हाका ते वळखलेच ना.

'शुभी ! आयज तुमची तिगांयचीय गांठ कशी पडली ?' अप्पासायबानी शुभदाक विचारलें.

अप्पासायब ! आयज हांव सहज हांका मेळपाक म्हणून हांच्या कन्सल्टिंग रूमांत गेल्लें. थंय हेय आयिल्ले. हांचें आनी सुहासांचे नातें आसा. जिवोत्तमकाका आतां पनवेलाक आसतात. सुहासांच्या काकांगेर.' शुभदेन आपल्या बापायक जाप दिली. उपरांत ताणें म्हजेकडेन स्थीर नदरेन पळेलें. जशें काय ताका सुचोवपाचें आशिल्लें –हांव तुजेकडेन ट्रीटमेंटाक आयिल्लें हें बापायक सांगू नाका.

जिवोत्तमकाका अलिप्तपणान पळताले. अबोल राविल्ले. फकत अस्वस्थ चुळबूळ करताले.

'हें पळे जिवोतम ! तुमकां आयज आमगेर रावचेंच पडटलें,' अप्पासायबान जिवोत्तमकाकाक आग्रो करीत म्हळें.

'नाका, नाका म्हाका आयज वचूंदी. म्हाका खूब्ब घाई आसा,' जिवोत्तमकाकान सगळ्यांची नदर ताळत म्हळें.

'काका ! तुमी आयज हांगा किद्याक रावनात ? फाल्यां णव वरांचेर तुमी म्हज्या कंन्सल्टींग रुमार येयात. हांव माधवकाकांक पत्र बरोवन दवरतां. त्याभायर तुमी हांगा रावल्यार अप्पासायब आनी शुभदाक खुब्ब खोस भोगतली' हांवें म्हळें.

'नाका ! नाका ! सुहास ! म्हाका खुब्ब घाई आसा. तूं आयजच माधवकाकांक पत्र बरोवन दी. हांव आयज सांजेच्या गाडयेंत वतां,' जिवोत्तमकाकान अलिप्तपणान म्हळें.

'जिवोत्तमकाका ! तुमी अशे आमचे पासून पळूनशे किद्याक वतात ? हांव परतेंय तुमकां विचारता आमचें किदें चुकलां बी ?' शुभदाक परतेंय रडपाक आयलें.

जिवोत्तमकाका गलबल्लो.

'बाय शुभदा ! वोगी तूं आं. हांव रावतां आयज तुमगेर. तूं रडूं नाका,' जिवोत्तमकाकान सदगदीत जावन म्हळें. सगळ्यांच्या

॥ तमसो मा ज्योतिर्गमय ॥

दिवाळेचीं
हुनहुनीत परबीं
आनी नव्या वर्साखातीर शुभेच्छा !

माया
बुक स्टोअर्स

मार्शोन बिल्डींग
लोहिया मैदानालागीं
मडगांव–गोंय

फोन : २१७५९

तोंडार खोश्येचें हांशें फांकलें. आमकां शुभदान च्या दिली.

'ओके बेबी ! हांव वतां. फाल्यां णव वरांचेर हांव वा पळेतां तुजी. जिवोत्तमकाकांक घेवन यो.' हांव्रें म्हळें आनी हांव भाय सरलों. शुभदा म्हाका पावोवपाक रस्त्यार आशिल्ले मोटारीमेरेन आयलें.

डॉक्टर ! तुमच्या इंजेक्शनान किदें किमया केल्या कोण जाणा ! म्हाका सामकें उत्साही दिसता. इतलो आनंद म्हाका कितलीशींच वर्सां जावंक नाशिल्लो, शुभदान म्हाका प्रामाणिकपणान सांगलें. हांव हांसलों. पूण म्हाका ताच्या दोळ्यांक दोळो भिडोवपाक जालेंना.

'बाय बाय बेबी !' हांवें गाडी स्टार्ट केली. शुभदा कितलोसोच वेळ म्हाका हात हालयत उबें रावलें. हांवें हारश्यांतल्यान ताका पळेलें. म्हजी गाडी पयस वताली. तरी लेगीत तें तशेंच एकलेंच पिश्याभशेन म्हाका हात हालयत राविल्लें.

० ० ०

हांव म्हज्या घरा गेलों. मोटारींत दवरिल्लो टेपरिकॉर्डर घरा हाडलो. म्हज्या जाण्टेल्या चाकराक शंकराक स्ट्रॉंग नेशकॉफी करपाक लायली. हो शंकर म्हजेर आवयन करची तशी माया करतालो. म्हज्या जेवणाखाणाची बेसवरी जतनाय घेतालो.

हांवें कॉफी पियेत टेपरिकॉर्डराक हेडफोन लायलो. शुभदा देड वर जें विदारक उलयल्लें तें परतें आयकुपाक लागलों. हें चलों म्हाका भांगरा केंसाचो राजकुंवर कल्पितालें. स्वता परीकल्पनेंत वावुरतालें. कितलें निर्व्याज प्रेम करतालें तें म्हजेर ! म्हाका ताणें प्रत्यक्ष समागम करतना पळेल्लो. तरी लेगीत तें म्हजेर मरतालें. आनी आतां ? स्वताक फ्रिजीड समजतालें तें. ताच्या अंतःर्मनाक हांवें suggestions दिल्लीं म्हणून तें खुबच उत्साही जालें. तें इतले सलगीन जिवोत्तमकाकांक, म्हाका तागेर रावपाचो आग्रो परतो परतो तेचखातीर करतालें.

ताका शृंगारिक कथा वाचताना सिनेमा, पळेतना ओकूंक येतालें. घुंवळ येताली. फाल्यां ताका हांव देड वर आनीक एक खेप उलोवपाक लायतलों. ताका अशें फ्रिजीड दिसपाक कारण किदें जालें हें म्हाका कळटलें. म्हाका अकस्मात याद जाली. डॉ. आपटेन म्हाका शुभदेक हॉस्पिटलांत लेक्चर चालू आसतना घुंवळ आयिल्याचें म्हाका सांगिल्लें.

हांवें फोन उखल्लो. डॉ. आपटेचो नंबर घुंवडायलो.

'हॅलो ! डॉ. दोडगे हियर ! डॉ आपटे ! म्हाका एक सांगात पळोवया. त्या दिसा फोन करून तुमी म्हाका मिस रेगेविशीं सांगिल्लें. तुमी म्हाका सांगिल्ली याद जाता. तुमचें लेक्चर चालू आसतानाच ताका घुंवळ आयिल्ली न्हय ! तुमचें लेक्चर किद्याचेर आशिल्लें ?' हांवे विचारलें.

'गुप्त रोगाचेर. हांव स्टुडंटसांक सिफिलिसचो एक पेशंट दाखयतालों. आनी तेन्नाच मिस रेगे फिट येवन पडलें. दुसरी गजाल म्हळ्यार मिस रेगे त्या पेशंटाक वळखतालें जावंक जाय. शुद्धीर येतकच तें खंय एकलेंच त्या पेशंटाकडेन वचून किदेंतरी उलयलें. तो

पेशंट खंय थर्न भियेलो. आत्यंतिक भंयान ताचो हार्टफेल जालो. प्रस्न पडटा तो इतलोच. मिन रेगेक तो पेशंट इतलो कियाक भियेलो ?' डॉ. आपटेन म्हळें, ' एनी वे ! व्हॉट आर यूवर फांयडींग्स डॉक्टर ?'

' शी इज ओके डॉ. आपटे ! आय वॉट टू स्टडी हर केस अ बिट मोर. थँक्यू व्हेरी मच,' हांवें फोन सकयल दवरलो. त्या रोगाचें भयानक वर्णन आयकून ताका घुंबळ आयिल्ली काय त्या पेशंटाक पळोवन आयिल्ली ? हे चलयेन म्हजेर जिवापाड प्रेम केल्लें हे चलयेन किदेंतरी भिरांकूळ अणभव सोंशिल्लो. तेखातीरच ताच्या सगळ्या स्त्रीसुलभ भावनांचो चुरो जाल्लो. ताका आपूण थंड, फ्रिजीड जालां अशें दिसतालें.

हांव शुभदाच्या सामक्या प्रेमांत पडलों. हांव हे चलयेक ताच्या मानसिक पिडेंतल्यान बरें करतलों. हांव हाचेच वांगडा लग्न करतलों. ताणें म्हाका नकार दिलो जाल्यार ? दिलो जाल्यार दिलो. तें बरे जातकच हांव ताका सरळ लग्नाविशीं विचारतलों. हांव जाच्या सोदांत आशिल्लो, ती म्हजी साथीदारीण तेंच आशिल्लें.

हांवें दनपारचे जेवण घेतलें आनी माधवकाकांक पत्र बरोवपाक घेतलें.

ति. माधवकाका,

सप्रेम नमस्कार. तुमचें पत्र मेळ्लें. मजकूर कळ्ळो. हांव स्पष्ट बरयतां म्हणून रागार जावचें न्हय. हांवें एके चलयेक पसंत केल्या. म्हाका फकत एका म्हयन्याचो अवधी दिवचो. ते चलयेकच घेवन हांव पनवेलाक येतां. तुमचो आशिर्वाद घेवपाक. पत्रावांगडा तुमी धाडिल्लो फोटो परतो धाडटां. श्री. सानेक म्हजो न्हयकार कळवचो.

जिवोत्तमकाकांकडल्यान तुमचेखातीर वासाची तपकीर धाडतां.

बरें मागून,

तुमचो,
सुहास.

पत्र बरोवन जातकच हांव हांतरुणार पडलों. आनी शुभदेचोच विचार करपाक लागलों.

म्हजी प्रेयसी आनी बायल कशी आसची हाचो म्हज्या मनांत एक विचार कायम जाल्लो. हांव म्हज्या मनांतले चलयेखातीरच लग्न जावपाचो राविल्लों. आनी म्हाका म्हजें तें चली मेळिल्लें. तें शुभदाच आशिल्लें.

सुंदर, सात्विक मुखामळाचें शुभदा ! तपःश्चर्या करपी एकादश्या तपस्विनीसारकें दिसतालें. ताचें व्यक्तिमत्व खूबच धक्कादायक, कटू अणभव घेवन घडिल्लें हाचेविशीं म्हाका दुबाव उल्लोना.

म्हाका डुलकी लागली. हांव जागो जालों तेन्ना अडेज वरां जाल्लीं. हांवें बेगीबेगीन कपडे घाले आनी कंन्सल्टींग रुमांत वचपाक भायर सरलों.

शुभदाचेच विचार मनांत घोळपाक लागले. शुभदा भावनाप्रधानय जातालें. जिवोत्तमकाका अलिप्तपणान वागपाक लागलो तेन्ना तें खरेपणान रडपाक लागिल्लें. चवदा वर्सांपयलीं जिवोत्तमकाकान ताका आधार दिल्लो ती मदत ताका विसरपाक जालीना. ताका ताणें आपलो मानिल्लो. ताणें जिवोत्तमकाकाविशीं चवदा वर्सांपयलीं आपल्या मनांत एक नातें निर्माण केल्लें. आनी आयज चवदा वर्सांउपरांतय ताणें तें नातें जश्याक तशें राखून दवरिल्लें.

चवदा वर्सांपयलीं शुभदा म्हजेर प्रेम करतालें. चवदा वर्सांउपरांत ताचे तें प्रेम तशेंच उरलां आसात काय ? इंम्पॉसिबल. प्रत्येक प्रौढ न जाल्ली चली चडशें अशेंच calf-love करता. प्रौढ जातकच तें तेम ह्यो चलयो विसरून वतात. तांचो दृश्टीकोन वस्तुनिश्ट जाता. हांव मानसशास्त्र जाणां पूण म्हाका भितरल्यान दिसता, खुब्ब दिसता. शुभदान म्हजेवयलें तें प्रेम तशेंच राखून दवरचें. तें प्रेम विसरचें न्हय. कारण हांव ताच्या खुब्ब प्रेमांत पडिल्लों. म्हाका तें जाय आशिल्लें.

पूण तें आतां म्हजेर प्रेम करिनाशिल्लें. आपल्याक फ्रिजीड समजतालें. अशें कियाक ? ड्रायव्हींग चालू असतनांच म्हजें मन किळचतालें.

० ० ०

शुभदा

जिवोत्तमकाकान आमगेर त्या दिसा रावपाचें मानून घेतलें आनी म्हाका खुब्ब खोस भोगली. हांवें सुहासाक च्या दिली. स्वता शिरो केलो... पूण म्हज्या लक्षांत मात एक गजाल आयली. सुहास म्हजेकडेन पळोवपाचें ताळटालो. कियाक काय ?

हांव ताका पावोवपाक ताच्या मोटारीमेरेन गेलें. ' बाय बाय बेबी ' अशें म्हणून ताणें गाडी फुडें व्हेली. हांव पिश्याभशेन ताच्या फाटल्यान पळेत हात हालयत रावलें. चवदा वर्सांपयलींची राजकुंवरी भांगरा केंसाच्या राजकुंवराक निरोप दिताली.

हांवें आयज कॉलेजाक दांडो मारपाचें थारायलें. सांजेचे हरशीं क्लास आशिल्ले.

' जिवोत्तमकाका ! उलयात ! हांव तुमचेखातीर किदें करूं ? तुमच्या आवडीचो पदार्थ खंयचो ?' हांवें जिवोत्तमकाकांक विचारलें.

जिवोत्तमकाका सामको पिकलो. ताका आपलो भावनातिरेक आंवरना जालो. ताच्या दोळ्यांतल्यान दुकां गळपाक लागलीं.

अप्पासायबांक आनी म्हाका खुबच अताप जालें.

' जिवोत्तम ! किदें जालें ? खंयचें दुखव तुमका त्रास करता ?' अप्पासायबान जिवोत्तमकाकाक विचारलें.

' किदें जालें जिवोत्तमकाका ? तुमी इतले दुखी कियाक ?' हांवेंय विचारलें.

' म्हाकाय एक चली आशिल्ली बाय ! वासंती ताचें नांव. हुंवारापयलीं देड म्हयनो तें पेडुचार जालें नं म्हाका हुंवारांत मेळ्लें.

वासंतीत आनी तुज्यांत खुब्ब साम्य आशिल्लें. म्हाका दिसलें देवानच म्हाका वासंती जिवें करून भेटयलां. हांव सामको अभागी, बाय! हांव जांचेर माया करपाक लागतां तांका देव व्हरता. म्हाका तुजी माया लागची न्हय म्हणूनच हांव तुजेपासून पयस पळटालों. म्हजें वासंती आयज आशिल्लें जाल्यार तें जुस्त तुजेयेदें जातलें आशिल्लें. तुजेभशेनच दिसतले आशिल्लें. 'जिवोत्तमकाकाक आपलें रडप आंवरूंक येना जालें. म्हज्या आनी अप्पासायबाच्या दोळ्यांतय दुकां उबी रावलीं.

'जिवोत्तमकाका! म्हाका तुमचें वासंतीच समजा,' हांवें ताका सामकें आकुळ-पिकुळ जावन म्हळें.

'खऱ्यानींच सांगता, जिवोत्तम! पनवेलाकसून अदीं अदीं आमचेकडेन रावपाक येयात. तुमच्यासारक्या देवमनश्याची माया लाभली जाल्यार कोणाचेंय भाग्य उजळटलें. दुख्ख नक्कीच जावचेंना,' अप्पासायबांनी म्हळें.

आनी जिवोत्तमकाका मनश्यांत आयलो. ते आनी अप्पासायब खुब्ब गजाली करपाक लागले. ताणें पनवेलाचें वर्णन केलें. सुहासाविशीं खुब्ब माहिती दिली. आपणें हुंवाराउपरांत किदें किदें केलें तें सांगलें.

'जिवोत्तम! ह्या सुहासाचें लग्न-बिग्न जालांच आसतलें.' अप्पासायबान ताका विचारलें.

'ना. ताका इतलीं स्थळां सांगून येतात. तो प्रत्येक स्थळ नाकारता. ताका आयज आडतिसावें वर्स चलता. पूण लग्न जावपाचें तो ताळटा. आयजूच पळेयात न्हय. ताच्या काकाकडेन ताचेखातीर एके चलयेचें स्थळ आयिल्लें. ताणे म्हाका मुद्दम ते चलयेचो फोटो देवन ताचेकडेन धाडिल्लो. तर ताणें म्हाका म्हळें हांव फाल्यां जाप देतां. म्हळ्यार किदें? फाल्यां परतोय तो नक्की नकार दितलो. तो बेसबरो परदेशांत रावून आयिल्लो दोतोर! आपले पिरायेची स्थिती हुंपली तरी लेगीत लग्न जावपाक सोदिना. हाका किदें हणपाचें?' जिवोत्तमकाकान सात्विक संतापान म्हळें.

म्हजें कालीज अकस्मात सकयल देविल्लेभशेन जालें. सुहासान लग्न करूंक नाशिल्लें? किद्याक? निलिमा जोशीन ताचो भ्रमभंग केलो म्हणून? किद्याक करूंक नाशिल्लें ताणें लग्न?

'जिवोत्तम! सुहासान खाडमिश्यो किद्याक वाडयल्या? आजन्म संन्यस्त रावपाचो तर ताचो बेत ना मूं?' अप्पासायब सुहासाची जिवोत्तमकाकाकडेन खुपच चवकशी करताले.

'शें! शें! दोन म्हयन्यांपयलीं खाड करतना ताच्या तोंडाक सेप्टिक जालें. तें सेप्टीक पातळचें न्हय म्हणून ताणें खाड वाडयलां. हांव फाल्यां वतना ताका सांगपाचो आसां. बाबारे! तूं हें खाडमिश्यांचें जंगल कापून उडय.' जिवोत्तमकाकान हांसत म्हळें.

हांवें जिवोत्तमकाकाखातीर बटाटवडे आनी श्रीखंडपुरयेचो बेत केल्लो. जिवोत्तमकाका बेसबरो वागलो म्हजेकडेन. हांव आनीक कांय म्हयन्यां उपरांत दोतोर जातलें हें आयकून तर ते खोशी जाले. आकुळ-पिकुळय जाले.

'चवदा वसांपयलीचें इल्लेशें चली आतां दोतोर जातलें तर! काळ कसो बदल घडोवन हाडटा पळेयात!' ताणें अप्पासायबांक म्हळें.

० ० ०

ते रातीक हांव न्हिदलें. फांत्या पाऱ्यार म्हाका तें भुरगेपणांचें सपन पडलें. हांव राजकुंवरीच्या भेसांत धवोफुल्ल झगो घालून भांगराच्या रथांतल्यान वतालें. म्हज्या रथासामकार दुसरो भांगराचो रथ आडवो आयलो. त्या रथाक दोन धवेफुल्ल घोडे ओडटाले. त्या रथांतल्यान भांगरा केंसाचो राजकुंवर पिटीक करून उडी मारून म्हज्या रथाकडेन आयलो. ताणे म्हाका कंबराक धरून सकयल देंवयलें आनी म्हज्या कंबराभोंवतणी घट्ट विळखो घालून आपल्या रथांत व्हरून बसयलें. हांव त्या राजपुत्राक वळखलें. तो भांगरा केंसाचो घारश्या दोळ्यांचो सुहास आशिल्लो. ताणें म्हाका लागीं ओडलें आनी हांव जागें जालें. म्हजें सगळें आंग घामान चिप्प भिजिल्लें. आनी म्हज्या दोळ्यांतल्यान दुकां व्हांवतालीं.

म्हाका ती दुकां कसलीं तें कळना जालें. दुख्खाचीं काय खोशयेचीं? सफलतायेचीं काय विफलतायेची? हें सपन पूण म्हाका कितलेश्याच वर्सानीं पडिल्लें हांव जागें जालें तेन्ना म्हाका मात सुहासान लागी ओडिल्लें आसतनाय किळस दिसूंक नाशिल्ली. उरफाटे म्हज्या मनांत बलदायी विचार निनादताले.

'म्हाका खुबच उत्साही दिसता.'

'हांव नॉर्मल चली.'

'म्हज्यांत कांयच उणीव ना.'

फांतोड जाल्ली. लागींच्या देवळांत फांतोडेवयलो चौघुडो वाजतालो. म्हाका चौघुड्यावांगडा येवपी शेनायेचे सूर कानाक खुबच मधूर लागले. भौतेक नवरात्रांचे दीस आशिल्ले.

० ० ०

सकाळीं च्या बी घेतकूच जिवोत्तमकाकान अप्पासायबांचो प्रेमान निरोप घेतलो. अप्पासायबान ताका परतो परतो आमगेर येवन रावपाचो आग्रो केलो.

जिवोत्तमकाका आनी हांव बराब्बर णवांक पांच मिनटां आसतना सुहासाचे क्लिनिकांत पावलीं. सुहास आयिल्लो. भायरूच बशिल्लो.

'गुड मॉर्निंग बेबी!' ताणें म्हाका वीश केलें.

'गुड मॉर्निंग, डॉक्टर!' हांवें म्हळें.

'किदें जिवोत्तमकाका! कशी किदें सरबराय जाली तुमची हांतोर?' सुहासान हांसत विचारलें. मागीर एक बंद पाकीट ताचेकडेन दिलें आनी म्हळें 'माधवकाकांक दियात.'

'हयकार काय न्हयकार?' जिवोत्तमकाकान विचारलें.

'तें सगळें ह्या पत्रांत बरयल्लें आसा,' सुहासान विशय टाळीत म्हळें.

'सुहास! तुका एक सांगू?' जिवोत्तमकाकान विचारलें.

'सांगात न्हय.' ताणें म्हळें.

'तूं तें खाड-मिश्यांचें रान साफ किद्याक करिना? लोकांक तुवें संन्यस घेतिल्लेभशेन दिसतलें. तुजें सेप्टीक अद्याप बरें जावंक

?' जिवोत्तमकाकान विचारलें.

सुहास मुरमुरक्यांनींच हांसलो. म्हाकाय हांसप आंवरना लें.

' ओके, काका ! फाल्यां सकाळीं हांव गुळगुळीत खाड करून ां. सामकें प्रोमिज', ताणें म्हळें.

जिवोत्तमकाकान ' हुं ' असो हुंकार दिलो आनी तो पनवेलाक पाक भायर सरलो.

' येतां गोव, शुभी ! ' वतना ताणें म्हाका सांगलें.

० ० ०

' नाव बॅक टू पॅव्हिलियन. भितर वच.' सुहासान म्हाका ायलें. म्हाका ताणें तें इंजेक्शन तोपलें. म्हाका पिसाभशेन ल्हव व दिसपाक लागलें. भितरल्यान कोणतरी सुचोवपाक लागलो.

' हांव नॉर्मल चली.'

'म्हज्यांत कसलीच उणीव ना.'

' म्हाका खुब्ब उत्साही दिसता.'

आनी भित्तर खोल खंयसून तरी तो गंभीर आवाज आयलो.

' अजूनमेरेन हुंवारापयलीचे तुजे जिणेचो भाग पुराय तुवें गूक ना. पुराय सांगून उडय.'

' हय ! हांव सगळेंच सांगपाचें आसां, ' ' हांवे त्या आवाजाक ळें. म्हजी त्या आवाजाक कसलेंय सहकार्य दिवपाची तयारी शिल्ली.

हुंवाराआदीं चार दीस सुहास पनवेलाक गेल्लो.

कुंदाची आनी म्हजी इश्टागत चड दाट जाल्ली. आमी गांय इंटरव्हालांत आनी शाळा सुटतकच लैंगिक आचार–विचार नी बायल–दादल्यांचो शरीरसंबंध ह्या विशयांचेर उलयत वताली. जें ह्या विशयावयलें गिन्यान खुब्ब वाडिल्लें. कुंदान ताच्या वयन ताका दिल्लें लैंगिक गिन्यानावयलें पुस्तक म्हाका वाचूंक ल्लें. तें वाचतकच म्हाका जायत्यो गजाली समजल्ल्यो.

० ० ०

हुंवाराच्या दिसा आईन घाल्लीं गणितां शांतपणान आनी काग्रतायेन सोडीत बशिल्लें हांव. आईचें अप्पासायबावयलें प्रेम ाका कळिल्लें. तिणें आपल्यो सदच्यो बोबो–हुयेलो, गाळीफस्ती नी आमकां भुरग्यांक मारप पुरायेन थांबयल्लें. हांव पयलीं ईची सूक्ष्म प्रमाणांत नसाय करतालें. आतां म्हाका आईची खुबच कुयट दिसताली. आई म्हाका मनापासून आवडूंक लागिल्ली. म–विवाहाउपरांत आईचें अप्पासायबावयलें प्रेम आटून गेलां काय दें असो प्रस्न म्हाका पडटालो. पूण आतां तिचें प्रेम भरती ियल्ले न्हंयेभशेन व्हांवतालें हें म्हाका समजल्लें. अद्यापय अदीं- दीं तिचो संताप उसळी मारून भायर येतपाक सोदी. ती कांय ळ बोब मार लेगीत. पूण रोखडीच गुन्यांवकाराभशेन वोगी बस. प्पासायबांक त्रासबी जालो काय म्हणून साशंक जावन तांचेकडेन ळेताली. आपली तिडक आंवरपाची धडपड करी. खूब्ब यत्न करी. ा असल्या आत्मसंयमान केन्नाकेन्नाय तिका रडपाक येतालें. श्यावेळार ती तोंड रोंमून रड रड रड.

दिवाळेचीं परबीं
आनी नव्या वर्साच्यो
शुभेच्छा !

मे. डी. व्ही. कामत
ॲण्ड ब्रदर्स

न्यू मार्केट

मडगांव–गोंय

फाटले पांच दीस सामको घोग्याचो पावस पडटालो. जोग बिल्डिंगेच्या उजव्या वटेन लकडी ब्रिज दिसतालो. आयज न्हयेंक हुंवार आयिल्लो. उदक वाडिल्लें. हांव दरवर्सा व्हयेक हुंवार येतकच व्हरांड्यार उबें रावून हुंवाराच्या उदकांत उडयो मारपी धाडशी लोकांक पळतालें. वर्तमानपत्रांनी मागीर दरवर्सा 'हुंवारांत व्हांवून गेलो' ह्या मथळ्याखाला खंयच्यातरी धाडशी तरनाट्याच्या अपघाती मर्णाची बातमी वाचपाक मेळ. पूण दर वर्सा हुंवार येतकच धाडशी लोक हुंवाराचें आव्हान स्विकारतालेच.

'आरेच्या! पुलावयल्यान उदक वचपाक लागलें,' भायल्यानच्यान कोणेंतरी म्हळें.

आमी भुरग्यांनीं व्हरांड्याचेर गर्दी केली. न्हंयचें उदक वाडतच आशिल्लें. हां हां म्हण्टा म्हणसर इराण्याचें हॉटेल आनी अलका थिएटरांतल्यान उदक व्हांवपाक लागलें. दुकानदारांची आनी लोकांची धांवाधांव सुरू जाली. लोक आपलो जीव वांटोवपाक धडपडपाक लागले. पळपाक लागले.

उदकांतल्यान कितल्योश्योच म्हशी, बदकां, लाकडाचे ओंडके, बैल व्हांवत वतना दिसताले. प्रत्येक जनावर आपआपलो जीव वांटावपाची दगनीय धडपड करतालें.

'आरे म्हज्या बाबा! हें किदें? हुंवाराचें उदक जोग बिल्डिंगेत घुसलें मरे?' कोणतरी आडुलो.

हांवें पळेलें, जाल्यार खरें. तळमजल्यार धोंपरभर उदक जाल्लें. उदकाची पातळी जलद वाडटाली. उदकाक वेगय खूब आशिल्लो. उदक आपल्याबराबर लहान पानां, लाकडाच्यो कापट्यो व्हांवयत आमचे बिल्डिंगेंत घुसतालें. जोग बिल्डींग चारी वाटांनी उदकान वेडिल्ल्या जुंव्याभशेन दिसताली. सकयल रावपी लोक वयर धांवून आयिल्ले. सकयल वचून पळेतलें म्हळ्यार उदकाचो वेग तुफान वाडिल्लो.

म्हाका ते कथेची याद जाली. एक बोट बुडटाली. तांतुनल्या पॅसेंजरांच्या मनःस्थितीचें वर्णन ते कथेंत केलें. जोग बिल्डींग ते बुडपी बोटीवरी भासताली. सगळे भियेल्ले लोक बुडपाच्या भंयान व्याकूळ जाल्या प्रवाशांभशेन दिसताले.

आरेरे रे! हें किदें जालें! अलका टॉकीजाच्या सामकार आशिल्ली ती बिल्डींग इस्पिकांच्या बंगल्याप्रमाण कोंसळली तातूंत रावपी लोकांश्यो हृदयद्रावक किळच्यो हुंवाराच्या वेगवान उदकाच्या रोंव रोंव आवाजांत मिसळ्ळ्यो. प्रलयकाल म्हण्टात तो होच काय? ह्या प्रलयकालाउपरांतय खंयचोय नोहा वा मनू जिवो रावून देवाचे आजेप्रमाण सृष्टी निर्माण करतलो व्हय?

मालक जोग. आपल्या बाटलेभुरग्यांक घेवन वयर आयिल्लो. बिल्डिंगेंत रावपी सगळे आपआपल्या बायलांभुरग्यांच्या लागीं रावून भंयभित मुद्रेन हांगा थंय पळेताले. भंयान ते सामके थर्त जाल्ले.

म्हाका अप्पासायबांची याद जाली. मुंबय ऑफिसाच्या कामाखातीर ते गेल्ले. जोग बिल्डींग विटांचेर कॉंक्रिट स्लॅब घालून बांदिल्ली. कॉंक्रिट कॉलम बिमां बी कांयच वापरूंक नाशिल्लीं त्या बिल्डिंगेखातीर. हुंवाराच्या वेगवान लोटामुखार ती उबी उरत मूं?

'हांव तुमकां च्या दिवं?' आईन नमळायेच्या पूण खणखणीत आवाजांत विचारलें सगळ्यांची नदर तिजेर पडली. सगळ्यांनी निकतीच नारायण मॅन्शन ही बिल्डिंग कांयच न्हयशी व्हांवून गेल्ली पळेल्ली. जोग बिल्डिंगेच्या सकयल्या मजल्यारय वेगवान उदक व्हांवतालें. सगळ्यांक आईची च्याची सुचना पसंत पडली.

आई भितर गेली. तिणें स्टोव्ह पेटयलो. व्हडलें आयदन भरून ताचेर च्याचें आदण दवरलें. हांवूय बी भितर वचून आईक मदत करपाक लागलें. भायले लोक किदेंय व्हांवून वता तें पळोवन वा बुडटना दिश्टी पडल्यार मोठयान आड्डून एकामेकांक सांगताले वा दाखयताले. भितर आईक आधार दिता आसतना म्हाका भायल्यो गजाली आयकुपाक येताल्यो. कोणय अस्फुट आड्डतकच म्हज्या काळजांतली धडधड वाडटाली.

च्या तयार जातकच आईन घरांतल्यो सगळ्यो कप बश्यो भायर काडल्यो. च्याचें तपलें आनी एक दवलो घेवन ती व्हरांड्यार भायर आयली. प्रत्येकाक एक एक कप च्या दिवपाक लागली. गिंडेबाई आईच्या सौजन्यान भिडेवन गर्देच्या फाटल्यान फाट यान वचन आंग चोरून रावताली. सुशीक हांडीर घेवन आईचे नदरेआड जावपाक सोदताली.

'गिंडेमामी! च्या घे मगे,' आईन गिंडेबाईक विनंती केली. गिंडेबाई आईकडे पळेत रावली. एका म्हयन्यापयलीं आई आनी ती मारतलीं वा मरतलीं ह्या निर्धारान झगडलेलीं. आनी तीच आई आपल्या मनांत कसलीच कडू भावना न दवरतां आयज तिका च्या दिताली.

गिंडेबाई आकुळपिकुळ जाली. तिणें सुशीक सकयल देंवयलें. आईन फुडें केल्लें च्याचें कप घेतलें. सुशीच्या हातांत दिलें. आनी तिणें आईक कडकडून वेंग मारली. ती घुसमटून रडपाक लागली. तिचो सगळो देह हुंडक्यांखातीर गदगदूंक लागलो. आईकय रडपाक आयलें तीय मोन्यानी हुडके दिवंक लागली.

हुंवाराचो लोट रोंव रोंव रोंव आवाज करीत व्हांवतालो. सगळें स्वाहा करपाक सोदतालो. हें संकश्ट सामकार पळोवन सगळे बिल्डिंगेंतले लोक आपसांतले हेवे दावे, झगडीं तंटे विसरिल्ले.

सगळ्यांनी च्या घेतली.

रानडेबाईचो किडकिडीत देह भंयान अदिकच किडकिडीत आनी लांब दिस. गिंडेबाईचो मोटको देह भंयान आनीक मोटको दिस. वाटकुळो शेजवलकरबाई भंयान अदिक वाटकुळी दिसताली. मालक जोग आपली विडी पेटयतालो आनी रोखडीच ती पालयतालो. शिंदे आपले दोळे धांपतालो उगडटालो. रानडे पांदव्यांतल्या बंदिस्त शिवाप्रमाण दोनीय हात फाटव्यान बेवन पामयांर पामयो मारतालो. शेजवलकर सकयल बसतालो आनी उठटालो. परतोय सकयल बसतालो आनी परतोय उठटालो. खारकर आपलें नाक फेंदारत फुलयतालो आनी आपलें येद्दें व्हडलें टक्कल परतें परतें चोळटालो.

सगळ्यांक एकेच गजालीन ग्राशिल्ले. ती गजाल म्हळ्यार भंय. भंय मानय दिसूंक नाशिल्लो तो लहान भुरग्यांक. भायर प्रत्यक्ष

रुपी हुंवार थैमान घालना आसतना नितीन आनी सुशी लंगडी टाली. सकयल पडटकच मोडमोडयान खिदळटालीं. भंयाचो या मनाक स्पर्शय जावंक नाशिल्लो. सगळ्यो बायलो मात परत दोळ्यांकडेन पदर व्हरताल्यो.

मालक जोग सगळ्यांपरस चड भियेल्ले. बिल्डिंगेच्या कामाक ाक दर्ज्याचें साहित्य वापरिल्लें हें तेच फकत जाणा आशिल्ले. ्याच्या मॉर्टरान केल्लें विटकाम, ताचेर घाल्लें कॉंक्रिट स्लॅब वान उदकामुखार कितलो वेळ तग धरतलें ?

'शुभी ! आमी टॉस उडोवंया. बावलो पडलो जाल्यार मची बिल्डींग उरतली. कुरू पडल्यार बिल्डीग व्हांवून वतली. बेगीन', सुधीरान म्हाका सुचयलें. विनिता सामकें गर्भगळीत ल्लें. प्रत्येकाच्या तोंडाकडेन तें पळेत राविल्लें. हुंवाराचें वाडत विल्लें उदक पळेतालें.

हांव इतलो वेळ अप्पासायब आनी सुहासाचोच विचार करताले. मी बुडून मेलीं जाल्यार अप्पासायब किदें करतलो ? दुखान सो जातलो ? सुहास पनवेलाक गेला. म्हण्टकच ताका हुंवार दचोना. हांव मेलें जाल्यार सुहासाक किदें दिसतलें काय ? ताका जी याद तरी जातली काय ? हांव ताचेर प्रेम करतालें हें ताका न्नातरी कळटलें काय ? तो म्हाका विसरून वतलो ? ा आपल्या ाक विसरतलो ? ह्या रुमांत ताणें निलिमा जोशीवांगडा केल्लो रीरसंबंध तो विसरून वतलो ? खऱ्यानीच कितलें पिशें हांव? हांव ाचेर प्रेम करतालें हें ताका केन्नातरी कळटलें व्हय ? सुहास हांगा ासपाक जाय आशिल्लो. सदच्याप्रमाण तो आयजय आमकां आधार तलो आशिल्लो. किदेंतरी युक्ती सोदून काडटोलोच आशिल्लो ो. कसलोतरी उपाय सोदतोलोच आशिल्लो तो.

'शुभी ! करू काय बावलो पळोवंया', भियेल्ल्या सुधीरान हाका हालयलें. हांव विचारांतल्यान जागें जालें.

'हय. खरेंच पळोवंया' हांवें सुधीराक म्हळें. सुधीरान आपल्या बोल्सांतल्यान एक नाणें काडलें.

'शुभी ! आमी हें नाणें तिनदां उडोवंया सत्याक तिनदां. किदें ? सुधीरान विचारलें. हांवें तें मान्य केलें. सुधीरान पयलीं नाणें उडयलें बावलो पडिल्लो.

'शुभी ! बिल्डींग बुडची ना', सुधीर आनंदान आडुलो.

दुसरेखेप हांवें तेंच नाणें उडयलें. परतोय बावलो पडलो.

'सुधीर ! बिल्डींग हुंवारात मोडची ना', हांवय आनंदान किळचलें. सुधीरान तिसरे खेप नाणे उडयलें. परतोय बावलोच पडलो.

'बिल्डींग बुडची ना', आमी दोगांय आनंदान आडुलीं. सगळे लोक अजापान आंग काडून आमकां दोगांयकय पळोवपाक लागले.

पूण दैव आमचेकडेन पळोवन हांसलें.

कारण तेन्नाच प्रचंड आवाज जावन जोग बिल्डींग कोसळ्ळी. सगळे थंय रावपी लोक जिवाच्या आकांतान आडुले. आईन धांवत वचून नितिनाक घट्ट धरिल्लो हांवें पळेलें. दुसऱ्याच खिणाक उदकाचो झंझावती लोट म्हाका लोटीत व्हराक लागलो.

अप्पासायबान खुबदां एस. पी. कॉलेजाच्या स्विमिंग पुलार आमकां पेंवूंक शिकोवपाक व्हेल्लीं. हांव तशें व्हडलेशें पेंवपाक शिकूंक नाशिल्लें. पूण म्हजी तकली उदकावयर दवरपाक हांव शिकिल्लें. पूण ह्या रोंव रोंव व्हांवपी उदकांत तकली वयर काडप लेगीत कठीण आशिल्लें.

'आई, अप्पासायब, सुधीर, विनिता, नितीन, हांव परतीं केन्नाच एकठांय जावची ना ? सुहास ! भांगरा केंसाच्या राजकुंवरा ! हांव तुजेर प्रेम करतालें. आतां हांव वतां. म्हज्या मनांतलें प्रेम तुका कळल्याबगर हांव वतां.' आनी म्हजी शुद्ध गेली.

० ० ०

हांव शुद्धीर आयलें. म्हजी तकली जड जाल्ली.

'आवय गे !' असो दुखोद्गार म्हज्या तोंडातल्यान आयलो.

म्हज्या सामकारच एक मनीस म्हजेकडेन पळेत उकडयां बशिल्लो. हांवें दोळे उघडले. तो मनीस भायर गेलो आनी एक बलदंड मनीस आनी तांच्यावांगडा आनीक स तरनाटे भितर आयले. आमची एकामेकांवांगडा वळख जाली. पयल्या मनश्याचें नांव आशिल्लें जिवोत्तम. तो बलदंड मनीस आशिल्लो बळवंतराव जोशी. तोच कृष्णनिवास बिल्डिंगेचो मालक. तांची बळवंत व्यायाम मंडळ म्हणून व्यायामशाळा आशिल्ली. बळवंतरावानच म्हाका आनी जिवोत्तमाक आपल्या धाडमान वांचयिल्लीं. म्हाका त्या सगळ्यांनी धीर दिलो. कॉफी दिली. बळवंतरावान स्वता रांदून आमकां वाडलीं. हुंवाराचें उदक कृष्ण-निवास बिल्डिंगे भोंवतणीय रोंव-रोंवतालें. पूण कृष्ण-निवास पक्की बिल्डींग आशिल्ली. तिचें लुकसाण जावपाची शक्यताय नाशिल्ली.

म्हाका जाल्यार ह्या भयांकृत आघातान रडपाकच येतालें. आई, सुधीर, विनिता, नितीन हांची कांयच शास्वती नाशिल्ली. बळवंतरावान, जिवोत्तमान, बळवंतरावाच्या शिश्यांनी म्हजो आस्थेन चवकशी केली. म्हजी आई, भांवडांलेगीत हुंवारात व्हांवून गेल्ल्याचें हांवें तांका सांगतकच ताणीं म्हजे सांत्वन केलें. म्हजेर कोंसळिल्ल्या दुर्दैवी आपत्तीन ते मनःपूर्वक हळहळ्ळे.

बळवंतरावान म्हजी फाट थापटून म्हाका धीर दिलो.

'बाय ! तूं भियेवं नाका. तुजो बापूय मुंबैक सुखरूप आसा मूं ? ताका हुंवाराची बातमी कळ्ळचाबराबर तो रोखडो पुण्याक येतला. तुमची भेट जातली. दोगांकय एकामेकांचो आधार मेळ-टलो. सगळें जाता तें भिमरुपी महारुद्राच्या इत्सेनुसार जाता. प्रत्येक गजालींत ईश्वरी संकेत आसता. ताका जाय जाल्यार तुझी आवय जिवी आसपाक जाता. तुजी भांवडां तुका सुखरूप मेळपाक जाता. पूण ताची इत्सा जाय. फट आशा बाळगून नाउमेद जावन वोगीच दुखख करीत बसूं नाका,' बळवंतरावान म्हजें सांत्वन केलें.

रातचें केन्नातरी हुंवाराचें उदक देंवपाक लागलें.

बळवंतराव, ताचे शिश्य, जिवोत्तम आनी हांव फांतोड जायना-फुडें सकयल देंवलीं. उदक पुरायेन देंविल्लें. सगळेकडेन कुसको वास येवपी चिखोल, रेबो साचिल्लो.

आमी रस्त्यावयल्यान चलतना हुंवारान केल्ल्या विध्वंसाची

कितलीं भयांकृत दृश्यां दिस्टी पडटालीं ! हांवें सगळ्यांची आशा सोडिल्ली.

बळवंतरावाच्या हातांत ट्रान्सिस्टर आशिल्लो. ताचेर कोणतरी पूरग्रस्तांच्या आधाराक येवपाचें आवाहन करतालो.

बळवंतरावान त्या आवाहनाक प्रतिसाद दिवपाचें थारायलें. ताणें म्हाका खंयच्याय नातेवाईकाकडेन पावोवं काय म्हणून विचारलें. हांवें ताका नाका म्हळें. तांचे उपकार आठयले. हांवे म्हजे इश्टिणीकडेन – कुंदाकडेन वचपाचें थारायलें.

'हांव तुका तुजे इश्टिणीकडेन पावोवं ?' जिवोत्तमान म्हाका विचारलें. तांच्या तोंडातल्यान खरें म्हळ्यार म्हाका तो प्रस्न म्हजें सुदैवच करतालें म्हणपाक जाय...!! कुंदा एरंडवणाक रावतालें. म्हळ्यार डेक्कन जिमाखान्याच्या सामकें लागीं. मात एरंडवणा हुंवारापासून सुरक्षित अंतरार पयस आशिल्लें. थंय उदक चडपाची शक्यताय नाशिल्ली. आनी म्हणूनच हांवें तांका म्हळें, 'नाका. म्हाका रस्तो खबर आसा.'

'तर मागीर तूंच वच. फकत तुजे इश्टिणीचो पत्तो म्हाका सांग. तुज्या बापायचें संपूर्ण नांव सांग. हांव तुजी खबर ताका गाठून कळोवपाचो यत्न करतां', जिवोत्तमान अलिप्तपणान दुसरेकडेन पळेत म्हाका सांगलें.

'कुंदाचो पत्तो. कुंदा शंकर जायदे. १३५, उषा–विलास, एरंडवणा, पुणें. म्हज्या बापायचें पुराय नांव जगन्नाथ सदाशिव रेगे. इन्कमटॅक्स ऑफिसांत ते नोकरी करता. पूण सद्याक ऑफिसाच्या कामाखातीर मुंबय गेल्यात' हांवें सांगलें.

तो म्हाका थंयच सोडून गेलो. हांव एरंडवणाचे दिकेन चलपाक लागलें. जोग बिल्डींग जंय आशिल्ली. थंय आयलें. जोग बिल्डिंगेचें कुस्कूट लेगीत उरूंक नाशिल्लें. थंय एक ल्हान आम्याचें झाड आशिल्लें तेंय थंयसून नाच्च जाल्लें. जोग बिल्डिंगेच्या शेजरा आशिल्ली कानडे बिल्डींग, माने बिल्डींग हांचो पुराय विध्वंस जाल्लो. नारायण मेंशन व्हांवून गेलें. म्हाका खूब वळखीची मनशां मेळ्ळीं. पूण कोणच म्हजी विचारपूस करिनाशिल्लो. कारण जणा एकलो आपल्या दुखांत आशिल्लो. तांचो कोण ना कोण तरी हुंवारान झोपय मारून व्हेल्लो. हांव दुखांत उपाट भरून थंयसून चलपाक लागलें. एरंडवणाचे दिकेन. हुंवारान घाल्ल्या विध्वंसाचें थैमान पळेत.

तकलेंत 'फुडें किदें ?' हो प्रस्न चक्रासारको गरगर फिरतालो. अप्पासायब केन्ना मेळटले ? आई ! सुधीर ! वनिता ! नितीन ! देवा ! आमकां एकमेकांक केन्नाच मेळपाक जावचेंना काय किदें ?

आनी सुहास ! ताका म्हजी याद जातली ? हांव हुंवारांत सांपडून मेलें अशें समजून तो हळहळ्ळा जाल्लो काय? तें निलिमा जोशी ! तेंय गोळेवाडा हुवारांत सांपडलां असतलें काय ?

हांव कुंदाच्या बंगल्यार पावलें तेन्ना बंगल्याच्या भायल्या दाराक कुलुप आशिल्लें. दाराच्या खिळयेक एक चिटी लायिल्ली आशिल्ली. हांवें चिटी काडून वाचली.

'आमी सुखरूप आसात. मुंबै वतात.'

कोणीय तांचे खबरेक आयलें जाल्यार तांका कळचें म्हणून एकाद्रे ती चीट कुंदाच्या घरच्यांनी दवरिल्ली जावंये.

हांव निर्शेवन परतलें. एकादो झू पळोवपाक वच्चें तेप्रमाण हुंवाराखातीर जाल्लें लुकसाण उत्साहान पळोवपाखातीर वचपी लोकांच्या थव्यांनी हांवय मिसळ्ळें. रेव्यांत पाय बरबट्टाले. पोटांत भुकेचो उजो पेटिल्लो. आतां किदें करूं ? कोणाकडेन वचूं ? म्हज्या पायांत त्राण उरूंक नाशिल्ले. तरीलेगीत हांव चलतच रावलें. म्हज्या पायांत जोतेबितें कांयच नाशिल्लें. अनवाणी चलतालें.

हांव भांडारकर इन्स्टिटयूट रोडावयल्यान रखडत रखडत चलतालें आनी इतल्यांत !!!

'आनीक एक धरण फुटलां. पळा. पळा' अशें आडुत लोक फर्ग्यूसन टेकडीचे दिकेन धांवपाक लागले. एकामेकांक चिड्डूंक लागले. धुकलूंक लागले. पूण तरी लेगीत जिवाच्या आकांतान धांवपाखातीर धडपडूंक लागले.

इतल्यान कोणेतरी म्हजो हात धरलो.

'मरपाचें आसा गो तुका ? धांव. जीव वांटावपाचो आसा जाल्यार वेगान धांव,' ताणें म्हाका म्हळें.

हांवें ताचेकडेन पळलें.

ताचे केंस पिसुडलेले. तोंड पान खाल्ल्यान रंगलें. दांत तंबाखून किडिल्ले. ताणें गळ्याक एक तांबडो लेंस बांदिल्लो. ताचे दोळे तारवटलेले. त्या मनश्यान म्हजो हात ओडलो आनी तो आपल्याबराबर म्हाकाय वेगान धांवणावपाक लागलो. म्हाका धांवपाचे सोडात उलोवपाचेलेगीत त्राण नाशिल्लें. हांवें धांवतना ताच्या तोंडाकडेन पळेलें तेन्ना तो दांत विचकून मवाल्याभशेन हांसलो.

'बेगीन धांव' ताणें म्हाका ओडीत म्हळें. सगळे जीव घेवन धांवताले. म्हाका धांवूक लावपी मनोस मवालीच आशिल्लो हे विशीं दुबाव उरलो ना. पूण ह्या इल्लेशा धांवपान लेगीत हांव जाम जाल्लें. हांव आडखळूंक लागलें. सकयल पडपाक लागलें.

त्या मनश्यान पोटली उखलची तशें म्हाका उखल्लें. आनी तो म्हाका घेवन धांवपाक लागलो. म्हाका असो उखलून तूं धांवूं नाका अशें म्हाका ताका सांगपाचें आशिल्लें. पूण हांव इतलें थकिल्लें की एक उतर उलोवपाक म्हाका त्राण नाशिल्ले. शक्तीच नाशिल्ली. अशी ग्लानी आयिल्ल्यान हांव दोळे धापून वोग्गी रावलें. त्या मनश्यान म्हाका आपल्या हडुचामेरेन उखलून धरिल्लें आनी तो धांवतालो. ताची धांप सोडपी छाती म्हाका लागताली. पूण थकवो खूब आयिल्लो. हांव निर्नळून तशेंच निपचित रावलें.

ताणें म्हाका धांपेत धांपेत सकयल देंवयलें तेन्ना हांवें दोळे उगडले. पळेलें जाल्यार हांव एरंडवणा पार्कांत त्या निर्जन जाग्यार पावलां. ताणें म्हाका एका बंगल्याच्या व्हरांड्यार हाडिल्लें.

तो बंगलो सोबित आशिल्लो. बंगल्याच्या कंपौंडांत कोणूच नाशिल्लो. मुख्य दाराक कुलुप आशिल्लें. गिमाच्या तेंपार पुण्याक येवन रावपी आनी बाकी म्हयने बंगलो बंद दवरपी अश्या खंयच्यातरी गिरेस्त मनश्याचो तो बंगलो दिसतालो. 'लक्ष्मी–निवास' हें बंगल्याचें नांव त्या गिरेस्ताच्या श्रीमंतीची प्रचिती जगाक दितालें.

त्या मनश्याचें धापेवप बंद जालें. तो सवकासायेन अप्पलें कलसांव सोडोवणाक लागलो. लांब कलसांवांनकयल एक मोटकें कलसांव आशिलें. जेन्ना तो कलसांव काडटना ताचेकडेन हांवें पळेलें तेन्ना तो एका दोळ्यान म्हजेकडेन पळेनालो हें म्हज्या लक्षांत आयलें. हांव ताचेकडेन पळेतां हें त्याच्या लक्षांत येतकच तो म्हजेकडेन पळोवन हांसलो. आपले किडिल्ले दांत दाखयत विचित्र हांसलो. ताची नदर म्हाका किदेंतरी सुचयताली. पूण ती नदर म्हाका अस्वस्थ करपाक लागली. धोक्याचो इशारो दिवपाक लागली.

ताच्या आंगार आता फकत टी–शर्ट आनी एक मोटकी पँट आशिल्ली. अकस्मात तो म्हजेकडेन आयलो आनी ताणें म्हाका घट्ट धरलें. तो म्हज्या स्तनांचे धाकटुले गुळे दामपाक लागलो. म्हज्या ओंठांचीं चुंबनां घेवपाक लागलो.

ताचे हे आकस्मित करणेन हांव गर्भगळीत जालें. ताच्या वेंगेंतल्यान सुटपाक धडपडूंक लागलें. पानान रंगल्ले ताचे ओंठ आनी किडिल्ले दांत म्हज्या ओंठांक चाबनाले. गालावयल्यान भोंवताले. ताचो एक ओंठ म्हज्या ओंठाक लागिल्ल्यान म्हजो सकयलो ओंठ फुटलो. तांतुतल्यान रगत येवपाक लागलें.

'सोड म्हाका. हांव तुज्या पायां पडटां' हांवें भियेवन रडत म्हळें. ताच्या वेंगेतल्यान सुटपाची हांव आकांत धडपड करपाक लागलें.

'चूप ! बोगी ! आड्डूं नाका. बोब मारशीत जाल्यार हांव तुजो गळो दामून तुका जिवें मारतोलों.' ताणें म्हाका हिंस्त्र आवाजान धमकायलें. ताचे दोळे वासनेन आनी क्रोधान धगधगताले. म्हाका दिसलें तो आतां सॅर्त म्हजो प्राण काडटा. म्हजी शुद्ध वचपाक लागली. ताणें एका हातान म्हाका विळखो घालो. दुसऱ्या हातान म्हजो ब्लावज खस्क करून ओडलो. ब्लावज पिंदलो आनी म्हजे अपूर्ण वाडिल्ले स्तन उगडे पडले. ताणें म्हजी चड्डोय तशीच खस्क करून ओडून काडली. चड्डी पिंदलो आनी ताच्या हातांत आयली. तो म्हजे स्तन आनी कुले मुड्डूंक लागलो. चाबूं लागलो. विकृतपणान चुंबूक लागलो. म्हज्या नाकांत त्या मवाल्याच्या तोंडाची घाण भिनपाक लागली. म्हाका ताची घृणा आयली. हांव धडपडूंक लागलें. आड्डूंक लागलें.

'सोड, सोड म्हाका' हांव किळचूंक लागलें.

मवाल्यान फटाफट म्हज्या गालांर दोन सणसणीत थापटां फुलयलीं. म्हज्या दोळ्यां गुवार नकेत्रां चकचकूंक लागलीं. ताचे दोळे पुरायेन हिंस्त्र आनी खुनशी जाल्ले. ताणें म्हाका परतेंय मारपाखातीर हात उखल्लो.

'नाका. नाका. मारूं नाका म्हाका,' हांवें रडत रडत काकुयटेन ताची याचना केली. ताच्या वयर उखल्लेल्या हातार मुरली वाजोवपी श्रीकृष्णाचें चित्र गोंदयलें. ताणें म्हज्या पोल्काचोच गुड्डो केलो. म्हज्या तोंडांत रोमलो. म्हजें तोंड लेंसान घट्ट बांदलें आनी म्हाका सकयल ह्रिदयलें. म्हज्या देहार आपलो देह चडयलो. ताचो देह म्हज्या देहांत शिरलो. म्हाका असह्य वेदना जाल्यो. हांव गोरवाभशेन आड्डूक लागलें. धडपडूंक लागलें. तडफडूंक लागलें. पूण मवाल्याच्या पुरुशी शक्तीमुखार म्हजें कांयच चल्लेंना. म्हज्या तोंडांत कोंबिल्ल्या गुड्डयान म्हज्यो किळच्यो घुसमटावन उडयल्यो.

मवाल्यान आपलो उत्कर्शबिंदू गांठलो. ताणें मोठ्ठ्यान तोंडांतल्यान कण्हील्ल्याभशेन आवाज काडले. आपलें शरीर मल्लुक्याचो झटको आयिल्ल्याभशेन तायट केलें आनी तेन्नाच मवाल्याचें बीज म्हज्या देहांत गळलें. म्हाका तें स्पष्ट जाणवलें. म्हाका तशेंच घट्ट चेपोवन तो म्हजेर निपचित ह्रिदून रावलो. केदोवेळ तसोच रावलो. ताच्या तोंडावयलो घाम म्हजेर गळ्लो. म्हाका ग्लानी आयली. त्या समागमाचो, सभोगाचो कसलोच आनंद म्हाका जालोना. जाल्यो त्यो फकत अपार वेदना. म्हज्या दोळ्यांतल्यान गरीब गायेच्या दोळ्यांतल्यान व्हांवतात तशीं दुकां व्हांवपाक लागलीं.

थोड्या वेळाउपरांत तो मवाली उठलो. सकयल दामून धरिल्ले कोंबयेक सोडटक कोंब्यान पाखां फाफुडचीं त्याप्रमाण ताणें आपले हातपाय झाडले. तो आपले कलसांव चडोवंक लागलो. आनी हांव ? तोडांत पोल्काचो गुड्डो, उक्तें हड्डे, पोटामेरेन स्कर्ट वयर काडिल्यान नागडो पडिल्लो म्हजो देह निपचित दवरून हांव दोळे व्हडले करीत त्या मवाल्याक न्हेंसतना पळेतालें.

म्हज्या थकिल्ल्या देहांत आनी मनांत विचारांचें थैमान चलिल्लें हांव आतां शीलभ्रश्ट जालें. हांव आतां कुमारीका उरूंक नाशिल्लें. कुंदान सांगिल्लेप्रमाण हांव आतां कुमारीमाता जावपाक जातां. किडिल्लो दांत आनी घाण वास येवपी ह्या मवाल्यापासून जाल्ल्या भुरग्याची हांव आवय जावंक जातां. म्हाका गर्भपात करचो लागतलो ? तो केलोना जाल्यार ? कुमारीमाता जावप टाळचेखातीर आत्महत्त्या करची पडटली ?

हें किदें जालें ? हें किदें चल्लां ? संकश्टाच्या भंयान आपलो जीव वाटावपाक धडपडटना लेगीत लोकांची वासना इतली कशी पेट्टा ? आपले कामपूर्तीखातीर हे लोक अशे कशे वागतात. हें चल्लां किदें ? फुडें किदें जावपाचें ?

म्हाका खुब्ब भूक लागल्या हें म्हाका जाणवलें. हांव तशेंच उठून बसलें. लेंसाची गांठ सोडयली. तोंडातलो गुड्डो भायर काडलो. तोंडाक हात लागतकच म्हज्या हाताक रगत लागलें. पयल्या समागमाखातीर म्हज्या मांडयांचेर रगत गळटालें. म्हाका उठटना खुब्ब त्रास जालो. पिंदिल्ल्या पोल्कान हांवें म्हज्यो मांडयो पुसल्यो. पोटाक भयंकर भूक लागिल्ल्याची भावना म्हाका सतावंक लागली.

'म्हाका भूक लागल्या. किदेंतरी खावपाक दी.' हांवें सुकिल्ल्या दोळ्यांनी त्या मवाल्याकडेन पळेत म्हळें.

मवाल्यान अजापान म्हजेकडेन पळेलें. तो मातसो सो गोंदळ्लो. इतल्यांत ताका कसलीतरी याद जाली. ताणें आपल्या कलसांवांच्या बोल्सांत हात घालो. मूठभर चणे काडून म्हज्या हातार दवरले. हांव ते आधाश्याभशेन खावपाक लागलें. म्हज्या पोटांतलो उजो पालोवपाचो यत्न करपाक लागलें.

मवाली म्हज्या सामकार आमनमांडी घालून बसलो. ताणें आपल्या हातांत चणे घेतले आनी ते तो खावपाक लागलो. म्हज्या तोंडार कसलोच भाव नाशिल्लो. गायेन रवंथ करचो तशें हांव तोंड

हालयत चणे खातालें. हांव सामकें थंड, विकाररहीत वागतालें. म्हाका तशें तोंड हालयत चणे खातना पळोवन म्हाका दिसता मवाल्याक म्हजी काकुयट दिसली. ताच्यांत भित्तर खंयतरी उरिल्लो पुरुषभावाचो अंश जागो जाला आसपाक जाय.

'तुजें नांव किदें ?' ताणें म्हाका विचारलें.

म्हाका अकस्मात घुसमटून रडपाक येवपाक लागलें. हांव हुडके दीत रडपाक लागलें.

'शुभदा' हांवें रडतच ताका म्हजें नांव सांगलें, 'तुवें म्हजें पोल्क पिंदलां. हांव आतां कशें वचूं ? हांव आतां किदें करूं ?'

हांव हो हो करीत रडपाक लागलें.

'रडूं नाका,' त्या मवाल्यान म्हाका अपराधी सुरांत म्हजें. तो थंडपणान उठलो. आपणें घाल्लो टीशर्ट ताणें काडलो. म्हाका घालो. आवयन आपल्या सान धुवेक घालचो तसो. म्हाका उबें रावयलें. म्हजो स्कर्ट सकयल ओडलो. म्हाका चड्डी घाली. आपल्या कलसांवांतल्यान दोन रुपयांची एक नोट काडून म्हज्या हातांत दिली. जशी काय हांव ताची धाकटी भयण आशिल्लें आनी ताणें म्हाका चॉकलेट घेवपाक पयशे दिल्ले.

इतल्यांत पयशिल्ल्यान पुलीसांच्या जीपीचो सायरन आयकुयाक आयलो. लावड-स्पिकरावयल्यान कोणतरी घोशणा दितालो.

'दुसऱ्या हुंवाराची अफवा कोणेतरी मुद्दम पसरायल्या. हुंवार येवपाक दोनीय धरणांनी उदकच ना. गुंड लोक तुमची लूटमार करपाची संद मेळची म्हणून तुमची अशी दिशाभूल करतात. भियेवं नाकात. अफवांचेर विश्वास दवरूं नाकात.'

पुलीसांचो सायरन आनी ती घोशणा कानार पडटकच तो मवाली पिटीक् करून कंपांवडार चडलो. आनी भायर उडी मारून नाच्च जाल्लो. ताणें म्हजें कौमार्य लुटिल्लें. म्हाका असहाय्य एकसुरें सोडून तो पळिल्लो.

हांवें ती दोन रुपयांची नोट टी शर्टाच्या बोल्सांत घाली.

Directorate of Animal Husbandry & Veterinary Services, Panaji-Goa

Offers Various Programmes For Eligible Farmers Like;

1. DAIRY-FARMING
2. POULTRY FARMING
3. PIG - REARING
4. GOATERY
5. RABBIT AND DUCK FARMING ETC.

A) To improve farmers' earnings and to increase production of Milk, Meat, Eggs, Fur and other Dairy Products.

B, Improve and Augument Agricultural Products by providing Bullock for Draft Power and improve Soil Fertility by providing valuable manures from Cattle and other Livestock for their Crop Production.

Needful infrastructure is created in Goa State in the form of Veterinary Hospitals, Veterinary Dispensaries, Livestock Farms, Hatchery, Dairy Plants. Breeding Stations and Diagnostic Laboratories where Livestock Health Cover and Breeding Facilities and provided Cross Breed Calves/Heifers/Poultry by the General Public.

Avail of the facilities provided by the Department for Creating Healthy and Productive Livestock for Various Animal Husbandry Programmes, Technical Advice

Contact the Director of

ANIMAL HUSBANDRY AND VETERINARY SERVICES.

Project Officer, Special Livestock Programmes and the Taluka Level Veterinary Officers for details of Various Programmes to improve the lot of Weaker Sections, Scheduled Castes etc.

ISSUED BY :-

Directorate of Animal Husbandry & Veterinary Services

GOVERNMENT OF GOA, PANAJI - GOA

आनी हांव थंयच्यान चलपाक लागलें. म्हज्या मांडयांनी गुळे आयिल्ले. सगळे आंग फोडटालें. हांव एक एक पाय ओडीत चलपाक लागलें.

० ० ०

भ्रष्ट जाल्ल्या शरीरान, म्हज्याच विचारांनी भ्रमिश्टाभशेन गुल्ल जावन हांव बंगल्याच्या कंपांवडाभायर आयलें. पयस आशिल्ल्या हमरस्त्याचे दिकेन चलपाक लागलें. हें किदें चल्लां? लोकांक इतलो क्लेश दिवचोसो देवाक किद्याक दिसता? म्हजी आई आनी भांवडां हुंबारांत व्हांवून गेलीं तीं ताचेंच इत्सेन? म्हजें कौमार्य त्या मवाल्यान लुटलें, म्हजेर बलात्कार केलो तें देवाच्याच संकेतान? म्हाका अशें बेघर, बेसंहारा भोंवचें लागता तें देवाक जाय म्हणून? पुण्याचो नरक जाला तो देवाक जाय म्हणून?

प्रत्यक्ष मर्ण सामकार उबें आसतना लेगीत लोकांच्यो वासना इत्सा उफाळून वयर किद्याक येतात? वासनापूर्तेखातीर हे लोक अशे जनावराभशेन किद्याक वागतात? हांव अशें किद्याक वागलें?

म्हजें शील त्या मवाल्यान लुटलें. तरीकय हांवें ताचेकडेन खुब्ब दिसांची वळख आसची तशें खावपाक कशें मागलें? निर्लज्ज्यासारखें ताणे दिल्ले चणे हांवें खाले तरी कशे?

आनी म्हजेर बलात्कार केल्लो तो मवाली! ताका उपरांत म्हजी काकुयट कशी दिसली? ताणें आपल्या आंगावयलो टी शर्ट काडून म्हाका किद्याक घालो? म्हाका उपयोगाक पडचे म्हणून आपलेकडले दोन रुपया म्हाका किद्याक दिले? म्हाका ताणें स्वतः चड्डी किद्याक न्हेसयली? आनी हांव त्या मवाल्याचे करणीकडेन, अशें थंडपणान कशें किदें पळेतां?

म्हाका दिसता म्हज्यांत कसलेंतरी अनामिक बळगें रिगिल्लें. म्हाका कसलीच भिरांत दिसनाशिल्ली. मुखेल रस्तो रेब्यान बुरबुरलेलो. त्या रेब्याक कुसको वास येतालो. त्या वासान म्हाका ओंकारी येताली. पूण हांव ओंकी नाशिल्लें. ह्या सगळ्या दुखांतल्यान म्हजी सुटका नक्की जातली अशें म्हज्या अंतर्मनाक दिसपाक लागिल्लें.

हांव रेब्यांतल्यान आनी लोकांचे गर्दीतल्यान चलतालें. मवाल्यान दिल्लो टी शर्ट सदळ जातालो. हुंबारान दुर्दशा जाल्ल्या एका उडीपी हॉटेलाच्या दर्शनी फुटक्या हारशांत म्हाका म्हाका म्हजें प्रतिबिंब दिसलें. हांव टी शर्टाखातीर चल्याभशेन दिसतालें. बॉबकट केल्ले म्हजे केंस रेब्यांत भरिल्ले. म्हज्या मांडयांनी गुळे आयिल्ले. पोटांत अदींमदीं असह्य वेदना जातालो. तरी लेगीत लोकांचे गर्दीतल्यान हांव चलतच राविल्लें. हुंबारान केल्लो विध्वंस हांव शांत चित्तान पळेतालें. अँबुलंन्सींत घालताले तीं प्रेतां अविचल मनान पळेतालें. हो हो करीत रडपी हुंबारग्रस्त दादले, बायलो आनी भुरगीं. गर्दी करून हुंबाराखातीर जाल्लें लुकसाण पळोवंक आयिल्ले हुंबाराची बाधा न जाल्ले लोक, चकचकीत साडयो न्हेसून कॉलेज विद्यार्थ्यांचे कॉमेंटस आयकुपाक आयिल्ल्यो हुंबार न बाधिल्ल्यो कॉलेजांतल्यो चलयो. तांका धक्के मारून वा फाटल्यानच्यान गर्दी करून वचून तांचे पदर वा विणी ओडून, अचळय चिमटे काडून आपलो आंबटशोक शमोवपाक धडपडपी तरनाटे ह्यो सगळ्याक हांव मख्खपणान पळेतालें.

एकेकडेन आपल्या जिवाची पर्वा करिनासतना भूक तान विसरून आपलें कर्तव्य करपी पुलीस, मिलीटरी सैनिक आनी आर. एस. एसाचे स्वयंसेवक, आपले खोश्येन स्वयंसेवकाचें काम करपी बळवंतरावासारके मनीसय हांव पळेतालें.

विध्वंसांतलेगीत उसळून वयर येवपी मनशांतले सदगुण आनी दुर्गुण हांची तुला हांव करपाक लागलें. हो असो कसो मनुश्यस्वभाव? हो मनीस असो विचित्र कसो वागता? वासना पुर्ते खातीर किदेंय करपी कसलोय निंद्य मार्ग आपणावपी, सदगुणांखातीर कसलोय स्वार्थत्याग करपी, दुसऱ्याचे प्राण वांचोवपाखातीर आपले प्राण संकश्टांत घालपी?

देवान हें मनीस नांवाचें विचित्र जनावर किद्याक उत्पन्न केलां? मनशाचो स्वभाव इतलो अस्थीर किद्याक? मवाल्यान म्हजेर बलात्कार किद्याक केलो? तो करतना हांवें मातशी प्रतिकारात्मक धडपड करतकच, ताणें म्हाका गळो दामून जिवें मारपाची धमकी किद्याक दिली? म्हाका ताची जिवानिशीं मारपाची तयारी लेगीत तेन्ना किद्याक दिसली? हांवें व्याकुळ जावन म्हाका भूक लागल्या अशें सांगतकच त्याच मवाल्यान आपणांखातीर हाडिल्ले चणे खावंक किद्याक दिले? म्हाका तशेंच भुकेल्ले थंयच उडोवन तो गेल्लो जाल्यार हरशीं म्हाका ताचें किदेंच करपाक जाय नाशिल्लें. हें जाणा जावनयबी ताणें म्हाका चणे कशे दिले? आपल्या आंगावयलो टी शर्ट काडून ताणें तो म्हज्या आंगार किद्याक घालो? ताका म्हजेविशीं असो अकस्मात कळवळो किद्याक निर्माण जालो? म्हाका लागतबी म्हणून ताणें आपलेकडले दोन रूपया म्हाका किद्याक दिले?

हांव दोनच वरांभितर सामकें प्रौढ जाल्लें. हांव तत्वज्ञाप्रमाण विचार करतालें.

'शुभदा!' असो ल्हवू, मायेन मारिल्लो उलो म्हाका आयकूंक आयलो.

'जिवोत्तमकाका!' हांवें आनंदातिशयान आड्डून म्हळें. म्हाका अचकीत व्हड आधार मेळिल्लेभशेन जालें. म्हज्यो भावना अनावर जाल्यो. हांवें ताचो हात म्हज्या दोनीय हातांनी घट्ट धरलो आनी हांव हो हो करीत रडपाक लागलें. जिवोत्तमाक हांवें पयलेच फावट 'जिवोत्तमकाका' म्हणून उलो मारिल्लो.

'तुजी इश्टीण मेळ्ळीना तुका?' ताणें म्हाका विचारलें.

'ना. ती मुंबय गेल्या. हांवें खऱ्यानीं तुमचेवांगडा तागेर वचपाक जाय आशिल्लें,' आनी म्हाका खूब खूब रडपाक येवंक लागलें. म्हाका जिवोत्तमकाकान पूण धीर दिलो. तो तुटकपणान आनी अलिप्ततायेन वागतालो खरो. पूण ताणें म्हाका खूब खूब आधार दिलो. केंद्रार आमकां दोन तीन इंजेक्शन्स दिलीं. खावपाक भाजी चपाती मेळ्ळी. म्हाका दोन कपडेय मेळ्ळे. तांबड्या रंगाचें जीन आनी फुलांचे डिजायन आशिल्लो एक बुशशर्ट.

म्हाका खूब भूक लागिल्ली. हांवें बेगीन बेगीन चपाती तोंडांत कोंबली. जिवोत्तमकाकान म्हाका आपली चपाती दिली.

म्हाका अकस्मात ओंकूक आयलें. हांव म्हज्या आंगारच

ओंकिल्यान हांवें घाल्लो टी शर्ट आनी स्कर्ट म्हेळो जालो.

जिवोत्तमकाका पयस गेलो. ताणें आपलो सदरो खंयच्यानतरी उदकान भिजोवन हाडलो. ताणी म्हाका पुसून काडलें. म्हाका तें तांबडें जीन घालपाक सांगलें. म्हजो टी शर्ट काडून उडयलो. स्वता म्हाका तो बुशर्ट घालो.

हांवें ताचेकडल्यान तो ओलो सदरो घेतलो. मोडिल्ल्या एका घराच्या आडसराक गेलें. हांवें त्या ओल्या सदऱ्यान म्हज्यो मांडयो आनी गुप्तभाग पुसून काडलो. असह्य वेदना जाताल्यो तरीकय. अशेभशेन त्या मवाल्यान भ्रश्ट केल्लो म्हजो देह इल्लोतरी नितळ करपाचो यत्न केलो. हांवें जीन आनी बुशर्ट घालपाचो प्रयत्न केलो. पूण म्हाका अशक्तताय इतली जाणवताली! म्हजें सगळें आंग फोडटालें. आंगांक जोर आयिल्लो. हांवे कशेंतरी जीन आनी बुशशर्ट चडयलो आनी जिवोत्तमकाकांकडेन गेलें. म्हाका जोर आयिल्याचें पळोवन ताणें म्रदत केंद्रार वचून कसलीतरी एक गुळी हाडून म्हाका घेवपाक लायली. ताणें म्हाका स्वता उखलून देवळाच्या आवारांत व्हेलें. स्वताची चादर म्हाका म्हजे चादरीवयर पांगरूंक घाली. म्हाका थापटीत तो म्हज्या उश्यालागीं उकडयां बसलो. जिवोत्तमकाका कोण खंयचो! पयरमेरेन आमी एकामेकांक पळोवंकलेगीत नाशिल्लें. आनी आयज तो प्रत्यक्ष आपलें धुवेची जतनाय घेवपाखातीर बापायन तिच्या उशालागीं बसचें तशे बसून म्हाका थापटीतालो. कसलें विलक्षण नातें निर्माण जाल्लें आमच्या दोगांयमदीं!

आनी उपरांत म्हाका तें सपन पडलें... एक व्हडलो ग्लासाचो गुळो दिसलो. म्हजी आई, भयण आनी दोगूय भाव त्या ग्लासाच्या प्रचंड गुळ्यांत बशिल्लीं. म्हाका तीं सगळीं त्या गुळ्यांतल्यानच आपलेकडेन खुणो करून आपयतालीं. हांव मात गुळ्याभायर आशिल्लें. गुळो जमनीवयल्यानच जलद गतीन धांवतालो. आनी हांव तांका गांठपाखातीर त्या गुळ्याच्या फाटोफाट धांवतालें. आई, नितीन, सुधीर, विनिता म्हाका बेगीन यो, बेगीन यो अश्यो खुणो करीत त्या ग्लासाच्या गुळ्यांतल्यान आफयतालीं.

थोड्यावेळान म्हज्या तें लक्षांत आयलें. हांवूय तसल्याच एका प्रचंड ग्लासाच्या गुळ्यांत बसलां. म्हजो तो गुळो आई आनी हेर भावंडां बशिल्ल्या त्या दुसऱ्या गुळ्याफाटल्यानच्यान धांवतालो. तीं म्हाका आकांतान बेगीन यो, बेगीन यो अश्यो खुणो करीत आफयतालीं.

इतल्यान हांवें आंग काडलें. इतलोवेळ म्हाका त्या म्हज्या ग्लासाच्या गुळ्यांत फकत हांव एकलेंच आसा अशें दिशिल्लें. पूण फाटल्यान पळेतकच म्हज्या लक्षांत आयलें की म्हज्या गुळ्यांत तोय येवन केन्ना बसला. तो किडिल्ल्या दांतांचो आनी रंगयल्ल्या ओंठाचो मवाली. आपले किडिल्ले दात दाखयत तो हांसतालो. ताच्या आंगार मोटवें कलसांव आनी बानयन आशिल्लें. आपले विचित्र भुकेल्ले नदरेन तो म्हजेकडेन पळेतालो.

हांव भियेलें. हांवें फुडें पळेलें. आई आनी म्हजी भांवडा बशिल्लीं तो ग्लासाचो गुळो खुब्ब पयस पाविल्लो. म्हाका एकल्याकच फाटल्यान सोडून. हांव बशिल्ल्या गुळ्याची गती मंद जाली. इतल्यान तो मवाली म्हाका फाटल्यानच्यान घट्ट धरपाक लागलो. खांकेतल्यान ताचे हात म्हज्या स्तनाचेर आयले. ताणें म्हाका आड घालें. आनी !!! परत्योय असह्य वेदना. ताच्या तोंडाचो घाण वास... ...

'नाका! म्हाका सोड. नाका!' हांव खाटीक मारूंक व्हरतना हांबेवपी गायेभशेन हांबेलें. देवळांत न्हिदिल्ले सगळे खडबडून जागे जाले. काळखांतच ताणीं 'किदें जालें? कोण आडुलो?' बी अशी चवकशी केली. जिवोत्तमकाकान म्हाका जागें केलें. म्हाका थापटीत विचारलें 'शुभद! किदें जालें? सपनबी पडलें काय किदें तुका? भियेवं नाका आं. हांव जिवोत्तमकाका तुजेसरीन आसां'

हांवें जिवोत्तमकाकांक म्हाका ओंकूक येता म्हणून सांगलें. ताणें म्हाका उखलून देवळाभायर व्हेलें. वेवस्थित ओंकपाक दिलें, म्हाका परतें भितर व्हरून थापटीत न्हिदयलें.

० ० ०

सवाळीं जिवोत्तमकाकाचो हात म्हज्या कपलाक लागिल्ल्यान म्हाकां जाग आयली. कालपासून जें जें घडिल्लें ताची म्हाका याद जाली आनी हांव अगतिकपणान रडपाक लागलें. म्हाका जिवोत्तमकाकान च्या आनी पाव हाडून दिलो. मदत केंद्रावयल्यान. म्हाका खुब्ब भूक लागिल्ली. गरम च्या पोटांत गेल्याउपरांत म्हाका खुब्ब बरें दिसलें.

जिवोत्तमकाकान आतां म्हाका कशें दिसता ताची मायेन चवकशी केली. म्हाका खऱ्यानीच बरें दिसपाक लागिल्लें. जिवोत्तमकाकान म्हाका मदत केंद्रावयल्यान न हालपाक सांगलें. तो अप्पासायबांक गांठूंक गेलो. कितलो बरो मनीस आशिल्लो जिवोत्तमकाका! पूण तो अदींमदीं उदासीन आनी अलिप्तपणान किद्याक वागतालो हें मात म्हाका कळनाशिल्लें.

आयज तरी अप्पासायब येत व्हय? ताका अद्याप हुंवाराची बातमी मेळूंक ना? रेडियो ताणें आयकूंक ना? वर्तमानपत्रां ताणें वाचूंक ना? तांका जर ही बातमी कळल्या जाल्यार मगीर ते अद्याप येवंकना किद्याक? तांका प्रेसांवाचो अॅटक बी आयलो ना मूं? ते आमच्या जोग बिल्डिंगेकडेन वचून सगळी बिल्डींग व्हांवून वचून ना जाल्ली पळोवन आमीं सगळीं मेल्यांत अशें समजून परते बी गेले ना मूं? त्या शॉकान पिशेबी गाले ना मूं?

ना. हांव भियेवंचेंना. भिरांतेखातीर मनीस चड दुखी जाता. म्हाका हे परिस्थितीची भिरांत दिसची ना. हांव भियेवंचें ना. धीर धरतलें. अप्पासायबाक हांव जिवें आसा हें कळयतलें. ताका धीर दितलें. जाण्टेपणांत आधार दितलें. अप्पासायब सोडल्यार ह्या जगांत आतां म्हजें अशें कोण उरिल्लें? कोणच उरूंक नाशिल्लें.

म्हाका रडूंक आयले. म्हज्या दोळ्यांतलीं दुकां म्हज्या पोल्यांवयल्यान गळपाक लागलीं.

म्हजें लक्ष एके प्रौढ बायलेचेर गेलें. आमनमांडो घालून ती बशिल्ली. रेड्यान बरबटलेल्या आपल्या पदरासकयल आपल्या

भुरग्याचें तोंड धांपून ती ताका पाजताली. हुंवारान तिचें सगळें ना जावन गेलें. फकत तिचें भुरगें आनी त्या भुरग्यावयलें तिचें वात्सल्य तितलें उरिल्लें. म्हाका त्या भुरग्याचें तोंड दिंमनाशिल्लें पूण अदीमदीं वासराप्रमाण आवयक ढोंसपी ताची हालचाल दिसताली. हांव कितलोसोच वेळ त्या मायलेकराक पळेत रावलें.

जगाची उत्पत्ति. जगाचें पोशण. जगाचो नाश. देवान हें जग कित्याक काय उत्पन्न केलां ? जगाचे उत्पत्तिआदीं किदें आशिल्लें ? एका काळार हांव जल्माक आयलें. आईचें दूध पियेवन वाडलें. आनी आतां ? रज–वीर्य एक जावन म्हाका किडिल्ल्या दांतांचें म्हेळ्या तोंडाचें भुरगेंबी जावचेना मूं ? तें भुरगें मागीर आपल्या किडिल्ल्या दांतांनी म्हजे स्तन तोंडात घेवन दूद चोखचेंना मूं ? ना. ना. हांव कुमारी माता जावचें ना. मवाल्यापासून गुरवार जाल्यार बांयत वचून जीव दीन. देवा ! आरे हें किदें चल्लां ? म्हजें विचारचक्र गरगरीत घुंवतालें.

इतल्यान एक ट्रक हुंवारग्रस्तांक मदत घेवन आयलो. कपडे, चादरी, स्वेटर्स आदी लोकांनी दान केल्ल्यो वस्तू घेवन तो ट्रक आयिल्लो. हुंवारग्रस्त हलकल्लोळ करून बोबाळ करपाक लागले. हिसकाहिसकी, धक्काबुक्की करून प्रत्येकजाण ट्रकालागीं पावपाचो यत्न करपाक लागलो. दादले, बायलो, चले, चलयो सगळीजाणां ट्रकांतल्यो वस्तू पयलीं आपणाक मेळच्यो म्हणून धडपडूंक लागलीं. आनी हांव वोग्गी रावून, पयस बसून हो सगळो गोंदळ, ही सगळी गर्दी, ही सगळी घाई थंडपणान पळेतालें.

म्हाका बिरबल–बादशहाची एक कथा याद जाली. कथेचें नांव आशिल्लें 'सबसे जीव प्यारा.' एके माकडीणीन जाता तोंमेरेन आपल्या पिलाक वांचोवपाचो यत्न केल्लो. पूण जेन्ना आपल्या जिवार हांवळ येता अशें तिका दिसले, तेन्ना तिणें आपल्या पिलाक हौदाच्या उदकांत बुडोवन आपलो प्राण वांचोवपाचो यत्न केल्लो.

बिल्डींग कोंसळटना आईन नितीनाक घट्ट वेंगेंत धरिल्लो हांवें पळेल्लो. आपलो जीव वांटावपाखातीर तिणेंय उपरांत नितीनाक सोडला आसतलो काय ? माकडीणीन पिलाक बुडयल्लें तशें ?

हे असले कसले अभद्र विचार करतालें हांव ? पूण विचारांची कारंजी उडतच आशिल्लीं मनांत. किदेंच केल्यार विचार थारनासले.

एक स्वयंसेवक ट्रकार उबो रावलो. आनी तोंडामुखार धरिल्ल्या कोण्यांतल्यान उलोवपाक लागलो.

'भावा-भयणांनो ! आयकात. वोगीच गडबड बोवाळ करूं नाकात. आमी सांगिल्लेप्रमाण क्यूंत उबे रावात. आमचें काम तेखातीर सोपें जातलें. तुमकां मदत बेगीन मेळटली. शिस्तीन वागात. संयम राखात. शांत रावून दिल्ली मदत घेयात.'

इतल्यान कांय पुलीस थंय आयले ताणीं सगळ्या लोकांक रांगेंत उबे केले. हांवय लांबलचक रांगेंत उबें राबलें. पुण्याभायले लोक हुंवार ग्रस्तांच्या मदतकेंद्रार येताले क्यूंतल्या लोकांक निरखिताले. आपलो कोणय नातेवाईक तांच्यांत दिसता जाल्यार पळेताले. तसो कोणय मेळ्ळचार ताका रांगेंतलो भायर काडताले आनी आपलेबरोबर घेवन वताले. कोणाकय ताचो नातेवाईक मेळ्ळो म्हणटकच म्हाका आनंद जातालो. ह्या दिसांनी केन्नातरी अप्पासायब अशेच येतले म्हाका रांगेतले भायर काडटले. ह्या कुशिल्ल्या रेब्याच्या कुबट वासापासून, ह्या नरकांतल्यान म्हाका पयस व्हरतले.

आनीक एक ट्रक जेवण घेवन आयलो. क्यूंच्या लोकांक कपड्यांपरस जेवण महत्वाचें दिसलें. ताणीं परतोय बोवाळ केलो. चेंगराचेंगरी केली आनी ते जेवण घेवन आयिल्ल्या ट्रकाभोंवतणी जमले. पुलीसांक राग आयलो. ताणीं सौम्य लाठीमार केलो. सगळ्यांक वेवस्थित क्यूंत उबे केले.

येदोळचोच स्वयंसेवक कोण्यांतल्यान लोकांक शिस्तीन आनी शांततायेन वागपाचें अजूनय आवाहन करतालो. थोडचा वेळान लोकय शांत जाले. ताणीं कपडे आनी जेवण घेतलें म्हाकाय आनीक कपडे मेळ्ळे. जेवण मेळ्ळें. म्हाका मेळिल्ल्या कपड्यांची हांवें एक पोटली केली. कितले दीस म्हाका हे मदतीर जियोवचें पडटलें हें सांगपाक नकळ आशिल्लें. हांव थंडपणान जेवलें. आतांचें जेवण म्हाका रुचीक लागलें.

मदत केंद्राच्या भोंवतणी आशिल्ल्यो बिल्डिंगो मोडिल्ल्यो. त्या मोडक्या इमारतींचो आडोसो घेवन बायलो आनी दादले आपले सगळे निसर्गिक विधी उरकून घेताले. दादल्यांसामकार कांय अंतरार बायलो बशिल्ल्यो. म्हाका हें सगळें पळोवन वीट दिसली. पूण म्हाका कितलीय वीट दिसली, लज दिसली तरीकय म्हाकाय म्हजो निसर्गिक विधी असोच करचो पडटलो हें म्हाका बेसबरें कळ्ळें.

कांय दिसांपयलीं हांवें 'आमचे पूर्वज' हें पुस्तक वाचिल्लें. तांतूत वर्णन केल्लें आदिमानवाचें रावप वागप म्हाका याद जालें. ह्या हुंवारांच्या संकश्टांत पुण्याचे लोक आदिमानवासारकेच वागिल्ले. भक्ष मेळोवपाखातीर ताणीं दुसऱ्या लोकांची पर्वा करूंक नाशिल्ली. वासनापूर्तीखातीर जनावरांभशेन ते वागिल्ले. ताणीं आपले निसर्गिक विधी उक्त्या सैमार केल्ले.

धा हजार वर्सांयलीं पुण्याक आमचेच आदिमानव पूर्वज रावताले. आयज आमी वागलीं तशे ते सदांच वागत. नागडेच रावताले. शक्य जाल्यार जनावराचें कातडें कमराक गुंडाळीत. हरवें मांस खाताले. आपणांक जाय ते बायले वांगडा समागम करीत. ऐच्छिक वा जबरी. ते तीक्ष्ण गुण्यांचीं शस्त्रां वापरून शिकार करीत.

हांव एकाच जाग्यार पुतळ्याभशेन निश्चल बसून आशिल्लें. मनांत विचार भन्नाट घुंवताले. इतल्यांत 'शुभी' अशी हालेट आयकूंक आयली. हांवें पळेलें. अप्पासायब 'शुभी ! शुभी !' करीत म्हजेकडेन धांवत येताले.

'अप्पासायब !' अशो किळांच म्हज्या तोंडातल्यान फुटली. हांव धांवत पळत तांचेकडेन गेलें. जेन्ना ताणी म्हाका वेंग मारली तेन्ना हांव आनंदातिशयान बेशुद्ध पडलें तांचे वेंगेंत.

हुंवारामेरेनचे म्हजे जिणेचो भाग सोंपला. म्हाका उत्साही दिसता. हांव नॉर्मल चली. म्हज्यांत कांयच उणीव ना.

० ० ०

Help Protect & Preserve the Cultural Heritage

- Goa Archives preserves for posterity the documentary heritage of Goa's past.
- Collections in Portuguese date back to the 15th century.
- It also has Marathi (Modi)-Halkannada and a few persian documents throwing light on the relations of the portuguese with Marathas, Hyder, Tipu, Sundas and Bhonsles of Sawantwadi etc.
- The collection also contains a few documents in Chines and Vietnamese scripts.
- Goa Archives has its own well-equipped preservation Unit for the scientific preservation of documents.
- It also has a modern microfilming, photocoping and xeroxing equipment.
- This is your Archives and you can enrich it by donating your valuable collection of private papers.

VISIT GOA ARCHIVES ALWAYS

Issued by :-

Directorate of Archives, Archaeology & Museum

Government of Goa * Phone : 3232

'तूं आतां हांवें मांगिल्ले विचार सदांच मनांत बाळगितलें. तूं जागें जातलें तेन्ना तुका खुपच उत्साही दिसतलें. तूं नॉर्मल चली. तुज्यांत कसलेंच न्यून्य ना. तूं फ्रिजीड जालां असो तुज्या मनार फट परिणाम जाल्लो. आतां तो परिणाम उरूंक ना. तुकाय सगळ्या स्त्रीसुलभ भावनांनी दिलचस्पी आसा,' तो धीरगंभीर आवाज भित्तरल्यान खंयसूनतरी म्हाका आयकूंक आयलो.

हय. हांव हेच विचार मनांत बाळगितलें.

म्हाका खूबच उत्साही दिसता. हांव नॉर्मल चली. म्हज्यांत कसलेंच न्यून्य ना. हांव फ्रिजीड न्हय. म्हाका तशें दिसतालें तें म्हज्या मनार फट परिणाम जाल्लो म्हणून. आतां तो परिणाम म्हजेर उरूंक ना. म्हाकाय सगळ्या स्त्रीसुलभ भावनांनी दिलचस्पी आसा.

हांवे दोळे उक्ते केले. रुमांतल्या दिवाणार हांव न्हिदिल्लें आशिल्लें. म्हजी साडी म्हेळी जाल्ली. ती जाण्टेली, प्रेमळ किरीस्तांव बायल म्हजे कपडे साफ करताली. हांव आंग काडून उठून बसलें. रुमांत सुहास नाशिल्लो. म्हजे ओंकीन म्हजी साडीच फकत म्हेळी जाल्ली.

'डॉक्टर खंय ?' हांवें ते बायलेक विचारलें.

'भायर बसल्यात. ताणीं म्हाका तुमकां नितळ करपाक सांगलां. तुमी हो गावन घालून अर्दवर हांगा बसश्यात व्हय ? हांव तुमची साडी नितळ करून फेर्र मारून दितां,' ते बायलेन म्हाका म्हळें.

हांवें गावन घालो. साडी सोडोवन तें बायलेकडेन दिली. ती गेली. म्हाका अंधुकशी याद जाली. हांव त्या मवाल्यान म्हजेर केल्ल्या बलात्काराचो विचार करतालें. भौतेक तेन्नाच हांव ओंकिल्लें. आनी म्हजी साडी म्हेळी जाल्ली. म्हाका खुपच लज जाल्लेभशेन जालें.

दिवाणामामकार एक हारसो आशिल्लो. हांवें हारशांत पळेलें. गावन घाल्ली म्हजी प्रतिमा पळेली. कितलें सुंदर दिसतालें हांव. उभ र दिसपी म्हजी छाती, म्हजी लांब त्रिणी, प्रमाणबद्ध शरीर, हळडुवी कांती, कोरीव भुंवयो, सरळ नाक आनी दोन भुंवयांमदलो तो काळो तीळ. हांव म्हजे छबी कडे पळोवन हांसलें. छबीय हांसली. मोतयांभशेन म्हजे दांत चकचकले.

म्हाका खुपच उत्साही दिसतालें. आनंदान एक पद म्हणचें अशें म्हाका दिसपाक लागलें. म्हाका पिसाभशेन ल्हव दिसतालें. सुहासाचें तें इंजेक्शन कितलें प्रभावी आशिल्लें ! म्हज्या सगळ्या पूर्वायुश्याची हांवें उजळणी केल्ली. सिंहावलोकन केल्लें. मनांतल्या मनांत.

हांवें ल्हवूच म्हजे उजवे कुशीक आशिल्लें दार मातशेंशें उगडलें. भायर पळेलें. सुहास एका मेजासामकार कदेलार बशिल्लो. ताचे तकलेर टेलिफोन रिसिव्हरासारकें किदेंतरी लायिल्लें. तो सकयल पळेत एकाग्रतायेन येवाजितालो. तो वाडिल्ल्या खाड मिश्यांखातीर प्राचिन ऋषीकुमाराभशेन दिसतालो. अश्विनी-कुमार ! देवांचो वैद्य ! कसलो विचार करतालो काय तो ?

हांवें दार परतें धांपलें.

ती बायल हांसत हांसत भितर आयली. तिणें म्हजेखातीर एक कप कॉफी हाडिल्ली. हांवें कॉफी घेतली. म्हज्यो चित्तवृत्ती प्रसन्न जाल्ल्यो. बलशाली विचार मनांत घोळटाले. ल्हवल्हव दिसतालें.

हांव खऱ्यानींच् एक पद गुणगुणपाक लागलें.
म्हाका खुपच उत्साही दिसता.
हांव नॉर्मल चली.
म्हज्यांत कांयच न्यून्य ना.
हांव फ्रिजीड न्हय.
म्हज्या मनार जाल्लो तो फट परिणाम आतां उरूंकना.
म्हाका सगळ्या स्त्रीसुलभ भावनांनी दिलचस्पी आसा.
वयले विचार म्हज्या मनांत परते परते घोळटाले.

म्हज्यांत पोलादी आत्मविश्वास घोळटालो. हांवें खूब वेळ म्हाकाच हारशांत पळोवन घेतलें. म्हज्या सौंदर्याचें हांवेंच कवतुक केलें. ते बायलेन म्हजी साडी हाडल्याउपरांत हांव ती वेवस्थित न्हेसलें. उपरांत भायर गेलें. सुहास अजूनय सकयल पळेत येवजितालो. हांव भायर येतकच ताचें लक्ष म्हजेकडेन गेलें.

'हां ! किदें बेबी ? कशें किदें दिसता तुका ?' ताणें हांसत म्हाका विचारलें.

'डॉक्टर ! म्हाका सामकें बरें दिसता' हांवें म्हळें, 'आय एम सो सॉरी, डॉक्टर ! आय ओमिटेड.'

० ० ०

सुहास

शुभदाक भितर येतना पळोवन हांवें हेडफोन काडून सकयल दवरलो. आनी ताका हांसत विचारलें, 'हां ! किदें बेबी ? कशें किदें दिसता तुका ?'

'डॉक्टर ! म्हाका सामकें बरें दिसता' ताणें जाप दिली 'आय एम सो सॉरी डॉक्टर ! आय ओमिटेड. पूण डॉक्टर ! हांव ओंकलें कशें किदें ? म्हाका किदें जालां डॉक्टर ? कसलो मानसिक रोग आसा म्हाका ?' ताणें म्हाका प्रस्न केले. ओंकिल्याखातीर ताका खुब्ब लज जाल्ली.

'बेबी ! यू आर परफेक्टली ऑल रायट. म्हाका आनीक दोन खेप तुजी मुलाखत घेवची पडटली. म्हाका दिसता तेउपरांत तुका म्हाका सगळें सांगपाक जातलें. सो फार आय हॅव नॉट फावंड ॲनोथिंग' हांवें म्हळें.

'डॉक्टर ! हांव वचूं ? ताणें म्हाका विचारलें.

'हय. फाल्यां सकाळीं णव वरांचेर यो. कॅन यू मेक इट ?'

'डेफिनिटली डॉक्टर !' ताणें उत्साहान म्हळें.

तें वतकच हांवें परतोय हेडफोन कानाक लायलो आनी परत शुभदाचें टेप केलें कथन आयकूंक लागलों. हें चली तल्लख बुद्धी-

मत्तेचें आशिल्लें. ताणें खुब्ब आघात सोंशिल्ले. पुरांत ताच्या दोळ्यां-सामकार ताची ावय आनी भावंडां व्हांवून गेल्लीं. तें सुदैवान वांचिल्लें. पूण रोखडोच ताचेर दुसरो आघात जाल्लो. एका मवाल्यान ताचेर निर्घृण बलात्कार केल्लो. ताच्या सगळ्या नाजूक भावनांचो चुरो जाल्लो. ह्या दोन अकस्मात मेळिल्ल्या शॉकानीं, येवजूंक नाशिल्ल्या धक्क्यांनी ताच्यो सगळ्यो स्त्रीसुलभ भावना जळून तांचो साप्प गोबोर जाल्लो. तें थंड फ्रिजीड जावचेंनाशिल्लें जाल्यार किदें जातलें आशिल्लें? तें सगळ्या शृंगाराचो, कामुक दृश्यांचो द्वेश करचेंना जाल्यार किदें करतलें आशिल्लें? ताका लैंगिक संबंधाची किळस येवची ना जाल्यार किदें येतलें आशिल्लें?

आपणाचेर जाल्लो बलात्काराचो प्रसंग सांगतना ताका चवदा वर्सांपयलीं घडिल्लो त्या प्रसंगाची तंतोतंत याद जाल्ली. ते यादींत वचनाफुडें ताका किळस आयिल्ली. आनी तें त्या प्रसंगाचें वर्णन करता आसतनाच ओंकिल्लें. ताच्या मेंदूवयलो ताबो गेल्लो. बाबडें! कितलें सोंशिल्लें ताणें? कशें तत्वज्ञाप्रमाण येवजितालें तें. हुंवाराच्या संकश्टाचो छाप ताच्या मनार भित्तर उमटल्लो.

ताचेर मानसोपचार करता आसतना म्हजेरय परिणाम जातालो. कारण हांव फकत मानसोपचार करपी तज्ञ ही अलिप्त भावना शुभदाची परिक्षा करतना म्हाका बाळगूंक येनाशिल्ली. उरफाटें, शुभदा म्हजें. खंयचेय परिस्थितींत ताचेर जाल्ल्या परिणामापासून ताका हांवे मुक्त करपाकच जाय अशें म्हाका दिसतालें. आनी ताची हांव सॅर्त हे मानसिक विकृतिपासून सुटका करतलों आशिल्लों.

हांव ताचेवांगडा लग्न करतलों. तें म्हजी वाग्दत्त वधू. आरे पूण हें सगळें म्हजे हांवेंच थारायलां हें कशें? ताणें किदें थारायलां ताचो विचार नाका जावपाक? हय. ताचोय विचार हांव करतलों. फुडाराविशीं तें किदें येवजिता म्हाका ह्या दोन दिसां-भितर कळटलें.

हांवें टेलिफोन उखल्लो. डॉ. आपटेक फोन केलो. डॉ. आपटे रोखडोच मेळ्लो.

'डॉक्टर! हांव डॉक्टर दोडगे. त्या दिसा तुमचे लेक्चर सिफिलिसाचेर आशिल्लें आनी एका सिफिलिस जाल्ल्या पेशंटा-सामकार तुमचें लेक्चर चालू आशिल्ले मूं?

'दॅटस रायट' डॉ. आपटेन जाप दिली, 'मिस रेगेक फिट आयिल्ली त्याच दिसा मूं?'

'हय डॉक्टर! म्हजेर तुमी एक फावोर करपाक शकतात?' हांवें विचारलें.

'बाय ऑल मिन्स, डॉक्टर! व्हाय नॉट? उलयात. हांव किदें करूं?' ताणे विचारलें.

'तो पेशंट रोखडोच मेलो न्हय? ताचे केसपेपर्स मात्शे म्हाका पळोवपाक मेळटले?' हांवें विचारलें.

'डेफिनिटली. कॅन यू कम ॲट थ्री थर्टी?' ताणें म्हाका विचारलें.

'यस! हांव साडेतिनांक तुमचेकडेन येतां. केस पेपर्स तुमच्या चेंबरांत मागोवन घेयात,' हांवे टेलिफोन सकयल दवरलो.

० ● ०

हांव साडेतिनांक डॉ. आपटचांकडेन गेलों. ताणें म्हजें हांसून स्वागत केलें.

'व्हॉट आर यूवर फायडींग्स ॲबौट रेगे डॉक्टर?' ताणें म्हाका विचारलें. शुभदाबगर दुसरो कोणय जर पेशंट आसता जाल्यार हांव डॉक्टर आपटेक म्हजें निदान सांगतलों आशिल्लों. पूण शुभदासंबंदान कांयच सांगपाक हांव तयार नाशिल्लों. शी वॉज माय गर्ल.

'इट इज टू अर्ली टू कम टू ॲ डेफिनिट कंक्लूजन' हांवें ताच्या प्रश्नाच्या रोखाक मोडण दिलें.

हांव ते केस पेपर्स चाळपाक लागलों. महादेव गणपत शिंदे हें त्या पेशंटाचें नांव. थर्ड स्टेज सिफिलिसान ताका ग्राशिल्लो. तो हृदयक्रिया बंद पडून मेल्लो. ताच्या आंगार वळखिची खूण आशिल्ली. ताच्या उजव्या हातार मुरलीधर कृष्णाचें चित्र गोंदयल्लें. रिपोर्टांत हें आशिल्लें. हय. दुबावच ना. तो तोच आशिल्लो. चवदा वर्सां-पयलीं ताचेर बलात्कार करपी नराधम आनी शुभदा ताका वळखल्लें.

हांवें केसपेपर्स फायल बंद केली.

'थॅंक्यू, डॉ. आपटे.' हांवें कदेलावयल्यान उठत म्हळें. डॉ. आपटेक खूब अजाप जालें

'डॉक्टर! व्हॉट वॉज सो व्हेरी इंपोर्टंट अबौट धीस पेशंट?' ताणें म्हाका विचारलें.

'म्हजी ती काम करपाची पद्धत, दोतोर! हांव खंयचीच गजाल उणें महत्वाची म्हणून निग्लेक्ट करीना. मिस रेगेक सामकी हालींची फिट त्या दिसा आयिल्ली. तुमचें लेक्चर चालू आसतना. म्हळें सगळ्याची तपशीलवार माहिती घेवची. म्हजें काम जालें डॉक्टर! थॅंक्यू व्हेरी मच,' हांव डॉ. आपटेच्या चेंबरांतल्यान भायर सरलों.'

हांव आवाराभायर वता जाल्यार इतल्यान 'डॉक्टर' असो उलो आयकूंक आयलो. हांवें फाटल्यान पळेलें. शुभदा बेगीन बेगीन चलत म्हजेकडेन येतालें. हांव थंयच रावलों कितलें सुंदर, कितलें मोहक, कितलें सात्विक दिसतालें म्हजें शुभदा.

'हॅलो बेबी!' हांवें ताचेकडेन पळोवन ताका हांसत विचारलें.

तें उत्साहान म्हजेलागीं आयलें. खूब बेगीन चलिल्ल्यान ताका धांप लागिल्ली.

'आज हेवटेन खंय, डॉक्टर?' ताणें विचारलें.

'इल्लें काम आशिल्लें, बेबी! म्हाका खूब तान लागल्या म्हाका कंपनी दिसलें?' हांवें विचारलें.

ताका घेवन हांव 'क्वालीटी'त गेलों. आमीं पयलीं कोल्डड्रींक पियेलीं आनी येद्दें व्हडलें कसाटा आयसक्रीम खालें. ताका पळोवन म्हाका खुब्ब आनंद जाल्लो. म्हाका मेळिल्ल्यान ताकाय खुब्ब आनंद जाल्ल्याचें दिसतालें.

'बेबी! तूं वाचन कसलें करता?' हांवें ताका विचारलें.

'म्हाका विज्ञानाचीं पुस्तकां आवडटात. स्वामी विवेकानंद, स्वामी रामतीर्थ हांचे ग्रंथ हांव आवडीन वाचतां.' ताणें म्हाका म्हळें.

'हाउ अबौट लिटरेचर ?' हांवें विचारलें.

'हांव खूब रूक्ष डॉक्टर ! म्हाका कथा, कादंबरी, नाटकां आदी वाङ्मय आवडना' ताणें म्हळें.

'हें पळे बेबी ! आय वॉंट यू टू रिड ए नॉवेल. खुबच खवदूळ घाल्ली ती कादंबरी. डी. एच. लोरेंन्स ह्या लेखकान ती बरयल्या. कादंबरीचे नांव आसा ' लेडी चॅटर्लीज लव्हर. ' हांव फाल्यां तुका ती म्हज्या क्लिनिकांत दितां. आय वॉन्ट यू टू रीड इट. वाचतकच तुंवें ते कादंबरीची समरी बरोवपाची.' हांवें ताका सांगलें.

'अॅज ए प्रिस्क्रिपशन, डॉक्टर?' ताणें हांसत म्हाका विचारलें.

'वेल ! यू कॅन थिंक अॅज यू लायक इट' हांवें हांसत म्हळें.

हांवें ताका परतें कॉलेजांत पावयलें आनी हांव परतलों.

० ० ०

हांव म्हज्या क्लिनिकांत आयलों. फोन उखल्लो. केदार बाढवानीचो नंबर घुंवडायलो.

'हॅलो केदार ! डॉ. दोडगे हियर' हांवें म्हळें.

'यस डॉक्टर ! हांव तुमचेखातीर किदें करूं सांगात,' ताणें विचारलें. 'केदार, म्हाका तुजें एक ब्ल्यू फिल्म जाय आनी तुजो प्रोजेक्टरयबी.'

'आरे वा, डॉक्टर ! व्हॉट इज द स्पेशल ऑकेजन ?'

'नथिंग. आय वॉंट इट. केन्ना धाडटा सांग.'

'तुमकां जाय तेन्ना.'

तर मागीर हांव परवां सकाळीं आठ वरांचेर तुज्या घरा येवन फिल्म आनी प्रोजेक्टर घेवन वतां. विल इट डू ?'

'बाय ऑल मिन्स, डॉक्टर ! हांव दोनय तयार दवरतां.' ताणें सांगलें. हांवें फोन सकयल दवरलो.

हांवें परतोय एक फोन नंबर घुंवडायलो. महाबळेश्वर साने फोनारच मेळ्ळो.

'महाबळ ! हांव सुहास दोडगे.'

'उलय. उलय वैद्यराज ! आज म्हजी याद तुका कशी किदें जाली ?' ताणें विचारलें. तो आनी हांव भुरगेपणानसावन इश्ट. तो एक प्रथितयश लेखक जाल्लो. ताणें कितल्योश्योच गाजिल्यो कादंबऱ्यो बरयल्यो.

'महाबळ ! म्हाका तुजे लायब्रींतलें एक इंग्लेज नॉवेल जाय.'

'उलय. खंयचें जाय ?'

'डी. एच. लोरेंन्साचें लेडी चटर्लीज लव्हर.'

'मेळ्ळेंच समज. केन्ना व्हरता ?'

'फाल्यां सकाळीं साडेआठांक. तूं तें सोदून काडून भायरच दवर. विसरूं मात नाका.'

'फाल्यां येवन घेवन वच तूं पळोवया.'

हांवें टेलिफोन सकयल दवरलो.

० ० ०

हांवें कागद, पेन घेतलें. पनवेलाक जिवोत्तमकाकाक एक पत्र बरयलें.

ति. जिवोत्तमकाका,

सप्रेम नमस्कार.

म्हजें तुमचेकडेन एक म्हत्वाचें काम आसा. तुमी आनीक चार दिसांउपरांत मुंबैक येशात ? खरें म्हळ्यार हांवूच तुमकां मेळूंक पनवेलाक येवपाचों. पूण ह्या दिसांनी खूब लोकांक अॅपॉयटमेंटस दिल्ल्यान म्हाका हांगासून आनीक आठ दीसमेरेन हालपाक जावचें ना.

तुमी येतात मूं ? मुजरत येयात.

माधवकाकांक नमस्कार.

तुमचो,

सुहास

ता. क. तुमी जेन्ना हांगा येतले तेन्ना हांवे म्हजें खाड गळगुळीत केल्लें तुमकां पळोवंक मेळटलें.

– सुहास

हांवें तें पत्र रोखडेंच पोस्ट करपाक लायलें.

० ० ०

हांवें परतो म्हज्या घरचो फोन घुंवडायलो. शंकरान फोन घेतलो.

'शंकर ! आयज सांजचो हांव पांच वरांचेर येतलों. आयज हांव म्हजें खाड नितळ करतलें. उपरांत हून उदकांन न्हातलों. खाडाचें सामान आनी हून उदक बराब्बर पांच वरांचेर तयार दवर,' हांवें ताका सांगलें.

'बरें पात्रांव !' शंकरान म्हळें. हांवें फोन दवरलो.

शुभदाच्यो देड वराचो एक अश्यो दोन टेपी हांवें रिकॉर्ड केल्ल्यो. हांवें हेडफोन लायलो. आनी टेपी पयलींपासून आयकुपाक सुरवात केली. म्हाकाय ताच्या भुरगेपणांतल्या परिकथेंतल्या राजकुंवर आनी राजकुंवरीवांगडा तादात्म्य पावचेशें दिसलें.

एका राजकुंवरीचें एका राजकुंवराचेर भुरगेपणांतच प्रेम जडलें. पूण एका राक्षसान तिका पळयली. तिका सकाळची तो बेबकी करून दवरतालो. रातचो परतोय तिका मनीमरूप दितालो. राजकुंवराक राजकुंवरी आपलेचेर प्रेम करताली हें खबर नाशिल्लें. तो सहज एकदां शिकारेक रानांत गेल्लेकडेन ताणें राक्षसाच्या वाड्यांत प्रवेश केलो. बेबकी ताचेलागीं उलयली. रातीक राक्षसान जेन्ना तिका परतेंय मनीसरूप दिलें तेन्ना राजकुंवरान युक्तीन त्या राक्षसाक मारून उडयलो. राजकुंवर राजकुंवरीचें लग्न जालें. तीं सुखान रावूंक लागलीं.

शुभदांत रिगिल्ल्या विकृतिच्या राक्षसाक म्हाका मारपाक जातलें काय ना ? ... ...

शुभदान कितलें सुसंगत, व्यवहारी चिंतप करून म्हाका आपली जीण कथन केल्ली ! ! ...

० ० ०

शुभदा

हांव दनपरां लायब्ररींतल्यान परततालें. आनी म्हाका सुहास कॉलेजाच्या आवारांतल्यान वतना दिसलो. म्हजें मन कसल्यातरी अवर्णनीय आनंदान भरून गेलें 'सुहास' 'सुहास' अशे मोठ्यान ताका उलो मारचे अशें म्हाका खिणभर दिसलें. पूण तशें करप म्हाका जमलेंना. हांव जाता तितल्या बेगीन चलत ताचेलागीं गेलें आनी म्हळें, 'डॉक्टर.' ताणें फाटल्यान वळून पळेलें आनी तो थंयच रावलों. हांव बेगीन बेगीन चलत ताचेकडे वतालें आनी तो म्हजेचकडेन थीर पळेत उबो राविल्लो.

'हॅलो बेबी!' ताणें म्हजेकडेन पळोवन हांसत म्हळें.

हांवें ताका तो हांगा खंय आयिल्लो तें विचारलें. ताणें आपल्याक थोडें काम आशिल्ल्याचें सांगलें आनी म्हाका आग्रो करून 'क्वालीटीं'त व्हेलें, म्हजें मन आनंदान नाचतालें. गातालें. बलशाली विचार करतालें.

सुहासान म्हाका वाचूंक किदें आवडटा ताची चवकशी केली. म्हाका एक इंग्लेज कादंबरी फाल्यां वाचूंक दितां म्हणून सांगलें. ती कादंबरी शृंगारीक आसल्यार हांव वाचचें नाशिल्लें. ताणें म्हाका कोल्डड्रीक आनी आयसक्रीम दिलें. हांव एका तेंपार नाकासामकार पळोवन चलपी चली! आयज सुहासावांगडा आनंदान उलयतालें. ताणें दिल्लें आयसक्रीम खातालें. आनी विशेश म्हळ्यार ताची मातय नसाक करिनाशिल्लें. उरफाटें ताची कंपनी, ताची साथ म्हाका आवडटाली. म्हजें मन गातालें.

म्हाका खुपच उत्साही दिसता.
हांव नॉर्मल चली.
म्हज्यांत कांयच न्यून्य ना.
म्हज्या मनार जाल्लो तो फटींचो परिणाम आतां उरूंक ना.
म्हाका सगळ्या स्त्रीसुलभ भावनांनी दिलचस्पी आसा.

हांव प्रफुल्लीत मुद्रेन घरा गेलें. म्हज्यांत पडिल्लो फरक अप्पासायबांच्या लक्षांत आयलो.

किदें शुभे! आज चड आनंदीतशें दिसता? ताणी खोशी जावन विचारलें.

हांव सामकें लजलें. म्हळ्यार म्हजो आनंद सगळांच्या लक्षांत येतालो. असो उत्साह, असो आत्मविश्वास, इतलो आनंद म्हाका कितलीशींच वर्सां खबर नाशिल्लो. ही सगळी त्या सुहासाच्या इंजेक्शनाची किमया.

फ्रायड म्हण्टा– आपल्याक विकृती कसली आसा हें एकदां कळ्ळें म्हण्टकच ती विकृती उरना ना जाता.

हांव फ्रिजीड आसा अशें दिसपाची म्हाका विकृती जडिल्ली तें म्हाका कळ्ळें म्हणूनच हांव आतां फ्रिजीड उरूंकना? तर मागीर काल इंजेक्शनाचे गुंगेंत हांव ओंकलें कशें? शृंगाराचो बेश्टो विचार आयल्यार, कामुक दृश्याचें सपनलेगीत पडल्यार म्हाका किळस आनी ओंकारी मागीर कशी किदें येता? आनी परतेय ते बलशाली विचार म्हज्या दुर्बल विचारांक साप्प धांवडावन घालपाक लागले. हांव ह्या चार दिसांक बेसबरें गाढ न्हिदतालें. म्हजी बलायकी सुधारिल्ली. म्हाका ल्हवल्हव दिसताले. म्हज्या मनार कसलोच तणाव उरूंक नाशिल्लो.

० ० ०

हांव सुहासाचे क्लिनिकांत पावलें तेन्ना सुहास कसलें तरी पुस्तक वाचत बशिल्लो. म्हाका पळोवन ताणें पुस्तक मेजार दवरलें ताणें सुळसुळीत खाड केल्लें. खाड नाच्च जाल्लें. मिश्यांक कट दिल्लो.

'गुडमॉर्निग बेबी,' ताणें म्हाका हांसत्या तोंडान विश केलें.

'गुडमॉर्निग डॉक्टर' हांवें सुहासाक जाप दिली.

जग कितलें सोबीत जालां! सगळ्याक कसो इतलो उत्साह पातळ्ळा? म्हाका सगळ्या गजालींनी इतलो रस घेन कसो दिसता? आयज नितळ खाड केल्लो सुहास कितलो देखणो दिसतालो!

'वा बेबी! आयज तूं ताज्या फुलाभशेन सोबीत दिसता,' सुहासान म्हाका म्हळें आनी हांव आनीक एक खेप लजलें. सुहास सलगीन उलयतालो आनी तो दादलो आसूनय म्हाका ताचो राग येनाशिल्लो. उरफाटें ताणें आनीक तशेंच किदेंतरी उलोवचें अशें म्हाका दिसलें. खाड खूब दिसांनीं नितळ केल्ल्यान मातसोसो फिकट दिसपी ताचो चेरो कितलो देखणो दिसतालो!

'डॉक्टर! म्हाका किदें व्याधी जडल्या? हांव पुराय बरें केन्ना जातलें?' हांवें व्याकुळ आवाजांत सुहासाक प्रस्न केलो.

'बेबी! तुका कांयच जाल्लें ना. तूं पुराय बरें आसा, ताणें म्हाका ठाम सांगलें.

'तर मागीर डॉक्टर हांव अशें ओंकतां कशें? म्हाका फिटस किद्याक येतात?' हांवें विचारलें.

'प्लीज वेट अँड होप. वाट पळे आनी बरें जावपाची इन्सा धर. हांव तुका आनीक चार दिसांउपरांत सविस्तर माहिती दिता. तुका किदें जालाशें दिसतालें, किद्याक दिसतालें आनी आतां किद्याक दिसना तें सगळें समजावन सांगतां. तो मेरेन प्लीज वेट अँड होप' सुहासान म्हाका सांगलें.

'ओके डॉक्टर!' हांवें खोशी जावन म्हळें. आनीक चार दिसांनी म्हाका कसली विकृती जडिल्ली तें कळोवपाचो आसा तो. पळोवयातरी हो अश्विनीकुमार किदें सांगता तो.

'बेबी! आतां आमचें काम आमी करुंया' हांव भितर गेलें.

० ० ०

'तुवें तुजी हुंवारापयलींची जीण वर्णन करून सांगली. हे जिणेंत आनीक किदें सांगपाचें उरलां व्हय?' त्या धीरगंभीर आवाजान भित्तरल्यान खंयसूनतरी विचारलें.

'आनीक कांयच सांगपाचें उरूंकना' हांवें म्हळें.

'तर मागीर आतां तुजी हुंवाराउपरांतची जीण सांग' तोच

आवाज विचारूंक लागलो.

आरे आवाजा ! इतले दीस म्हाका हें सगळें किद्याक विचारलें ना ? तुवें सगळें आयकना फुडें म्हाका म्हजेवयलें वर्जे उणें जाल्लेभशेन दिसता. हांव तुका सगळें सांगपाचेंच आशिलें. हुंवाराउपरांत म्हजो घुस्मटमार मात खुब्ब जालो. तोंड धांपून धुमक्यांचो मार सहन केलो हांवें. पूण परिस्थितीवांगडा मात हांव लढलें. फकत रडत बसलेंना.

अप्पासायबान पूरग्रस्त मदत-केंद्रार म्हाका गांठतकच ताणीं म्हाका रोखडेंच मुंबय व्हेलें. आपल्याक हाचेफुडें पुण्याक रावप जड थरतलें हें तांका खबर आशिल्लें. खूब जाग्यांचेर पावतकच, विशिश्ट घरामामकार पावतकच, विशिश्ट मनशां दिश्टी पडटकच, आपल्याक आई, सुधीर, विनिता, नितीन हांची याद खावपाक येतली हें तांका खबर आशिल्लें. तांच्या वरिश्ठांनी तांचेखातीर खुब्ब खटपट केली. तांची बदली मुंबैक करून दिली. पयलींच्याच खात्यांत. पयलींच्याच हुद्यार. ऑफिसामार्फतच अप्पासायबांक एक ओनरशिप ब्लॉक घेवपाक कर्ज मेळिलें. आनी म्हणून ते मुबै एक ब्लॉकय घेवपाक पाविल्ले.

पुण्याकसावन मुंबै येतकच म्हजो सामको आंवरो उडिल्लो. म्हाका एकमुळेंच रावचेशें दिस. कोणाचीच संगत नाका अशें दिसतालें. म्हाका आनीक फुडें शिकपाची इत्सा ना अशें हांवें अप्पासायबांक सांगलें. ताणीय म्हज्या मनाविरुद्ध म्हाका चड आग्रो केलो ना. हांव सामकें कृश आनी व्हिरासारकें बारीक जालें. धवें फटफटीत दिसतालें. हांव घरची सगळीं कामा करतालें. अप्पासायब जेवन ऑफिसाक वतकच मात हांतुणार पडून फकत वाचतालें आनी न्हिदतालें. खुपच अशक्तताय आयिल्ली म्हाका.

पुण्याकसून हांव मुंबै येवन वीस दीस जाल्ले. हुंवारापयलीं धा दीस म्हाका दुसरी म्हयन्याची पाळी जाल्ली. एक म्हयनो जालो तरी तिसरी मासिक पाळी म्हाका जावंक नाशिल्ली. आनीक एक त्रास सुरू जाल्लो. म्हाका मूत्र-विसर्जन करतना जळटालें. शरीरांत कसलीतरी उश्णता वाडिल्ल्याभशेन दिसताली. दोळे जळटाले. भूक लागनाशिल्ली. न्हीद बरी येनाशिल्ली.

म्हाका त्या मवाल्यापासून दीस बी गेल्ले काय ? म्हाका अशें किद्याक जातालें काय ? कसली पिडा जडिल्ली म्हाका ? आतां किदें करपाचें ?

हांवें सगळे प्रयत्न करपाचें थारायलें.

पयलीं म्हाका थरोवचें पडटलें म्हाका खऱ्यानींच दीस गेल्यात काय किदें तें. पूण हें म्हाका कळपाचें कशें ? दोतोराक दाखयल्याबगर हें जमपाचें नाशिल्लें. अप्पासायबांक कळयनासतना दोतोराक दाखोवप म्हाका कशें किदें जमतलें ? अप्पासायबांक कळोवपाचें जाल्यार कशें कळोवपाचें ? आपली उरिल्ली एकसूरी धूव हुंवारांतल्यान वांचल्या. पूण भ्रश्ट मात जाल्या. ती हुंवारांत मेल्ली जाल्यार बरें जातलें आशिल्लें अशें तांका दिसचें नाशिल्लें ? ह्या दुसऱ्या शॉकान तांचें ब्लड-प्रेशर अकस्मात वाडलें जाल्यार ? तांका मर्ण आयलें जाल्यार ? ह्या अफाट संवसारांत म्हजें अशें म्हाका कोण ? ना. हांव मरतलें, पूण अप्पासायबांक त्रास दिवन तांच्या मर्णाक कारणीभूत जावचें ना.

खंयच्या दोतोराक दाखोवपाचें ? पयलीं दोतोराकडल्यान हांव खऱ्यानींच गुरवार जालां काय किदें तें स्पश्ट समजून घेवंक जाय. खंयच्या दोतोराकडेन वचपाचें ? म्हजे असली अत्पत्रयीन चली खंयच्या दोतोराकडेन एकलीच वतली ? ? आनी आतां हांव जण एका दादलेमनशाक भियेतालें. अप्पासायब सोडल्यार म्हाका सगळ्या दादल्यांची किळस येताली. तो सुहास ! जाचेर हांव अतोनात प्रेम करी, जाका हांव भांगरा केंसाचो राजकुंवर म्हणटालें, जाका हांव देवदूत मानतालें, त्या सुहासाची लेगीत म्हाका आतां घृणा येताली. सगळेच एके माळेचे मणी. सगळेच वखवखलेले. म्हण्टकच हांव दादल्या दोतोराकडेन वचपाचो प्रस्नच उरनाशिल्लो.

आतां बायल दोतोर खंय सोदपाची ? आनी इतल्यान म्हाका एके बायल दोतोराची याद जाली. अप्पासायब आनी हांव सांजचीं बाजार हाडपाक वतालीं. आमच्या घरापासून अर्ध्या फर्लांगार एक दवाखानो आशिल्लो. ताचेर भायरूच पाटी लायिल्ली. डॉ. सुमती सुलाखे, एम बि. बि. एस. (बॉम). रस्त्यावयल्यान हांवें काय ते दोतोरनीचें तोंड पळोवंक नाशिल्लें. फकत नांवावयल्यान ती बायल दोतोर हें सिद्ध जातालें. हांवें हे डॉ. सुलाखेकडेन वचपाचें थारायलें. अर्थात अप्पासायबांक कळपाक दिनासतना.

० ० ०

दुसऱ्या दिसा आप्पासायब ऑफिसाक वतकच हांवें आमच्या ब्लॉकाक चावी केली. सरळ डॉ. सुमती सुलाखेच्या दवाखान्यांत गेलें. हांव अकालीं पोक्त जाल्लें. ते दोतोरनीक किदें सांगपाचें तें हांवें मनांत पयलीं सामकें पक्कें थारायलें. हय. हांवे ते दोतोरनीक सत्य आनी सगळें सत्य सांगपाचें थारायलें...

हांव दवाखान्यांत पावलें तेन्ना डॉ. सुलाखे, वर्तमानपत्र वाचत बशिल्ली. तिची पिराय सुमार तीस ते बतीस वर्सांची आशिल्ली. तिचें लग्न जावंक नाशिल्लें. म्हाका पळोवन ती हांसली आनी तिणें वर्तमानपत्र सकयल दवरलें.

'किदेंगो बाय ! किद्याक आयिल्लें तूं ?' तिणें म्हाका विचारलें.

'... ...' म्हाका कांयच उलोवपाक जालें ना.

'बाय ! तुका किदें जाता ? भियेनासतना आनी भिडेनासतना म्हाका सांग पळोवया. दोतोराकडेन सदांच सारकें खरें उलोवचें,' आपल्या भारदस्त आवाजात म्हाका धीर दीत दोतोर उलयली. हांव किदेंतरी सांगपाक सोदतां पूण सांगपाक भिडेतां हें तिच्या लक्षांत आयिल्ल.

'म्हाका मुतूंक जातना खूब जळटा' आनी म्हजें दुखव दुकां जावन पोल्यावयल्यान गळपाक लागलें.

दोतोर खूब वेळ म्हाका निरखित रावली. तिका म्हजो रडपी मुर्ती पळोवन दया आयल्या जावंक जाय.

'बाय ! तुका कोणा दादले मनश्याकडल्यान त्रासबी जावंक ना मूं ? दोतोरान म्हाका अकस्मात प्रस्न केलो. हांवें मोन्यांनी मान हालोवन हयकार दिलो आनी उपरांत एका कदेल्लार बसून हुडक्या हुडक्यानीं रडपाक लागलें हांव. डॉक्टर म्हजेकडेन आयली.

तिणें म्हजे फाटीवयल्यान मायेन हात फिरयलो. तिणें म्हाका खुबच चतुरायेन खुब्ब प्रस्न विचारून म्हाका उलोवपाक लायलें. आनी हांवें तिका सगळें सगळें सांगलें. हुंवारात म्हज्या मनश्यांक आयिल्लें अपघाती मर्ण, म्हजेर मवाल्यान केल्लो बलात्कार, म्हाका फकत दोनदांच जाल्ली म्हयन्याची पाळी, एक म्हयनो पूर्ण जाल्या–उपरांत लेगीत न जाल्ली तिसरी पाळी, हांवें सगळें सगळें ते दोतोरनीक सांगलें. म्हज्या बापायक शॉक बसत हे भिरांतेन, लजेन, संकोचान, भिडेन हातुंतलें कांयच म्हाका म्हज्या बापायक सांगपाक कशें जायना हेंय ते दोतोरनीक हांवें सांगलें. तेभायर तांका प्रेशराची पिडा कशी आसा, तेखातीर हें सांगतकच दुख्ख जावन तांची बलायकी इबाडची न्हय म्हणूनच हांव हें तांका सांगनासतना रावलां हेंय तिका सांगलें.

डॉ. सुलाखेन म्हजें सगळें वेवस्थीत आयकून घेतलें. हे पिरायेरलेगीत हांव प्रौढपणान वागतालें. सारासार विचार करून उलयतालें. हें पळोवन ती म्हजेकडेन सामकी प्रेमळ वागली. तिणें म्हाका असंख्य प्रस्न केले. पुराय तपासलें.

तिणें म्हाका आपलेकडल्यो दोन गुळयो दिल्यो. दिसाक एक घेवपाक सांगल्यो. हांवें तिका म्हजें नांव आनी पत्तो दिलो.

'तूं फाल्यां उठनाफुडें तुजें मूत एके बाटलेंत धर आनी म्हजेकडेन घेवन यो. हांव तें रोखडेंच तपासतां. फाल्या सांजची हांव तुका वखत दितां. तुका एकाद्रें एक इंजेक्शनय दिवचें पडत' तिणें म्हाका सांगलें.

'आनीक एक आयक. तुका दीस बीस कांयच वचूंकना. वोगीच भियेवं नाका. तुका कसलोय त्रास जाल्यार म्हजेकडेन यो.' तिणें म्हाका आनीक एकदा धीर दिलो.

हांवें तिका पयशे दिवंक काडले पूण तिणें ते घेतले नात. म्हाका परते दिले.

'तुका हांवें म्हजी भयण मानपाचें थारयलां. हांव आतां तुजी व्हडली भयण जाल्यां. म्हण्टकच मातय भियेवं नाका. तुज्या बापायकवी हें सांगपाची निखाल गरज ना. पूण फाल्यां सकाळीं मात तुजें मूत हाडपाक विसरूं नाका,' तिणें म्हाका सांगलें.

'हांव सकाळीं मूत धरतां. पूण म्हजो बापूय ऑफिसाक वतकच हांव तें हांगा तुमचेकडेन घेवन येतां. साडेधांक सुमार. उपकारता मूं ?' हांवें तिका विचारलें. तिणें तें मान्य केलें.

'डॉक्टर !'

'सांग'

'डॉक्टर ! हांव कुमारी माता खऱ्यांनीच जायना मूं ?'

'मातूय संभव ना. तुज्यांत तसलीं कसलींच लक्षणां दिसनात. वोगीच भियेवन गुळी जावं नाका,' तिणें सांगले.

म्हजे तकलेवयलें कितलेंतरी जड वजें व्हव जाल्लेभशेन म्हाका दिसलें. हांव धरा गेलें आनी सुस्त न्हिदलें. कितलेश्याच दसांनी म्हाका गाढ न्हीद लागली. डॉ. सुमती सुलाखेच्या रुवांत म्हाका देव मेळिल्लो.

० ० ०

दुसऱ्या दिसा दोतोरनीन म्हजी मुताची परिक्षा केली. म्हाका एक इंजेक्शनय दिलें. दुसरे दीस आनीक एक दिलें. तिसऱ्या दिसापासून हांव खडखडीत बरें जालें. म्हाका मुतना जातालो तो त्रास ना जालो. चवथ्या दिसा म्हाका म्हयन्याची पाळी सुरू जाली.

म्हजे तकलेवयलो सगळो ताण ना जालो. हांवें दुकांनी भरिल्ल्या दोळ्यांनी दोतोरनीचे आभार मानले. तिणें म्हाका थापटीलें आनी लैंगिक विशयाचेर कितलेशेंच ज्ञान दिलें. म्हजे शरीर–ज्ञानावयले कितलेशेंच दुबाव पयसायले.

'तुजेर बलात्कार केल्ल्या त्या मवाल्याक कसलोतरी गुप्त रोग जाला आसपाक जाय. ह्या अशिक्षित गुन्हेगारी प्रवृत्तीच्या गुंडांचो एक गैरसमज आसता. आपणें अल्पवयीन चलयेवांगडा संभोग केल्यार तांचो दुर्धर रोग ना जाता. अल्पवयीन चलयांचेर जावपी बलात्कार पंच्याणव टक्के ह्या कारणाखातीर जातात. त्याच रोगी मवाल्याखातीर तुका इन्फेक्शन जाल्लें. हांवें तुका तीं दोन इंजेक्शनां दिलीं आनी तें इन्फेक्शन पुराय ना करून उडयलें,' दोतोरनीन म्हाका सांगलें. दादल्यांच्या आसुरी कामवासनेपासून आपलें शीलरक्षण कशें करचें हेविशीं कितलेंशेंच ज्ञान तिणें म्हाका दिलें.

खंयच्याय संकश्टाक न भियेवपी एक सुप्त शक्ती म्हज्यात जागृत जाल्या हाची म्हाका जाणविकाय जाल्ली. हांवें म्हजे धोरणी दुरदृश्टीन अप्पासायबांक मातय कळूंक दिनासतना म्हजेर कोंसळिल्या एका संकश्टाचो मुकाबलो केल्लो. हें व्हड संकश्ट हांवें पयसायलें. मवाल्यापासून जाल्ल्या इंन्फेक्शनान म्हाका दुर्धर रोग जडपाचो. हांवे म्हजा तब्येत डॉ. सुलाखेक दाखोवंक नाशिल्ली जाल्यार !!!

० ० ०

मासिक पाळयेच्या तिसऱ्या दिसाच्या रातीक म्हाका तें सपन पडलें. त्या सपनांत आई आनी म्हजो भावंडां ग्लासाच्या व्हडल्या गुळ्यांत बसून म्हाका आकयत फुडें फुडें वचात. हांव बशिल्लो ग्लासाचो गुळो तांच्या गुळ्याफाटोफाट वता. आनी म्हज्या गुळ्यांत लिपून बशिल्लो मवाली अकस्मात म्हजेर झोंपय मारता. म्हजेर बलात्कार करपाक पळेता. हुंवारांच्या रेब्याचो घाण वास म्हज्या नाकांत दरवळता ... .

हांव किळच्यो मारीत जागें जालें. अप्पासायबय आंग काडून जागे जाले. हेंच सपन म्हाका जिवोत्तमकाकांवांगडा हांव त्या मोडक्या देवळांत न्हिदिल्लें आसतना पडिल्लें. तेंच भयाण सपन ...

आनी तेंच सपन म्हाका दर म्हयन्याक एकदां तरी पडटा. चड करून म्हजी म्हयन्याची पाळी चालू आसतना पडटाच पडटा. अप्पासायबाक आतां म्हज्या ह्या किळचून उठपाची संवय कशी जाल्या. ते आतां दचकून उठनात अश्या वेळार. शांतपणान उठ'त. लायट पेटोवन म्हाका जागें करतात ...

० ० ०

हुंवाराउपरांत म्हज्या मनांत दादल्या मनश्यांविशीं एक तरेची घृणा उत्पन्न जाल्ली. सगळे दादले सारकेच कामांध जानकच

जनावराभशेन वागपी. भांगरा केंस आनी घारशे दोळे आशिल्लो तो सुहासलेगीत. म्हाका स्त्री पुरुश संबंध, समागम हे विशीं येवजूपाचीच किळस येताली.

डॉ. मुलाखेच्या दोनच इंजेक्शनांनी हांव बरे जालें खरें. पूण म्हाका आकांताची अशक्तताय आयिल्ली. म्हाका खंयच भोंवूंक वचपाची इत्सा जाय नाशिल्ली. फकत थकवो मात खूब दिसतालो. शाळेंत लेगीत वचपाची वान्सा जाय नाशिल्ली. फकत न्हिदून रावचेंशें दिस.

हांवे ते दोतोरनीक हे अशक्ततायेविशीं विचारलें. तिणें म्हाका व्हिटॅमिनाच्यो गुळयो दिल्यो. तिणें म्हाका हांव शाळेंत किद्याक वचना म्हणून विचारलें. घरा बसून वैफल्यग्रस्त, निर्शेवणेचे विचार करूं नाका म्हणून उपदेश केलो. हांवें तिचो उपदेश मानलो.

अप्पासायबांक सांगून हांवें शिकोवपाचो क्लास धरलो. सेगीत दोन वर्सां हांव शाळेंत वचनासतना फकत शिवणकाम करतालें. शिवणकामांत हांव सामके निपूण आनी तरबेज जालें. पोल्क, स्कर्ट घागरे आदी हांव स्वताच शिवतालें. तेभायर अप्पासायबांच्यो पेंटी, बुशशर्ट, लेगीत हांव शिवपाक लागलें. हांवें मनांत हाडिल्लें जाल्यार हांव म्हजो टेलरींग वेवसाय लेगीत सुरू करपाक शकतालें.

म्हजीं दोन वर्सां शिक्षणाबगर गेलीं. एक दीस म्हाका धोंडो केशव कर्व्यांचें एक पुस्तक मेळ्लें अप्पासायबान आपणाक वाचपाखातीर हाडिल्लें तें. तांतूत कर्वेनी स्त्रीशिक्षणाचें म्हत्व खुबच बरे रितीन पटोवन दिल्लें. आनी हांवें रोखडोच निर्णय घेतलो. म्हजें फुडलें शिक्षण चालू करपाचें. हांवें अप्पासायबांक म्हजो विचार सांगलो. ताणी म्हाका आनंदान मान्यताय दिली.

हांव णवेंत गेल्लें तेन्ना म्हाका पंदरावें वर्स लागिल्लें. सतराव्या वर्सा हांव एस. एस. सी. फर्स्टक्लास डिस्टिंक्शन घेवन पास जालें. अप्पासायबांक म्हजो खुब्ब अभिमान दिसपाक लागलो.

हांव कॉलेजांत सायन्सीक गेलें. इंटराक बी ग्रूप घेवन म्हाका फस्ट क्लास मेळ्लो. हांवें मेडिकल कॉलेजांत प्रवेश घेतलो. पूण पयलेच खेप शव-विच्छेदनाचो क्लास जालो तेन्ना म्हाका घुंवळ आयली. एका दादल्याचें प्रेत पळोवन म्हाका ओंकूंक आयलें. हांवें मेडिकल कॉलेज सोडलें. बी. एस्सी. ज्यूनियर चालू केली.

म्हज्या देहांत बदल जाल्लो. एक खूबच देखणी युवती जाल्लें हांव. पुण म्हजो स्वभाव सामको थंड जाल्लो. हांव थंड वागतालें. थंड येवजितालें. थंड उलयतालें. नाकासामकार नदर दवरून चलतालें. वेवहारी आनी वास्तववादी दृश्टीकोनांतल्यान सगळ्या घडामोडींकडेन हांव पळेताले.

म्हाका अर्थशास्त्र आवडटालें. विज्ञान आवडटालें. भूमिती, गणित आवडटालें. म्हाका चार वर्षांपयली वळखुपी मनश्यांनी जर म्हाका आतां पळेल्लें जाल्यार ते म्हाका वळखुपाचे नाशिल्ले. म्हजें पुराय रुपांतर जाल्लें. फकत तो दोन भुंवयांमदलो गंधाच्या तिकलेभशेन दिसपी काळो तीळ हांव तेंच हाची गवाय दितालो. हांव दादलेमनशांकडेन मात लेगीत पळेनाशिल्लें.

सुहास आतां म्हाका देवदूत दिसनाशिल्लो. हेर दादल्यांभशेनच विशयलंपट दिसतालो. एका काळार 'भांगरा केंसाचो राजकुंवर आनी राक्षशीण' ह्या पुस्तकांतल्या पात्रांवांगडा हांव समरस जातालें. आतां तें येवजिल्यार म्हाका हांसूंक येतालें. खंयचोय दादलो सूचक उलोवन म्हज्या सौंदर्याची म्हाका जाणीव करून दिवपाक लागलो, जाल्यार हांव थंड रावतालें. सामके थंड वागतालें.

दर एका दादल्याचो हांव मनांतल्यान सुप्त द्वेश करी. हांच्या मनांत केन्ना काळेंबेरें येत ताचो संभव ना अशें म्हाका दिस. कितल्याश्याच जाणांनी नाना क्लुप्त्यो काडून म्हजेलागी वळख वाडोवपाचो यत्न केलो. हांव मात थंड रावलें. सामकें पराकाश्टेचें थंड रावलें. खंयच्याच तरनाट्याच्या स्मिताक हांवें स्मितान जाप केली ना. खंयचोय दादलो आपूण जावन म्हजेकडेन जर उलोवपाक लागत जाल्यारच हांव उलयतालें. पूण जितलें जाय तितलेंच उलयतालें. हांव जावन दादल्यांकडेन केन्नाच उलयलें ना. कोणाचेच तुस्तीचो म्हजेर परिणाम जाय नाशिल्लो. कोणाकच हांवें कसलेंच उत्तेजन दिलें ना.

कितलेशेच लोक हांव दाद दिना तें पळोवन म्हजेकडेन तिढे वागले. म्हाका त्रासदायक जावचें म्हाका क्लेश जावचे अशें उलोवपाक लागले. वायट कॉमेंटस मारपाक लागले. पूण हांव भेलाभशेन थंड रावलें. तांचेकडेन म्हज्या कपलाक मिरयो घालून लेगीत केन्ना पळेलेंना. केन्नाकेन्नाय म्हज्या कॉलेजांतले प्रोफेसर्सलेगीत म्हजेवांगडा सलगी वाडोवपाचो प्रयत्न करीत. पूण हांव म्हज्या सदच्या थंड वागण्यान तांचे ते प्रयत्न फुकट थारायतालें.

हुंवाराउपरांत हांवे जिवाभावाची अशी खंयचीच इश्टीण जोडली ना. हांवे चलयांकडेन उलोवपांतलेगीत केन्नाच फुडाकार घेतलोना. म्हजेवांगडा म्हज्या वर्गांतलें चली जर केन्नाय उलयलें जाल्यारच हांव उलतालें. बशींनी, ट्रेनींनी म्हाका कितल्योश्योच शेजारच्या क्लासांतल्यो चलयो मेळटाल्यो. पूण हांव सदांच थंड रावतालें. तांचेकडेन पळेनासतना म्हजेकडलें अभ्यासाचें पुस्तक वा नोटबूक वाचिल्लयाभशेन हांव करी. नाल्यार बशीच्या वा ट्रेनीच्या जनेलांतल्यान हांव भायर पळेल्लेभशेन करी. पयलीं हेर चलयांनी चल्यानी म्हजेकडेन उलोवपांत फुडाकार घेतलो. तीं म्हाका पयलीं हडकितालीं. अशें पयली तीं म्हजेकडेन उलोंवक लागतकच हांव तांचेकडेन मेजून मापून पूण बरें उलयतालें. पूण हें उलोवणें सोंपतकच थोड्याच वेळाउपरांत तीं परतीं म्हाका मेळ्लीं जाल्यार हांव तांची म्हजी मातलेगीत वळख ना अशी नदर दवरून कपलाक मिरयो घालून दुसरेकडेन पळेतालें. हांव कोणाकच चड संवकळ जावची न्हय म्हणून मुद्दमच अशें वागतालें.

हेर चल्याचलयांक म्हजें हें अशें वागप खटकपाक लागलें. ताणीं म्हजेकडेन उलोवपाचेंच सोडलें. पूण म्हजेर हाचो कांयच परिणाम जालोना. उरफाटो आनंद जालो. हांवें केन्नाच कोणाचेच कसलेच उपकार आनी फावोर मागलेनात. अप्पासायबांची मात जतनाय घेतालें. घरची सगळी वेवस्था पळेतालें. शिक्षण घेतालें. अप्पासायबांवांगडा गजाली करतालें आनी आमच्या दोगांच्याच परिघांत सुखी रावपाचो यत्न करतालें. हांवच म्हजें मन रिझयतालें.

चुकूनलेगीत दुसऱ्या चलयांवांगडा हितगुज वा गुजगोश्टी करीनाशिल्लें. केन्नाय उलयलेंच जाल्यार वेवस्थीत तोलून मापून वेव्हारीपणान उलयतालें.

हांव जेन्ना सिनियर बी. एस्सीक आशिल्लें तेन्ना रमेश देवधरान म्हजेर प्रेम केलें. एकतर्फी, आत्यंतिक, मनस्वी प्रेम आशिल्लें तें. आनी ह्या ताच्या प्रेमाची परिणिती ताच्या आत्महत्त्येंत जाल्ली. कितलो पिशेपणान, आतताईपणान वागिल्लो रमेश !!!

० ० ०

एक दीस रेल्वेंत चडपाच्या बोवाळांत म्हाका गर्देत कोणाचोतरी धक्को बसलो. म्हजीं पुस्तकां, नोटबुक्स आनी डिसेक्शन बॉक्स सकयल पडलें. एका तरनाटचान तप्तरतायेन फुडें येवन सकयल पडिल्ल्यो म्हज्यो वस्तू एकठांय करून दिल्यो. हांवें ताचे उपकार आठोवपाखातीर ताचेकडेन पळोवन ताका 'थँक्यू' म्हळें. आनी म्हजे सदचे संवयेप्रमाण स्थितप्रज्ञ मुद्रेन हांव गाडयेंत वचून बसलें. एक पुस्तक वाचपाक लागलें.

'तुमी भारत कॉलेजांत आसात न्हय ?'

हांवें पळेलें. म्हजीं पुस्तकां एकठांय करून दिवपी तो तरनाटो रेल्वेंत म्हजेमुखारच बशिल्लो. स्वताच उत्तेजन घेवन ताणें म्हाका प्रस्न विचारिल्लो.

'हय !' हांवें थंडपणान जाप दिली.

'खंयच्या वर्साक ?' ताचो दुसरो प्रस्न आयलो.

'सिनियर बी. एस्सी. फिजियॉलॉजी मेन सबजेक्ट.' हांवें वाज आयिल्ल्या भशेन तोंड करून सांगलें.

पूण त्या तरनाटचान धीर सोडलो ना.

'म्हजें नांव रमेश. रमेश देवधर. हांव बी. ए. फायनलीक आसां. भारत कॉलेजांतच. तुमचें नांव किदें ?'

'शुभदा' हांवें थंड आवाजांत कपलाक मिरयो घालून भायर पळेलें. फाव ताचेपरस हांव चड उलयलें अशें म्हाका दिसपाक लागलें.

'हांव कॉलेजचो गॅदरींग सेक्रेटरी. नाटक, संवाद, गायन आदी कसल्याय प्रोग्रामांत तुमी केन्नाच भाग घेनात ?'

'ना.'

'किद्याक ?'

'म्हाका आवडना'

'आवड उत्पन्न केलेबगर आवड कशी किदें उत्पन्न जाली ? तुमी अंदू किद्यांततरी भाग घेवपाकच जाय'. त्या रमेश देवधरान सलगी वाडोवपाचो प्रयत्न केलो.

हांव वोग्गी बसलें. म्हज्या अश्या थंड वागण्यान रमेशय थोडोवेळ वोगी बसलो. पूण ताणें चिकाटी कशीच सोडलीना.

'अंदू तुमी घेता न्हय किद्यांत तरी भाग ?' ताणें विचारलें.

'ना. सॉरी. किद्यानच ना.'

हांव ताचो सामको द्वेश करपाक लागलें. म्हजे दिसपट्टे जिणेंत हो उपटसुंभ लुडबूड करतालो. मेतेर जातालो. म्हाका ताचें उलवणें साप्प आवडलेंना. होय तमलोच. दादलोच तो बायलांक उपभोग्य

With best compliments from :

Eastern International Hotels Ltd.,

Holiday Inn, Bombay.
Tel. No. 620444.

Hotel Claridges, New Delhi.
Tel. No. 3010211.

Majorda Beach Resort, Goa.
Tel. Nos. 20330/20751/20752.

वस्तू म्हनपी. गेंड गोंड उलोवन तांका जाळ्यांत आडखळावपी. किडिल्ल्या दांताच्या मवाल्याभयेन विशयलंपट, कामांध जम्हया कपलावयली शीर संतापान तट्टकीन फुगली. हांव सामकें गंभीर रावलें. मान नकयल घालून म्हजें पुस्तक वाचूंक लागलें. स्टेशन येतकच 'बरें येतां' अशेंलेगीत म्हणिनासतना रमेशाफुडल्यान उठन गेलें पूण रमेश म्हजेकडेन तटास जावन पळेनच राविल्लो. भौतिक पयलेच खेप म्हाका पळेनाफुडें तो म्हज्या प्रेमांत पडला आसपाक जाय

त्या दिसापासून रमेश दर दिसा स्टेशनार म्हजे पाळटेर रावपाक लागलो हांव बायलांच्या डब्यांत बसपाक लागलें. रमेश बायलांच्या डब्याशेजरा आशिल्ल्या डब्यांत बसून म्हाका कॉलेज-मेरेन सांगात दिवपाक लागलो वोगीच वळख वाडोवपाचो यत्न करपाक लागलो. हांव दिनाफुडें 'गुड मॉर्निंग' 'गुड इव्हिनिंग' बी म्हणत म्हाका विश करपाक लागलो. पूण हांव मात ताचो मनापासून द्वेश करपाक लागलें. ताच्या अश्या चोंबडेपणाची म्हाका सामकी घृणा आयली. हांवें ताका जाता तितलो ताळपाचो यत्न केलो.

० ० ०

एक दीस म्हाका एक पत्र आयलें. पत्र फोडटकच म्हाका रमेशान म्हजेर केल्ली एक कविता वाचपाक मेळ्ळी.

शुभदा,

म्हजे हृदयदेवते ! म्हज्या प्राणा ! म्हज्या प्रेमा । तुजेखातीर तळमळटा सदांच गो जीव एकसुरो । तुजेबगर लागना ह्या संवसारांत म्हाका गोडी । अबोल जरीय तूं आसलें. पूण म्हाका दिसता तूं उलयता । तुजें मन म्हाका खुबशें किदें सांगता ।

म्हजें तुजेर खूब खूब प्रेम आसा, शुभदा ! म्हाका तुजेबगर जियेवंकच जावचेंना.

तुजोच,
रमेश

हांवें थंडपणान ती कविता पिंदून उडयली. रमेश्याचें तें पयलें प्रेमपत्र तिस्त्यो करून भायर फेंकून दिलें. म्हज्या वास्तववादी मनांत प्रेम, भावना आदी गजालींक कांयच स्थान नाशिल्लें. म्हाका फकत म्हज्या आनी अप्पासायबाच्या परिघांत रावपाचें आशिल्लें.

रमेश म्हाका दर दोन दिसांनी एक पत्र धाडपाक लागलो. म्हजेर केल्ल्यो कविता धाडपाक लागलो. पूण हांव थंड रावलें. ताचें प्रत्येक पत्र, प्रत्येक कविता पिंदून उडयली हांवें.

एक दीस तर ताणें अतितायच केली. रमेश म्हजो पत्तो सोदून काढून म्हज्या घरा आयलो. म्हाका एका कार्यक्रमाचें आमंत्रण दिवपाचो ताचो बेत आशिल्लो. ताणें तेंच निमित्त सोदून काढिल्लें. हांवें ताचें सामकें थंडपणान स्वागत केलें. अप्पासायब ऑफिसांत गेल्ले.

'तुमी फाल्यांचे कार्यावळीक येतात मूं ?'

'ना'

'किद्याक येनात ? येयात न्हय.' रमेशाचो आवाज आर्जवी जालो.

'ना, रमेश ! हांव येवचेना,' हांव सामकें द्वेषयुक्त आवाजांत किळचलें, 'हांव तुका स्पष्ट सांगता. म्हाका असलीं फाजिलपणां, लाळेगोळे मातलेगीत आवडना. म्हाका हाचेफुडें प्रेमपत्रांबी बरोवं नाका. म्हज्या फाटल्यान येवं नाका. म्हजो प्रेमाचेर विश्वास ना. म्हाका वश करपाचे तुजे हे प्रयत्न मातय आवडनात म्हाका. हाचे फुडें म्हजे वाटेक वचूं नाका.'

म्हजे हे तापोवणेन रमेश धवोफिकट जालो. ताच्या कवि-हृदयाक जखम जाल्या जावंक जाय. ताच्या दोळ्यांत दुकां तरतरलीं. दोन दुकां भायरलेगीत गळ्लीं.

'आय एम सॉरी' अशें अस्फुट उलयत तो गेलो. तोंड घट्ट दामून दवरून मोठ्या आवेगान भायर पडपाक सोदपी हुंदके आवरून धरपाचो तो प्रयत्न करतालो.

हांव ताची इतलो नमाय करतालें की म्हजेर हाचो कांयच परिणाम जालोना. हांव ते रातीक सुस्त न्हिदलें.

० ० ०

तिसरे दिसा वर्तमानपत्र वाचतना हांवें ती बातमी वाचली. पयल्याच पानार ठळक अक्षरांत ती प्रसिद्ध जाल्ली.

'कॉलेज तरनाटचाची गूढ आत्महत्या.'

'रमेश देवधर ह्या फायनल बी. ए च्या कॉलेज तरनाटचान काल 'टीक ट्वेंटी' हें भिरूणांचें वखद पियेवन आत्महत्या केली. ताच्या हातुण्णार 'हांव ही आत्महत्या आपखोशयेन करतां आनी ताचेखातीर कोणाकच जापसालदार धरचो न्हय' अश्या आशयाचें एक पत्र बरोवन दवरिल्लेंय मेळ्लां. आज ताचे कुडीर सांजच्या पांच वरांचेर अंत्यसंस्कार जातले.'

म्हज्या दोळ्यांसामकार काळोख आयलो. म्हाका सगळें गरागर घुंवताशें दिसपाक लागलें. असो कसो हो अशक्त मनाचो रमेश ? हें किदें जालें ? हांव ताच्या मर्णाक कारणीभूत जालें ? देवा ! हांव खुनी थरलें ? म्हाका असह्य मानसिक यातना जाल्यो. हांव उशांत तोंड रोमून हुडके दीत रडपाक लागलें. अप्पासायबांक आयकूंक येवचे न्हय म्हणून हांव म्हजें रडें लिपयत भितल्ल्या भितर घुस्मटूंक लागलें.

देवा ! हें किदें चल्लां ? हे दादले कामांध जावन बलात्कार करपाक शकतात. पूण हेच दादले प्रेमांत पडल्यार आत्मघातय करपाक शकतात ? हें अशें किद्याक ? म्हाकाच हे असले सगळे अणभव किद्याक म्हणून प्राप्त जातात ? हांवें आनीक किदें किदें म्हणून सोंसपाचें बाकी उरलां ?

म्हाका अकस्मात हिस्टेरीक, विकृत भावना जाली. म्हाका मोठ्यामोठ्यान किळचूंचेंशें दिसपाक लागलें. केंस मेकळे सोडचेंशें दिसपाक लागलें. रस्त्यार वचून रडत, आडुत थयथय नाच्चेंशें दिसपाक लागलें.

हांवें खरेलेच केंस मेकळे सोडले. हांव हुडके दीत म्हज्या रुमांतल्यान भायर आयलें. अप्पासायब पुस्तक वाचत आराम खुर्चेर आड पडिल्ले. म्हज्या हुडक्यांचो आवाज आयकून ते जागे जाले. म्हजेकडेन बेगीनबेगीन आयले.

'शुभी ! किदें जालें गो बाय ? किदें जाता तुका ?'

हांव सावध जालें. संयम केलो. अप्पासायब ! तांचें ब्लड-प्रेशर ! हांव अशें विकृत वागचें ना. हांवें धांवत वचून अप्पासायबांक वेंग मारली. हो हो करून रडपाक लागलें. अप्पासायबांक गलबल्या-भशेन जालें.

'शुभी ! किदें जालें ?' ताणीं आकुळपिकुळ जावन म्हाका थापटीत विचारलें.

'म्हाका आईची, विनिता, सुधीर, नितीनाची खूब खूब याद जाता, अप्पासायब ?' हांवें प्रसंगावधान राखून म्हळें. उपरांत हांव घुस्मटून, कळवळून, गदगदून रडपाक लागलें. म्हाका अशें रडटना पळोवन अप्पासायबांक आपल्यो भावना अनावर जाल्यो. ते ल्हान भुरग्याभशेन रडपाक लागले.

हांव भियेलें. अप्पासायब चड उत्तेजित जावंक उपकारना. तांका हाय ब्लड-प्रेशर जालें जाल्यार ? हांवें म्हजें रडें थांबयलें. तांचे सांत्वन करपाक लागलें हांव. ती सुप्त शक्त म्हजे सगळे कुडींतल्यान व्हांवपाक लागली. हांवें कितलोसोच संयम केलो.

'अप्पासायब ? तुमी रडूं नाका. तुमकां रडटना पळेतकच म्हाका चड रडपाक येता,' हांवें तांका म्हळें. आमी दोगांय एका-एकमेकांक सावरपाचो यत्न करपाक लागलीं.

इतल्यान दारार टक टक जालें. अप्पासायबान दार उगडलें. भायर पोस्टमन आशिल्लो. ताणें एक पत्र दिलें.

'शुभी ! तुजें पत्र' अप्पासायबान म्हळें आनी ताणीं पत्र म्हजेकडेन दिलें. पत्रावयल्या पत्त्यावयल्यान हांवें रमेश देवधराचे हस्ताक्षर वळखलें.

'म्हजे इश्टिणीचें कुंदाचें अक्षर हें. कुंदाचें पत्र'. हांवे म्हजे ल्हानयेंत जाताली ती धडधड थांबोवपाचो यत्न करीत म्हळें. म्हजी काळी जाल्ली नुरा अप्पासायबान पळोवचीं न्हय म्हणून हांव पत्र घेवन म्हजे कुडींन गेलें. कडकडो भरिल्ल्या हातांनी हांवें तें पत्र फोडलें.

म्हज्या प्राणप्रिय शुभदाक,

निमण्या विणार

ह्या संवसाराचो निरोप घेवचेपयलीं तुका एकदां म्हजें मनोगत सांगचें म्हणून हांव हें पत्र बरयतां. तुका फकत एकूच हा निमणो त्राम दिता हांव. तुका पयलेच खेप हांवे पळेलें तें रेल्वे स्टेशनार. सकयल पडिल्लीं तुजीं पुस्तकां हांवें तुका एकठांय करून दिल्लीं, त्या वेळार तूं म्हाका एक वापित देवना कशें, एक तपस्विनी कशें दिसलें. त्या दिसा-पासून जेवतना, खातना, न्हिदतना, उठटना म्हाका तुजेंच रूप दिश्टी पडपाक लागलें. त्याच दिसापासून हांव तुज्या प्रेमांत पडलों. म्हाका खबर आशिल्लें की म्हजें प्रेम एकतर्फी आसा. पूण एक दीस तें दूनर्फी जातलें अशी आस्न हांव बाळगितालों. म्हणूनच हांव तुका पत्रां धाडीत रावलों. कविता धाडीत रावलों. तुंवें म्हाका जाप दिली ना. पूण पत्रांय बरोवक नाका अशेंय म्हाका सांगलें ना. ताचोच अर्थ हांवें तुका पत्रां धाडीत रावपाक जाय असो घेतलो. प्रेमांत पडिल्लो मनीस कसलोय बादरायणी संबंध लावन सोयिस्कर गैरसमज कसो करून घेता हें हांवें स्वता अणभवलें.

तूं म्हाका ताळटालें हें म्हाका पयलींपासून खबर आशिल्लें. तुका म्हजो कंटाळो येता हें तूं म्हाका सदांच दाखयतालें. पूण म्हजें मन मात खुबच आशावादी आशिल्लें. होच सोयिस्कर आशावाद म्हज्या मनाक आनी बुद्धीक दिलासो दितालो. दिसतालें, एक दीस हांव तुका लग्नाविशीं विचारतलों. तूं म्हाका हयकार दितलें. आमचें लग्न जातलें आनी हांव तुका सुखांत दवरतलों.

तुवें म्हाका आयज झिटकारलो. म्हाका खूब खूब वायट दिसलें. ज्या बुनयांदीर म्हजें कल्पनेचें साम्राज्य उबें आशिल्लें, ती बुनयाद कोंसळळेली. हे म्हजे जिणेक आतां कांयच अर्थ उरूंक ना.

शुभदा ! हांव हें जग सोडून वतां. म्हजेर रागार जावं नाका. मर्णाच्या सामकार वतना हांवें तुजेविशीं कसलीच वायट भावना दवरलेली ना. तुजें कल्याण जावचें, तुजें जीवन सुखांत वच्चें हीच म्हजी निमणी इत्सा.

हांव आत्महत्या करतां. हांव ती किद्याक करतां हें तें सोडून आनीक कोणाकच खबर आसचेंना. तूंय हें कारण कोणाकच कळोवचें ना अशी अपेक्षा हांव बाळगितां.

म्हजे आत्महत्तेखातीर तूं तुज्या मनांत कसलोच अप-राधाची भावना दवरूं नाका तुज्या मनाक त्रास करून घेवं नाका. तूं सदांच सुखी आनी आनंदी रावचें अशी हांव देवा-लागी प्रार्थना करतां.

म्हज्या आवयबापायक आनीक दोन चले आसात. ते जोडटात. पयसो मेळयतात. म्हाका तेखातीर म्हज्या आवय-बापायचो हुस्को ना. तुवें सुखी जावचें अशीच म्हजी इत्सा.

मरतनांलेगीत तुजीच याद काडपी,

रमेश

म्हाका हें पत्र वाचून कळवळून रडपाक आयलें. रमेश ! आरे हळव्या मनाच्या पोरा ! किद्याक असो अविचार केलो तुवें ? किद्याक म्हज्या मनाक अशी टोंचणी लावन गेलो ?

म्हाकाय हे जिणेचो वीट आयिल्लेभशेन दिसपाक लागलें. म्हाकाय आत्महत्त्या करचीशी दिसपाक लागलें. ही जीण सोंपोवचीशें दिसपाक लागलें.

'शुभी ! कुंदा किदें म्हण्टा पत्रांत ?' अप्पासायबान म्हाका भायल्यानच्यान मोठ्यान विचारलें. हांव गडबडलें. हांवें म्हाका सांवरलें. म्हजे दोळे पुसून सुके केले.

'पुण्याच्यो गजाली वरयल्यात. हुंवाराउपरांत पुणें सामकें बदलून गेलां खंय,' हांवें जाप दिली.

आनी तेन्नाच ती सुप्त शक्त म्हज्या आधाराक धांवून आयली. ना. हांव आत्महत्त्या करचें ना. म्हज्या बापायक आनीक दुखाच्या

उज्यांत धुकलचें ना. ह्या शक्तिमान विचारांच्या प्रवाहाखातीर म्हजें मन परतेंय वास्तववादी जालें.

० ० ०

मांजेचें हांव रमेशाच्या घरा गेलें. ताच्या अंत्ययात्रेक, विद्यार्थी, विद्यार्थिनी, प्रोफेसर्स, प्रिन्सिपील आयिल्ले. गर्दी खूब जाल्ली. सगळ्यांच्या उलोवण्यावयल्यान रमेशान किद्याक आत्महत्त्या केल्या हें कोणाकच खबर नाशिल्लें. कितलेशेच लोक तरेकतरा तर्कवितर्क करताले. हांव मात थंड राविल्ले.

म्हाका अकस्मात दिसलें. मोठ्यामोठ्यान किळचूचें आनी रांगचें 'हें पळे हांव हांगा उंबें आमां. हांवें मारलो ताका. हांवें घायाळ केलें ताचें मन. म्हजेखातीर ताणें आत्महत्त्या केल्या. हांव खूनी. हांव खूनी. हांव खूनी.'

पूण म्हज्यांतले ते आगळे शक्तीन म्हाका सांवरलें. हांव रोखडेंच थंड आनी वास्तववादी जालें.

रमेशाचें प्रेत चितेर चडयलें. ताचे निर्जिव आनी असहाय्य पडिल्ले तरनाटे कुडीक पळोवन सगळ्यांच्या दोळ्यांत दुकां आयलीं. सगळे लोक गर्हिवरून दुकां गळोवपाक लागले. रमेशाच्या भावान ताका भडाग्नी दिलो. पूण म्हाका मात तेन्ना मातय रडपाक आयलें ना. हांव मनान सामकें कठोर जालें. म्हज्यांतली ती संकश्टांक टक्कर दिवपाची म्हाका ताकत आनी हिंमत दिवपी सुप्तशक्ती म्हाका रडपाक दिनाशिल्ली. प्रेतयात्रा सोंपतकच हांव निर्विकार मनान, खंबीरपणान घरा परतलें.

० ० ०

हांव बी. एस्सी. क आसतनाच म्हाका त्यो दोन विचित्र गजाली कळळ्यो.

एक दीस आप्पासायबांचो एक इश्ट तांचेकडेन आयिल्लो. वतना तो आपली एक कादंबरी आमगेर विसरून गेलो. त्या दिसा कॉलेजाक कसलीतरी सुट्टी आशिल्ल्यान हांव घराच आशिल्लें. हांवे ती कादंबरी सहज म्हणून वाचपाक घेतली. ती कादंबरी मराठी आशिल्ली. लेखक कोणतरी हडप म्हणून. कादंबरेचें नांव आशिल्ले 'बहकलेली तरुणी' अशेंयें किदें. हांव ती वाचपाक लागलें.

कितलेशेच अत्यंत कामूक प्रसंग हे कादंबरेंत वर्णन केल्ले आशिल्ले शृंगार आशिल्लो. अश्लिलता आशिल्ली. संभोगाची वर्णना आशिल्लीं. आनी ती कादंबरी वाचतना म्हज्या नाकांत कुशिल्ल्या चिखलाची घाण दरवळूंक लागली. आनी... आनी हांव बाथरुमांत वचून बकाबक ओंकलें.

हांवें मुद्दम म्हाका खरेंच अशें जाता काय तें पळोवपा खातीर आनीक दोन शृंगारीक कादंबऱ्यो वाचपाचो यत्न केलो. प्रत्येक खेपो म्हाका तोच अणभव आयलो. चिखलाची कुपट्टाण नाकांत घुंवप आनी मागीर ओंकप. उपरांत हांवें शृंगारीक कथा, लैंगिक वर्णनांनी सजिल्ल्यो कादंबऱ्यो आदी वाङमयाक केन्नाच चुकून लेगीत हात लायलोना.

० ० ०

दुसरो अणभव म्हाका आयलो तो हांवें एकदां एक उत्तान सिनेमा पळेतकच. एकदां म्हज्या क्लासांतले एके चलयेन म्हाका खूबच आग्रो केलो 'सोलोमन अँड शेबा' नांवाच्या एका इंग्लेज सिनेमाक आमी गेलीं. तातूंन संभोग-सूचक उत्तान, प्रणयी दृश्यां आशिल्लीं ती पळेतना परत म्हज्या नाकांत ती कुशिल्ल्या चिखलाची दुर्गंधी दरवळपाक लागली. आनी म्हाका ओंकूंक येवपाक लागलें. हांव तशेंच उठून थिएटराचे लॅव्हटरींत गेलें आनी वॉश बेसीनार भडाभड ओंकलें. म्हाका धुंवळील्लेभशेन जावंक लागलें.

परतें आनीक केन्नाच हांव सिनेमाक गेलेंना. अप्पासायबांवांगडा लेगीत हांव पिक्चराक वचपाचें टाळी. हांवें तो सिनेमा केन्ना पळेला अशें सांगून हांव तांका सिनेमाक एकटेच धाडटालें.

शृंगारिक कादंबऱ्यो आनी सिनेमांचो हांवें आकांत धसको घेतिल्लो.

० ० ०

वयले दोनय अणभव ॲबनॉर्मल आशिल्ले. म्हाका डॉ. सुमती सुलाखेची याद जाली. तिचें आतां लग्न जालें. आनी तिणें मुंबै सोडिल्ली. नागपुराक स्थायिक जाल्ली. म्हण्टकच तिचो सल्लो घेवपाचो प्रस्नच उपरासनाशिल्लो.

म्हजी बी. एस्सी ची परिक्षा सोंपिल्ली. एक दीस हांवें एक शास्त्रोक्त लैंगिक-ज्ञानावयल्या पुस्तकाचो रिव्हयू वाचलो. पुस्तकाचें नांव आशिल्लें 'सेक्स अँड लव्ह लायफ.' हांवें तें लायब्ररींतल्यान घरा वाचूंक हाडलें. पुस्तक शास्त्रोक्त ज्ञानान उपाट भरिल्लें. लैंगिक ज्ञान इतलें किचकट आसता तें म्हाका पयलेच फावट समजलें. त्याच पुस्तकांत हांवें थंड वा फ्रिजीड चलयेचें वर्णन वाचलें. आनी म्हाका कळ्ळें की हांव एक थंड वा फ्रिजीड चली. म्हाका केन्नाच सर्वसाधारण चलयेभशेन लग्न करपाक जावचेंना. म्हाका जल्मभर अविवाहीत रावचें पडटलें.

हांव बी. एस्सी. फस्टक्लासांत पास जालें.

म्हाका तर जल्मभर लग्न करिनासतना रावचें पडटलें. जाल्यार मागीर हांवे म्हजे संन्यस्त जिणेचो सदुपयोग किद्याक करचो न्हय ? म्हाका डॉ. सुमती सुलाखेची याद जाली. तिणेंच म्हाका आधार दिल्लो. म्हाका वांटायल्लें. तीच म्हाका म्हजो आदर्श कसो दिसपाक लागली. हांवें तिचेप्रमाणच दोतोर जावन लोकसेवा करपाचें थारायलें. हांवें हरशीं एकदां ॲडमिशन मेळ्ळां आसतना-लेगीत मेडिकल शिक्षण सोडिल्लें. हांवें परत मेडिकलाकच वचपाचो निर्धार केलो. तेन्ना पयल्याच दिसा एका दादल्याचें नागडें प्रेत पळोवन वीट येवन हांवें तें शिक्षण सोडिल्लें.

हांवें मेडिकलाक परतेंय वचपाची म्हजी इत्सा अप्पासायबांक सांगली. तांका अजाप जालें. पूण ताणी म्हाका मेडिकलाक वचपाची परवानगी दिली. प्रबळ इच्छाशक्तीच्या बळग्यार आनी म्हज्यांत आशिल्ले ते सुप्त शक्तीच्या आधारार हांवें शव-विच्छेदनावेळार येवपी किळस आनी उबगण हांचेर जैत जोडलें. मनश्याचें शरीर हांव अभ्यासपाक लागलें. तरेतरेच्या रुग्णांक आनी रोगांक हांव अभ्यासपाक लागलें. हांव ह्या मेडिकल शिक्षणांत इतल्यो कितल्यो-

थ्याच गजाली कशें किदें शिकलें हाचें म्हजें म्हाकाच अजाप जावपाक लागलें. दादले आनी बायलो दोतोर शरिरांतल्यो इतल्यो समस्या पळेतात, पिडा पळेतात, रोगी पळेतात पूण चार चौगां-मारकेच लग्न कशे किदें करपाक शकतात काय असो म्हजेफुडचांत प्रस्न उबो रावलो. म्हाका जाल्यार जल्मांत लग्न करप जमचेंना.

म्हजी पिराय आज सत्तावीस वर्सां. हांव थर्ड इयर पास जातलें. उपरांत इंटर्नीशीप सोंपोवन आमच्याच फ्लॅटांत दवाखानो उगडटलें. समाजसेवा करतलें.

स म्हयन्यापयलीं म्हाका आमचे कॉलेज लायब्ररींत ' मनाची बलायकी आनी स्वयंद्योतनां (self suggestions) हें पुस्तक मेळ्लें. तांतूत स्वयं-द्योतनां (self suggestions) घेवन खंयचीय विकृती पयस कशी करपाक जाता हाचें वर्णन केल्लें. स्वामी विवेका-नंदांचे बलशाली विचार, स्वयंद्योतनां कशीं घेवचीं हे विशीं स्वामी रामतीर्थांच्यो सूचना आनी फ्रॉयडाचे विचारय तांतूत दिल्ले.

हांव म्हयनोभर फांतोडेर उठून हारशांत पळोवन स्वयंद्योतनां घेवपाक लागलें.

हांव बळ.

हांव पावित्र्य.

हांव ज्ञान.

म्हाका कसलीच विकृती ना.

आदी स्वयंद्योतनां हांव प्रामाणिकपणान घेवपाक लागलें.

एका म्हयन्याउपरांत म्हाका दिसलें म्हजें थंडपण वा फ्रिजिडीटी ना जाल्या. खात्री करून घेवपाखातीर म्हजें क्लासमेट मंजू हजारे वांगडा हांव एका उत्तान इंग्लेज सिनेमाक गेलें. आनी हांव वोगीच गेलें असो उपरांत म्हाका पश्चताप जालो. प्रणयी दृश्यां पळेतना म्हज्या नाकांत तीच चिखलाची दुर्गंधी तिव्रतायेन दरवळूंक लागली. ते दुर्गंधेन हांव घुस्मटलें. म्हाका फिट आयली. हांव मंजूचेरच पडलें. ताणें म्हाका आधार दीत भायर व्हेलें. हांव थिएटराचे लॅव्हॅटरींत वचून ओंकलें. उपरांत तडक घरा आयलें. म्हाका स्वयंद्योतनांचो कसलोच फायदो जावंक नाशिल्लो. फ्रॉयडाचो सिद्धांत म्हजेबाबतींत तरी चूक थारिल्लो. फ्रॉयड म्हण्टा, ' आपणांक कसली विकृती आसा हें कोणाच्याय लक्षांत येतकच त च्यांत ती विकृती उरना. ' पूण हांव फ्रिजीड हें म्हाका कळटकचलेगीत हांव फ्रिजीडच उरिल्लें.

० ० ०

स दिसांपयलीं विलक्षण योगायोग घडले. चवदा वर्सांपयली म्हजे जिणेंत आयिल्लीं तीन मनशां म्हाका एकाच दिसा मेळ्लीं. पयलीं सकाळीं मेळ्ळो तो मवाली. दनपरां मेळ्ळो तो म्हाका हुंवारा-वेळार खूब खूब आधार दिवपी जिवोत्तमकाका आनी सांजचो मेळ्ळो सुहास. तो आतां फॉरेन-रिटर्न्ड व्हडलो दोतोर जाला.

मवाल्याक हांव ताच्या हातावयल्या श्रीकृष्णाच्या गोंदवण्या-वयल्यान वळखलें. ताका पळेतकच म्हाका फिट आयली. हांव क्लास चालू आसतनाच ओंकलें. डॉ. आपटे आमकां लेक्चर दितालो. ताणीं म्हाका सल्लो दिलो. खंयच्यातरी मानसशास्त्रज्ञांक हांवें म्हजी प्रकृती दाखोवपाक जाय. आनी ताणेंच डॉ. दोडगेचें नांव सुचयलें. डॉ.

Text of the advertisement

BY DESTROYING THE NATURE YOU WOULD
ONLY INVITE YOUR OWN DESTRUCTION
HENCE O MAN ! KEEP ALERT AND
CONTROL YOUR NATURE - Rigveda.

Issued by :
Town & Country Planning Department,
Government of Goa,
Panaji.

दोडगेचें त्याच दिसा आमच्या कॉलेजांत लेक्चर आशिल्लें. हांव आपूण जावनच त्या मवाल्याकडेन उलयलें. म्हजी ताका वळख दिली. मवाली इतलो भियेलो. ते भिरांतेनच तो त्या दिसा मेलो. म्हाका ताची नसाय दिसना हांवें ताका पूर्ण क्षमा केल्या.

जिवोत्तमकाकांक पळेनाफुडें हांव एका खिणांत तांकां वळखलें. कशें वळखलें ? तांच्या तोंडार किदेंतरी शेणिल्ल्याचो, अलिप्ततायेचो तोच भाव आशिल्लो. चवदा वर्सांपयलीचीच तोंडार झांक आशिल्ली. चवदा वर्सांपयलीं फकत दोनच दीस म्हज्या सांगाताक राविल्ल्या ह्या जिवोत्तमकाकांक हांव वळखलें. इतले सहजतायेन हांव तांका वळखलें ताचेंच म्हाका खूब अजाप दिसलें हांव तांचेकडेन चड उलोवपाचो यत्न करतनाच ते पळून गेल्ल्याभशेन झराझर चलून नाच्च जाले. ताचें कारणय म्हाका आतां कळ्ळां. जिवोत्तमकाकांक वासंती नांवाचें म्हजेनारकेंच दिसपी एक चली आशिल्लें. आपूण माया करतां ती मनशां मरतान अशीशी तांची किदेंतरी भावना जाल्या.

सुहासान म्हाका रोखडेंच वळखलें. भौतेक म्हज्या दोन भुंवयांमदल्या त्या काळ्या तिळाखातीर आसत. सुहासान खाड वाडयल्लें. म्हणून हांव ताका पयलीं वळखलें ना. ताणें आपणें जावन म्हाका दुसऱ्या दिसाची ॲपॉयटमेंट दिली.

सुहासान फकत तीन खेप म्हाका इंजेक्शनां दिलीं. त्या इंजेक्शनांच्या अंमलांतल्यान जागें जातकच म्हाका इतलें बरें दिसता ! इतलें बरें दिसता ! फकत एकदां हांव ह्या इंजेक्शनाचे गुंगेंत आसतना ओंकलें.

म्हाका खूबच उत्साही दिसता.

हांव नॉर्मल चली.

म्हज्यांत न्यून कांयच ना.

हांव फिजीड न्हय.

म्हज्या मनार जाल्लो तो फट परिणाम आतां उरूंक ना.

म्हाका सगळ्या स्त्रीसुलभ भावनांनी दिलचस्पी आसा.

खऱ्यानीच हांव पुराउपरांत पयलेच खेप दोनदां लजलां ह्या दिसानी.

पयले खेप म्हजो उत्साही चेरो पळोवन अप्पामायबान म्हाका जेन्ना 'किदें शभे ! आज विशेश खोशीशें ?' विचारलें तेन्ना. आनी दुसरे खेप सुहासान 'वा बेबी !' आयज तूं ताज्या फुलाभशेन सुंदर दिसता' अशें म्हळें तेन्ना. कोणाकच खरें दिसचेंना. हांव बायल मनीस आसून लेगीत केन्नाच लजनाशिल्लें.

आनी पयर म्हाका तें सपन पडलें. भांगरा केंसाच्या राजकुंवराचें आनी राजकुंवरीचें. भांगराचो रथ दिसलो. मुकट दिसलो. धबोफुल्ल झगो दिसलो. हांव चवदा वर्सांपयलीचें शुभदा जावंक लागलें.

हांव ह्या अश्विनीकुमाराचेर– त्या भांगरा केंसाच्या राजकुंवराचेर– त्या सुहासाचेर प्रेमबी करपाक लागूंक ना मूं ?

कारण ताची याद येतकच म्हाका पयलीं सारकेंच भित्तर खंयतरी किदेंतरी वुफेल्लेभशेन जाता. भूक लागतकच जाता तसली पोटांत भावना जाता.

० ० ०

आनी भित्तर खंयसून तरी तो धीरगंभीर आवाज आयलो.

'तुका आपूण रमेशाच्या मर्णाक कारणीभूत जालें अशी अपराधित्वाची भावना उरची ना.

'म्हाका हांव रमेशाच्या मर्णाक कारणीभूत जालें अशी अपराधित्वाची भावना उरची ना.'

'मवाल्याविशींचो द्वेश आतां तुज्यांत उरचोना. खंयच्याच दादल्याचो द्वेश आतां तूं करचेंना. खंयच्याच दादल्याचो तुका आतां नाहक दुबाव येवचोना.'

'मवाल्याचो द्वेश आतां म्हज्यांत उरचोना. खंयच्याच दादल्याचो द्वेश आतां हांव करचेंना. खंयच्याच दादल्याचो म्हाका आता नाहक दुबाव येवचोना.'

'हुंवारांत तुजी आई आनी भावंडां तुका सांसणाचीं अंतरलीं ही सत्य घटना. आतां तुका त्या हुंवाराच्यो कोडू यादी जावच्योना. तुज्या नाकांत कुशिल्ल्या चिखलाचो दुर्गंधी आतां परमळची ना.'

'हुंवारांत म्हजी आई आनी भावंडां म्हाका सांसणाचीं अंतरलीं ही सत्य घटना. आतां म्हाका त्या हुंवाराच्यो कोडू यादी जावच्योना. म्हज्या नाकांत कुशिल्ल्या चिखलाची दुर्गंधी आतां परमळची ना.'

'तुका लैंगिक संबंधांविशीं, समागमाविशीं तिरस्कार आनी घृणा मवाल्यान तुजेर केल्ल्या जबरी अत्याचाराखातीर उत्पन्न जाल्ली. तूं आतां स्त्रीसुलभ निसर्गिक भावनेचो मातलेगीत तिरस्कार करचें ना.'

'म्हाका लैंगिक संबंधाविशीं समागमाविशीं तिरस्कार आनी घृणा मवाल्यान म्हजेर केल्ल्या जबरी अत्याच्याराखातीर उत्पन्न जाल्ली. हांव आतां स्त्रीसुलभ निसर्गिक भावनेचो मातलेगीत तिरस्कार करचेंना.'

'तुका केन्नाच हाचेफुडें शृंगारीक वाङ्मय वाचल्यार हुंवाराच्या चिखलाची दुर्गंधी येवचीना. ते दुर्गंधीन तुका हाचेफुडें ओंकपाक येवचेंना. तुका शृंगारीक वाङ्मय वाचल्यार स्त्रीसुलभ भावनाच जातली. फिट मातय येवचीना.'

'म्हाका केन्नाच हाचेफुडें शृंगारीक वाङ्मय वाचल्यार हुंवाराच्या चिखलाची दुर्गंधी येवचीना. ते दुर्गंधीन म्हाका हाचेफुडें ओंकपाक येवचेंना. म्हाका शृंगारीक वाङ्मय वाचल्यार स्त्रीसुलभ भावनाच जातली. फिट मातय येवचीना.'

'हाचेफुडें तुका केन्नाच सिनेमा पळेतना रोमान्स प्रणयी दृश्यां बो पळेतना चिखलाची दुर्गंधी येवचीना. ओंकपाक येवचेना. फिट येवचीना.

'हाचेफुडें म्हाका केन्नाच सिनेमा पळेतना रोमान्स प्रणयी दृश्यांबी पळेतना चिखलाची दुर्गंधी येवचीना. ओंकपाक येवचेना. फिट येवचीना.'

म्हाका खुबच उत्साही दिसता.

रुचीच्या जगांतली बाराखडी

ब्रिटानिया बिस्कुत्यांतली 'ब'

कॅडबरी चाकलेटींतली 'क'

ड्यूक्स थंड पेयांतली 'ड'

भुरग्यांच्यो आवडट्यो

ब्रिटानिया

ग्लुकोज, मारी, बोर्बोन, नायस, ओरेंजक्रीम, गुड डे बिस्कुत्यो,

कॅडबरी

डेरी मिल्क, फाईव्ह स्टार, जेम्स, टिफिन्स, इक्लेर्स चाकलेटी

ड्यूक्स

मँगोला, टँगो, लेमोनेड, ओरेंजोला, किंगकोला थंड पेयां

सगळ्यांक दिवाळेचीं परबीं

मेसर्स :

काशिनाथ दामोदर नायक

देविका बिवरेजस प्रायव्हेट लिमिटेड

हांव नॉर्मल चली.

म्हज्यांत कसलेच न्यून्य ना.

हांव फ्रिजीड न्हय.

म्हज्या मनार जाल्लो तो फटीचो परिणाम आतां उरूंकना.

म्हाका सगळ्या स्त्रीसुलभ भावनांनी दिलचस्पी आसा.

म्हाका ह्याफुडें केन्नाच कुशिल्ल्या चिखलाची दुर्गंधी येवचीना.

शृंगारीक वाङ्मय वाचल्यार वा चित्रां पळेल्यार म्हाका केन्नाच ओंकारो येवचोना.

म्हाका हाचेफुडें केन्नाच ती विकृतिची फिट येवचीना.

हाचेफुडें म्हाका तें दर म्हयन्यांक मासिक पाळी चालू आसतना पडटा तें विकृत सपन केन्नाच पडचेना... ...

हांवें दोळे उगडले तेन्ना सुहास हांसन्या तोंडान म्हजेकडेन पळेतालो.

० ० ०

'हाव डू यू फिल, बेबी ?' ताणें म्हाका विचारलें.

'मार्व्हलस अँड फँन्टास्टिक' हांवें उत्साहान म्हळें. हांव उठून बसलें. म्हाका सगळें वातावरण कशें प्रसन्न दिसतालें. सगळ्या वातावरणात सुगंध, आल्हाद, संगीताच्यो लकेरी भरून रावल्यात अशें म्हाका दिसतालें.

'बेबी !' सुहासान भायर येतकच म्हाका म्हळें, 'त्या कदेलार बस पळोवपा.'

हांव बसलें. ताणें आपल्या मेजार आशिल्लें एक इंग्लेज पुस्तक काडलें आनी म्हाका दिलें.

'बेबी ! म्हाका तूवें हें पुस्तक वाचिल्लें जाय. आयजपासून सुरवात कर. तुका हें पुस्तक वाचून सोंपोवपाक चडांत चड चार दीस लागतले. तूं आनीक चार दिसांनीं म्हळ्यार सुक्रारा सकाळीं णवांक हांगा यो. येतना हे कादंबरीची समरी तूं बरोवन हाड. पंधराशें उतरानी,' ताणें म्हाका सांगलें.

म्हाका हांसूंक आयलें. ही इश्कोलांच्या भुरग्यांक सांगतात तसली विचित्र सुचना हाणें किद्याक म्हणन केल्या काय ? हांवें कादंबरीचें नाव वाचलें. 'लेडी चटर्लीज लव्हर.' हो अश्विनीकुमार चक्क पंतोजी जाल्लो आनी म्हाका ते कादंबरीची समरी बरोवन हाडपाक सांगतालो. सुहासाचीं फकणां करचीं अशें म्हाका दिसलें. पूण हांवें तो मोह आवरलो. म्हज्यांतलो हो नवो बदल म्हाका स्पश्ट जाणवलो. हाव आनी एका दादल्याची मस्करी करपाक सोदतां ? हांवें ल्हवूच चोरयां सुहासाकडेन पळेलें. तो म्हजेचकडेन पळेतालो. ताचे दोळे तेजस्वीच दिसताले. ताणें आपलें निळशें बक्कल काडिलें. आनी ताचे ते दोळे म्हाका पियेताले म्हळ्यार जाता. त्या दोळ्यांनी स्निग्ध मार्दव आशिल्लें. म्हजो चेरो तांबडोच जालो. हांव लजलें. आनी म्हजी मान सकयल घाली.

'हांव वचूं, डॉक्टर ?' हांवें सकयल पळेतच ताका विचारलें.

'हय.' ताणें म्हळें. उपरांत टेलिफोन ऑपरेटर वापरतात तसलो तो हेडफोन आपल्या कानाक लायलो.

हांव भायर आयलें. म्हजें मन आनंदान गायतालें.

म्हाका गगळ्या स्त्रीसुलभ भावनांनी दिलचस्पी आसा.

म्हाका ह्याफुडें केन्नाच कुजिल्ल्या चिखलाची दुर्गंधी येवचीना.

शृंगारीक वाचल्यार वा पळेल्यार म्हाका केन्नाच ओंकारी येवचीना.

म्हाका हाचेफुडें केन्नाच ती विकृतिची फिट येवचीना.

शृंगारीक वाचल्यार वा किदेंय शृंगारीक पळेल्यार म्हाका केन्नाच ओंकारो येवचीना

हाचेफुडें म्हाका दर म्हयन्याक मासिक पाळयेवेळार पडपी विकृत सपन केन्नाच पडचेंना.

हांव खुबच उत्साही आनी आनंदी मनांत एक पद गुणगुणत सोंपणां देंवपाक लागलें.

० ० ०

जिवोत्तम

म्हाका सुहासाचें पत्र आयिल्लें पळोवन खुबच अजाप जालें. म्हाकाशी मुंबय आफोवपाची गरज ताका दिसली ? हांवें माधवरावांक सुहासाच्या पत्राविशीं सांगलें.

'आरे ताणें म्हाका आपणें एक चली पसंत केल्या अशें फाटल्या पत्रांत बरयलें. म्हाका दिसता त्याच कारणाखातीर ताणें तुका मुंबैक आफयला जातलो,' माधवरावान म्हाका सांगलें.

सुहासान जर एकाद्री चली पसंत केली जाल्यार तांतूत म्हजो किदें संबंध ? किदेंय आसना, म्हाकाय मुंबै वचपाकच जाय आशिल्लें. म्हाका शुभदाक पळोवचेशें दिसलें. वचनाफुडें हांवें पयलीं तिगेर वचपाचें थारायलें.

मुंबै वचना हांवें माधवरावांक विचारून मळ्यांतलीं खूब फळां आनी भाज्यो वांगडा घतल्यो. शुभदाकय दिवपाक आनी सुहासाकय दिवपाक. हांव सांजेचे एग. टीत मुंबै गेलों.

० ० ०

मुंबै पावतकच पयलीं हांव शुभदाघर गेलों. बेल मारली.

शुभदानच दार उगडलें. म्हाका पळेनाफुडें तें 'जिवोत्तमकाका' अशें किळचलें. सामकें आनंदान. ताणें आपल्या दोनीय हातानी म्हजो दावो हात घट्ट धरलो.

'अप्पासायब ! कोण आयला पळेयात !' तें आडुलें.

अप्पासायबांक म्हाका पळोवन खोस जाली.

'येयात. येयात', अशें म्हणत ताणीं म्हजें प्रेमान स्वागत केलें. हांवे भाज्यो आनी फळांची एक पिशवी शुभदाच्या हातांत दिली.

'ही दुसरी पिशवी आमच्या दोगोरसायबाक,' हांवें म्हळें, 'म्हाका आतां ताचेकडेन वचून हो ताका दिवपाक जाय.'

'आयल्याबराबर वचपाचो घाई कसली ? आयज तुमी हांगा आमगेर रावपाचें. फाल्यां सुशेगादीन वचात,' अप्पासायबान म्हाका आग्रो केलो.

'इतके कसलें घाईचें काम काडलां, जिवोत्तमकाका ! भाजीच दिवपाची मूं ? [illegible]यां दियान,' शुभदान म्हाका हांसत म्हळें.

'बायगो ! ताणेंच पत्र धाडून आफयला म्हाका. ताचेचखातीर आयलां हांव. पूण म्हळें तुमकां मेळून पयलीं वच्चें म्हणून हांव हांगा आयलों,' हांवें म्हळें.

'अशें किद्याक करीनात तुमी, जिवोत्तमकाका ! आमी सामकार आशिल्ल्या इराण्याच्या हॉटेलांत या. थंयसून तुमी सुहासांक फोन करात. हांव सागतां तांका. आमी आयज तुमकां आमगेर रावोवन घेता म्हणून,' शुभदान सुचयलें.

हांवें तें मान्य केलें. शुभदा म्हाकाच्या हाडपाक भितर गेलें.

अप्पासायब आनी हांव हेवटेनच्यो तेवटेनच्यो गजाली करपाक लागले. हवापाणयाच्यो गजाली सोंपतकच अप्पासायबान तो विशय काडलो.

'किदें आमा जाणा जिवोत्तम ! म्हजें आता वय जालां. म्हजें शुभदा आतां दोतोर जाल्ल्यांतच जमा. फकत हांव आसतनाच ताचें बऱ्या एका भुरग्याबराबर लग्न जावचें अशें म्हाका दिसता. म्हजी निमणी हीच एक इत्सा उरल्या. खूब गुणांचें आं म्हजे शुभदा. ताका शिक्षण आसाच. तेभायर कसल्याय घरकामांतय सामकें प्रविण. तें उत्तम रांदता. बऱ्यापैकीं शिवणकाम करता. म्हाका तुमचे डॉ. सुहास खूब म्हळचार खूब आवडलेले. हांव तांचेविशीं ह्या दोन दिसांक शुभदाक विचारपाचोच आशिल्लों. पूण तुमीच अचळय आयिल्लेच आसात. म्हळें तुमकां पयलीं विचारचें. तुमी डॉ. सुहासांक आमचे शुभीविशीं विचारपाक शकतले व्हय ? ते अजून लेगीत लग्नाचो विचारच करपाक तयार नात काय ?' अप्पासायबान म्हाका विचारलें.

'जाणा ! भौतेक सुहासान आपले लग्न थारायलांशें दिसता. माधवरावांक ताणें तशें पत्र बरोवन कळयलांलेगीन. भौतेक ह्या म्हयन्याच्या अखेरेक तो आपले नववधूसयत पनवेलाक वतलोसो दिसता' हांवें तांका सांगले. आनी अकस्मात खळळ करून कप फुटिल्ल्याचो आवाज जालो. भितरल्यान च्याचो ट्रे घेवन भायर येता आसतना शुभदाच्या हातांतल्यान तें कप सुटीलें. च्या सांडिल्ली.

'शुभी ! आगो अशी घाई करूं नाका.' अप्पासायबान म्हळें आनी ते शुभदाच्या आधाराक गेले. खोणभर म्हाका दिसले शुभदा धवें फटफटीत पडलां.

'आगो बाय ! वोगोच गडबडूंक नाका तूं. दुसरी च्या करून हाड' हांवें ताका समजावणेच्या सुरांत म्हळें.

'अकस्मात हातांतल्यान ट्रेच सुटलो,' शुभदान हांसत म्हळें आनी तें दुसरी च्या करून हाडपाक भितर गेलें.

० ० ०

च्या जातकच शुभदा आनी हांव इराण्याच्या हॉटेलांत गेलीं. शुभदान सुहासाक फोन केलो.

'हॅलो ! हांव शुभदा रेगे उलयतां. डॉक्टर, जिवोत्तमकाका तुमचेकडेन उलोवपाक सोदतात,' ताणें म्हज्या हातांत रिसिव्हर दिलो.

खादी खरीदें और पहनें

प्राकृतिक सुख अनुभव करे
स्वस्थ रहें और सुन्दर दिखें
लाखों गरीब ग्रामीणों का सहारा बनें

आमतौर पर मिलने वाली छूट (रिबेट) के
अलावा एक सीमित अवधि के लिए
निम्नानुसार विशेष छूट का
लाभ उठायें.

सूती खादी – – – – १० प्रतिशत
ऊनी खादी – – – – १० प्रतिशत
कम्बल और कम्बली – – – १० प्रतिशत
रेशम खादी – – – – १० प्रतिशत
पालीवस्त्र – – – – १० प्रतिशत

(साथ में राज्य सरकारों द्वारा प्रदश स्थानीय
अतिरिक्त छूट भी सुलभ है)

शुद्धता सुनिश्चित करने के लिए निकटतम
प्रमाणित खादी भण्डार/भवन/ग्रामशिल्प/
खादी क्राफ्ट/सचल बिक्री वाहन में
पधारें और खादी खरीदें

खादी और ग्रामोद्योग आयोग

'हॅलो! जिवेत्तमकाका मूं? म्हजें पत्र मेळिल्ल्यानच आयल्यात मूं तुमी?' सुहासान म्हाका विचारलें.

'तुजें पत्र मेळिल्ल्यानच आयलां हांव. आयज हांव शुभदागेर रावून फाल्यां तुगेर आयल्यार जाता?' हांवें विचारलें.

'बरे भशेन. फाल्यां घराच येयात. आठ वरांपयलीं पावात. उपरांत म्हाका दवाखान्यांत वचपाक जाय.' ताणें म्हाका म्हळें.

'बरें तर हांव फाल्यां सकाळींच पावतां. फोन दवरूं तर?' हांवें ताका विचारलें. हांव मोठ्यान उलयतालों काय म्हाका दिसलें. पयलेच खेप फोनाचेर उलयतालो न्हय? हॉटेलांतले लोक म्हाकाच पळोवपाक लागिल्ले.

'रावात. रावात मात्से. शुभदा आसा थंय?'

'हय आसा.'

'तर मागीर फोन मात्सो ताचेकडेन दियात.'

हावें फोन शुभदाकडेन दिलो. ताचो हात फोन घेतना थरथरिल्ल्याभशेन म्हाका दिसलो.

'... ... ...'

'बरें आसा'

'... ... ...'

'चालू आसा. आयज सोपतली'

'... ... ...'

'हांव फाल्याच्या दिसांत बरोवन काडटलें.' शुभदाचे गाल सामके आरक्त गुलाबी जाल्ले. सगळो चेरो तांबसार जाल्लो.

'... ... ...'

'बरें आसा'.

'... ... ...'

'हय. हांव फोन सकयल दवरूं?'

दुसरे वटेनच्यान सुहास ताचेकडेन किदें उलयतालो कोण जाणा. पूण हांगा शुभदाच्या मुखामळार तांबसाण पातळळेली. ताचो आवाज सामको मृदु जाल्लो.

आनी फटक करून म्हज्या सगळें लक्षांत आयलें.

म्हाका मुंबै आफोवपा घाटलो सुहासाचो हेतू किदें आशिल्लो? म्हजी आनी शुभदाची बरी वळख आसा. ताच्या बापायकडेन म्हाका उलोवपाक जातालें. आनी हांव सुहासाच्या नात्यांतलो आशिल्लों. हांव न्हवरो आनी व्हकलकारांकडेन उलवणीं– बोलणीं करपाक योग्य आशिल्लों. शुभदाचें मृदु उलोवणें आनी मुखामळार पातळटाली ती तांबाण किदें दाखयताली?

पूण ता म्हळ्यार ताकभात समजुपाइ.ली घाई करपाक हांव तयार नाशिल्लों. दर एके गजालीक फाव तितलो वेळ दिवपाक जाय ह्या मताचो आशिल्लो हांव.

० ० ०

दुसऱ्या दिसा आठ वरां जावचेपयलीं हांव सुहासागेर गेलों.

शुभदान सक्काळीं बेग्गीन उठून म्हाका च्या करून दिली. मेजार एक पुस्तक दवरून कागदार तें किदेंतरीं बरोवन काडटालें. हांवें च्या घेतकच तें म्हाका पावोवपाक बस स्टॉपामेरेन आयलें.

म्हाका बस मेळटकच घरा परतलें. हांवें मुंबैच्यान परतुचेपयलीं आनीक एक फावट ताका मेळपाचें मान्य केलें.

० ० ०

'येयात जिवोत्तमकाका ! तुमकां निमंत्रण दिता कोण आनी तुमची सरबराय करता कोण ?' सुहासान फकणांनी म्हळें. हांवें माज्येचो पिशवो ताच्या फुट्यांत दवरली.

'हां. आतां उलय. म्हाका किद्याक आफयल्लो ?' हांवें ताका सरळ प्रस्न केलो. ताणें खऱ्यानीच आपलें खाड गुळगुळीत केल्लें. मिश्यांव कट दिल्लो.

'रावात, जिवोत्तमकाका ! मातशे रावात. इतली घाई करूं नाकात. हांवें तुमकां चार दीस हांगा हवामान बदलाखातीर आफयल्ले. तुमी थांडे दोस हांगा रावात. विश्रांती घेयात. उपरांत सवकासायेन कामासंबंधीं उलोवंया किदें ?' सुहासान परतैंय फकणांनी म्हळें.

'अशें ? तुजें काम सवकासायेन केल्यार उपकारता मूं ? तर मागीर हांव धा वरांचेर आशिल्ल्या एस टीन पनवेलाक वतां. येतां सवकासायेन आठ दिसांनीं,' हांवेंय ताची 'फिरकी' घेत म्हळें.

'हे पळेयात, जिवोत्तमकाका ! फाल्यां दनपरां तुमकां म्हजें एक काम करचें पडटलें. तें काम कसलें तें आतांच विचारूं नाकात. फाल्यां दनपारमेरेन वाट पळेयात. हांव तुमकां म्हज्या दवाखान्यांतल्यान फोन करतलों फाल्यां दनपरां. शंकर !' सुहासान आपल्या नोकराक आफयलो.

'शंकर ! जिवोत्तमकाकाची बेसबरी वेवस्था कर आं. जिवोत्तमकाका ! हांव आतां मात्सो दवाखान्यांत वता. तुमकां किदेंय लागलें जाल्यार ह्या शंकराक सांगात.'

सुहास म्हाका थंयच सोडून बेगीनबेगीन दवाखान्यांत वचपाक भायर सरलो.

० ० ०

सुहासाच्या कामाचो म्हाका अदमास आयलो. ना, खात्री जाली. हो मनीस शुभदाच्या प्रेमांत पडिल्लो. आनी ताका आपल्या प्रेमांत सफलताय मेळपाखातीर म्हजो आधार घेवचो पडटलो आशिल्लो. आपूण जे गजालीची इत्सा करतालों ती गजाल जैताच्या इतल्या लागीं आयल्या हें अप्पासायबांक खबर लेगीत आसचेंना.

हाका मात खुब्ब समाधान जालें.

नियतीचें म्हाका कवतुक दिसलें. हांव कोण, शुभदा कोण ? एका दोन दिसांभितर आमचे भितर एक अतुट नातें जुळ्लें. हांवे ते चल्येक हुंवारावेळार आधार दिलो. तें म्हाका आपल्या बापायसमान जानतालें. म्हाका ताच्या बापायसारखो लेखून एक बरो तरनाटो म्हजेवरवीं ताचेकडेन लग्न जावपाक आंवडेतालो. आनी हांव ? म्हाका देवान शुभदाच्या रुपांत म्हजें वासंती परतें दिल्लें.

हो संवसार कितलो बेसबरो चलपाक लागिल्लो ! म्हाका चली मेळिल्ली. म्हाका आतां जांवय मेळपाचो आशिल्लो. कितलें सुंदर सांबतलें शुभदा–सुहासाचें जोडें !

म्हाका त्या शुभदाची याद जाली.

हुंवारांतल्यान बळवंतरावान बेशुद्ध अवस्थेंतल्यान वांटायल्लें !

आपले आवय भावंडांची याद काडीत रडपी !

टी शर्ट घालून, पांय ओडीत ओडीत चलपी !

म्हाका पळेनाफुडें 'जिवोत्तमकाका' असो उलो मारून हुडक्या हुडक्यांनी रडपी !

तांबडें जीन आनी फुलांचो बुशशर्ट घालून मदतकेंद्रार क्यूंत उबें राविल्लें ! चल्याभशेन दिसपी ! म्हजेर ओंकपी ! आंग काडून राच्चें किळचूपी आनी आठच दिसांपयलीं 'जिवोत्तमकाका' असो उलो मारीत चवदा वसांउपरांतय म्हाका वळखुपी !

पूण ह्या सुहास– शुभदेच्या नात्याविशीं हांवें फकत तर्कच बी लढोवंक ना मूं ?

शुभदा दुसरे खेप म्हाका सुहासाच्या दवाखान्यांतच मेळिल्लें. तें सुहासाच्या दवाखान्यांत काम करतालें ? तेंय दोतोर आशिल्ल्यान ताचेकडेन कामाक आशिल्लें ?

'शंकर ! म्हाका सुहासाकडेन फोनार उलोवपाक जाय. तो आतांमेरेन दवाखान्यांत पावला आसतलो,' हांवें शंकराक म्हळें. ताणें म्हाका फोन जोडून दिलो.

'सुहास ! तुज्या दवाखान्यांत त्या दिसा शुभदा किदें करतालें ?' हांवें ताका सरळ प्रस्न केलो.

'तें म्हाका हरशीं सहज मेळपाक आयिल्लें. हें तुमी किद्याक विचारतात, जिवोत्तमकाका ?' सुहासान म्हळें.

० ० ०

अप्पासायब

पयलेच फावट शुभदा सुहासाक घेवन जिवोत्तमासकट जेन्ना आमगेर आयलें, तेन्नाच म्हाका सुहास आवडलेलो. ताचें तेजस्वी व्यक्तिमत्व पळोवन म्हाका खुब्ब आनंद जाल्लो. हांवे जिवोत्तमाकडेन गजाली करतनां सुहासाविशीं खुबशी माहिती काडून घेतली. ताचें अद्याप लग्न जावंकना हें कळटकच तर म्हाका खुबच खोस जाली. तो खंयचेच चलयेक अजूनमेरेन किद्याक काय पसंत करीनाशिल्लो ? म्हाका दिसलें जिवोत्तमाकडल्यानच शुभदाचें प्रोपोजल सुहासाकडेन व्हरप योग्य. पूण जिवोत्तम पयलेच खेप आमगेर पाविल्लो आनी असो येनाफुडें ताचेर एक जापसालदारकी उडोवप म्हाका समा दिसलेंना.

दुसऱ्या दिसा जिवोत्तम शुभदावांगडा गेलो.

सुहास डॉक्टर. शुभदाय डॉक्टर जाल्ल्यांतच जमा. दोगांय एकमेकांक अनुरूप. पूण हें सगळें म्हजे हांवच कसो किदें थरयतालों? सुहासाचें हाचेर किदें मत आसतले हें समजून घेवप गरजेचें. शुभदाचेंय हाचेर किदें मत तें समजून घेवपाक जाय. ताची मान्यताय आसली जाल्यारच मागीर सुहासाकडेन ताचें प्रोपोजल घेवन वचप योग्य. पूण अजूनमेरेन म्हाका काय शुभदाक हेसंबंधी विचारपाक जावंक नाशिल्लें. आयज विचारुंया, फाल्यां विचारुंया अशें करतां करतां

शुभदाक विचारपाचें तशेंच उरिल्लें.

आनी आयज परतोय जिवोत्तम आयिल्लो. हे संधेचो फायदो घेवन हांवें सरळ जिवोत्तमाकडेन शुभदाचो विशय काडलो. पूण ताणें सांगिल्लेवयल्यान सुहासान खंय खंयचीतरी एक चली केन्नाच पसंत केल्ली. ह्या म्हयन्यांतच लग्न करपाचो ताचो बेत आशिल्लो खंय. ताणें आपल्या चुलत्याक तशें पत्र बरोवनय कळयल्लें खंय. जिवोत्तमाक ताणें त्याच खातीर मुंबैक आफोवन हाडिल्लो खंय.

म्हाका मातशी निर्शेवणी आयली. वोगीच आनीक आशा बाळगुपांत अर्थ ना. म्हाका आपलें वोगीच दिसलें. सुहास आनी जिवोत्तम आमगेर आयिल्ल्या दिसाग्रासून शुभी खुबच खोशी जाल्लें. ताका हांवें इतलें आनंदीत केन्नाच पळोवंक नाशिल्लें.

त्या दिसा शुभी सुहासाक ताचे गाडयेमेरेन सोडपाक गेलें. हांव व्हरांड्यांतल्यान पळेतालों सुहास ताचेकडेन हांसत हांसत उलयतालो. तो गाडी घेवन गेलो तरी शुभदा ताचे पयस वचपी गाडयेकडेन पळेत हात हालयत राविल्लें. हें लक्षण कसलें आशिल्लें ? हें प्रेमाचें लक्षण आशिल्लें. लतिकेन आनी हांवेंय प्रेम केल्लें. ताची आनी म्हजी प्रेमांत पडटकच अशीच अवस्था जाल्ली. जगांत आसून-लेगीत जगांत नाशिल्लेवरी आमी वागतालीं. आपल्याच विश्वांत रेवडून घेतालीं.

गंभीर शांत स्वभावाच्या शुभींत ह्या दिसांनी नवकी किदें-तरी दल जाल्लो. तें उत्साही आनी आनंदीत दिसतालें.

त्या दिसा हांवे ताका, 'किदें शुभी ? आयज चड खोश्येनशें?' अशें विचारलें. जाल्यार तें बद्द लजलें. लजतना तें लतिकेसार दिसलें. म्हाका लतिकेची तिव्रतायेन याद जाली. आनी अकस्मा एक गजाल म्हज्या लक्षांत आयली. हांवें शुभदाक केन्नाच लजतना पळोवंक नाशिल्लें. सदांच धीरगंभीर आसतालें तें आनी त्या दिसा पयलेच खेप हांवें ताका लजतना पळेलें. ताचें तोंड सामकें तांबसा जाल्लें पळेलें. जशें काय हांवें ताका किदेंतरी चोरयां येवजितना बराब्बर धरिल्लें. हें कसलें लक्षण ?

शुभदा कोणाच्या मोगांनबी पडलेंना मूं ?

० ० ०

हांव जागो जालो तेन्ना शुभी किदेंतरी बरयतालें. मेजावयलें लँप पेटोवन. फांतोड जाल्ली. हांव उठलों.

'आयज सामकें सकाळी सकाळी किदें बरोवंक बसलां ?' हांवें ताका विचारलें. तशें तें परतेंय लजलें. ताच्या तोंडावयली तांबसाण या लँपाच्या उजवाडांत म्हाका स्पश्ट दिसली.

'हांव एके कादंबरीची समरी बरयतां,' ताणें म्हळें.

'कादंबरीची समरी ? मेडीकलाक कादंबरी सारके विशयूय आसतात काय किदें ?' हांवें ताका हांसून विचारलें.

'तशें न्हय अप्पासायब ! हांव कॉलेज मॅगझिनाक एक परि-क्षण बरयतां,' ताणें म्हाका सांगलें. पूण ताच्या तोंडावयली तांबसाण अदीक गडद जाल्ली म्हाका दिसली.

शुभीचें मुखामळ सारकें ताच्या आवयसारकें दिसतालें. म्हाका लतिकेची परतीय तिव्रतायेन याद जाली. म्हजे दोळे दुकांनी भरले. हांव व्हरांड्यार आयलों. दीस उजवाडटालो. मुंबै जिवी जाताली. फुलकार, दूधकार, भाजी विकपी हातगाडीवाले रस्त्यावयल्यान यो वच करपाक लागिल्ले.

आयज लतिका आसता जाल्यार ? विनिता, सुधीर, नितीन आसतात जाल्यार ? लतिका हे जाण्टे पिरायेंत कशें दिसतलें आशिल्लें काय ? विनिता दुसरें शुभदासारकें दिसतलें आशिल्लें. दोगांय दिसपाक सारकीच आशिल्ली. फकत विनिताक दोन भुंवयां-मदी काळो तीळ नाशिल्लो. सुधीर आनी नितीन ? आज तगडे तरनाट जातले आशिल्ले ते. म्हज्या दोळ्यांतल्यान दुकां झिरपूंक लागलीं. अशेंच जाता म्हाका अदीमदीं. चवदा वर्सां जावन गेलीं, पूण म्हजें दुखव कायम वासा. म्हाका अजुनय तांका विसरपाक जायना.

हांवें दोळे पुसले. भितर गेलों. शुभदा म्हाका च्या करपा-खातीर भितर गेल्लें. हांवें शुभदाच्या मेजा डेन वचून पळेलें. एक इंग्लेज कादंबरी थंय आशिल्ली. 'लेडी चटर्लीज लव्हर' आनी हे कादंबरेची समरी शुभीन आयल्या सुवाच्य अक्षरान बरोवन काडिल्ली. हांव वचून ओल्तेरार लवंडलों. शुभदा च्याचें कप घेवन म्हजेकडेन आयलें. म्हाका च्या दिवन परतुपाक लागलें.

'शुभी ! हांगा यो.' हांवें म्हळें. शुभदा आयलें.

'तूं त्या दिसा जिवोत्तमकाकाबराबर हांगा आयलें मगो ?'

'हय.'

'तुका जिवोत्तम सुहासाच्या दवाखान्यांत मेळ्ळो न्हय ?'

'हय.'

दिवाळेचीं परवी
आनी नव्या वर्साच्यो शुभेच्छा !

हरासू ट्रेडर्स

सिने लता लागीं,

मडगांव-गोंय

'तूं सुहासाच्या दवाखान्यांत किद्याक गेल्लें ?'

'हांव... हांव ...' शुभदा सामकें काचाबूल जावन गोंदळ्लें. पयली ताणें सामकें आंग काडिल्लें म्हाका दिसलें, 'हांव तांचो दवाखानो पळोवंक गेल्लें, अप्पासायब ! सायकियाट्रीची ही सामकी नवीन ब्रेंच. सुहासाचें आमच्या मेडीकल कॉलेजांत लेक्चर दवरिल्लें. ताणी थंयच म्हाका वळखलें. आपल्या दवाखान्यांत येवपाचें आमंत्रण दिलें. हांव आपलें सहज तांचो दवाखानो पळोवंक गेल्लें. आनी थंयच जिवोत्तमकाका मेळ्ळे. पूण तुमी हें किद्याक विचारलें, अप्पासायब ?' सामकें गोंदळून वचून शुभदान म्हाका विचारलें.

'आपलें हरशीच,' हांवें म्हळें.

किदें शुभदा सुहासाचेर प्रेमबी करतालें काय ? आनी तो ?

० ० ०

शुभदा

'भौतेक सुहासान आपलें लग्न थरयलां अशें दिसता. माधवरावांक ताणें तशें पत्र बरोवनलेगीत कळयलां' अशें जिवोत्तमकाकांनी म्हळें आनी हांवें आग काडलें. भितर खंयतरी एक धक्को बाशिल्लेसारको जालो म्हाका. आनी म्हज्या हातांतलो ट्रे सकयल पडलो. च्या रकली. एक कपबशी फुटली.

'अकस्मात हातांतल्यान ट्रेच सुटलो,' हांवें बळयां अडेचें हांसून म्हळें.

च्या जातकच जिवोत्तमकाकांक घेवन हांव सामकार आशिल्ल्या इराण्याच्या हॉटेलांत गेलें. सुहासाचो नंबर घुंवडायलो. सुहास फोनाचेर येतकच हांवें रोखडोच फोन जिवोत्तमकाकांकडेन दिलो. सुहासान म्हजेकडेनय इल्लें उलोवचें अशें म्हाका दिसलें. सामकें खरसाणेन दिसलें. आनी खऱ्यांनीच जिवोत्तमकाकान रोखडोच फोन म्हजेकडेन दिलो. म्हज्या हातांक कडकडो येतालो.

'हॅलो बेबी ! हाव आर यू ?' खळखळून हांसत सुहासान विचारलें.

'बरें आसा,' म्हजो आवाज सामको मृदु येतालो.

'कादंबरी वाचून सोंपयली ? समरी बरोवन जाली ?'

'चालू आसा. आयज सोंपतली.'

'समरी केन्ना बरयतलें ?'

'हांव फाल्याच्या दिसांत बरयतलें,' हांव वोगीच लजलें.

'कशी किदें आवडली कादंबरी ? तांतूतली वर्णनां ?'

'बरी आसा' म्हाका सामकी लज दिसपाक लागली.

'परवां येता मूं तूं समरी घेवन ?'

'हय. हांव फोन सकयल दवरूं ?'

'हय.'

म्हाका सामकी लज दिसली. ते कादंबरेंत कितलीशीच शृंगारीक वर्णनां आशिल्लीं. तांतुतली भाशा, उतरांचे प्रयोग सामके धीट आशिल्ले. आनी हांवे ती कादंबरी वेवस्थीत वाचन काडिल्ली. ती शृंगारीक वर्णनां वाचतना म्हाका मातलेगीत ओंकारी येवंक नाशिल्ली कुशिल्ल्या चिखलाची दुर्गंधी येवंक नाशिल्ली. फिट येवंक नाशिल्ली म्हजी विकृती, म्हजें थंडपण, म्हजो फ्रिजीड स्वभाव साप्प पळून गेल्लो. हावें ते कादंबरीची समरी सामकी काळजीपूर्वक बरोवन काडिल्ली.

आनी म्हाका एक गजाल कळून आयली. हांव सुहासाचेर प्रेम करपाक लागिल्लें. चवदा वर्सांपयली करताले ताचेपरस कितलेशेंच चड तिव्रतायेन सुहासाक म्हजें प्रेम आतांतरी कळटलें काय ? हो खरेलो देवदूत. म्हाका फकत चार इंजेक्शनां दिलीं आनी म्हजो मानसिक रोग धांवडायलो. हो खरेलो अश्विनीकुमार. हाणेंच म्हाका उत्साह, शक्ती, आनी आत्मविश्वास दिला. हाणें दिल्ली ती शृंगारीक कादंबरी वाचूनच म्हाका कळ्ळें. म्हजी ती विकृती पळून गेल्या.

हांव अप्पासायबांकडेन सदांच सफाईदार फट उलयत आयलां. कारण म्हजी व्यथा म्हजें दुख्ख ताका कळून तांका मानसिक क्लेश जावचो न्हय अशी म्हजी सामकी इत्सा आशिल्ली. आनी त्या दिसा अप्पासायबांच्या त्या सरळ प्रस्नाचेर हांव कितलें काचाबूल जालें. कितलें आडखळ्ळें, गोंदळ्ळें. कितलें चोराभाशेन दिसलें म्हाका.

'तूं सुहासाच्या दवाखान्यांत किद्याक गेल्लें ?' ताणी म्हाका विचारलें. हांव आनीक किदें सांगतलें ? म्हाका सुहासान ॲपोयंटमेंट दिल्ली, म्हजी मानसिक परिक्षा करपाखातीर. म्हाका विकृती जडिल्ली. डॉक्टर आसूनय हांव मेंटल पेशंट आशिल्लें. आनी हें सगळें अप्पासायबांक हांव कशें किदें सांगतलें ?

सुहासाक मेळून चार दीस जाल्ले. आनी हांव ताका पळोवपाखातीर तळमळटालें. म्हज्या पोटांत चवदा वर्सांपयली जाताली तशी सुहासाची याद जातकच भूक लागिल्लेसारकी भावना जाताली. न्हिदतनां, उठटना, येवजितना म्हाका सुहासाचीच प्रामुख्यान याद जाताली. रमेश देवधराकय अशीच भावना जाल्ली. पूण रमेशाच्या बाबतींत गुन्यांव म्हजो नाशिल्लो. म्हजें विकृतीचो आशिल्लो. हांव विकृत नासता जाल्यार हांव रमेशाक समंजसपणान म्हजो न्हयकार कळयनलें आशिल्लें. पूण अशें द्वेशपूर्ण, बेपर्वा उलोवन ताका दुखोवचें नाशिल्लें.

० ० ०

हांव सुहासाच्या कि नीकांत पावलें. सुहास कानाक तो इंस्ट्रुमेंट लावन किदेंतरी बरयतालो. म्हाका आयज किदें जालां, कसलें मानसिक दुयेंस म्हाका आसा, हेविशी सुहास म्हाका सांगपाचो आशिल्लो. म्हाका पळोवन ताणें तें कानाक लायिल्लें यंत्र काडलें. ताणें म्हाका आनंदान म्हळे, गुडमॉर्निंग बेबी ! तुजी प्रकृती कशी किदें आसा ?'

'सामकी बेस बरी.' हांवें मुमुरक्यांनी हांसत म्हळें.

'समरी बरोवन हाडल्या ?' ताणें म्हाका विचारलें.

'हय. ही घेयात.' हांवें ताका समरी दिली. तो म्हजें बरवप एकाग्रतायेन वाचपाक लागलो. आनी म्हाका ताचेकडेन पळेत न रावपाक जमना जालें. हांव ताचेकडेन तशेंच टक टक करीत पळेत

KNOWLEDGE IS POWER

EDUCATIONAL FACILITIES PROVIDED IN THE STATE

1) More than 1200 primary school and 300 secondary school functioning in the state covering even the backward and remote areas.

2) Higher Secondary Schools, Colleges and Technical Institutions catering to the needs of Higher/Technical education.

3) Scholarships, freeships, book grants and other incentives awarded to a large number of economically backward students girl students, SC/ST students, Children of teachers freedom fighters and Ex-Servicemen.

4) Library movement started-village libraries and taluka libraries opened to encourage reading habit among the students youth & adults.

5) Cheap note-books sold at concessional rates to students through schools, Co-operative Societ es & Sahakar Bhandars.

6) Mid-day meals supplied to 20,000 children in primary schools.

7) Eradication of Illiteracy-education Imparted to illiterate adults Adult Education Centres functioning all over the state ' Educations for all leading to all round development ' is our motto. Help us to educate your child.

DIRECTORATE OF EDUCATION

GOVERNMENT OF GOA

PANAJI - GOA.

लें. म्हज्या राजकुंवरा ! म्हज्या अश्विनीकुमारा !

सुहासाच्या निलनिकांतली ती जाण्टेली आयज नाशिल्ली. हांव ताचेकडेन एकचित्त पळेत राविलें.

'व्हेरी गुड बेबी ! तुका बरें बरोवपाक येना मगो,' सुहासान मरी वाचिल्ली. आनी म्हजेकडेन पळोवन हांमत ताणें वयली तरा म्हणिल्लीं. हांव परतेंय एकदां लजलें. म्हाका जालां तरी कदें ? बोगीच आपलें लज्जेचें झाड कशें परत परत लजतां.

'बेबी ! आयजपासून तुजी इंजेक्शनां बंद. पूण आयज तुका का ल्हानश्या स्क्रिनार एका फिल्म दाखयतलों हांव. हें फिल्म का दाखोवपाफाटलो म्हजो हेतू फकत वैजकी आसा. तूं गैरसमज ात करून घेवं नाका. तुवें हें फिल्म फकत एक वैजकी उपाय– ोजना म्हणून पळोवपाचें. नाव कमावन लेट्स गो,' सुहासान हाका भितरल्या रुमांत व्हेलें. दाखय रे म्हज्या राजकुंवरा, म्हाका फिल्म दाखय ! अश्विनीकुमारा ! तूं सांगता तें करपाक हांव यार आसां. हांव तुजेर प्रेम करतां. तूं म्हजेर प्रेम करता काय ना ाचो म्हाका हुस्कोय ना आनी पर्वाय ना. चवदा वर्सांपयलीं हांव जेर प्रेम करतालें. आतांय करतां आनी हाचेफुडेंय प्रेम करतलें. ुवें तुजी भावी वधु वेंचल्या म्हणून आयकलां. ह्या म्हयन्याभितर तूं लग्न करपाचो आसा खंय. पूण लग्न करून तूं दुसऱ्याचो जालो रीय म्हाका पर्वा ना. हांव तुजेर प्रेम करीत रावतलें. कोणाकच हाका तुजेर प्रेम करपापासून आडावपाक जावंचेंना.

० ० ०

आमी दोगांय भितर गेलीं तेन्ना थंय भितर एक ल्हानसो ड्डो उबो केल्लो आशिल्लो स्क्रिनापासून स फूटांचेर एक ल्हानसो ोजेक्टर आशिल्लो. म्हाका सुहासान प्रोजेक्टराच्या उजवे वटेन ाशिल्ल्या एका कदेलार बसपाक लायलें. आपूण प्रोजेक्टराफाटल्यान सलो. लायटीचो स्वीच ऑफ केलो. आनी फिल्म सुरू केलें ...

आनी जल्मांत पयले खेप हांवें ब्ल्यू फिल्म पळेलें. बायलो ादले बेबंद रतिक्रिडा करतना पळेलें. एक जोडी, अनेक जोडयो. कतल्योश्योच कामक्रिडा. कितल्योश्योच पद्धती. आनी हांव हें गळें पळेतालें. भित्तर खंयतरी थरथराट चालू जाल्लो. हांव उत्तेजीत जाल्लें. असली खऱ्या समागमाची चित्रां त्या बायलां ादल्यांनी घेवपाक तरी कशी दिलीं ? पूण हांव हीं दृश्यां ळोवपाक आतां शकतालें. कुशिल्ल्या चिखलाची दुर्गंधी म्हाका ातां येनाशिल्ली. म्हाका ओंकारो येनाशिल्लो. म्हाका फिट नाशिल्ली. हांव ते वीट दिसपी भावनेपासून मुक्त जाल्लें. ाशिल्ली ती फकत स्त्रीसुलभ भावना. फिल्म सतत पंधरा मिनटां ालू आशिल्लें. सतत पंधरा मिनटां हांव तीं दृश्यां न विट्टां, न ोकतां, न बेशुद्ध पडटां, चौकस, उत्तेजित भावनेन पळेतालें.

फिल्म सोंपलें. दिव्याच्या उजवाडांत रुम परजळ्लो. हांव ामकें लजून अर्दमेले जाल्लें. मान सकयल घालून बशिल्लें.

'सांग बेबी ! तुवें हें फिल्म पळेलें काय ना ?' ताणें गंभीर- ायेन विचारलें. कितलोसोच वेळ लजे खातीर हांवे जापच दिली ा. उपरांत फकत मान हालयली.

'चल बेबी ! तूं आतां सामकें बरें जालां. तुवें हांवे दिल्ली ती कादंबरी वाचून काडल्या. तुका ती वाचतना किळस येवकं ना. तूं ओकूंक ना. तुका फिट येवंक ना. उरफाटें तुवें कादंबरेची समरी बरोवन वेवस्थांत रसग्रहण केलां. तुका ती कादंबरी वाचतना जर किळस आयिल्ली जाल्यार तुका ती समरी ते प्रमाण बरोवपाकूच जावपाची नाशिल्ली.

आयज तुवें शृंगारिक आनी कामक्रिडा दाखोवपी फिल्म पळेलें. तुवें लजून मान सकयल घाल्या हाचो अर्थ तुवें तें फिल्म संपूर्ण पळेलां. तुजें तोंड तांबसार जालां हाचो अर्थ तुज्यो सगळचो स्त्री- सुलभ भावना जागृत आसात.

तूं फिजीड न्हय. तूं नॉर्मल चली हें तुका आतां पटलें मूं ?' ताणें म्हाका सरळ विचारलें.

हांवे मान वयर केली. म्हाका अजापाचो धक्को बसलो. हांवें ह्या सुहासाक एका उतरान म्हाका किदें दिसता म्हाका खंयचे क्लेश जातात हें सांगूंक नाशिल्लें. सुहासान इंजेक्शन दितकच फकत हांव म्हजो भूतकाळ आनी ह्या भूतकाळांत जाल्यो घटना येवजितालें आनी आयज सुहासान म्हाका किदें जातां तें सांगिल्लें. ह्या मानसिक रोगापासून हांव पुराय बरें जाला हें ताणें म्हाका सप्रमाण सिद्ध करून दाखयलें, तो कादंबरी वाचपाक लावन तें फिल्म पळोवंक लावन.

'डॉक्टर ! पूण तुमकां कशें कळ्ळें म्हाका किदें जाल्लें तें ? म्हाका फिट केन्ना येताली ती ?' हांवें सुहासाक विचारलें.

सुहासान आपल्या मेजावयलीं टेपीचीं दोन रिळां म्हाका दाखयलीं आनी म्हळें 'बेबी ! हांव तुका दितालों तें इंजेक्शन हांवें संशोधन करून तयार केलां. हें इंजेक्शन दितकच पेशंटाक गुंगी येता. ताका दिसता आपूण फकत विचार करतां, तोंड धांपून मनांतच विचार करता. पूण खरें म्हळ्यार हो पेशंट प्रत्येक घटना येवजिता आनी म्हाका सांगता. ताच्या उलोवण्याची हांव टेप घेतां. परत परत आयकतां. बेबी ! तुवें म्हाका जें जें सांगलां तें हातूत टेप केलें आसा. तुजी टेप परती परती आयकल्या उपरांत हांवें तुजेर उपचार केलो. उपचार म्हळ्यार किदें ? फकत अंतर्मनाक द्योतना दिवप. सूचना दिवप. Suggestions दिवप. कारण मानसिक विकृती फकत बाह्य मनाक जडटा. अंत:र्मनाक केन्नाच जडना.

आतां तुका तुजेविशी सांगतां. तुज्या बाह्य मनाक दिसतालें की तूं फिजीड आसा. थंड आसा. तुका इंद्रियांविशीं किदेंय आयकप म्हळ्यार वीट येवपी गजाल जाल्ली. कारण तुका, तूं निकतेंच जेन्ना स्त्रीत्वाच्या हुंबऱ्यार आशिल्लें, तेन्ना तुका खुबच मोठो अत्याच्यार सोंसचो पडिल्लो. हांवें फकत तुका फाव आशिल्लीं द्योतनां (Suggestions) तुज्या अंत:र्मनाक दिलीं. आनी तूं बरें जालें. तो म्हाका सगळें सगळें बारकायेन सांगतालो.

'आनी तो भित्तरल्यान खंयसून तरी म्हजेकडेन उलोवपी आवाज तुमचो आशिल्लो डॉक्टर ?' हांवें ताका विचारलें, 'कारण हांव येवजितना हो आवाज म्हाका आयकूंक येतालो ताची म्हाका याद जाता.' 'हय' ताणें म्हळें आनी तो हांसलो.

म्हणजे सुहासान म्हज्या मनांतलें सगळें किदें आयकलें म्हणपाचें. म्हजी हुंवारापयलींची जीण आनी हुंवाराउपरांतची जीण. म्हजेर मवाल्यान केल्लो बलात्कार, ताणें केल्लो आनी हांवे चोरून पळेल्लो तो ताचो निलिमावांगडाचो समागम हें सगळें सगळें ताका कळिल्लें तर. हांव चवदा वर्सांपयलीं ताचेर मरतालें खूब प्रेम करतालें हें ताका कळिल्लें तर.

'बेबी! तूं आतां पुराय बरें जालां. यू आर ए नॉर्मल गर्ल, नाव. तुका हाचेफुडें कुशिल्ल्या चिखलाची दुर्गंधीय येवचीना ओंकारीय येवचीना आनी फिटूय येवचिना,' ताणें आपले दोनोय हात मेजार तेंकयत म्हळें.

भांगरा केंसाच्या राजकुंवरा! देवदूता! अश्विनीकुमारा! तुवें कितले रे म्हजेर उपकार केल्यात! म्हाका तुवें नवी जीण दिल्या हांव जल्मभर तुजेर प्रेम करीत रावतलें. तुजेखातीर किदेंय करपाची म्हजी तयारी आसा.

'डॉक्टर!' हांवें म्हळें.

'किदें?' ताणें विचारलें.

'थँक्यू व्हेरी मच, डॉक्टर! थँक्यू व्हेरी मच'. हांवें आडखळत म्हाका सांवरत म्हळें. आतां म्हाका वचपाक जाय. हो अश्विनीकुमार आतां दुसरे चलयेचो जावपाचो आसा. ताणें आपली साथीदार वेंचिल्ली. तो म्हयन्याभितर लग्न करपाचो आशिल्लो. हांव ताचेर प्रेम करतां. पूण हांवें वास्तव वेव्हारय पळोवपाक जाय.

'डॉक्टर!'

'किदें बेबी?'

'डॉक्टर! तुमची फी! तुमची फी कितली?'

'बेबी! एक डॉक्टर आपल्या डॉक्टर-पेशंटांकडल्यान फी कन्नाच घेना पूण हांव मात तुजेकडल्यान फी घेतलों. पूण तुजी ही फी दिवपाची इत्सा आमकी जाल्यार.' ताणें म्हाका गंभीरतायेन सांगलें.

तो वेव्हारी आशिल्लो तर! तो म्हाका फकत एक पेशंट म्हणून पळेतालो तर! खुबच समंजसपणान वागिल्लो तो म्हजेकडेन. हरशी तो स्वभावाचो सामको बरो. पयलींपासून हांव जाणां.

'सांगात डॉक्टर! हाव मच शुड आय पे यू?' हांवें म्हजो आवाज जाता तितलो थीर आनी वेव्हारी करीत ताका विचारलें. तो केदो वेळ वोगीच रावलो.

'म्हाका तूं जाय, बेबी! हांव तुजेर प्रेम करतां,' ताणें गंभीर, थीर आवाजान म्हळें.

'तुमी किदें म्हळें?' हांवें आडखळत, थिजत विचारलें.

'म्हाका तूं जाय, बेबी! आय लव्ह यू तूं म्हजेबराबर लग्न करशी?' त्याच थीर आवाजांत ताणें म्हळें.

हांव धांवन ताचेकडेन गेलें. ताका घट्ट वेंग मारली. ताच्या छातयेर तकली तेंकोवन हुडके दीत रडपाक लागलें.

म्हज्या राजकुंवरा! भांगरा केंसाच्या देवदूता! अश्विनी-कुमारा! कितलो मान दिलारे तुवें म्हाका अशें लग्नाचें विचारून.

सुहासान म्हजें अचळय चुंबन घेतलें. म्हाका गुंगी येवप लागली. कसलोतरी अवर्णनीय सुगंध म्हज्या नाकांत परमत लागलो. हांवय ताचीं चुंबनां घेवपाक लागलें. ताणें म्हाका उखल कितलो सशक्त आशिल्लो तो. फुलासारकें उखलून म्हाका फोनाकडेन घेवन गेलो. ताच्या तोंडार आतां मस्करेचो भ आशिल्लो. ताचे दोळे आनंदान चकचकताले. हांवें ताच्या हात आसतनाच ताका घट्ट धरलो. सुहासान एक नंबर वुंवडायलो.

'हॅलो!' ताणे म्हळें.

'हॅलो!' असो मोठ्यान आवाज जालो. तो रिसिव्हरांतल्य येवपी आवाज म्हाका भायल्यान लेगीत आयकुपाक जातालो, इत व्हडल्यान येतालो तो. जिवोत्तमकाका उलयताले हें म्हाका कळ्ळें.

'जिवोत्तमकाका! हांव सुहास! हांवें तुमकां मुंबै किद्या आफयल्ले तें खबर आसा?' ताणें विचारलें आनी रिसिव्हर आपल कानापासून एक फूट पयस व्हेलो.

'हय' जिवोत्तमकाकान मोठ्यान सांगलें.

'किद्याक?'

'तुका लग्न करपाचें आसा.'

'कोणा बरोबर?'

'आनी आनी कोणाबराबर? म्हजे धुवेबराबर. शुभद बराबर.'

'आरे काका! यू आर ग्रेट. पूण तुमकां हें सगळें क कळ्ळें?' सुहासान अजापान आडडून विचारलें.

'ताका अक्कल जाय! तुवें माजराभशेन दोळे धांपून पियेलें म्हणटकच जालें? आमकां इतलेंय समजना रे? आरे आम काळे केंस धवे वोगीच जाल्यात? आतां तूं बेगीन हांगा यो. आम रेगेगेर वचपाक जाय,' जिवोत्तमकाकांचो आवाज रिसिव्हराभाय घुमतालो. सुहासान रिसिव्हर सकयल दवरलो आनी म्हज ओंठाचेर आपले ओंठ तेंकयले.

हांवें म्हजे दोळे सामके खोश्येन धांपून घेतले.

... आनी आतां म्हज्या मनांत एक प्रचंड हुंवार धुमशे घालतालो. हो हुंवार आशिल्लो सुखाचो, खोश्येचो आनी तृप्तीच आनी ह्या हुंवारात म्हाका येताली ती कुशिल्ल्या चिखलाची दुर्गंध म्हाका येतालो तो ओंकारो, म्हाका येताली ती विकृत फिट व्हां गेल्ली. नाच्च जाल्ली...

कोंकणींत गुरुदेव ठाकूरांचें साहित्य आनी थोडे विचार

– एन्. एन्. आनंदन
(अलेप्पी)

एक भासेचे वाडीक तांत एकेक नमून्याचें साहित्य सभार जाय. तें आसयात कविता, काणि, कादंबरि, नवलिका, जीवनाचेर विचार, साहित्याचेर विचार– विमर्श, भोवंडी, बाळकयांचें साहित्य, वैज्ञानिक साहित्य, वैदिक साहित्य, लोक साहित्य अशें.

भासेचे वाडीक उपेगाक येवचें दूसरें कसलें म्हळ्यार हेर कांय भासेंतलें साहित्य भाशांतर करनु छापूचें. भाशांतराचे रूपान येवपि हेर भासेंतले साहित्याक एक भासेंतले मूळ साहित्याचो फाव ना म्हळ्यांत कांय दुबाव ना. पूण एक भासेंतले कूडे साहित्या परस भाशांतरा वातीन येवचें साहित्य भो मोलादीक अशेंच लेकयात. हें विद्वांष जनांची ओप घेतिल्लें एक मत्य. आनी भारतांतले सभार भासेंत नांव पाविल्लि भास आसा बंगाळी. हे भासेचो व्हड साहित्यिक अशें गुरुदेव ठाकूरांचें नाव पूराय जगांत प्रसिद्ध जाल्यां. हांचीं तरेकतराचीं पुस्तकां लोकांतले अंग्रेजी जशीं भासेंत मेळटात. बंगाळी भासेंत २५० पुस्तकां आसात. हांत शें भर तांणीच अंग्रेजींत हाडल्यांत. हांचीं २०० पुस्तकां तमिळ भासेंत भाशांतराचे रूपान मेळटात. आनी मलबारी भासेंत तांची ५० पुस्तकां आमकां मेळटलीं. असमिया, तेलुगु, मराठी, हिन्दी आदले भासेंत भाशांतराचे रूपान उजवाडाक आयिल्लीं तांचीं पुस्तकां घांचे ऊणे न्हय म्हणयात. दोग्री, मैथिली, राजस्थानी विना भारतांतले हेर भासेंत तांचीं पुस्तकां आमकां मेळटात. तशें जगाचे दृष्टींत गुरुदेव ठाकूर भारताचे संस्कृतायेचें प्रतीक (Symbol) अशेंच दिसता.

कोंकणींत हांचें साहित्य आतां सभार मेळूक ना ! स्व. रा. ना. नायक हांणी ठाकूरांची गीतांजली, साधना, एकोडि भोवपि सवणी आनी सात कथा काव्य कोंकणींत भाशांतर केलीं. पूण हांत पुस्तकाचे रूपान छापून उजवाडाक आयल्यांत गीतांजली आनी एकोडि भोवपि सवणी हीं मात, आनी ठाकूरांची कादंबरी ' चोखेर बाळी ' आसा बंगाळी भासेंत मनोविज्ञानीयाचे दृष्टीन रचिल्लें पयलें नोवेल (Novel) मांयक सूनेचेर भोगची ती जाळ कितली हाजो उल्लेख तांणीं हांत केलो आसा. आनी हे पुस्तकाचें भाशांतर साहित्य अकादमीन उजवाडायलें आसा. वयर सांगली विना हेर कांय साहित्य पुस्तकां रवीन्द्रनाथ ठाकूरांचीं म्हणूक कोंकणींत आज मेरेन उजवाडाक आयलींच नात अशें दिसता. गुरुदेवांचीं हेर पांच पुस्तका थाडे काळ भीतर आमका मेळटलीं अशें अशेवयात.

आसूं. भारतांतले सभार भासेंचे हेर कांय नामनेचे साहित्यिक आसात, विद्वांष आसात, चिंतक आसात न्हय. हांचें साहित्य कांय कोंकणींत मेळूक आसा ? आमचे पुरातनाचे कवि आसात वाल्मीकी– व्यास– काळिदास– तुळसीदास जशे. बाल गंगाधर तिलक–महर्षि अरविन्द– सर्वेपळ्ळी राधाकृष्णन जशे चिन्तक आसात. वैज्ञानिक आसात सर सी. वी. रामन– सर. जगदीश चन्द्र बसु– डा. सुनीति कुमार चट्टरजी जशे. देशाचे हेर व्हड व्हड मनीस आसात, महात्मा गांधी– पंडित जवाहरलाल नेहरू– सरोजिनी नायिडु जशे. एकेक भासेचे नामनेचे साहित्यिक आसात. तरणाटे कवि आसात बरोपि आसात. हांत बायल मनशो तांय उरतल्यो. संगीताचे–नाटकाचे –लोकनाट्याचे आनी हेर कांय कलेचे व्हड व्हड मनीश तांय भारतांत सभार नात ? भारताचे भायरूय अशे साहित्यिक–चिन्तक – विद्वांष कलाकार– राष्ट्रसेवक सभार नात ? हे जगांत उरतात आमी मात कांय? सभार मतांचे–धर्मांचे–जातींचे–वर्णांचे–आचारांचे –विचारांचे–कर्मांचे आनी भासेंचे सभार मनीस हे जगांत व्यापून उरतात. आनी ते एकेक राज्यांत राबतात. हांचे जीवनाचो पूराय परिचय आसल्यार मात हे जगांतले तरेकतराचे जीवनांचे खातीर आमची जाणविकाय उरतली. आनी हे विषयांत वयर सांगले लेकान लोकांतले नामनेचे कवींची– चिंतकांची– विद्वांषांची– वैज्ञानिकांची– व्हड व्हड साहित्यिकांची–कलावंतांची आनी हेर जनांची बरपावळ आमचे उपेगाक येतली.

पूण अरबी–जर्मन–रूसी–फ्रेंच–चैनीस–जापनीस–लतीन–ग्रीक रोमन–संस्कृत–फारसी अशे लोकांतले सभार भासेंत एकेक युगाक उदेवन अस्तमेले एकेक म्हापुरुषांनी बरयलीं तांचीं पुस्तकां–अर्थात तांचे विकारांचो आनी विचारांचो उल्लेख– त्यो त्यो भासो वाचून-शिकून–समजून आमकां आपणावयात हो विचार कितले जनांचो सुफळाक येतलो हें खण्डीत सांगूक हांव अशक्त आसा. आनी कोणाकूय हे विषयांत भोगचे संकष्टच. हे संकष्टांत आमचे साहायाक पावचो आसा भाशांतर करपी मनीश. हाका ऊणशें ऊणें दोन भासो सामकीच वाचूक–बरोचाक कळटल्यो.

आनी भाशांतराचे विना मनशाक हे जगांत आतां एकि घडि तांय उरूंक जावचें न्हय. आनी घडि भीतर वाडून येवचे मनशाचे विज्ञानाक अनुसरून तें एक भासेंतसून हेर भासेंत हाडचे खातीर कंप्यूटर (computer) तांय आतां उपेगाक येता. आनी हे कामांत व्यापारून उरल्यो सभार संस्थो तांय आतां आसात. हांतसून एक भासेचे मात न्हय ती भास उलवपी जनांचे तांय चांगपणाक हेर भासेंतलें मोलादीक साहित्य–साहित्य म्हणटाना हांगा एक भासेंतली पूराय बरपावळ मनांत धरली आमा– भाशांतर करनु ते भासेंत उजवाडावचें कितलें की अवश्य हें समजतलें. कोंकणीचे मोगी पूराय जनांचो ध्यास हे विषयांत आसल्यार जालें. –

Promotion of Biogas for Rural Prosperity

Solve Rural energy problem by Installing Biogas plant

Construct new model Janata/Deenbandu being simpler in construction; cheaper in cost and with localing available laterite Stone / Bricks, Material :-

Levy Cement on priority.

Technical advice and monetary assistance from Department of Agriculture and loan from banks.

BENEFITS :-

Gas for cooking and light.

Weed Seed free Slurry ? Ready manure for agriculture.

SUBSIDY PATTERN IN RUPEES

Capacity of Plant (Cu. m. of gas per day)	for Schedule Castes/S. Tribes			For small and Marginal Farmers & landless labours			For all other (general categories)		
	Central subsidy	State subsidy	Total	Central subsidy	State subsidy	Total	C.S.	S.S.	Total
1.	1 50	1000	2250	1250	1000	2 50	1000	1000	2000
2.	2350	1000	3350	2350	1000	3350	1560	1000	2560
3.	2860	1000	3860	--	--	--	1900	1000	2900
4.	2860	1000	3860	--	--	--	2140	1000	3140
6.	--	--	--	--	--	--	2610	1000	3610
8.	--	--	--	--	--	--	2610	1000	3610
10.	--	--	--	--	--	--	2610	1000	3610

Farmers possessing cattle / poultry / pigery are requested to contact Zonal Agricultural Officer of respective Talukas and Directorate of Agriculture, Panaji to avail benefites.

Issued by :

Directorate of Agriculture

Government of Goa,

Panaji-Goa.

सोयरीं आमचीं झाडांपेडां

फुल रे चांफ्या फुल रे चांफ्या खांदयोभर !

– सौ. जयमाला दणायत
(डोंबिवली)

सैमाची आनी म्हजी इश्टागत खूब पोन्नी! सामकी आवयच्या पोटांत आस्तनाची म्हळ्यार फाल्स जावचें ना... आवयचोच वारसो तो! सैमीक सोबितकायेन उपाट भरून ओततल्या गोंयान गोंयकाराक दिल्ली नीजी दिठीच ती! गोंयच्या पोरसांतली दुदीण, घोसाळे माटोव, केळ हे घरांतल्या हेर मनशाइतले आपलेपणान उलौचेले विषय आसता. आमकां फुलां काडचीं, शियाळें सटकन् तोडप कुस्तार जाता. झाडावेलीं वेंचून फुलां काडचीं, कळो दुखोंव नये. सांज जातगीच केळीचें पान तोंडू नये, झाडाक हात लेगीत लावं नये, तीं न्हिदतात, अशा भावार्थान वाडील्लें मन घेवन जल्मल्लें गोंयचें खंयचें भुरगें झाडांपेडांचें इष्ट नासतलें? तांतून म्हजें घर जांबावले तर आजोळ रिवणां! ताका लागून भाटी–दोंगुल्यो माडुीत आनी कुळागराच्या आंगाखांद्यार खेळतच ल्हानाचें व्हड जालें. कुळागरांतले खंची कोणशांतले वझरे आनी तळयो माडुीत दिसभर भोंवचें. माडमाडयांच्या सांगातान आनी ओंवळां कांदळां पुंजायत कुळागर माडुीतना तान भूक न्हिवची आजोळा गेल्यार घरांत उरचेपरस आमी चड करून कुळागरांतच भोंवत उरतालीं. आनी घर जांबावले–गोंयचें एक खेडेंच तें. हेर खेडयांभशेन दोंगर माट्यांनी भरील्लें. घराफाटल्यान दोंगर! वैली माटभर हेडून काजू पेरां आनी चारां चुन्नांचो सोद घेत पांज केन्नाच सरताली. केन्ना केन्ना तर राखणो नासल्यार आयतारा जांव सुटयेदिसांनी गोरवां चरपाक वैर रानांत घेवन बतालीं आनी तांतूनच झाडांपेडांची आनो म्हजी इष्टागत जायत गेली.

म्हाका याद आसा, मोठ्या उमेदीन शाळेंत शिकतना हांव पयले खेपो मुंबय भैणीगेर आयलें म्हयनोभर रावंक. भैण सामकी आवयसुवातेर, भाव कितें करतीत असो जीव लावपी भावोजी, अपुरबायेचीं भाचरां हांच्या संगतीन रावन लेगीत आनी सद्दां मुंबयचे नवे नवे जागे, सिनेमा, नाटक पळयत दीस सारतना लेगीत चार दिसांभितर 'होमसीक' जालें– घरच्या मनशांच्या यादीन न्हय, तर मुंबयच्या त्या बंद दारांच्या संस्कृतायेंत आनी सिमेंट कांक्रीटच्या रानात मनाचो घुस्मटमार जालो; - पेवंक येनाशिल्ल्याक उदकांत धुकलतगीच नाकातोंडात उदक वचून घुस्मटचें तशें कितेंशें त्या सैमाचो हात भोंवडायनाशिल्ल्या मुंबानगरींत जालें म्हजें! जालें! आठ दिसांभितर म्हजी भालकी आशिल्ली तशी परत गोयां रवाना जाली– आनी मुंबयची सीम हुपून गोंयादेगेर पावलां मात मन म्हजें परत तट्टटीत जालें. सामकें सूऽऽ म्हज्या घरा जालें. आतां नशिबांत आयला तें चुकना म्हणून डोंबिवली सारकेल्या मुंबयच्या उपनगरांत दीस काडटां. पूण गोंयच्या यादीनच मन हुसहुसता. हांगाय घराभोंवतणीं झाडांपेडां लायल्यांत–ना अशें न्हीं, पूण गोंयची सैमीक सोबीतकाय वेगळीच! ताका लागचना!

आगच्या घरांतल्या सगल्यांकच फुलां झाडांचो घोस्त! खंय कितें वेगळें झाड दिसलें कीं आयलेंच तें आमच्या पोरसांत. हातूंत मागीर तो रामुलो, शब्दो, बोकडयो आसूं नातर मोरपिसारो आसूं! ताजी खांदी खुडून ती पोरसांत लायलेबगर रावं नजो जातालें. म्हज्या आवयक तर फुलांचें सामकें पिशें–तेंच आमकां आयलां जावंये! आबोलीं, रतनआबोलीं, गोटलां, जायोजुयो, चमेली, तरांतरांची शेवतीं, गुलाब कितें म्हणून ना. आमच्या पोरसांतल्या फुलांनी घर भरून दार ओंतचे! न्हाणये उदकाचेर तीं बरीं पोसवतालीं आनी शेजाऱ्यांलीं गोरवां येवन केन्नाच सगळें स्वाहा करतालीं. आमचीं गोरवां झाडांक, तोगलेगीत लायनासलीं. (म्हाका दिसता 'संगती संगदोषाणां' हे नदरेन गुण न्ही पूण जाण लागून तांकांय, झाडांपेडांची आवड उत्पन्न जाल्ली जावचे.) ह्या सगळ्यांभितर

गोरवां-तोणांतल्यान वांटावल्लो धवो चांफो मात सदांच हांसमुख ! फुलांनी भरिल्लो :- आनी म्हणूनच काय देव जाणां पूण कोणाच्या मनाकोणशाक लेगीत आफुडनाशिल्लो तो चांफो म्हाका खूब आवडटालो. ल्हानपणांत देवांनी खेळटना हेर फुलांक हात लायल्यार उलौणीं पडटालीं, पूण चाफ्याफुलां मात कितलींय तोड-ताजो मालकी हक्क कोणाचोच नासलो. हक्कान तोडून खेळांत घेवं येतालो. तशेंच शाळेच्या मदल्या सुटयेंत ताजे उगऱ्अुपी कळे तोडून त्या पाकळ्यांचीं पेपारीं करून कोण बरो आवाज काडटा अशी आमचो सर्त लागताली. देखूनच चांफो पळेलो की म्हाका म्हजें भुरगेपण कांय काळ परत मेळिल्लेवरी जाता जावंये. हेंवय आनीक एक कारण म्हज्या मनांत ताजीं मुळा घटावंक कारण जालां आसूंये.

आंगा खांद्यार गच्च भरील्ल्या घोंसासैत धोलपी धवो चांफो केन्ना केन्नाय सामको बोडको पळयलो की देवळाची हटकून याद जाता. देवाकुडींत मंद पेटपी लामणदिवो आनी ताज्याबराबरच पोरसाकडल्या जनेलांतल्यान येवपी चांफ्याचो मंद परमळ मन भारून उडयता. गोयां खंयय वच पोरसांत हे चांफ्याखुटे पुरतातच वंयेक ! वर्साभितर ताजो रूख जावन पानाफुलांनी भरून वता. चड करून सगळचा देवळांच्या प्राकारांत आनी घरांच्या वयेक चांफो आसता. हाका लागून आतां खंयय गेल्लेकडेन हो फुलतो धवो चांफो पळयलो की म्हाका म्हजे गोंयचो आभास जाता.

हांवें कितलेकडेन चांफे रोयिल्ले पळेल्यात,, पूण देवळाच्या प्राकारांतच तो म्हाका चड सोबून दिसता कांयकडेन तर ताव देवचाफोच म्हण्टात. इंग्लिशीन हाका टेम्पल ट्री म्हण्टात. सिलोनां बुद्ध धर्मियांनी ताका पॅगोडा ट्री केला. शास्त्रीय भाषेंतल्या, वर्ग करणांत हो 'अपोसायेन्सी' हे वळेरींत आसून हाका 'पक्तुमेरीय अल्वा' म्हण्टात. संस्कृतात चम्पक वृक्ष, चम्पा अशें म्हण्टात.

आमचें गोंय म्हणचे एक चम्पकसमृद्ध राज्य म्हळ्यार फाल जावचें ना. गोयांत चाफ्यांचे जे वेगवेगळे प्रकार आनी आकार वेगवेगळे रंग आनी गंध पऱ्यांक मेळटात ते खंयच मेळचे नात. धव चाफीं जालींच, ताज्याचभशेन आकारान पूण रंगान तांबडीं चाफी तेभायर सोनचाफीं, कुडचाफी, कवठी-चाफीं, भुंयचाफीं, नागचाफी पांचवीं चाफीं आनी शिवलींगचाफीं ! हांतलो धवो चांफो चडसं सगळेकडेन दिश्टी पडटा, ते ताकींत तांबडो चांफो खंयय दिसता सोनचाफीं, कुडचाफीं, नागचाफीं बी कुळागरांनी आसतात. कवठी चांफो, पांचवो चाफो घरांतल्या पोरसांनी मुद्दम लायिल्लो आसता पावसाच्या सूर्वेक माय बरो तापून पयलो पावस येवन वतगीं भुंयचाफीं तकल्यो वयर काडटात. हीं चाफीं तर भुयेंतल्यान वय सरिल्लेवरी अकस्मात येतात. हांचें झाड दिसना. फकत फुलां दिसतात. ल्हानपणांत तर झाड नाशिल्लें फुल म्हणून म्हाका ता अपरूप दिसतालें. अळमी तशीं हीं भुंयचाफीं अशे दिसचें- पूण मागी

The Largest and Oldest Urban Co-operati e Bank of Goa

THE GOA URBAN CO-OPERATIVE BANK LTD.

(Regd. Off : Dr. Atmaram Borkar Road, Panaji - Goa)

WISHES

Its Share-Holders, Depositors and Constituents

A VERY HAPPY DIWALI

- Welcomes you to our Branches at -

PANAJI	ST. ESTEVAM	PORVORIM
MARGAO	CAVELOSSIM	NAGORCEM
PONDA	ASSOLNA	BAINA
CURCHOREM	MARKET	HO. BRANCH
VASCO	MALA	MAPUSA

- Pays 11% interest on Deposits for two years and above.
- Charges maximum 16½% interest on advances.

FINANCIAL POSITION AS ON 15-9 89

(Rs in thousands)

Share Capital	18871	Investments	337376
Reserve Fund & other Reserves	58367	Advances	293259
Deposits	506757	Working Capital	680134

No. of Members 56,714

' We take pride in being partners in your progress and prosperity '.

एक दीस ताज्यो मुळ्ळचो खणून दुसरेकडेन लायतना पळेलें आनी म्हजो भ्रमनिरास जालो. हें फुल सामकें नाजूक जांवळसार धवशें आसता आनी ताका एकेतरेचो मंद मादक खावचो खावचोसो दिसपी परमळ आसता.

शिवलिंगचाफो मात मगळेकडेन दिसना. हांवें तर फकत मंगेशीं तळयेदेगेर ताजो आकांत रूख जाल्लो पळेलेलो. मंगेशी गेल्यार तें फुल मेळना जाल्यार म्हाका सामकें चुकलेचुकलेवरी जाता. हें फुल भोव सोबीत; पांच साळकाकोराच्यो वाटकुळ्यो पाकळ्यो, भायल्यान हळडुबसार आनी भितल्ली वट तांबडी गुलाबसार, ताज्या मद्दीं शिवलिंगाचो आकार आनी ताज्या माथ्यार नागाचो फडो– ताका भितल्ल्यान कुसांकुसां– हें फुल रचतल्या विधात्याचें कौतुक करत तितलें थोडें! ताजें सार्थ वर्णन म्हज्यान करूं नजो. म्हाका दिशिल्लें हें झाड फकत मंगेशीच आसा म्हणून. पूण फाटीं अंधेरी गेल्लेकडेन बँकेच्या एका सोसायटीच्या प्राकारांत तसलोच रूख पळेलो आनी म्हाका हांव मंगेशीं पाविल्ल्याचो भास जालो.

पांववो चाफो आनी कवठी चाफो वासान जवळजवळ सारखोच– पाकळ्यो मात्र्यो वेगळ्यो– त्या उग्र वासान तकली भणभणटा. पूण कांय जाणांक ताजो वास खूब आवडटा. शेवट पिर्डेपिडे मतिभिन्न : म्हण्टात तेंच खरें. कुडचाफीं कुळागरांनी खूब मेळटात. पांच धव्यो पांकळ्यो मदीं हळदुवीं केसरां आनी चेर ओतील्लेवरी मदल्या भागाक वासच वास! नागचाफींय साधारण तशींच पूण मदीं सोरपाची फडा!

हातलीं सोनचाफी गोंयच्या बायलांचे भयंकर घोस्ताचीं! इतलीं कीं जातात तेन्ना तीं साधींच न्हय तर तांच्यो फातयो घालून खोपे भरतातच पूण तीं बारमास माळ्कं मेळचीं म्हणून ताजी ताणीं भांगराची वस्त करून घेतल्या.– भांगराचें चाफे जांव चांफ्याआटी गोयांत फामाद! बारीकसाणेन तेळल्यार फुलांचो आनी भांगराचो सोंस गोयांतच चड– ह्या दोनांय फाटल्यान बायलां सामकीं पिशीं जातात. ही चाफ्यांची आटी म्हणा, साळकां आटी, सुरंगा वळेसर, कडकडीं फुलां, पिसोळीं असले प्रकार फकत गोंयच्या बायलांच्या माथ्यारच दिश्टी पडटले– हेरकडेन असलें कांयच ना.

तर हो सोनचाफो– धव्या चाफ्याचे साप्त उरफाटो. दिसूंक सामको सभ्य! – आंब्याभशेन पानां पूण सदांच सकल मान घाल्ली! फुलां तर आवयपदराआड लिपून हळूच पळोवपी कुकुलीं भुरग्यां जशीं! – पूण वास मात पदरा बुरख्यापोंदसून तांची मादकता सहज उक्तावची! फुल सामकें भांगराकोराचें. खंय खंय मात हळडुव्या, केगदी आनी केशरी रंगांतय दिसतात. ल्हानपणात आमच्या वाठारांत एकच एक असो सोनचाफो आशिल्लो. आनी नदरेक दिश्टी पडनाशिल्ल्या त्या फुलापसत आमच्या मैत्रिणींमदीं कितली लंडामुंडी चलताली! बडयेक कांगलें लावन पांय वयर करकरून मान मोडून काडील्ल्या त्या फुलाची सर आतां उतरा-पावलाक दिसपी खोंटलेभर फुलांक केन्नाच येवची ना. तेन्ना तें फुल मेळटा ताका सामको सगे हातांत आयिल्लेवरी जावचें. सोंपले ते

साहित्य अकादेमी

कोंकणी उजवाडावपां

कोंकणी काव्य संग्रह
संपादक : **बा. भ. बोरकार** ४५/-

कोंकणी कथा संग्रह
संपादक : **चंद्रकांत केणी** ५०/-

दोन दंगाळी भात
बरोवपी : **तकझी शिवशंकर पिल्ले**
अणकारपी : **आर. के. राव** ३५/-

दोळ्यांतले किशीर
बरोवपी : **रवींद्रनाथ ठाकुर**
अणकारपी : **एन्. एन्. आनंदन** ४५/-

मलयाळम् साहित्याचो इतिहास
बरोवपी : **पी. के. परमेश्वरन नायर**
अणकारपी : **आर के. राव** ४५/-

कन्नड साहित्याचो इतिहास
बरोवपी : **रं. श्री. मुगलि**
अणकारपी : **जे. बी. मोरायस** ६०/-

नानालाल
बरोवपी : **उमेदभाई मणियार**
अणकारपी : **पुंडलीक नारायण नायक** ५/-

गालिब
बरोवपी : **एम्. मुजीब**
अणकारपी : **नारायण वादोळकार** ५/-

English

The Golden Treasury of Indo-Anglian Poetry
Comp. V. K. Gokak (6th ed.) 50/-

Falgado - The Man and the Scholar
by Fr. A. Pereira S. J. 12/-

A History of Marathi Literature
by Kusumawati Deshpande and
M. V. Rajadhyaksha 40/-

A History of Indian English Literature
by M. K. Naik (2nd ed.) 60/-

SAHITYA AKADEMI-REGIONAL OFFICE
172, Mumbai Marathi Granth
Sangrahalaya Marg, Dadar,
Bombay - 400 014.
Phone : 4135744

दीस अशा ल्हान ल्हान गोष्टीनी खोषी जावचेले !

हांवें धव्या चाफ्याच्यो मात दोनच जाती पळेल्यात– हेर चाफे हे ताजे वेगळे प्रकार अशें म्हजें आपलें मत ! सामको तांबडो चाफो लेगीत वेगळो पडटा. धव्या चाफ्याची रया ताका ना. तांबडो चांफो रंगान कितलोय वेगळोच ! गुलाबी वा केसरट जावं तांबडोच–तरी-लेगीत धव्या चांफ्याची सहजताय तांतूत ना. तो एकेतरेचो कृत्रीम कसो दिसता. ह्या सगळ्या चाफ्यांमदीं धवो चाफो बावडो सामको साधो. रंग ना रूप– तरी म्हजो मनभुलोवणो !

ह्या धव्या चांफ्याचें फुल तशें सामकें साधें. पांच लांबट वाटकुळ्या पाकळ्यांचें फुल आनी तांबडोच देठ ! भायल्यावटेन हयन्हयसो गुलाबसर तवंग आनी पांच पाकळ्यांभितर मदींच हळदुवो रंग, हळदी चिमटी वा केशर भुरभुरायिल्लेवरी ! आनी मुख्य म्हणचे गुलगुलीत स्पर्श– मात्सो विलोदावरी ! तो हेर चाफ्यांवरी फुडें फुडें करीना. मंद मंद हयन्हयसो परमळ. हो चांफो हातचें पान राखीनासतना फुलून येता. पूण चंगो न्हय. भडकपणा तर मुळांतच ना. ताजी सोबीतकायच हळुवार ! ताका पळेल्यार तो एकेतरेन विरागीसो दिसता. फुलून लेगीत थंडसो ! संवसारांत आसून लेगीत संसारांतल्या सुखदुखांपसून, जयापराजयापसून पैस कसो– स्थितप्रज्ञ ! आनी देखूनच देवळाच्या प्राकारांतच तो चड सोबून दिसता. म्हणून कांयजाण ताका देवचांफो म्हण्टात जावंये. हाजें वागणेंय साधें. जावंकलेगीत व्हडलेशे कसलेच सुवाळे लागनात. पावसाच्या सुर्वेक हेर खुट्यांबराबर वंयेक लायलो कीं जालें. श्रावणांत थोडीं तरी फुलां मेळटलीच. हाजे घोंस खुडून उ[illegible] दवरल्यार लेगीत घरांत फुलत ! ल्हान आसतना सामकें भुरग्या[illegible] गुळगुळीत लुसलुशीत आंग पानानी धांपील्लें, पूण व्हड जातां [illegible] मदलें खोड गांठी गांठीचें जड्डूल कशें जायत वता.

तशेंच पाना नाशिल्ल्या झाडाची आकृताय पैसुल्ल्यान पळे[illegible] लेगीत कितली सोबीत दिसता. खांदये भोंवतणीं वांटकुळींच [illegible] लांब पान आनी मदीं फुलांचो तुरो ! हाजी सांग खंय सो[illegible] विखाचेर भोव गुणकारी ! सांगो चडशो नदरेक पडचनात. [illegible] तर पळौंकच नात. पूण आमचो बाप्पाबी सांगतालो त्याव[illegible] अशें दिसता कीं ह्यो सांगो सोरपाविखाचेर उतार देखून रा[illegible] 'व्हडलो' येवन त्यो खावन वता. हो दंतकथा आसुंये. पूण मनश[illegible] सोरोप चाबल्यार ह्या चाफ्याची सांग झरोवन घांस माल्ला[illegible] लेप लायतात. ही पद्धत शास्त्रशुद्ध जावन आसा आनी जाय[illegible] आदिवासी ठक्कर आनी दोंगुल्ल्यानी गावगी कुणबी समा[illegible] दिसून येता. आयुर्वेदासारकिल्ल्या ग्रंथानी लेगीत हाजो उल्[illegible] केल्लो आसा.

ल्हानपणांत शाळेत खेळटना पडून धोंपोर कोंपोर फुटलो [illegible] लागशिल्ल्या चाफ्यातुरो मोडून तो धवो दीक घायार लायना [illegible] रगत थप्प जातालें. ते चुरचुरे अजून येवजतात. सामको धवोफु[illegible] दुधापशेन हो दीक म्हणून हाका संस्कृतांत क्षीरचंपा म्हणचेच [illegible] चांफो म्हण्टात जावंये. हाजे वखदी उपेग जायते आसात चाफ्या[illegible] साल आयुर्वेदीक नदरेन पळेल्यार एक तीव्र रेचक, मूत जा[illegible]

दीपावली शुभचिंतन !

जेवण शिवराक जावं नुस्त्यावें
नाजाल्यार मटन आसूं वा चिकन
रुचीक बरें आमचें लागता
बरी रूच कशी आसची हें वळखूंक
भेट दियात –

मिनाक्षी हॉटेल

मडगांव–गोंय

Morning Pal

Kamat Complex Bldg.
Station Road,
MARGAO - GOA.

Wishing a happy Diwali
and
prosperous New Year !

Morning Star

BAKERS, CONFECTIONERS,
CATERERS

Near Market, MARGAO-GOA.

उपकारपी, थंडी ना जावपी, वातहारक आनी जोराचो प्रतिबंध करपी जावन आसा. हाजो धवो दीक पित्तनाशक आनी पोट साफ जावंक उपकारस पडपी जावन आसा. पूण तोच दीक चड प्रमाणांत पोटांत गेल्यार मात जीव वचपाची भिरांत! शिया जोराचेर बापरांत हाडटल्या सिकोना ह्या वनस्पतींत जे गुणधर्म आसतात ते ह्या चांफ्याफुलांत आसतात– देखून ह्या जोराचेर चांफ्याच्यो १ ते २ कळ्यो खावच्या पानांतल्यान दितात. ताका लागून जोर देंवक मदत जाता. परम्याचेर हें वखद गुणकारी जावन आसा. चांफ्यासाल ५ ते १० ग्राम म्हणचे अदमासान १ ते देड कप ताडयेंत रातभर फुगोन सकाळीं ४/५ वेळां वाटून दिल्यार ही पिडा कमी जाता खरोज, चवनां, नायटो गजकर्ण सारकिल्या जायत्या कातडेच्या पिडांचेर चाफ्याची साल एक वांटो आनी नाल्लाची सोय एक वांटो मिक्स करून तेलांत उकळावन तांतून तुरटी आनी कापूर घालून केलें मलम हाजेर उपकरा पडटा. सांधे दुखतात ताजेर चांफ्यादीक घालून ते हून उदकान शेकल्यार दुख उणावता. तशेंच सिलोनांत हाजे पानांचे ताळे मोडून माडाक कीड पडूं नये म्हणून बांदतात. ताका लागून माडाचेर रोग पडना– अशे वखदी गुणधर्म ह्या पानांत आसतात. भुरगेपणांत केंस पिकतात ताजेर ह्या फुलाच्यो पाकळ्यो एंडेलांत करपयमर भाजून तांतून तिळेल मिक्स करून सद्दां लायल्यार ते काळे जातात असो बायबल सारकेल्या धर्मग्रंथान लेगीत उल्लेख केल्लो आसा.

अशे तरेन सामको साधो सामान्य असो हो धवो चांफो कितलो गुणी आनी चैतन्यान भल्लेलो आसा तें तुमीच थारायात. मागीर म्हाका तो किन्याक आवडचो ना? गोयांत तर शेंवतीं, आबोलीं, गुलाब, शंकर हांचेसारकेल्या खंयच्याय फुलांची फाती घालूंक पोंदा धरूंक ह्याच चांफ्याचीं फुलां वापरतात. गोंयच्या सारखो चांफो खंयच ना. पूण हो चांफो तसो परकीच!– मुळावो मेक्सिकन हो चांफो भोंवत भोंवत फिलीपाईन्सच्या मार्गान आमच्या देशांत आयलो आनी आतां घरचोच जावन बसला. हाजें फ्रेंच नांव फ्लमेरीया! आमच्या देशांत हाज्यो वेगवेगळ्यो आठ जाती आसात.

सायबान मात हाका 'डॅड मॅन्स फ्लावर' करून उडयला. मसंडेंत आपसूक वाडपी– खुरसाचेर फुलां सांडपी– सासणाचे वाटेवैलो संवगडी म्हणून चाफो खंय डॅड मॅन्स ट्री. पूण पोरसांची सोबीतकाय मायांत वाडौपी हो चाफो खरेलो तसो चैतन्यान भरिल्लो आसता. सायबाक जरी तो मेल्यांचे फुलांवरी भासलो तरी आमी हिंदुनी आमच्या धर्मांत हाका व्हड म्हत्व दिलां. मायाच्या धगधगीत तापपी वतांत देवळांभोवतणीं आनी पवित्र जाग्यांनी ही चाफ्याझाडां हालत धोलत फुलां झडयत उबीं आसतात. तांकां पळेल्यार गोंयच्या पवित्र देवळांवो उगडास जालेवगर रावना. हिंदुधर्मांत घराघरांनी देवापुजेक, पाडव्या दिसा गुडयेक बांदूंक हीं धवींफुल्ल चाफींच जाय. आमच्या जांबावलेच्या दामुबाबाक तर हें धवेंचाफें परमप्रीय– (कितें हें, देवाक लेगीत सामको माणसाळायला आमी गोंयकारांनी! पुंडलिकाचो पुणीबाब, पांडुरंगाचो पांडुबाब तसो श्री दामोदराक दामुबाब करून उडयला.)

Seasons Greetings and Best Wishes for a Bright and Happy Diwali



Farmacia Salcete

Margao, Panjim, Vasco

Chemists, Druggists and Retailers of
Medicines, Cosmetics and Baby Foods

A Name You Can Trust

दिवाळीचे लाख दिवे
पर्जळ नवो फाकारूं
जिणेंत सगळ्या लोकांच्या –
धादोसकाय उपाट भरूं !

पायल

नाजूक चालीखातीर
पायल वापरात

मेसर्स
नॅशनल ट्रेडर्स

स्टेशन रोड,
मडगांव–गोंय.
फोन : २२५९१ आनी २१६७१

नॅशनल ट्रेडर्स असोसिएट्स

दामोदर चेंबर्स
वास्को–द–गामा

तर सांगपाचें म्हळचार आमच्या दामुबाबाच्या लिंग आनी मुख्याचेर हें फुल जितलें सोबून दिसता तितलें आनी खंय फुल म्हज्या मनाक भावना ! खंयच्याय उत्सवाच्या दिसांनी शें मोगऱ्यांच्या हारांपरस रूद्राक्षांच्या माळेबरोबर धव्या चाफ्यांचो ताज्या गळचाक सोबून दिसता. दामोदर हें उत्साह उमेदीबरोब शीवाचें प्रतीक–म्हणचेच वैराग्याचेंय प्रतीक जावन आसा. अ देखूनच ह्या धव्या चाफ्याक पळोवन तो म्हाका केन्नाकेन्नाय विर दिसूंक लागता. आनी देखनच देवाकुडींतल्या कृष्णाच्या मू चाफ्याहार घालचे बदला समाधीवेल्या मूर्तीचेर म्हाका तो सो दिसता. एकेक मनाचो भाव– हेंच खरें. पळौचेली नदर वेगवेग म्हणूंक जाय.

नाजाल्यार एकच हो धवो चांफो पूण वेगवेगळ्या वे वेगवेगळेकडेन पळैतगीच म्हाका वेगवेगळो भास कित्याक जातलो पोरसांत फुलि लो धवो चाफो पळोवन म्हाका ल्हान भुरग्या हांश्याचो भास जाता. ल्हान भुरग्याचो हांसो निर्व्याज्य, निराग मनमेकळो ! (हरशीं हांशाचे तशे वेगवेगळे प्रकार आसत न्ही मुमुरखो, मनातल्या मनात, व्हडान, ओठांतल्या ओठांत, द दाखोवन, मायेन, कुचिऱ्यांनी, मिश्कील अशो तरेकतरा. पूण सगळ्यांभितर भुरग्यांलो हांसो तो भुरग्यांलो हांसो–ताका लागचनात.)

तर जेन्ना जेन्ना विंगड विंगड वेळार विंगड विंगड परिस्थिती हांव हो चाफो पळयतां तेन्ना तेन्ना ताजें एक वेगळें रुप म्हणे नद मुखार उबें जाता. केन्ना ल्हान अजाण अभंकावरी, केन्ना तरनाट सळसळपी रक्तावरी तर केन्ना धीरगंभीर पोक्त मनशावरी, आ केन्ना विरक्त सर्वज्ञ संन्याशावरी !

न्हंयच्या देगेर विसाविल्लो धवो चांफो पळेलो कीं धव्याफु खाडाचो कपलाक भस्माचे पटे ओडून हातांत कमंडलू घेवन पद्मास घालून ध्यानस्त बशिल्लो साधू कसो नदरेमखार येता परित्यक्त ! म्हणचे सर्व संग परित्याग करून आपणाल्या कुटुंबीयांचेर विर सावली धरून तांचे कल्याणापसत झटपी कूळपुरुष वा मूळपुरु कसो हो चांफो ! ताजो वास म्हाका सदांच दामुबाबाची आ देवळाची याद करून दिता.

आनी देखूनच आमच्या गोंयच्या धालांतले म्हणचे लो गीतांतलें एक पद म्हाका सदांच याद जाता आनी आवडटाय बी धालां मांडार धालो खेळपी बायलो खंयच्याय भाव–भैणींचो ए मेकावेलो मोग उक्तावन दाखोचेपसत आवर्जून ह्या चांफ्याचे पदां त्या भावभैणींचो उल्लेख करताली; जशें–

' फुल रे चांफ्या फुल रे चांफ्या खांदयोभर
पुंजायतलो उदयबाब खोंटलेभर
माळटलीं माणीक–चंदा खोपेभर ! '

कुळागर कथासर्तींत पयलें इनाम मेळिल्ली कथा :

मोड्ण

– दुर्गादास गावडे

चलून चलून राधाबायच्यो पोवटचो भरून आयल्यो. जांगडांय ज ऽ ड–शी जालीं. ताळ्याकडेन खर्र्-खर्र् जावंक लागलें. हड्डे फुट्टाशे जाले. बऱ्या रस्त्यान पंचवीस पावलां चल्यारूच राधाबायचो स्वास– उस्वास सोशेवंक लागतालो. तिका खरस मारताली आनी, आतां तर ती दोंगराची चडण चडटाली. तातून आनी उतार निराय.

पावलां सामकींच उखलना जालीं तेन्ना वाटेरूच ती कमरार हात धरून उभी रावली. हालीं संवय नाशिल्ल्यान असल्या चड्टेर बी चडट्कच तिका तकालस जाताली. तिणे फाटल्यान वळून आपल्या घरावटेन नदर माल्ली. सकल वाड्यावयल्या फकत दोन–तीन घरांचें तामशे नळे मात्से मात्से झळकताले. इतली ही चडटी काडीसर ! मागीर पर्वा नाशिल्ली. मात्शी दोंगराचे तेंगशेर पावली म्हणटकच मागीर सगळी देंवतीच. झपाझप चलपाचें. राधाबाय मनातल्या मनात दोंगराच्या तेंगशेचो अदमास करूंक लागली.

'पावत आयली.' म्हणत तिणे लागीच्या एका तळपार बसकण माल्ली. आयज बऱ्याच दिसानी राधाबाय आपल्या धुवेगेर बताली. 'पांचस म्हयनेतरी जाले जावंक जाय शिलागेर गेल्यार !' राधाबायन चिंतलें.

हर्शी तिका हो दोंगर चडून वचपाची गरजच नाशिल्ली. रस्त्यान वचपाचें आसल्यार जायत्यो मोटारी आशिल्ल्यो. पन्नास पैशे दिल्यार धा मिणटांभितर पावूं येतालें. ही खरसूय चुकतली आशिल्ली. पुणून कोल्ली मन तिजें ताका आयज लागली दोंगर चडपाचीच सोंस.

खिणभर तिका दिसलें, 'वोगीच आयली हेवटेन बशीन गेल्ली जाल्यार सुशेगादीन पावतली आशिल्ली. ही खरसूय चुकतली आशिल्ली ! .. खरस ? ... ! ! ' एका उतराच्या यादीनच राधाबायच्या काळजान मोरपाख भोवतासो तिका भास जालो. तिणे ओंठाचो बोचो करीत हासत आडे कडेक पळयलें. 'ही खरस कसली ? तेन्नाची ती खरस ? आवयस् ! ' आपल्या आंगातल्यान चिर्र करून जोगल चमकून गेल्ल्यावरी तिका दिसलें. 'तेन्ना, विठोबा वांगडा काडिल्ली खरस ! सामकी जुवानीत ? तेन्ना, हड्डे फुटून वोत्ताले.' यादिनूच राधाबाय आंग–आंग शिर्शिली. तिज्या ओंठार परत मुमुरको हासो फांकलो. विठोबा ! ताजो तो आडदांड देह आनी आपूण तेन्ना सामकी बडी कशी पिटकोळेची ! पूण आंगान मस्ती ? बांगरबैलाची.

राधाबाय परतून दोंगर चडपाक लागली. आतां तिज्या पावलानी नेट नाशिल्लो. आपल्याक सांज जाल्या हें लेगीत ती तेन्ना विसल्ली आसुये. पावलां सवकासायेन पडटालीं खरीं, मनान मात् गेल्ल्या काळांतल्या यादिंचो वारो घुंघुतालो. वीस–बावीस वर्सां पयलिंचो काळ जरी पासार जाल्लो तरी केन्ना केन्ना त्यो यादी तिका सतायताल्यो. आतांय तेंच जालें. दोंगर उलोवंक लागिल्लो. काय रुख–झोपां खुणावंक लागिल्ली हें सांगू नजो. राधाबाय मात् खंयच्या खंयच्या झोपानी घुस्पत वताली.

ह्या दोंगरालागीं राधाबायचें नातें तशें भुरगेपणासावन लाकडा बडये निमतान, चुन्ना काण्णा तेपार नातर काजूं तेपार ह्या दोंगरात ती भोवंक येताली. तातून दोंगराच्या मुळसांतच घर. सगळो वाडोच दोंगरा कुशीक. वाड्यावयलीं सगळीं चेडे–चेडवां दोंगरार येतालीं. किरयतालीं, मिरयतालीं. पूण हांगा पावतकच राधा कोणाच्या लगाडीक रावनाशिल्ली. एकटुक्यानीच हेडटाली. मागीर भोवतां भोवतां खंयच्याय एखाद्या वळखिच्या झोपांतल्यान वळखिची शिळोवणी आयकूंक येताली. 'फ्यूव !' हेवटेन–तेवटेन पळयत, कोण पळयनाशी करून ती मागीर उमेदीन त्या झोपान मुंगरताली. उप्रांत कितलोसोच वेळ मेरेन फकत तें झोपूच हालता तें दिश्टी पडटालें.

असल्यो गजाली केन्ना लिपून उरूंक आयल्यात ? कितलोय लिपोत्रपाचो यत्न केलो तरीय ? धुवेचीं पावलां वाकडीं पडटात म्हणपाचें जेन्ना धाकूच्या लक्षान आयलें तेन्ना ताका आपल्या भयणिची याद पयलीं आयली. मरत्या समयार तिजे धाकुकडल्यान उतर घेतिल्लें. आपलो पूत शाणू हाका आनी कोणाचो आधार ना. राधेकच सून म्हुणून आपल्या घरान धाडची. आपल्या दमेकार घोवाची आनी पूताची सेवा तीच बरेतरेन करतली. रक्ताचें नातें न्ही ?

आनीक चड वेळ केलो जाल्यार कितेंय विपरीत घडूं येता हाजी ताका सुलुस लागली. वांयचें तोंड धापूं येता न्हंयचें कोण धापतलो ? पावल एकदां घसरलें तें घसरलें. भयणीक दिल्लें उतर पाळूकंच जाय.

दिवाळीचे लाख दिवे
पर्जळ नत्रो फाकारूं
जिणेंत सगळ्या लोकांच्या
धादोसकाय उपाट भरूं !

देसाई आनी कंपनी

फार्मास्युटिकल डिस्ट्रिब्युटर्स

लोटलीकर बिल्डींग,
पो. बॉ. नं. १११
मडगांव–गोंय

☐ फोन : २२२०५

दिवाळेचीं हुनहुनीत परबीं !

ज्युवेलरीखातीर भरवंशाचें ठिकाण

कावेरी ज्युवेलर्स

रोझ अपार्टमेंट, शॉप नं. ५,
फ्रांसिश्कु लुईस गॉमीश रोड,
वास्को-द-गामा,
गोंय–४०३ ८०२

● मालक : **रामानंद बी. रायकर**

धाकू आनीक वेळ करिनासतना सामको तयारेकूच लाग हर्शी धाकू म्हळचार निबर काळजाचो मनीस. राग आयल हाताक मेळटा ती वस्त घेवन दुसऱ्याच्या आंगार धावपी. पूण बाबतींन सामको मवाळ. आवय नाशिल्लें पोर तें. ताजेर हात उखलूं म्हणीत ताजे लाड करपी. आतांय ताणे ताका धपकायलें ताजे लग्नाचेच तयारेक लागलो. कोणूय विचारतालो, 'इतल्या वेगीन कित्याक बोवाळ ? भुरगें मरे तें !'

'आतां सतरा सोपोवन अठरा लागलीं मरे ? तरीय भुरगें आनी लागींच न्ही रे ? तांकांय आधार !' धाकूची जाप थारिल्ली आसताली. ज्युस्ता जुस्त जाप. फुडें आनी कोण उलोवंक नाशिल्ले. एका उल्याच्या अंतरार शाणूचें घर हें सगळ्यांक ख आशिल्लें. 'जावं. घोवाची आनी बापायचीय सेवा करूंक मेळटल लोक म्हणटाले.

लग्न जालें. राधेच्या मनाविरुद्ध. राधेच्या इत्सेक बी किंम आसपाची गरजूच नाशिल्ली. बापूय ह्या नात्यान धाकूकच तिजो सुख–दुखाचो विचार करचो पडटालो. तातून तिजो एकटेचो प्र आशिल्लो जाल्यार वेगळी गजाल. भयण, भावोजी आनी शा हांचोच विचार धाकूक करचो पडिल्लो. राधेनय आवाज काड ना. बापायविरुद्ध आवाज काडपाची गंतीच नाशिल्ली. बापायच सभावाची तिका पारख आशिल्ली. आपणे विरोध केलो जाल्या आपल्याचेर तो हात उवलचोना तरी विठोबाच्या जिवाक धो जावं येतालो.

दोन कुडी एक करीत कोणूय. दोन काळजां कोण सांदतलो दोन मना कोण जोडटलो ? राधा लग्न जावन घोवाघरा गेली ख पूण फकत शरीरान. काळीज विठोबासरी दवरून.

दीस फाटीं पडटाले शाणू सुमानाक एक दीस घरा येताल नातरी पेडण्यासाकून सदांच घरा येवन– वचप परवडपासार नाशिल्लें. बिराडूच थंय केलें जाल्यार हांगा जाणटच्या बापायच गोरवा वासराचो आनी शेताकुडक्याचो प्रस्न. शाणू कामानिमता पेडण्या आनी घरा दोगांच. राधा आनी जाणटो मांव. आंगात मस्तेक नेट. आंकवारपणातल्यो यादी तर आंग शिशिरावपीं, रग तापोवपी. पूण राती ? रिकाम्यो ! भल्लेले बायन रित्य कळशावरी.

बंधना अडेचीं ती अडेचीं. अग्नीब्राह्मणा साक्षीन बांधिल्ल्य गांठीचो ना म्हळचार शेक आसताच. मानवलो ना तरी तो चलोव घेवचो पडटा. केन्ना लोक लज्जेखातीर तर केन्ना मनाचे लजेखातीर राधा पावलां आवरपाचो यत्न खिणाखिणाक करताली. पूण चंच मनाक कोण आडायतलो ! जुवान रगताक कशें घालतली दावें?

नकळटाना, जीण कांय वर्सा फाटीं सरली. गेल्ल्या काळां घडिल्ल्यो घडणुको चलत्या काळान घडूंक लागल्यो. मात् विलक्ष गुप्तनायेन. राधा विठोबाचे थेर परत चालू जाले. ह्याच दोंगरार. मुकावयले तेंगशेर. जंय चड करून कोण मुद्दाम पाव नाशिल्लो लाकडांक वच्चेल्या निमतान राधेन थंय वच्चें त्याच वेळार विठोबा

थंय दडून रावचें. मागीर मळबाक गळसणी !

० ० ०

चडटी सोंपत आयली तशी तेंगशी राधाबायक साद घालूंक लागली. चट्ट करून तिका विठोबाची याद आयली. ' खंय आसा आतां कोण जाणा ? कामाक म्हण पैस गेलो आनी पैशिल्लोच जालो.' तेंगशेर पावली तेन्ना वाऱ्याचो एक झोत तिज्या आंगा पांगाक घस्टत गेलो. तिका बरेंऽऽ दिसलें.

' पावली एकदाचीं ' तोंडातल्यान उतरां सुटलीं. ' आतां ही देवती काडली म्हणटकच पावली.' तिणे चितलें.

राधाबाय झपाझप चलूंक लागली.

' अशे हे सरळ वाटेन वच्चेंपरस आडवाटेन गेल्यार बेगीन पावतली.' तिज्या मनान विचार आयलो. ती आडवाटेनच चलूंक लागली. तिथलेंच तें मुकावयलें वोल्त चुकतलें आशिल्लें. ह्या वळखिच्या रूख रूखावळींची खबरय घेवंक मेळटली आशिल्ली. परत पावता तेन्ना पावता. तिणे चलत्या पावलांक आडायले ना.

अकस्मात तिज्या मुकावयलें एक झोप हाल्लें आनी तिणे आंग काडलें. 'वारो नासताना हें झोप कशें हाल्लें काय ?' तिणे आडेकडेक नदर माल्ली. सगळचो रूखरूखावळी समाधी घेतिल्ल्या रूशीवरी शांत आशिल्ल्यो. ' मागीर हेंच झोप ?' राधाबायक दुबाव माल्लो. तिजीं पावलां आडखळलीं. ती थंयच उभी रावली. झोपां परतून हाल्लीं. दुबावच नाशिल्लो. थंय कोणूय पूण आसूंक जाय. राधाबाय पावलांचो आवाज लिपयत ल्हवू ल्हवू झोपांवटेन चलूंक लागली. ती लागीं पावली तेन्ना तिका बारीक फुतफुतपाचो आवाज आयलो. तिणे काजूच्या रुखाचो आडोस घेतलो. तिका आपल्या आंकवारपणाची याद जाली. 'तसलेंच एखाद्रे जोडपें आसलें जाल्यार ?' तिणे आवाजा दिकेन कान दिलो. 'हय. हो आवाज ताजो आनी... ... हो हो तिजो.'

' दुबावच ना. तो आनी तें. कोण आसत काय ? पळोवचें ? '

राधाबायक परतून विठोबाची याद आयली. ताजी मुर्तुच तिज्या दोळचांसामकार उबी रावली. ...दोळचांसामकार विठोबा ताजो आडदांड देह आनी ती... राधा, बडी कशी पिटकोळेची. ताजी उक्ती वेंग... ...हांसतें मुखामळ...

ती... राधा... वेंगेन रिगूंक सोदता...

पावलां परत ल्हवू ल्हवू चलूंक लागलीं. झोपावटेन ! आवाज करिनासतना. ' आवयस् ! आकांताचें झोप. कितें दाट ? केतें जागो सोदलो हाणी. सदचींच जावंक जाय !'

राधाबाय झोपाक तेकून पावली. आडसाक येवपी एक ताळो तिणे असो ऽऽऽ कुशीक सारलो. उमळशिकेन तिणे जोडप्या वटेन पळ्यलें. तो . अनवळखी. ताज्या वेंगेन ती चली... शिला? ... !!

राधाबाय पावलांतल्यान थरथरली. तिणे आपले फाटलेवटेन मान घुंवडायली. आतां मात् फाटल्यान, ती चलून आयिल्ले पावलवाटेवयलीं सोपां वारो नासतनाय हालतालीं.

-❋-

दिवाळी आनी नवें वर्स
सगळ्यांक सूख हाडूं !

धी बॉम्बे मेटल मार्ट
आनी
अशोक ट्रेडर्स
सिने लता सामकार,
मडगांव-गोंय

❋ मालक : बी. सी. जैन

फोन : २२८५९ (ऑ.) घर : २०२०८
२२२३७

दिवाळेचीं हुनहुनीत परबीं
आनी नव्या वर्साखातीर शुभेच्छा !

एच्. एस्. सावंत आमोणकार
जनरल मर्चंट
नवो बाजार, मडगांव-गोंय

तरेकवार बिस्किट, टॉफी, बंद डब्यातल्यो वस्तू,
काजूगर, ड्रायफ्रूट, बेबी फूड, कॉस्मेटिक्स,
प्लॅस्टिक बकेटां आनी कोलगेट उत्पादनां,
घरचे गरजेचें सामान मेळपाचें ठिकाण.

फोन : २१५३१

कुळागर कथासर्तींत दुसरें इनाम मेळिल्ली कथा :

प्रस्न

– माया खरंगटे

—आटपाट नगरांत एक आशिल्लो राजा, एक आशिल्ली राणी. तांकां आशिल्लो एक सुंदर कुंवर. गोरो गोरो पान, दिसतालो छान, विलोदाचे पांय, ताचे मोव मोव हात...

निता काणयेंतल्या कुंवराचें वर्णन करपांत रंगून गेल्लें. ताजो फुलून आयिल्लो आवाज भितर बशिल्ल्या अमिताच्या कानात कडयल्लें तेल कसो पडटालो. नितविशीं चितत चितत तें ताज्या भुरगेपणांत पावलें

निताक पयलींपासून लहान भुरग्यांची आवड. कुत्र्या मांजराच्या पिलांची लेगीत ताका अपुर्वाय. तांच्या बालभवनांत आयिल्ल्या भुरग्यांची तें आवय जावन जतनाय घेता. हरशी निताक कितेंय समजावन सांगप म्हळ्यार वरांची वरां लागतात. भुरग्यांविशींची कसलीय खबर मात सट् करून ताज्या लक्षांत वता. ताका शिकयनासतना तें भुरग्यांक वेवस्थीत सांबाळटा. तांका शिकयता.

– म्हाकाय अशीच आवड आशिल्ली. लोकांच्या भुर जीव सोडटालें हांव. अमिताक आपलें भुरगेपण ये आयलें.

रातची न्हिदयतना अमिताची आजी ताका काणी सांगत काणयांतल्या राणयांक भुरगीं आसुकच जाय आसलीं. क सोंपतना ताजो ठरावीक प्रस्न आसतालो.

– आनी आज्ये, म्हाकाय बी त्या राणये भशेन गुडगुडीत बाबू जातलो न्ही ?–

– हय बाय, हय आं, एकच न्ही पांच बाबू जातले तु पांच.

आज्येन भपुरबायेन ताज्या केंसातल्यान हात फिरयत सांग

– पूण आज्ये, तुजो आशिर्वाद खरो जालो ना. एक बाय जालें तेंय धड जालें ना.

अमितान एक सुस्कारो सोडलो. दुकांच्या पड्डया फाटल्य अमिताक आपलो संवसार दिसपाक लागलो.

भुरगेपणांतली सपनां उबयत अमिता व्हड जातालें. आ ताज्या सपनांक पाखां आयिल्लीं. तें वाऱ्यार उबतालें. तरी ता भुरग्यांविशीची ओड मातय कमी जावंक नासली.

– म्हाका कमितकमी पांच तरी भुरगीं जायच.

अमितान आपल्या इश्टिणींक सांगचें, आनी तांच्या फकाणां भार येतालो. मागीर प्रत्येक जाणां पावणी कशीं एकएक भुर वाडयत वतालीं.

लग्नाच्या माटवांत येतकर अमिताचें फुलपाखी जिवीत माव लागलें. तें दिसपाक सुंदर आसलें, पूण ताका भांगराचो वखें नासलें ते खातीर लग्नाच्या माटवांत ताजी किंमत देंवताली. मागीर कितें तरी निमित्त सांगू जाय म्हूण कूळ–शीळ उस्तुपाक सुरवात जातालीं आनी थंयच प्रस्न अडटालो.

अमिताचो आजो सादो आनी भावार्ती आशिल्लो. आनी ए म्हळ्यार ताका भयरजळप आशिल्लो. कोणेतरी एकदां फकाणान ताका म्हणिल्लें ' पिसो तो.' ताच्या चौगांच्या घरांत ताका तें नांव चिकटल्लें. तांच्या सोयऱ्यां दायऱ्यां मदीं सुद्धां ताका पिसो दादा म्हणून वळखताले. खरी खबर फाटी उरिल्ली. आनी इतलें तेपान अमिताक ताजो परिणाम भोगचो पडटालो.

– आयकलां, आजो पिसो आशिल्लो खंय चलयेचो.

– हय आसूं तर बाये, नातरांक ना जाल्यार पण्टुरांक पूण बड येता म्हणटात.

अशेतरेन वाची वार्ता जाताली. आनी अमिताची सोयरीक मोडट ली. सपनांची पोटली काळजांत बांदून दवरून अमिता दीस सारतालें

ताच्या शाळेची हेडबाई पाटकार ताका आपल्या धुवेवरी लेखताली. अमिता आपलें सूख दुख तिका सांगतालें.

ते दोस अमिता अशेंच सदवेवरी बाईर बसूंक गेल्लें. बाईगेर तिज्या बेळगांवच्या नंडेचो देर आनंद आयिल्लो. ताका

वन कोलव्यां वचूंक ती भायर सरताली. दिस्त तेन्नाच अमिता ावलें. बाईन ताकाय वांगडा व्हेलें.

कोलवेचो दर्या पळोवच्या बदला आनंदाची नदर अमिता ांवतणी घुंवताली. बाईन तें दिस्त पारखिलें. ती मनांतल्यान ोशी जाली.

मुखावेलीं चक्रां बाईन खूब बेगीन हालयलीं. व्हडलो बोवाळ करनासतना दोन म्हयन्याभितर अमिताचें लग्न जालें.

ताज्या सपनांक परत आंक्री आयली. तें ताळी मुळी चंवरलें. ानंद तसो तारट सभावाचो. अमितामुखार मात तो एकदम मोव ाल्लो. अमिताक कितेंच उणें पडूं नये हाजी तो जतनाय घेतालो.

आयताराक जोडून सुटी आयली की ताणे म्हणचें 'चल ोयां वचुंया.' ताजी उतरां आयकून अमिताक शिरशिरो येतालो.

– गोयां गेलीं आनी दादाची खबर कोणेंय आनंदाक सांगली जाल्यार ?

कितें जातलें हें ताज्यान येवजूंकच जाय नासलें. लग्न जावन ेळगवां येतनाच ताणें निश्चेव केल्लो,

– एक तरी भुरगें जाल्याशिवाय गोयांत पांय दवरप ना. एकदां भुरगें जावन तें बरें आसा म्हूण कळटकीर मागीर भंय ना. हेच खातीर घोवान गोयांत वचपाचो आग्रो करतकच तें म्हणटालें,

– गोयांत कितें आसा पळोवपा सारखें, त्या पेक्षां आमी त्या हांगा या न्ही.

बेळगांव लागसारच्या थळाची ताणें वळेरी सांगची. नव्या नवतिचे रंगयाळे दीस. अमिताचें प्रत्येक उतर म्होवें, सुखदिणें. अशा वेळार गोयांत न वचपाचो ताजो हठ आनंदाक कळ नासलो.

अमिताच्या लग्नाक स म्हयने जायत आयले. खोश्येच्या दर्यांत तें पेंवतालें. ह्या आठ दिसांक ताज्या जिवाक बरें दिस नासलें. ताका काल दोतोरागेर व्हरून हाडलें आनी दोतोरान सांगिल्ल्या बातमेन तांच्या खोश्येक भरती आयली. तीं ल्हारां घरभर उमळटालीं. अमिता सुखान घुस्मट्टालें.

आतां ताका येवजताल्यो आज्येल्यो काणयो. तातुंतल्या राणयांचे कुकुले राजकुंवर. तांचीं आडांगपणां. तांचे पराक्रम. अमिता हेर सगळें विसरून आपल्या राजकुंवराविशीं चितपांत घुस्पून गेल्लें.

अमिताक तिसरो म्हयनो चलतालो. एक दीस बाईलें पत्र आयलें. तिज्या चल्याचें लग्न आसलें. अमिताक खास आग्रो केल्लो. अमिताच्या मांयन ताका म्हळें,

– मागीर चड म्हयने जातकर तुका खंयच वचपाक मेळचें ना. ह्या निमतान चल तूं. लग्न जाल्याक कुळाराय वचूं ना तूं.

आनंद रोखडोच तयार जालो. पंदरा दिसांची लीव ताणें बरोवन सुद्धां घाली.

सगळ्यांचो आग्रो पळोवन अमिताक कच जालें. गुरवचाराच्या निमतान मांय मोडकळो घालतली ही आसय पालवली. आनंद पंदरा दीस रावतलो हाजोच ताका चड भंय दिसतालो. खोश्येन फुलिल्लें ताजें तोंड बावन गेलें. तें सतर–वितर कशें जालें. ताजी अवतिकाय पळोवन मांयन म्हळें,

–इतले तेपान कुळारा वता न्ही ते हाणे अशी स्थिती जाल्या ताजी.

तिजी उतरां आयकून सगळींच ताजी फकाणां करूंक लागलीं. लागलीं. अमिताचे मात अवसान गळमणलेंलें.

गोयांत येवन पयले सात–आठ दीस बरे भशेन गेले. बाईच्या चल्याचें लग्न जालें. अमिताच्या जिवाक सुशेग नाशिल्लो.

धाव्या दिसा ताजो भंय खरो ठरलो. रजा काबार जावंचे पयलींच तो वचपाची तयारी करूं लागिल्लो. ताजें तोंड पळोवन अमिता कितें समजुपाचें तें समजलें. आनंदाक प्रस्न विचारचेलो धीर ताका जालो ना. तोंडाक कुलूप लावन तें ताज्या वांगडा गेलें.

बेळगांव पावन' फुडें फाटीं–फुडें पळय नास्तना ताणे अमिताक तापोवपाक सुरवात केली. ताजें उलोवणें आयकून घेवन थंडपणान अमितान ताका खरी खबर सांगली. 'दादा पिसो न्हय. ताका फक्त लोकांनी नांव दवरिल्लें' हें पटोवन दिवपाचो ताणे खूब यत्न केलो. पूण आनंद कितेंच आयकून घेवाच्या स्थितींत नाशिल्लो.

तातूंन भर घाली आनंदाच्या इश्टांनी. ताणी सांगलें, 'आज्याची वड नातरांक ना जाल्यार पण्टूरांक तरी येताच.'

घरा येवन ताणे अमिताक सडेतोड सांगलें.

– म्हाका पिशीं भुरगीं नाकात तूं ॲबोर्शन करून घे.

एका वाक्यांत ताणे विशय सोंपयलो.

अमिताचेर आकांत आयलो. ताणे खूब तरेन आनंदाक समजावचेलो यत्न केलो. पूण व्यर्थ. आनंद कितेंच आयकून घेवंक तयार नासलो.

निमणें अमितान मांयक सांगलें. ती तरी आल्याक आदार दीत अशें ताका दिशिल्लें. ताज्या मांयन मडमडीत म्हळें,–

– जल्मभर पिशा भुरग्याक सांबाळच्यापरस आतांच ॲबोर्शन करून घे.

मनांतली तिडक तिज्या उतरां उतरांतल्यान भायर सरताली. अमिताचो निमाणोय धीर खचलो. ताजो आवरो उडलो. रातभर रडून रडून ताणें तोंड सुजोवन घेतलें.

दुसऱ्या दिसा मन घट्ट करून तें घोवाबरोबर दोतोरागेर आयलें. ताका तपासून जातकच दोतोरान सांगलें,

– आतां खंच्याच परिस्थितींत गर्भ उडोवप शक्य ना. चार म्हयने जायत आयल्यात. आतां आवयच्या जिवाक भंय आसा.

आनंदान दोतोराकडेन खूब वाद घेतलो. दोतोरान ताका तरेतरेन ससजायलो. आनंद कितेंच आयकून घेवंक तयार नासलो. अमिता तटस्थ रावन दोगांयचोय वाद आयकतालें. निमणें दोतोरान सांगलें,

दिपावली
शुभचिंतन !

दुकळे, भोबे आनी कंपनी

पणजी

✻ प्लायवूड ✻ सनग्लोस
✻ सेनिटरी वेअर आनी ✻ ग्लेझ्ड तिजुले

When you plan bathrooms
to last a lifetime. beautifully.



मडगांव-शो-रूम
सॅनी-प्लाय सेंटर, मडगांव

दिवाळेचीं हुनहुनीत परबीं
आनी
नव्या वर्साखातीर शुभेच्छा !

✻ कोंकणी भाशेक उजळ फुडार आंवडेतात ✻

भोलानाथ सॉ मिल्स

निरंकाल रोड,
फोंडे-गोंय

फोन : २१९ (घर)
१५९ (ऑफीस)

– हें पळे आनंद, एक उपाय आसा, पूण खात्रेचो न्ह ह्यो कांय गुळयो दितां. भुरगें वचपा आसल्यार वतलें जाल्यार उरतलें. एक मात हां, मागीर आनी कसलीच रिस घेवं जायना.

कांयच ना जाल्यार इतलें तरी म्हणून आनंद तयार जालं अमिता गुळयो घेत ना घेत म्हूण तो स्वता ताका गुळयो दिताल मनार फातर दवरून तें गुळयो घेतालें.

आठ दीस जाले. पंदरा दिसय सोंपले. म्हयनो सोंपत आयल तरी कांयच जालें ना. आनंदाक आनी आनी थार जालो ना. त ताका घेवन दोतोरागेर गेलो.

गुळयांचो कांयच परिणाम जावंक नासलो. भुरगें भित सुशेगाद वाडटालें. एक खिणभर अमिताक खोस भागली. दुसऱ्य खिणाक मुखार येतलें मोड येवजून ताका कलकलपाक लागलें.

आनंद सामको निर्शेलो. ताणें अमिताकडेन उलोवप सोडलें घरांतलें वातावरण विचित्र जाल्लें. खोश्येची ल्हारां खंयचे खंय विरून गेल्लीं. सगळ्यांक अमिता दोशी दिसतालें.

अमिता मात आपल्या बांळटेराचे दीस मेजतालें. ताका खात्री आसली, एकदां बाळंट जावन भुरगें जालें. तें हांसूं खेळूं लागलें म्हणटकीर घरांतलीं मनशां निवळटालीं.

सगळींच मनातल्यान अमिताच्या बाळंटेराची वाट पळेतालीं.

अमिता बाळंत जालें. नखेत्रावरी चलयेचें रुप पळोवन सगळ्यांचो राग निवळ्ळो निता हांसतालें, रडटालें, खेळतालें. खिळखिळो वाजयल्यार तेवटेन पळेतालें. अमिताच्या मनाचो हुसको मात्सो कमी जालो.

आनंद निताक पळोवन विरगळ्ळो. ताजोय हुस्को मात्सो कमी जाल्लो. निता अजून तरी निर्दोश दिसतालें.

निताक तीन म्हयने जालें. ह्या वयाच्या हेर भुरग्यांवरी तें. उमथें पड नासलें, पोट वोड नासलें.

अमिताचें सगळें लक्ष निताच्या हालचाली कडेन लागिल्लें अमिताचो हुस्को पळोवन ताज्या मांयन म्हळें,

थोडीं भुरगीं उसरां पोट वोडतात, कांय जाण एकदम बसतात. आमचो आनंद पोट वोड नासलो. स म्हयन्याचेरच उभो रावतालो.

मांयले उलोवप आयकून अमिताक सू जालें.

निता देड वर्साचें जालें तरी ताज्यांत व्हडलोसो बदल जावंक नासलो. आंगान वाडटालें. ताजी वागणूक मात स-सात म्हयन्याच्या भुरग्यावरी आसली. ताज्या बरोबरचीं भुरगीं शिकयल्लें उलयतालीं. निता मात अई .. तत... ज... प... ह्या अक्षरां शिवाय कांयच उलय नासलें.

अमिताच्या मनांत परतय भंय रिगलो. ताजो भंय पळोवन मांयन ताका धीर दिलो. 'जीं भुरगी उसरा उलयतात, तींच मुखार हुशार जातात.–'

निता अडेज वर्साचे जालें. पिराये मानान ताज्या हालचालींत ानी वागणुकेंत व्हडलोसो बदल जावंक नासलो. आनंदाक आनी र जायना जालो. अमिताय मनांतल्यान भिवन गेलें. पूण सांगतलें ाणाक ?

निमणें ताणी निताक दोतोरागेर व्हेलें. दोतोराचीं उतरां ायकून तांचो आवरो उडलो. अमिताक तर दिसलें आपल्याचेर ाणेतरी व्हडलें तळप दवरलां.

ताणे घेतिल्ल्या गुळयानी आपलें काम सादयलें. निताच्या दवाचेर तांचो परिणाम जाल्लो. ताजी वाड खूब हळू जाताली. ाजे मुखारय हेच तरेन जातली आसली.

आनंद रागान पिसावल्ल्यावरी जालो.

दोतोरान गुळयांचेर घाल्यार कितें जालें, हें बडीतलेंच.

आनंद तरेतरेन अमिताक दोश दिवंक लागलो. आपल्याक टयलो म्हूण अमिताच्या आवय-बापायक सुद्धां दुशण दिंवक ागलो.

निता हालींच ताका बाबा म्हणूंक लागिल्लें. आतां ताणे उलो ल्यार लेगीत आनंद पळे नासलो, थंयचो उठून दुसरेकडेन वतालो. एक दीस तर ताणे धर म्हणून हट करतकर तोंडाचेर थापट ुलयलें.

अमिताक सोंसप दिसान-दीस कुस्तार जायत वतालें. एकेवटेन लयेचें दुख्ख दुसरे वटेन घोवाचे त्रास. अमिता मनान खचून गेलें, ानी ताका जोर येवपा लागलो.

तेंच निमित्त धरून आनंदान ताका आनी निताक गोयांत ावयली.

अमिता बरें जावन सावरता सर ताका घटस्पोटाची नोटीस आयली. अमिताची सोंसपाची तांक सोंपिल्ली. घोवाच्या कर्तुपाचो साप्प वीट आयिल्लो. 'मुखार कितें घडटलें ताका तोंड दीन' असो निश्चेव करून ताणे सय करून नोटीस धाडून दिली.

खूब बेगीन ताणे आपल्याक सावरून घेतलें. 'इतले त्रास करून जलमल्ल्या ह्या निताक कशेंय करून वाडयतलेंच' ह्या ताज्या निश्चयान ताका बळगें दिलें.

ताज्या पयलींच्या हेडबाईन ताका एका बालवाडींत सिर्वीस मेळोवन दिली. निताक घेवन तें बालवाडींत वतालें. भोंवतणच्या भुरग्यांमदीं निता रमतालें.

म्हातारे आवय-बापूय आनी बाईच्या आदारान निता दीस सारतालें.

ताज्या वर्गांत नितावरी मंद बुद्धिची आनी दोन-तीन भुरगीं येतालीं. अशा भुरग्यांचर ताजें चड लक्ष आसताले. तें आस्थेन तांची वासपूस करतालें.

हळू हळू ताका कळून आयलें मंद बुद्धिच्या भुरग्यांक बऱ्या भुरग्यां मदीं दवरून फायदो ना. तीं भुरगीं तांकां त्रास दितात. आनी तांच्या मनांत न्यूनगंड तयार जाता. ताचो परिणाम पयलींच मंद आशिल्लीं ती भुरगीं आनीकय मंद जातात. बाकीचीं तांकां पिशीं म्हणून हिणसायतात.

खूब वितल्या उपरांत ताणे एक निश्चय केलो. पाटकर बाईचोय ताका तेंको मेळ्ळो. आपल्या वर्गांतल्या दोन-तीन मंद बुद्धि भुरग्यांक, सांजवेळां आपल्यागेर हाडून तें दोन वरां शिकयतालें. तांच्या आवय-बापायनीं ताका आदार दिलो. तांकां शिकोवप हें खूब त्रासाचें आनी कटकटीचें काम, पूण निताचें भविश्य आनी ताका लागून कितेंय करपाची ताजी तयारी, ह्या जिद्दीन तें वाजे नासतना शिकयतालें.

बालमानसशास्त्राचीं पुस्तकां वाचून तें तांचेर प्रयोग करतालें. मनोरूग्ण दोतोराचोय ताणे आदार घेतिल्लो.

दोन वर्सांत ताजेकडेन येवपी मंद बुद्धि भुरग्यांचो आंकडो वाडलो. भुरग्यांच्या आवयबापायक ताजेविशीं खात्री जाल्ली.

सकाळची बालवाडी आनी सांचें ह्या भुरग्यांक शिकोवप. ताका त्रास जाताले. ताणे सिर्वीस सोडली. जायत्या जाणानीं ताका पैशांचो आदार दिलो.

ताणे दोनय आदेसाक शिकोवपा सुरवात केली. दुसरी एक बायल शिकोवपाक दवरली. ताजें निताय तांच्या आदारान हळू हळू शिकतालें.

बालभवन सुरू जावन आतां पंदरा वर्सां जायत आयल्यांत. ताजो व्याप खूब वाडला. पांच बाई थंय दीसरात घोळटात. थोडच्या भुरग्यांची रावपाची व्यवस्थाय थंयच केल्या.

आतां निता पिरायेन वीस वर्सांचें जालां. ताच्या बुद्धिची पिराय मात बारा-तेरा वर्सांच आसात. शिकोवन शिकोवन कांय गजाली ताका आतां कळूंक लागल्यात. तें वाचता, अर्दे-कच्चेंशें बरयता. स्वताची बुद्ध वापरून मात ताका व्हडलेशें कांयच करूंक येना. भुरग्यांविशींची ताजी आवड मात खूब वाडल्या. तांकां सांबाळपाक-करपाक ताका शिकोवचें पडना.

ह्या दिसांनी अमिताक एक नवीच चिंता खावंक लागल्या. कांणयांतल्यो खबरो आयकून आनी टिवीचेर पळोवन निता विचारता 'म्हाकाय असोच बाबू जातलो न्ही आई ? केन्ना जातलो गे ?'

ताज्या प्रत्येक प्रस्ना भरशीं अमिताक कच्च जाता. ताका आपलेंच चित्र दिसता. दिसपाक निता सुंदर. खंयी घेवन गेल्यार सगळ्यांच्यो नजरो ताजेकडेन वळटात.

'आपलें जाण्टें वय, निताची वाडटी पिराय, हाच्या मुखार कितें ?' ह्या प्रस्नाकडेन येतकच ताजे सगळे विचार थांबतात. आतांय रडपाचो ओग आवरना जालो.

— इतलो तेंप खंबीरपणान हांवें सगळें सांबाळ्ळें, हाजे-मुखार कितें करूं ?

अमिता मेजार तकली दवरून घुस्मटून घुस्मटून रडपा लागले.

-✿-

रुबी इज रिबॉर्न

– जे. एल. गोय

मागदूली सून निकतीच गायनिकॉलॉजिस्टाक मेळून आयिल्ली. तिज्या तोंडार खोसयेचीं किरणां फांकिल्लीं. रोजार केल्लेवरी तिजें वोंठ पुटपुट्टाले. साळांत आलमारीमुखार उबी रावून ती साडी सोडयताली. आलमारीच्या साडेतीन फूट हारशांत आपलें रूप नियाळटा आसतनाच तिणे पोटाचे गोरे कातीवयल्यान अचळय हात भोंवडायलों. गोड चिंतनानी तिजें आंग शिरशिरलें.

'ये मांय, ज्युलीक दीस गेल्यात कितें गे?' हांसत–हांसत खेजूमावशेन म्हळें आनी आंगार पाल पडची तशी मागदूली सून कांचवेली. तिणे बेगीबेगीन सोडयल्ली साडी बोमलेकडेन धरली आनी पोट लिपयलें.

'पोटकुळी तट्टटीत दिसता. गाबणें आसूं जाय. ओगीच शी गे? सुनेन वी कितें म्हणलें किते गे?' खेजूमावशेन मस्कऱ्यानी म्हळें.

'खेजू, तूं येयलां ते बोरे भाशेन बोयसों जाता जाल्यार राव आं' मागदू खुबळ्ळें.

'हांयें कितें म्हणलां गे तुका? बरें बाये उलयना. इडये पोंतेर आसल्यार दी पळोवंया एक.'

'हो कितें पसोरो दिसोला तुका?'

'दिता जाल्यार दी बेगीन. जीबेक धार येयल्या सामकी. कशेंच रावों जायना.'

मागदून किरवंटीक लायिल्लो बोटवो खेजूमावशे म्हऱ्यांत उडयलो. खेजून तांतूंतल्या बंडलांतली एक विडी काडली. परतेवाटेन तोंडांत धरून ती ओली केली आनी तानसोर लागिल्ले भाशेन ती पेटोवन एकार–एक चार पांच झुरके घेतले.

'इडयेची धार येतकर कशेंच रावपाक जायना. जीव लकोन पडलेल्या भाशेन दिसता' बोटवो मागदू म्हऱ्यांत मोखीत खेजून म्हळें.

'इडी जीवाक माल. इल्ली इल्ली बंद कोरपा जायी ती.' मागदून बुदवंतकाय दाखयत म्हळें.

'तुयें आनी हांयें सोडली इडी! धुकर हळशीक सोडीत पू आमची इडी सुटपाक ना. सून ना गे घरांत?'

'आसा' मान हालयत मोन्यानीच सांगलें.

'कांय ना मगे आवाज?'

'तेकाच इचार.'

'मांय न्हू गे तू?'

'तुगे सून तुका कितू सांगोना?'

'म्हाजी सून तशी वायट न्हू आं. पयर तिसरे पार्तार तिणे आपेरेसांव केलां म्हण जाणा मगे तूं आयकोन? ती हरशीं कशीय जावं. आपेरेसांवाचे किराय दीस आपले आवयक फुडयां दवरी नासतना हांवच जाय म्हण हट्ट धरलो.' खेजूमावशेन व्हडवीक सांगली.

'आसताय तेश्यो थोडयो सुनो' मागदूमांय सुसकारली.

दोगांयचेंय उलोवणें चलता आसतनाच हातांत वखदांची पोटली घेवन रोमाल्द भितर सरलो.

'ये चेडया, कसली पोटली रे?' खेजूमावशेन रोमाल्दाक हटकीत म्हळें.

'मावशे, बोरी आसाय मुगे?' रोमाल्दान जाप केली.

'आसां रे बाबा तुमकां बरें मागोन. तूं आसा मरे बाबा बरो?'

'आसां सुमाराचो.'

'खंय गेल्लो रे?'

'दोतोराक मेळोंक गेलोलों.'

'जिवाक बरें ना रे पुता?'

'म्हाका न्हूय. घरकार्न्क तपासूंक व्हेलेली.'

'कितें जाता तर तिका?' खेजूमावशेचें आयकूंक रावनासतना पायांक चक्रां बसयल्लेवरीं रोमाल्द भितर गेलो. टॉनिकाच्यो आनी वखदांच्यो बाटल्यो व्हरून ताणें रुबीकडेन दिल्यो. 'चडूय उखल–दवर कोरनाका म्हूण सांगलां.'

'ऊं...

'दिल्यांय तीं वखदां टायमार घे.'

'ऊं...

'ऊं, ऊं कोत्ताय तें हांव तुका काणयों सांगोनांय.'

वखदांची पोटली रुबीन खाटीर दवरली आनी खोशयेन ाज्या गळचाभोंवतणी हात घालून ताणे रोमाल्दाचो उमो घेतलो. ोमाल्द सकयल बागवलो. रुबीचे बोमलेकडेन कान व्हरून नव्या जेवाची तो सुलूस घेतालो

'उलो मात्ता. डॅडी, डॅडी म्हुणटा. म्हजो पाय येता मिस्ता' स्कन्यांनी रोमाल्दा म्हळें.

'आनी बाय जाल्यार?' दुबाव उक्तायत रुबीन विचारलें.

'दोत दिवंचीना' अशें म्हुण उदकाचो खळखळ कसो तो ांमलो.

'बरें गे मांय, वयतां हांव. ज्युली वितकच पेटो जाल्यार म्हाका एक दवर आं.' सोप्यावयली उठत खेजूमावशेन सांगलें.

खेजूमावशेचीं उतरां रोमाल्दाच्याय कानांर पडलीं. ताणे रुबीक म्हन्यांत ओडलें. ताच्या कानाकडेन तोंड व्हेलें आनी ल्हवूच विचारलें– 'ज्युलीय तुकाच रावतालें कितें गो?'

रुबीक खर दुवाळो लागिल्लो. ताच्या पोटांत कितेंच ररनाशिल्लें. खाण–जेवणाची सोडच, ताका मनशांची पासून घाण ेवंक लागिल्ली. पयले दोन म्हयने ताका खूप त्रासांचे जाल्ले. दिसानदीस तें सामकें अशक्त जायत वतालें. सासूमांय उरंजत– उरंजत घरांतलो सान्न– कोयर आनी रानप– उमळप करताली. बीच्या जिवाक तें खातालें. पूण उपाय नासून आयदना वाजयत ्युलीचेर घालून उलयता तीं उतरां ताका मोन्यानी आयकुचीं डटालीं.

'हें आनी कोणा खावूंक गाबणे जालां म्हूण देव जाणा. ांगा कोंडाळें करून पडलां पळोय केशें कोणशाक. व्हाशिमॉर हगाचें.' मागदू राग उक्तायत चणचणलें.

रुबीचो घुस्मटमार जातालो. घोवाक सांगून घरांत कीर कीर ाल्ली ताका नाका आशिल्ली. सासूमांयची अडचण ताका कळटाली. ूण सासुमांय आपणांक समजून घेना म्हूण तें खंती जातालें. पूण ोडांतल्यान केन्नाच ताणें अपशब्द काडुंना. तें सोंशीक आशिल्ल्यान ाका तें बेसबरें जमिल्लें.

काजार जावंचेच ना म्हण कितलींच वर्सां रुबी आंकवार ाविल्लें. पाय–मांयन आनी सोयरे–धायन्यांनी हात–पांयें पडून ाका काजार जावंक फुडें काडलेले. न्हवरे मानवनात म्हण समजूक तुका केसलो तोरी भुरगो जाय?' जळू कशीं घरचीं ताचे फाटीन ागिल्लीं. 'तुका लागोन पाय–मांयंक सुसेग ना. तीं दीस आनी ान तुज्याच काजाराचें चिंताय. तांचीं सुकलेलीं तोंडा पळोयत ाल्यार आमकां भोंगों दिसता. तुज्या मनांत कोणूय आसल्यार उडय ांगोन.'

पाय–मांयचे खोशयेखातीर आवले खोशयेभयर तें लग्न जाल्लें. रुबीक धाकटेलपणाक दिल्लें. रोमाल्दाची पयली बायल लूत मारून सोंपिल्ली. देखूनच जावंये रोमाल्द रुबीची खूब जतनाय घेतालो. रुबीचीय कसलीच तक्रार नाशिल्ली. मेणवात जळटा पूण दुसऱ्यांक उजवाड दिता. आतल्या मनस्तापाखातीर घराचें सूख आनी शांतताय इबाडची न्हय म्हण आपली खंत आनी वेदना पोटांतच दवरून घोव आनी सासूमांयकडेन तें माये-मोगान वावुरतालें. पूण केन्ना–केन्नाय ताजे वागणूकेंतली विसंगताय् प्रखरतायेन जाणवताली. 'देवाक जाय जाल्या मनशाचेर आपलो कितलोय मोग आसलो तरय अधिकार नासता' हे भावनेन तें मेणवाती भाशेन जळटालें. रुबीभायर पंचपंक्वान्नानी भरिल्लें ताट तोंडामुखार दवरलें तरय तांतले पदार्थ बेचव लागतात. ज्युस्त हीच रुबीची गत जाल्ली.

शाळेंत शिकता आसतना ताजो आनी फादर पिंटोचो मोग आसलो. दोगांयचोय मोग गुप्तीं दिशीं– दिशीं वाडत वतालो. तीं एकामेकालागीं इतलीं संयमान उलयतालीं–बोलतालीं की तीं मोगांत आसात म्हणपाची कोणाकच खबर नासली. पूण आठवी ती इकरावी वयर तांचो मोग तगूंक शकलो ना. एक दीस सदचे–वरींच तीं मेळ्लीं. पूण ही भेट निमणी जायत म्हण रुबीन चिंतूंक नासतलें. पूण घडलें विपरितूच. फादर पिंटोची वागणूक सदचेपरस सामकीच वेगळी आसली. संवकळीचो आसूनय अनवळखी जाल्ले–भशेन तो वागतालो. रुबीक ताच्या मोगाचो दुबाव आयलो. हेत

दिवाळेचीं परबीं आनी नव्या वर्साच्यो शुभेच्छा

सगळ्यांनी वाखाणलेली आमची नवी

स्कॉच टेरियर व्हिस्की

संवसारांतल्या खंयच्याय व्हिस्कीपरस बरी
अशी मान्यताय मेळिल्ली

RHEAA DISTILLERIES

NUVEM - SALCETE-GOA

समजल्लेवरी रुबीन फादर पिंटोक म्हळें– 'आय नो व्हॉट यू व्हीश टू टेल मी.'

'आय यम सॉरी रुबी.'

'नो ऽऽ!' रुबी किलांटलें. फादर पिंटो ताच्या तोंडार हात दवरूंक गेलें, पूण तें कडमरलें.

'बिलिव्ह मी रुबी.'

'नो, आय काण्ट.'

'आय यम इनॉसेंट,' फादर पिंटो मखलाशी करतालो.

'से, यू डॉण्ट लव्ह मी,' रुबी थतर–वितर जालें.

'आय लव्ह यू अॅज गॉड लव्हज अस ऑल,' सौम्य उतरांनी फादर पिंटोन म्हळें.

'व्हॉट?' दोळ्यांमुखार जोगूल मारिल्यान काळखांत सांसपूंक जावंचे तशें ताका खिणभर दिसलें.

'यस रुबी. आय हॅव अ कॉल, अ सेक्रेड कॉल.' खिणभर दोगांय ओगीच रावलीं.

'ट्राय टू अंडस्टेंड मी रुबी. हांव प्रिमेचर जल्मल्लों. दोतोरांनी म्होजी आस्त सोडलेली. तेन्ना मांयन फुंय मतींतूच म्हुणलेलें– 'ओ जेजूस' ओ जेजूस, हें बाळक वांचोन उरल्यार हांव तेका तुजे सेवेंत ओंपतेलीं.'

उतरां आयकून रुबीचें हड्डें फुगार जालें. कितलोसोच वेळ दोळ्याची पातकडी हालयनासतना पिंटोच्या तोंडाक तें पळयत रावलें.

'आल्तारार पयलें मीस सांगोन हांव मांयची आंगव पावयतां आनी तुका जाय जाल्यार उपरांत लोव देंवोयतां.' अंदल्ल ताळ्यान फादर पिंटोन म्हळें.

'नो, यू काण्ट डू दॅट.' न्हिन्नळून रुबीन म्हळें 'आय य अल्सो गॉड फियरींग चाइल्ड. देवाक जाय जालें मुनशां मेवोना. गॉड ब्लॅस यू.' अशें म्हुणून दोळ्यांतल्या दुकांक पात कडयांचो बांद घालून तें घरा पर्तलें.

ज्युली वियेलें. ताणें पांच पिलां काडिल्लीं पांचय कोलगां दोळे फुटचे पयलींच मागदूमांयन साकांत भरून खेजूमावशेक लाव तांकां दोंगरार सोडिल्लीं. दोन–तीन दीस हुंगत–हुंगत ज्युली सगळ्याक सोदतालें. पूण तांचां पत्तो ना तो पळोवन दुखी–खंती जावन आंगाचें निवणें करून तें रात–दीस न्हिदतालें. पोरांच्या खेदान ताणें खाण–जेवण लेगीत सोडिल्लें. पेटो जावं कोल, मोनजातीची आपल्या भुरग्यांवेली माया मनशांनी देख घेयसारकी आसली.

रुबीच्या पोटांत कळो येवंक लागिल्यो. सोसूंक नज जावन तें आडवें–उदारें लोळटालें. रोमाल्दय घरा नाशिल्लो. मागदूमांयन खेजूमावशेक आपोवन हाडली आनी वेळ होगडायनासतना रिक्शेंत घालून तिका हॉस्पिटलांत व्हेली. खबर कळनाफुडें घामेत–हुमेत रोमाल्दय हॉस्पिटलांत आयिल्लो.

दिवाळेचीं परबीं
आनी
नव्या वर्साच्यो शुभेच्छा

रामनाथ सॉ मिल

टिंबर अॅण्ड टाईल्स मर्चंट

भिरोंडी, बाणावली (साश्टी) गोंय

प्रोप्रायटर : ज्योती कोंकार

'पार्ताक हाडल्या ते बायलेचो घोव खंय आसा ?' सिस्टरीन विचारलें. मागदूमांयन भोन्यानीच रोमाल्दाक बोट दाखयलें.

'तुका दोतोर आपयता.' सिस्टरीफाटल्यान रोमाल्दय भितर गेलो. मागदू आनी खेजूमावशी सांडिल्ले नदरेन एकामेकांक पळोवं लागलीं. खिणांतच भियेल्लो, कांचवेल्लो कसो जावन रोमाल्द भायर आयलो. दोळ्यांतलीं दुकां लिपोवपाचो ताणे यत्न केलो पूण तीं सांवरलीनात.

'कितें जालें बाबा ?' मागदून ल्हवूच विचारलें.

'कितें सांगलां दोतोरान ?' खेजूमावशेन चवकशी केली.

'ऑपेरेसांव करचें पडटेलें म्हुणटा.'

'करुंनी.' खेजूमावशेन म्हळें.

'बायल जायी काय भुरगें जायें काय म्हुण इचारता.' फुगार जावन ताणें सांगलें.

'तुयें कितें सांगलें ?' उमळशीकेन मागदून विचारलें.

'देवाक जाय तें जातेलें' रोमाल्द सुस्कारलो. तेच खिणांत 'ऊं गें ऽऽ' ऑपरेशन थेटरांतल्यान आवाज आयलो.

'चेडूं जालां' चलतां-चलतांच सिस्टरीन म्हळें आनी वारें कशी गेली. परत येतना तितल्याच वेगान दोग-तीग दोतोरांक घेवन आयली आनी ऑपरेशन थेटरावटेन गेली. पूण दाराकडेन आसतनाच लेंसाक हात पुशित एक दोतोर भायर आयलो. ताणे रोमाल्दाच्या खांदार हात दवरलो आनी सांत्वना दिवन मुखार गेलो.

'थँक्यू, डॉक्टर थँक्यू.' रोमाल्दाचे ओंठ पुटपुटले.

गांवचे इगर्जेंत आनी कपेलांनी मर्णाच्यो घांटी वाजताल्यो. रुबीच्या मर्णाची खबर गांवाभायर पाविल्ली. ल्हान-व्हड, जाण्टी-नेण्टीं सगळ्यांच्याच तोंडांतल्यान रूबीच्या व्हडविकेचीं उतरां आयकूंक येतालीं. 'पाय-मांयचे भिरांतीचें, खाल्ती, मायेस्त, मोगाक मोग दिवपी, मोजक्याच उतरांचें' अशा शब्दांनी लोक ताची तुस्त गायतालो.

गांवचे शिमतरींत पयलेच खेप इतलो लोक जमिल्लो. शिमतरींत रावूंक लोकांक सुवात नाशिल्ली. वळखीचो आनी वळखी भायलो लेगीत लोक रुबीक चुरचुरतालो. खबर कळनाफुडें सगळीं कामां फाटीं दवरून फादर पिंटोय इंतेराक आयिल्लो. पूण ताका रुबीचें मडें पळोवंक मेळुंना. तो पावच्या कांय खिणापयलींच काशांव फोंडांत देंवयल्लो. फादर पिंटो मडचाचे तकलेवटेन वचून उबो रावलो आनी लोकांक उद्देशून ताणें म्हळें- 'रुबी मरोंक ना. ताणें चलयेक जल्म दिला. आनी ताचेउदेशीं रुबीन पुनर्जल्म घेतला. रुबी इज रिबॉर्न !' फादर पिंटोचीं उत्तरां शिमतरभर घुमिल्लेवरीं दिसूं लागलीं.

रुबीची कूड मातयेक लावन लोक घरा वसपाक परतलो तरय 'रुबी इज रिबॉर्न' हीं फादर पिंटोचीं उतरां तकलेंतल्यान पुसून पुसनात कशीं जावन सासणांक अमर जालीं.

-✻-

दिवाळेचीं परबीं आनी नव्या वर्साखातीर शुभेच्छा !

रामराज एण्टरप्रायजेस

रियल इस्टेट डेव्हेलोपर्स

आर. आर. कन्स्ट्रक्शन्स

इंजिनियर्स, बिल्डर्स व कॉन्ट्रॅक्टर्स

'आशियाना'

कोंब, मडगांव गोंय

फोन : २०६७५

दिवाळेचीं परबीं
आनी
नव्या वर्साखातीर शुभेच्छा !

चंद्रकांत केणी हांगेलीं कांय पुस्तकां

- धर्तरी अजून जियेताली (कथा)
- आशाढ पांवळी (कथा)
- तरेतरेचीं संवंगां
- फुलांचो हात (भुरग्यांखातीर नवलकाणी)
- अळमीं (कथा)
- व्हंकल पावणी (कथा)
- एकलो एकसुरो (कादंबरिका)

कुळागर प्रकाशन
पो. बॉ. नं. ७८,
मडगांव–गोंय

दिवाळी शुभेच्छा !

उत्कृष्ट छपाई हवी ?
–तर मग 'रवि' !

फोन : ऑफिस : २३०७९
निवास : २४००२

महाराष्ट्र मुद्रण
परिषदेच्या मुद्रण स्पर्धेत सतत
तीन वर्षे उत्कृष्ट छपाईचे पारितोषिक
मिळविलेले

रवि मुद्रणालय

१९१०, कडोलकर गल्ली,
बेळगाव.

लाख दिव्यांचें तेज पर्जळूं...
वर्स नवें सुखान उजळूं.

साळगांवकार
इंजिनियर्स प्रा. लि.

साळगांवकार चेंबर्स
मडगांव–गोंय

दीपावली अभिष्टचिंतन

गरिबी, अज्ञान, विषमता, अनारोग्यरुपी अंधःकार नष्ट करून तमाम गोमंतकीयांच्या जीवनात सुखसमृद्धीचा प्रकाश यावा म्हणून नियोजनबद्ध विकासाद्वारे गोवा सरकारने अविश्रांत परिश्रम चालू ठेवले आहेत. त्याच्या परिणामी साध्य झालेली ही वाही उद्दिष्टे.

- २० वर्षात 'समाज कल्याण' क्षेत्रात रु. २०० कोटींची गुंतवणूक करून राहणीमानात सुधारणा.
- उद्योगांमध्ये रु. २०० कोटींची गुंतवणूक. औद्योगिक प्रगतीवर वेर्णा इलेक्ट्रॉनिक्स नगराचा शिरपेच.
- प्रत्येक खेड्याचे विद्युतीकरण – गरिबांना मोफत वीजपुरवठा.
- ६४ टक्के साक्षरता – प्रौढ साक्षरतेचा महत्वाकांक्षी कार्यक्रम – उच्च माध्यमिक स्तरापर्यंत मोफत शिक्षण.
- दरडोई उत्पन्न रु. ५००० हून अधिक
- विकासाचा वेग ८ टक्के
- सर्वांना आरोग्य सेवा – ५००० लोकसंख्येला १ उपारोग्य केंद्र– जनन= प्रमाण दर हजारी १८.२४ तर मृत्यूचे प्रमाण ६..२
- गोमंतकीयासाठी खास औषधोपचारासाठी रु. ५०,००० ची आरोग्य विमा योजना

साफल्य भावनेने दीपावली साजरी करीत असतानाच जनतेला एकसाथ घेऊन सुखाची, भरभराटीची नवी शिखरे जिंकण्यासाठी आपण पुन्हा कटिबद्ध होऊ या.

माहिती आणि प्रसिद्धी संचालनालय

गोवा सरकार – पणजी तर्फे प्रसृत.